९८४८
म. ग्रं. सं. ठाणें
विषय भा. व्याकरण
सं. नं. १२८

# कोंकणिची व्याकरणी बांदावळ

REFBK-0007274
REFBK-0007274

# कोंकणिची
# व्याकरणी
# बांदावळ

मराठी ग्रंथ संग्रहालय ठाणे

# शणै गोंयबाबांली बरपावळ

| | | |
|---|---|---|
| गोंयकाराचो मुंबैकार ... ... | रु. सोंपलो | |
| गोंयकारांची गोंयाभायली वसणूक .... | २ | ० |
| कोंकणी भाशेचें जैत ... ... ... | १ | ४ |
| गोमन्तोपनिषत् (पैलें खंड) रु. १-०... (दुसरें खंड) | १ | ८ |
| भुरग्यांलो अिश्ट ... ... | ० | ६॥ |
| झिलवा राणो (दुसरी खेप) ... ... | १ | ० |
| मोगाचें लग्न (प्रो. रा. शं. नायक हांगेले व्होवळिकेसैत) | १ | ० |
| पुण्यात्मो राम कामती ... ... | ३ | ० |
| कोंकणी नादशास्त्र ... ... ... | सोंपलें | |
| आवे फारीय ... ... ... | ० | ६ |
| कोंकणी मुळावें पुस्तक (१ल्या पुस्तकाची २री खेप)... | ० | १० |
| भुरग्यांलें व्याकरण ... ... ... | ० | १२ |
| कांहीं मराठी लेख ... ... ... | ८ | ० |
| येवकार-अध्यक्षांलें अुलोवप 'अंन वेळार' ह्या निबंदासैत | ३ | ० |
| पोवनांचें तपलें (खेळ) ... ... | १ | ४ |
| कोंकणिची व्याकरणी वांदावळ ... ... | ५ | ० |

## — कोंकणी बरप्यांली बरपावळ —

| | | |
|---|---|---|
| चवतिचो चंद्र (आचार्य रा. शं. नायक) ... | सोंपलो | |
| रायबाऱ्याची व्हाड्डीक ... " ... | ० | ४ |
| दामू कुराडो ... " ... | ० | ६ |
| भुरग्यांलो वेद (पैलो वांटो) " ... | ० | १० |
| भगवद्गीतासार (धरपी; पंडीत मं. रा. तेलंग) ... | ० | ८ |
| वोंवळां (अुजवाडावपी; कोंकणी साअित्य संघ) ... | सोंपलीं | |
| 'नवें गोंय' (तीन पुस्तकां) दर अेकाक | २ | ८ |
| कोंकणी परिशदेचे तिसरे बसकेची खबर ... | ० | ८ |
| सञ्जावेळ्ळीं फुलां (गितां) ... ... | ० | ८ |
| देखदिण्यो काणयो ... ... ... | ० | ४ |
| आंवेलो अुलो (कवी: शां. वि. कामत) ... | ० | १॥ |
| खाजक्यां-करंड " ... | ० | ६ |



शणै वामन रघुनाथ वर्दे वालावलीकार

जल्म-दीस : २३ ज्यून १८७७

("शणै गोंयबाब")

मर्ण-दीस : ९ आप्रील १९४६

शणै गोंयबाबांली बरपावळ

चौदावें पुस्तक

•

# कोंकणिची व्याकरणी बांदावळ

•

१९४९

REFBK-0007274

REFBK-0007274

अेकठावन अुजवाडा हाडपी

गोमन्तक छापखान्याचो धनी

गिरगांव मुंबै ४

•

ह्या पुस्तकासबंदान सगळे तरेचें हक अुजवाडावप्यान आपणाकडेन दवल्लां

FIRST EDITION, 1949.

ALL RIGHTS INCLUDING TRANSLATION, EXTRACTS ETC., ARE FULLY PROTECTED AND STRICTLY RESERVED BY THE PUBLISHER.

Printed and Published by K. S. Nayak at the Gomantak Press
Ramchandra Building, B 2 & 3, Girgaum, Bombay, 4.

# मांडावळ


| | | |
|---|---|---|
| Foreword | आरंभाचीं पानां | ९ |
| ‘पैलीं अुतरां’ | | ११ |
| सामान्य वाचप्यांक | | १५ |
| ओंपणी | | ३१ |


## कोंकणिची व्याकरणी बांदावळ


| | |
|---|---|
| कोंकणी अुच्चार | १ |
| लिंग | १५ |
| वचन | १९ |
| विभक्ती | ३१ |
| काळ | ७६ |
| आज्ञार्थ | १४२ |
| विध्यर्थ | १५१ |
| प्रयोजक धातू | १६० |
| अणकारी धातू | १६६ |
| नामधातू | १६८ |
| धातु-अव्ययां | १७२ |
| व्याकरणी अुतरावळ आनी संक्षेप | १९१ |
| आधारावळ | १९५ |
| चुकावळ | १९८ |

# FOREWORD

BY

DR. S. M KATRE, M.A., Ph. D. (London)

*Director :*

DECCAN COLLEGE POST - GRADUATE

AND RESEARCH INSTITUTE,

POONA, NO. 6.

# FOREWORD

I consider it a great privilege to have been invited by the publisher of the late Mr. Valavlikar's posthumous work on Konkani Grammar to contribute a foreword to it. When the invitation was extended to me in 1949 I readily agreed, but unfortunately my other commitments prevented me from completing a labour of love for which I am to express my sincere regrets. During the past few months this little book has been my constant companion, and the more I read it the more I became convinced of the author's great mission in life and the very successful manner in which he converted Konkani into a highly developed literary medium.

Konkani has long been used as a literary medium since the days of Father Stevens, but as a language of literature it has had such a chequered career that few believe it ever was such a medium. Not having reasonably been developed as a language of state, it also ceased to exert a unifying force on the communities where it was spoken. A great amount of credit is due to Mr. Valavlikar for not only having enriched his mother tongue with modern literature, but also for his many research activities, not the least of which was his passionate investigation into the origin and structure of Konkani. Like the poet Rabindranath Tagore in Bengal

whose mastery over the Bengali language was enriched by a keen appreciation of its structure, so in Konkani Mr. Valavlikar has given us the fruit of his lifelong study and practice of Konkani in this short work. He has digested the previous contributions to such a study and brought his own unrivalled approach to the living Konkani in a treatise which will have its value to modern students of comparative linguistics.

I never had the good fortune of meeting Mr. Valavlikar in person. But ever since my return from Europe in 1931 when I commenced a linguistic study of the dialects comprising Konkani his many contributions have always been by my side. As one of great creators of modern Konkani literature his style and manner are free, delightful, and forceful where required. Naturally what he has to say of the structure of Konkani will not only be interesting to the specialist, but also to the general reader who is interested in the growth and development of this language. I have no hesitation in saying that of all recent publications of such a type this little monograph is the most important and is bound to have the greatest influence on the thought of fellow speakers. I recommend it for being read by every speaker of this sweet language, and I am sure it will be appreciated by votaries of other regional languages also.

DECCAN COLLEGE,
POONA, 6.
8th January 1951.

S. M. KATRE

# 'पैलीं अुतरां'

( मूळ अिंग्रजिचें भाशांतर. )

भौ. वालावलीकारांच्या मर्णाअुप्रांत भायर सरचेल्या तांगेल्या ह्या कोंकणी व्याकरणाक 'पैलीं अुतरां' बरोबची मागणी अुजवाडाव-प्यांनी म्हजेकडेन घाली, हें हांव म्हजें मोटें भाग्य समजतां. १९४९ त, जेन्ना ही मागणी म्हजेकडेन आयली तेन्ना ती हांवें रोकडीच मान्य केली खरी, पणून ध्यानां-मनां नासतना, हांवें लावन घेतिल्ल्या दुसऱ्या कामांनी म्हाका आडावन दवरिल्ल्या कारणान, हें माये-मोगाचें काम वेळार तडीक व्हरूंक म्हज्यान जालें ना, हे खातीर म्हाका वायट दिसता. हें ल्हान पुस्तक गेल्या कांय म्हैन्यांपासून म्हजें दिसपट्टें सांगाती जालां; आनी जितलें जितलें हांव तें चड वाचतां, तितली तितली म्हाका बरप्याचे जिणेन घेतिल्या पवित्र व्रताची चट्टी वळख मेळून, कोंकणी ही अेक अुंच संस्कारीक भास करपांत तांणी भौ बऱ्या मार्गान अुपाट जैत जोडलें म्हणपाची म्हजी खात्री जाता.

पाद्री स्टिव्हन्सच्या काळापासून, कोंकणी ही भास म्हणून बरपांत घोळटा. पणून साअित्यीक आसुनूय, चड चिड्डून अुरिल्ल्या कारणान, ती तशी आसली म्हणपाचेर भौच थोड्यांचो विस्वास बसता. हाचें कारण, ती राज्य-भास म्हणून मुखार आयली ना, तशेंच जे समाज ही भास अुलैतात तांकां अेकठांय राखूंक ती पावली ना. असले हे आवै-भाशेक भौ. वालावलीकारांनी आर्विल्ले सरस्पतीन गिरेस्त केली, अितलेच खातीर तांची तोखणाय करची अशें न्हय, तर तांणी ते भाशेंत जायते नवे सोद घाले, आनी तांतूंतूय कोंकणिचें मूळ आनी तिची बांदावळ ह्या संबंदान पोटतिडकेच्या अगत्यवादान तांणी जो सोद केलो ते खातीर तांकां जायते धन्यवाद दिवंक फावो. बंगालांत कवी रविंद्रनाथ टागोरान, बंगाली भाशेचे बांदावळिचे गुण मोटे ओडिचे मार्मिकतायेन पारखून ते भाशेंत आपल्या आंगांतलें साअित्यिक धनीपण शिंपक पावैलें, तेच रितीन कोंकणींत भौ. वालावलीकारांनी, जल्मभर वावरून केल्ल्या

कोंकणी अभ्यासाचें फळ ह्या ल्हान पुस्तकाच्या रुपान आमकां दिलें. हे खातीर तांणी ह्या संबंदाची आदली सगळी बरपावळ अितले खोलायेन वाचली कि, ती तांणी जिरोवन पचैली आनी मागीर, जिवंत कोंकणीकडेन वचपाचो सर्त-सीम नाशिल्लो आपणालो खाशेलो मार्ग काडून तो ह्या निबंदांत दाखैलो. देखून, तारतिमी नदरेन भास-शास्त्राचो अभ्यास करतल्याक हें पुस्तक चंड म्हत्वाचें आसा.

भौ. वालावलीकारांची गांठ घेवचें भाग्य खासा म्हाका केन्नाच मेळूंक ना. जाल्यारूय, १९३१ वर्सा, येवरोपांत वचून येतकूच, हांव भास-शास्त्राचे नदरेन कोंकणी धरून कांय पोटभासांच्या अभ्यासाक लागलों, तेन्नापासून तांगेली जायती बरपावळ सदींच म्हजेवांगडा आसा. आर्विल्ले कोंकणी सरस्पतिचे मोट्या घडप्यांतले अेकले ह्या नात्यान, तांगेले बरपावळिची बड आनी मोड स्वतंत्र धेक्याची, भुलभुलायणी आनी फावो त्या जाग्यार जाय तितल्या नेटान भल्या. देखुनूच, कोंकणिच्या बांदावळिसंबंदान तांणी जें किर्तें सांगलां तें भासांचो निखटो अभ्यास करतल्यांनीच न्हय तर ही भास जे कोण फुलोवंक आनी वाडोवंक पळेतात त्या सामान्य वाचप्यांनीय ध्यानांत धरिसारकें जालां. हालिंच्या वर्तमानांत अुजवाडा आयिल्ल्या असले तरेच्या सगळ्या पुस्तकांत हें ल्हान अेकसुत्री पुस्तक चंड म्हत्वाचें आसून, ही भास अुलोवपी लोकांच्या विचारांचेर तें चडांत चंड मोटो परिणाम करतलें, हांतूंत म्हाका दुबाव दिसना. देखून, ही गोड-म्होंवी भास अुलैतल्या दर अेकल्या मनशान हें पुस्तक वाचचें अशें हांव आगरो करून सांगतां आनी हेर देस-भासांचे होरावपीय ह्या पुस्तकाची फाव ती तोखणाय करतले म्हणपाचें खरेपण धरतां.

डेक्कन कॉलेज, पुणें, ६.
ता. ८ ज्यानेर, १९५१.

सु. मं. कत्रे

# सामान्य वाचप्यांक-

बरोवपी :

आचार्य रामचंद्र शंकर नायक

ग्रा. क्र.

# सामान्य वाचप्यांक

" हात आनी वाणी म्हणचेच मनीसजात." अेका म्हाविद्वान पण्डितालें हें वाक्य. हाचो अर्थ असो कि पशुयुगांतल्यान मनीसयुगांत पावंक प्राण्याक हात आनी वाणी हांची जोड हेंच कारण जालें. [1]

हातान आपणाले करामतीन जिणेक नवी कळा हाडली. देखुनूच विचारशक्तीचो गुरु ही ताका पदवी दिल्या. मनशाचे बुद्धीची बी ताणेंच शिंपली. ताणेंच मेंदूक नेटाची स्फूर्त दिवन ताजेर भावनांचे, विचारांचे आनी कल्पनांचे मळे फुलयले, आनी हेर प्राण्यांपासून ताका वेगळायलो, अुंचायलो.

आरंभाक — खरें म्हळ्यार आरंभ आनी अंन्त ह्या अुतरांक हांगा जागोच ना. फक्त विशय मांडूंक सोंपें पडचें अितलेच खातीर तीं घेवचेलीं — आरंभाक सृष्टींतल्यो वस्ती आनी घडणुको हांच्या दर्शनान मेंदूर घडिल्ल्या परिणामांक, म्हणचे मनशाच्या मुळाव्या भावनांक, विचारांक आनी कल्पनांक थीर आनी निश्चित सरूप नाशिल्लें. शियाच्या दिसांनी फांतोटेर धुंवट पडटेर जाता तशी गत्त ताच्या मेंदूची जाताली अशें म्हळ्यार जाता. त्या परिणामांक थीर आकाराक हाडूंक, ते रेखूंक आनी राखूंक, त्याचप्रमाण तांचेवरवीं गिन्यानाचें वस्त्र विणून मनीसजातीक हेर प्राण्यांच्या जातींचेर अखया जैताची घुडी अुबारपाक, तशेंच गडगन्ज आनी नाजूक साधन जाय आसलें. ते वाणयेच्या रुपान जिणेनूच तिका दिलें. हालींच्या काळांत, तरेकतरा गिन्यान जोडूंक, जोडिल्लें सांटावंक आनी सांटायलें संसारभर पातळावंक, बरपाची कळा जें अजापाचें, सर्त-शीम नाशिल्लें म्हत्वाचें कार्य करता, तेंच कार्य त्या काळांत वाणयेन आपल्या आंगार घेतलें. मेंदूर अुदेल्ल्या भावनांक,

---

1. Henri Berr. Avant-propos de l'Humanité Préhistorique.

विचारांक आनी कल्पनांक अुतरांच्या आयटींत घालून तांच्यो तिणें म्होरो माल्ल्यो आनी अुगडासाचे कोठयेंत गिन्यानाचें भाण्डार भल्लें. दुडवांच्या वेव्हारांत आयज नोटींचो आनी हुंडयांचो जो अुपयोग जाता तोच गिन्यानाच्या वेव्हारांत त्या वेळार अुतरांचो आनी भाशेचो जालो.

अशे तरेन हातासारक्या कुशळ शस्त्राच्या आनी वाणयेसारक्या प्रबळ अस्त्राच्या गुणान मोनजातींतल्यान मनीसजात अुक्ताडाक आयली.

पुण वाणी, वाणी म्हळ्ळें कितें? असो अेक प्रस्न आदीं हांगा अुबो रावता. आमीं हें अुतर हिंदू अध्यात्मशास्त्रांतल्या अर्थान घेवंक ना. आमकां सांगूंक जाय कि, आयकूंक येतात तसल्या आनी वळखूंक येतात असल्या गळ्यांतसून काडिल्या खुणांनी संसारांतल्या वस्तींच्या आनी घडणुकींच्या मेंदूर जाल्ल्या परिणामांचो अुगडास सांबाळचें आनी तो अेकामेकांक कळवचें साधन हाकाच आमी वाणी म्हणटांत. ती अेक निजाची शक्त आसं. जिणेंत ती किल्लुन येता आनी जिणूच तिका पोसता-वाडयता. वाणी ना थंय विचार ना; विचार ना थंय वाणी ना.[2] ज्या वर्ससङ्ख्यांनीं हो वेव्हार घडत आयला तांची गणटीय जायना. पुण तो घडटा आसताना वाणयेचें आकाराक आयिल्लें सरूप जें भास, तिचो धर्म आनी जिणेक तिका लागून आयिल्लें वळगें आनी विस्तार हांचें वर्म हीं दोनूय आमकां पळोवंक आनी तोलूंक मेळटात. देवान निर्माण केल्लो पैलोवैलो मनीस वेदीक संस्कृत वा पोरणी हिब्रू भास अुलयतालो ही म्हणणी आयज कोण मान्य करीत?

ही सगळी सृष्ट अेकाच नेमान बांदिल्ली आसं. जिणेच्या यज्ञांत दुर्बळांनी जळचें आनी सबळांनी बळचें. हो तो नेम. मनशाक वळूंक फाटीं सांगिल्ल्याप्रमाण, हात आनी वाणी हांची जोड कारण जाली.

---

2. Nouvelles Leçons sur la Science du Langage par Max Muller. Trad. par M. M. Harris et Perrot.

अगणीत काळाची भोंवडी ते खातीर ताका करची पडल्या हांतूंत दुभाव ना. हे भोंवडेची सावळी दर अेकल्या मनशाचे जिणेंत पडिल्ली दिसता.

वारकायेन येवजून पळेल्यार सुखादुखाच्यो वा रागामोगाच्यो मुळाव्यो भावना मोनजातीकूय गळ्यांतल्यान तेरेकतरा कर्कश वा गोड नाद काडून दाखवंक येतात. पुण हाच्यामुखार तांचें पावल वचना. मनशाचे जिणेचो कवळो अुसवता आसताना, साप्प ल्हान भुरग्यांत हो गुण आमच्या अणभवाक येता. मात तो फुडें आशिल्लो तसोच अुरना. मनीस आनी मोनजात हांतूंत वेगळीक दिसूंक लागता ती हांगाच. थोड्याच म्हेन्यांत तागेल्या किळच्यांक आनी अुद्गारांक अुमाळी अव्ययांचें आनी मुखार अुतरांच्या मूळ धातूंचें सरूप येवंक लागता. आतां तो तांचो अुपयोग आपले जिणेच्या विस्ताराचें, मागण्यो, सांगण्यो, सुचवण्यो बि करचेलें साधन म्हणून करता. वाणयेची शक्त फोफेवन येवचेलो हो चंड म्हत्वाचो काळ. भावनांक रंङ्गरूप येवचो, विचार वा कल्पना थारावचो आनी तांच्या दिवपा-घेवपाचो वेव्हार फुलचो हो काळ. गळ्यांतल्यान काडिल्ल्या नादांक तो अर्थाच्या खुणांचें सरूप हाडटा. हाकाच आमी अुतरां घडवप म्हणटांत. हे भाशेन आमी म्हणटांत त्या अर्थान वाणयेची अुतरावळ आनी रुपावळ ह्यो सिद्ध जातात. ह्या आकाराक आयिल्ल्या वाणयेच्या सरुपाक भास म्हणटात.

भासांची ही सृष्ट मनीसजातीबरोबर कश्या कश्या अवस्तांतल्यान धर्तरेचे फाटीर विस्तारत गेली हाचो अभ्यास भौच मौजेचो आसं.

गुणांक मत्सर ना. येवरोपी पण्डितांनी आपणाले सोदघेणे नदरेन भासांच्या ह्या विशाळ समुद्राचे खरीक हात घालो. F. Schlegel ह्या जर्मन कवीन अिंग्लण्डाक पाविल्लो आसताना (१८०१–१८९२), A Hamilton कडेन संस्कृत शिकून आनी मागीर पारिसाक ताचो विशेश अभ्यास करून, १८०८ वर्सा, "हिंदू लोकांलें गिन्यान आनी

भास ह्यांच्या सम्बन्दान" ह्या नांवाचें पुस्तक बरयलें. कवीचे नदरेक अेक वेगळीच धार आसता. ताणें केल्ली फोडणिशी आयच्या शास्त्रीक चिकित्सायेच्या कसाक पूर्णतायेन लागसारकी नासली तरी कुल्लीं भासांचे, अेक अक्षरी, चिकटण्यो वा दसण्यो आनी विकारी, हे ताणें केल्ले वर्ग, आर्यवर्गी भासांचें ताणें वळखिल्लें नातें, भास-शास्त्राक ताणें दिल्ली स्फूर्त आनी वाणि-शास्त्राक मेकळी करून दिल्ली वाट हीं कामां अितल्या म्हत्वाचीं जालीं कि Franz Bopp आनी हेर भास-शास्त्र्यांनी ताज्या पावलार पावल दवरून आनी ताणें दाखयल्ल्या अुजवाडांत वावरून आयच्या वाणि-शास्त्राची[३] बुन्याद घाली. भास-पण्डितांनी F. Schlegel हाच्या कार्याची "अेका नव्या जगाचो सोद" अशें म्हणून तोखणाय केली ती ओगीच न्हंय.

संसारांतल्या भासांचो पैलो पंगड अेक अक्षरी भासांचो. चिनी, अनामी, सयामी, ब्रह्मी, तिबेटी ह्यो भासो ह्या पंगडांत आस्पावतात. तांतूतलीं अुतरां म्हळयार अेक अक्षरी मेकळे मूळ धातु. तांकां सामान्य अर्थ आसता. पुरुश, लिङ्ग, वचन, काळ, अर्थ हे प्रकार त्यो वळखनात. तांतूंत अव्ययां नात; मुळाकुसां, ताळाकुसां नात. **धा** = धातु अशें मानलें जाल्यार तांतूतलें अुतर **धा** ह्या अक्षरान आनी वाक्याची वांदावळ **धा + धा + धा**... अशी बरंवन दाखवं येत. ज्या क्रमान हे धातु वा अुतरां वाक्यांत येतात, ताचेवेल्यान तांचें व्याकरणी कार्य निश्चित जाता. म्हणजे नामाचें, विशेशणाचें, क्रियापदाचें बि जें कसलें कार्य ते करतात तें वळखुं येता आनी ताचेवरसून वाक्याचो अर्थ समजुं येता. देखीक, '**ता**' हो अेक अक्षरी चिनी धातु घेवंया. हो अेकोडो पळेलो जाल्यार ताजो अर्थ "व्हड," "व्हडाय," "व्हडान," "व्हड जावंक"

---

३. 'भास-शास्त्र' आनी 'वाणि-शास्त्र' हीं अुतरां आमीं ह्यांगा अनुक्रमान Filologia आनी Linguística ह्या अर्थांनी अुपकारायल्यांत.

असो जावं येता. पुण **न्गो ता नी** ह्या वाक्यांत तो "हांव मारतां तुका" आनी **नी ता न्गो** हांतूंत "तूं मारता म्हाका" असो जाता. "कुळी खाता नुस्तें" आनी "नुस्तें खाता कुळी" ह्या आमगेल्या कोंकणी वाक्यांनी वेले वाक्यरचणेची सावळी पडिल्ली दिसता. पुण विभक्तींचीं कुसां अुपकारावच्या पांवड्याक पाविल्ले आमगेले भाशेक तिजो भौ थोडो अुपयोग जाता, हें काय सांगूंक जाय-शें ना.

दुसऱ्या पंगडांतल्या भासांक चिकटण्यो वा दसण्यो भासो, अशें म्हणुं येत. दक्षिण आफ्रिकेंतल्यो कांय भासो, बांतू भासो, मलायी भासो, कोरियान भास, अुराली-आल्तायक भासो, बास्क भास, तुर्की भासो, अमेरिकेच्यो मूळ भासो, जपानी भास, कोलारियान वंशाच्यो हिंदुस्तानांतल्यो भासो, मादागास्कार आनी आवस्त्रालिय देसांतल्यो मूळ लोकांच्यो भासो आनी मल्याळी, कानडी, तेलगू, तुळू बि आमगेल्यो शीमशेजाऱ्यो द्रविडी भासो ह्या पंगडांत येतात. पैल्या पंगडांतल्या आनी ह्या भासांतलें अन्तर हें कि ह्या भासांतले धातु मेकळे रावनात. अेकामेकांक दसतात वा चिकट्टात. हांतूंतलो मुखेल तो धातु आपलो अर्थ थीर धरून रावता आनी फाटल्या फुडल्यान ताका दसल्ले हेर धातु आपणालो मूळ अर्थ सोडून त्या मुखेल्याक पालवी अर्थ जोडपाचें वा ताजें विशेश कार्य दाखवपाचें काम करतात. हांतूंतलीं अुतरां म्हणचे धातूंचे पुंजुले. मुखेल धातु "**धा**" आनी पालवी धातु "धा" ह्या अक्षरांनी दाखयले जाल्यार त्या पुंजुल्यांची घडण धा **धा**, धा **धा** धा, **धा** धाधा... अशी दाखवं येत. देखीक A. Lefevre हाणें दिल्लो "झार्" =धांपप हो येवरोपांतले माझियार म्हळ्ळे चिकटणे भाशेंतलो धातु कसो अुपकारायतात पळोवंया. झार हात् (**धा** धा)=(ताज्यान) धांपूंक जाता; झार् आत् गात् (**धा**धाधा)=तो सदांच धांपूंक लायता; झार् आत् गात् हात् (**धा**धाधाधा)=ताज्यान सदांच धांपूंक लावंक जाता. हरशीं हीं चिकटणी अुतरां पळोवंक आमकां चंड पैस वचपाची गरज ना. आमगेले भाशेंतलीं "कपळफोडणी," "कुसलायणो," "घरकोंवो"...बि

गांठवलां हांय चिकटणींच अुतरां. तांचेवरसून असलीं अुतरां घडपाची रीत आमगेले कोंकणींत अजून चलता हें अुक्तेपणान दिसता. ती आयज जशी चलता तशीच कदीम काळापासून चलत आयल्या. चंड पुर्विल्ल्या काळांत घडिल्ल्या अुतरांतूय अशेच दोन वा अदीक धातु चिकटायले आसतात. पुण ते तशेच विसकणे नदरेन पळेल्याबगर वेगळावंक आनी वळखूंक येनात. "व्होवळो" हें कोंकणी अुतर पळेयात : वाडून हुडा गेल्ले चलयेक आमगेल्यो बायलो तें लायतात. शणै गोंयबाब शिकैतात : वधू > वहू > व्हअू > व्हो + वळो म्हळ्यार लग्नाची वाडिल्ली होंकल,[४] अशें तें घडलां.

भासांच्या तिसऱ्या पंगडाक विकारी भासांचो पंगड म्हणटात. संस्कृत आनी तिचेपासून जाल्ल्यो हिंदुस्तानांतल्यो पोरण्यो-नव्यो भासो; झेंद, पारसी बि अिराणी वंशाच्यो भासो; ग्रेग, लातीन, स्लाव्ह, सेल्तिक, जर्मन ह्या वर्गांतल्यो सगळ्यो येवरोपी भासो; आरबी, हिब्रू, आसिरियान बि सेमीटिक भासो; आनी अिजिप्त, लीबिय, अल्जेरिय बि अुत्तर आफ्रिकेंतल्यो कामीटिक म्हळ्ळयो भासो ह्या पंगडांत येतात. अेक अक्षरी आनी चिकटणी मेळून दोनूय अवस्तांतल्यान वैर सरून त्यो हे तिसरे अवस्तेक पावल्यात. हांचें लक्षण, धातूंच्या रुपांक विकार घडवन वाक्यांतल्या अुतरांमदलें नातें वा सम्बन्द थारावप हें आसं. आदीं लक्षांत घेवंक जाय कि अुतर म्हळ्यार आमगेल्या वेव्हारांत जो अर्थ जाता, तो हे फोडणिशेंत सगळेकडेन सारको अुपकारना. अेक अक्षरी भासांत दरअेक धातु म्हणचेच स्वतंत्र अुत्तर. वाक्यांत जो धातु मूळ अर्थ सांबाळून आसता ताका चिनी व्याकरणकार "धडें अुतर" आनी व्याकरणी सम्बन्द दाखवपाक जे पालवी धातु अुपकारायतात तांकां "पोलें अुतर" अशें म्हणटात. चिकटणे अवस्तेंत

---

४. कोंकणिची व्याकरणी बांदावळ, पान १७.

हे धातु अेकामेकांक दसतात. ताकालागून अेकाच अुतरांत धडे आनी पोले धातु आस्पावतात. हालींचे येवरोपी भास-शास्त्री तांकां अनुक्रमान Semântemas आनी Morfemas अशीं नांवां दितात. आतां "अुतरा"चो अर्थ बदललो हें काय वाचप्यांक सांगूंक जाय-शें दिसना. विकारी भासांनी तो आनीकूय बदलता. धडे आनी पोले धातु हे तांतूंत अेकजीव जातात आनी व्याकरणी सम्बन्द दाखवपाक तांच्या रुपांक विकार घडटात. हो विकार × हे खुणेन दाखयलो जाल्यार ह्या भासांतलीं अुतरां **धा**धा×, **धा**धाधा×, **धा**×धा×, **धा**धाधाधा×... अशीं दाखवं येतीत. देखीकः फाटीं दिल्लीं "कपळफोडणी" आनी "कुसलायणो" हीं अुतरां पळेयात. हीं चिकटणे रितीन घडिल्लीं आसलींय जाल्यार तांकां वचन आनी लिङ्ग हांचे सम्बन्द दाखवंक विकार घडटात आनी कपळफोड**ण्यो**, कु**सां**लाय**णी**, कु**सां**लायणो, कुसलाय**णी**, कु**सां**लाय**णे** ... अशीं तांचीं रुपां जातात.

भासांचे हे पंगड पळेल्या अुप्रान्त आमकां वाचप्यांक सांगचें-शें दिसता कि तांणी आदीं विसरूंक फावना कि अुतरां म्हणचेच भास न्हंय. भाशेचे जातीचें मुखेल लक्षण तीं वाक्यांत कशे रितीन घडटात, बदलतात, मांडटात आनी गांथतात ती रीत. वेव्हारांतली अुपमा दिवन अशें म्हणुं येत कि, अेकेच तरेचीं फुलां गांथलीं तरी तीं अेकोडीं, दोडटी, फाड्यांनी अशीं गांथपाक धरुं येतात आनी तांच्यो शिरकळ्यो, हळ्यो, फांतयो, वळेसर अश्यो तरा घडुं येतात. तशेंच अेक हळी म्हळी जाल्यार ती जायांची, मोगऱ्यांची, आबोल्यांची वा शेंवत्यांची बि जावं येता. अशीच गत्त भासांचीय. Chave हें पुर्तुगेज अुतर घेयात. अुच्चार बदलान "श" चें "च" जावन आनी "व्ह" चें "व" जावन कोंकणी "चावी" हें ताका मोवाळ सरूप आयलें. आमगेले भाशेंत तें आतां "चावयो," "चावयेक," "चावयेन," "चावयांक,"... अश्या रुपांनी आनी "चावयेकार," "चावयाळें" ह्या नव्या अवतारांनी घोळूंक लागतर पुर्तुगेज भाशेचो आनी ताजो सम्बन्द पैसावलो आनी तें

कोंकणी जालें. अुतरांत सारकाय आसली म्हणून दोन भासो अेक जायनात. तशेंच, जायते खेपो, अुतरां वेगळीं वेगळीं आसुनूय भासांचें नातें लागशिलें आसुं येता.

हेच भाशेन अुच्चारांची सारकाय म्हणचे अुतरांची सारकाय न्हंय. तिका आमी भुलंक फावना. अिंग्लेज भाशेंत One म्हळ्यार अेक आनी मलायी भाशेंत "वन्न" म्हळ्यार अेकूच खंय. हाचेवरसून त्यो दोनूय भासो अेकूच अशें कोण म्हणत ?

हाच्या वांगडाच लक्ष्यांत घेवंक जाय कि दोन अुतरां आयज रुपासारक्यान वेगळीं दिसलीं तरी मुळचीं रक्तामासान अेकूच आसुं येतात. सांगल्यार खरें दिसूंक लेगीत कठीन. आयज आर्यवर्गी म्हणून ज्यांकां वळखतात, बङ्गाल धरून पुर्तुगाललेगीत जांचें कुळार विस्तारलां, आनी ज्यो अुलंयतल्यांचे बुद्दीन आनी सत्तेन सगळो संसाराचो आवांठ पायांतळा घाला, त्या भासांचें सामान्य मुदल म्हणून आगळे-अुणे पांचशें मूळ धातु अुजवाडाक आयल्यात आनी ही म्हणणी त्या भासांच्या तुळणेन केल्ल्या अभ्यासान सिद्ध जाल्या.[5]

हे म्हणणेची साधारण-शी कल्पना येवंक आमी "स्मृ" हो पारणो धातु घेवंया. थळाकाळाच्यो वंयो अुपून तो संवसारभर कसो वियेला आनी जियेला पळेयात : हिंदुस्तानांतल्या पोरण्या आनी नव्या आर्य-भासांत "स्मृति," "स्मरण," "स्मरणीय," "विस्मृति," "विस्मरण," "स्मार्त"... वि तरेकतरा मुळाकुसां आनी ताळाकुसां लागून घडल्या तत्सम आनी क्रिस्तांव कोंकणी "समुर्त" लेगीत तद्भव अुतरांनी तो विस्तार पावला. हांचे जोडयेक अिराणी आनी येवरोपी आर्यवंशी भासांतलीं, लातीन sme-smor पासून आयिल्ल्या memor वेल्यान पुर्तुगेज memória, फ्रांसेज memoire, अिङ्ग्लेज memory आनी तांचे प्रभावळींतलीं त्याच भौरुप्याचीं तरेकतरा सबंगां लेखाक

5. André Lefevre, E'tudes de Linguistique et Philologie, pgs. 45

धर्लीं जाल्यार ही मारुतीची शेंपडी केदी लांब जायत हाची कल्पनाच करूंक जाय ! त्याचप्रमाण "म" हें अेक मूळ अुमाळी अव्यय. काळान्तरान ताका पैल्या पुरुशी सर्वनामाचें सरूप येवन ताच्या मुखेल आनी पालवी अर्थांनी जी धातु-अुपधातूंची सृष्ट घडल्या तिची पंट हांगा वाचपाची हुंकी अतिताय जावंची न्हंय म्हणून आमका दांबून धरची लागता. पुण त्या "म" च्या गोत्रांत हिंदू स्मृतिकार मनु, येवरोपी गिन्यानाची देवता Minerva, अुगडासाची देवता Mnemosina, शास्त्रकळांच्यो यजमान्नी Musas आनी भुंयवसणुकेची सायबीण Demeter ह्यो लेगीत आस्पावतात म्हळ्यार कोणाक अजाप जावचें ना ?

अशे भाशेन अेकवंशी भासांतलीं शेंकड्यांनी अुतरां अेकाच धातूचीं थळाकाळान वेगळायल्लीं तरेकतरा सवंगां आसून, तांच्या रूपड्यां-फाटल्यान अेकूच धातु मिरयता, हें जरी खरें आसलें आनी अशे तरेचे आगळे-अुणे पांचशीं धातु भास-शास्त्र्यांनी सोदून काडिल्ल्यान ह्या सगळ्या भासांचो मूळपुरूस अेकूच हें आमच्या प्रत्ययाक आयलें तरी ह्यो सगळ्यो भासो अेकूच म्हळयार जायत ? आनी ह्या आधारार, "तूं ती हांवूच. तूं म्हणून वेगळी ना. ,तुगेलीं वेगळीं दिसतात तीं अुतरां म्हगेल्या कोशांत घालून हांव तुका व्हड-मनीस करतां." अशें म्हणून अेक भास शेजारचे दुसरेक खांक्यांत मारूंक लागली जाल्यार तें रितीक आनी नितीक धरून आसत ?

आतां मेरेन, मनशाक अुद्धरगतीक हाडपी ताजी भास निर्माण करपाची तांक, संसारांतल्या भासांचे विद्वानांनी केल्ले पंगड, तांतूंतल्या अुतरांच्यो पंती, तांची घडण आनी वाक्यांत तीं जोडपाच्यो कळाश्यो आमीं पळेल्यो. हे पंगड घालपासम्बन्दान विद्वानांत अेक मत्त ना आनी आयज, वैर सांगिल्या पंगडांच्या जाग्यार वंशीक नदरेर आधारलें

भासांचें वर्गण [6] तांचेभितर मान्यताय पावलां, हें आमी जाणंत. पुण भासांची घडंण अभ्यासपाच्या कामांत अजुनूय त्या पंगडांचें म्हत्व अुगें जावंक ना. तांचेवरसून भाशेची कळा थळाकाळानसार कशी अुमळत गेल्या, कोंकणी सारके अेके विकारी भाशेंतलें अुतर कशें घडटा आनी तें कशें विसकून पळोवंक जाय, अेका काळच्या पालवी धातूंक मुखार कुसांचें रूप कशें येता, पोरण्या काळांत अुतराची कूड सांदपी हीं अिंद्रियां, अवयव आनी कपे, अेके भाशेचे हेर भासांकडेन आशिल्लें नातें वळखपाक कितले म्हत्वाचे आसात, ह्या आनी असल्या प्रस्नांची जाप वाचप्याक आपाप मेळून कसलेच पक्षवुद्दीचें मनाचेर चेपण पडूंक दिनासताना, शुद्ध अभ्यासप्याचे नदरेन **शणै गोंयबाबांली** ही "कोंकणिची व्याकरणी बांदावळ" वाचूंक आनी तिच्यासम्बन्दान विचार करूंक तो तयार जायत अशी आमकां आस्त दिसता.

खंयचेय अेके भाशेचे सरस्पतींत, ती निर्माण करतल्या लोकांचो वसतेचो देस, अितिहास, धर्म, संकृताय, चालरीत, हावेस ... हांची जशी सावळी पडिल्ली दिसता तेच भारोन तिच्या निजाच्या सरुपांत म्हणचे तिजे वर्णावळींत, अुच्चारांत, अुतरां घडपाच्या कळाश्यांत आनी वाक्यांचे मांडावळींत तिजी मूळ प्रकृत आनी जीण हांचें दर्शन घडटा. तिच्या निजाचो सोद आनी तिगेल्या आशी-नाशिल्ल्या पोरण्यां-तल्या पोरण्या नात्यांची नाट हेच दिशेन मेळटा. देखुनूच कोंकणी अुच्चार, लिङ्ग, वचन, विभक्ति, काळ, अर्थ, प्रयोजक धातु, अणकारी धातु, नामधातु आनी धातु-अव्ययां हे व्याकरणी प्रकार घडटा आसताना अुपकारावचेलीं मुळाकुसां, ताळाकुसां आनी रुपांचे बदल हांचो खोल मुळासून अभ्यास करून **शणै गोंयबाबांनी** बरयल्लें हें पुस्तक,

6. "Les Langues du Monde," par un groupe de linguistes sous ladirection de Antoine Meillet et Marcel Cohen.

कोंकणीचे सेवेखातीर तांणी जल्मभर आचारिल्ले खर-निर्वर तपच्छर्येचें हें मोलादीक फळ, आयज, 'गोमन्तक' छापखान्याचे कृपेन अुजवाडाक येता. खरो जातवंन्त प्रामाणीक कोंकणो, तो मागीर कसल्याय मत्ताचो जावं, कृतज्ञतायेन भारावल्ल्या अन्तस्कर्णान ताका येवकार दितलो हांतूंत आमकां कुस्कूट दुभाव दिसना.

*

* *

**शणै गोंयबाब!** कोंकणी आत्मो आपणाली भांगराचे कसाची शुद्द, गगनाक हात घालपी आनी म्हा-समुद्राची खर हाडपी आपणाली कर्तुत्वाची तांक, फक्कत परधार्जिण्या सभावाक लागून, तंवऱ्याच्या मोलाक विकून, पोटा फाटल्यान धर्तरेचे फाटीर व्हळपतालो आनी जळपतालो ताका आपलेपणाची वळख दिवन, संसारांत मानाचें आनी अभिमानाचें आसन मेळंवन दिवचें, हें अेकूच व्रत, हो अेकूच ध्यास्त घेवन ते खातीर तांणी आपणाली अुबी जीण झर्यली, सोंपयली!

कोंकणी मन तेन्ना भेरेलें. कोंकणी नदरेक झेमेची झांपड पडिल्ली. कोंकणी आत्म्याक सुस्ती मारिल्ल्यो. ही ताजी जित्या कळिवराची आवतिकाय तांच्यान पळोवं नजं जाली. हे हीण दशेचें कारण तांचे तीख आनी तेजिष्ट नदरेन सोदून काडलें. समाजाचो आत्मो म्हळ्यार ताजी भास. कोंकणी समाजान सगळो संसार जिखला पुण आपणालो आत्मो होगडायला. आनी ताका लागून तो आसून ना अशी ताजी गत्त जाल्या, हें तांणी पारखिलें. मागीर अेका खिणाचीय अुसरपंत घेनासताना,—पापयांनो, कसली मडसरेची झेम काडटात? अुठात! "आमगेले भाशेचें कुळार वेदांच्या कुळवंन्त, गिरेस्त, नांवादीक आनी लोकिकवंन्त घराण्यांतलें आसा म्हणपाचें घणघणीत दिसता. हे खातीर आमकां कोंकण्यांक आमगेले भाशेचो मोटो अभिमान आनी गर्व दिसूंक

फावो. आमी कोंकणे बाबत कुळां न्हयत. आमकां परक्या भासांच्या लोकिकार वांचपाची गरज ना. त्यो भासो आमगेल्यो आवै-भासो न्हयत. देखून, आमी आमगेले भाग्यवंन्त आवैंचे मांडयेर बसुंया आनी माथें वैर अुबारून सगळ्या संसाराकडेन पळोवंया." ७ ह्या अर्थाच्या विचारांनी तांणीं आपणाल्या न्हिदसुऱ्या भासभावांच्या कानांकडेन जागरुतायेचें शींग फुकलें. न्हिदेंत आशिल्ल्याक अशे रितीन आपणाक जागो करतल्याचो कसो राग येता हो अणभंव कोणाक ना? पैलीं पैलीं जायतो लोक तांचेर फडफडलो, चाळावलो, विटलो. कांय थोडे तांकां हांसले. सार सांगपाचें म्हणचे जायतीं वर्सां तांगेली शिकवण अरण्यांत हुयेल म्हणटात तशी जाली. पुण ते कुस्कूट गणमणले नात. तांणीं ते भाशेंत तरेकतरा सुंदर आनी भव्य सरस्पत घडवन दाखयली. आनी कोंकणी काय मराठी म्हळ्ळ्या वादाक जागोच अुरचो न्हंय अितलो गडगंन्ज पुरावो, कुडींत प्राण आसासर, निमाण्या खिणामेरेन लिखणी चलंवन अुबो केलो.

आनी आयज? आयज कोंकणी भास ही अेक अुंच पांवड्याची स्वतन्त्र भास आसून तीच कोंकण्यांली खरेली माय-भास हाचेबदल भौ थोड्यांक दुभाव अुल्ला. आयज वेव्हाराच्या नांवांखाल अुबीं केल्ल्या भेस्टावणेच्या बावल्यांक कोण मीठ मारिनात. आयज सगळे लोक बरे भाशेन जाणंत कि भाशेचें म्हत्व तिचे तांकीर आसं. आयज, तिच्यांत विशाळ सरस्पत नासली म्हणून तिका अुबंन्त वडवप हें पिशेपण आत्मघातकीपणाचें जातलें, हें लोकांक समजलां. आयज, संसारांतल्या अुंच दशेक पाविल्या भासांकडेन पौट घांसूक भारत देसांतल्या सगल्या भासांक जायते पांवडे चडूंक जायत, आनी ताका लागून, भारत देसान स्वतन्त्रतायेचो झेंडो अुबाल्लो पुण ताका आपणाल्या हड्ड्यावेलो अिंगलेज

---

७. 'येवकार अध्यक्षांलें अुलोवप' पा. ३९.

भाशेचो गुंडो भुवारना, हें लोकान वळखिलां. आयज मराठी आनी कानडी भाशेंत खांपे बरपी आनी कवी म्हणून नामना जोडिल्ले विद्वान' कोंकणे आपली जल्मभास कोंकणी हें अभिमानान सांगतात. आयज कोंकणांतली अुदेती पिळगी कोंकणी वेर काडपाच्या येवजणुकेंत आसा आनी सुके वाद घालून व्राद जावचेपरस तो खिण कोकणीचे सेवेक लायलो जाल्यार तांतूंत यश आनी पुण्यताय आसं अशें तिका दिसूंक लागलां.

शेंकड्यांनी वर्सांची फाटली न्हीद अजून जायते जाण्यांच्या दोळ्यांवेली देवंर्ली नासली, आनी म्हजी म्हजी म्हणून मनस्पुर्वेक वेंगून धरिल्ले हेर भाशेचो मोग जायते जाणांक सुटना आसलो तरी **शणै गोंयबाबांनी** आपणांल्या भासभावांचें अंतस्कर्ण अशे रितीन जिखिल्लें पळोवन तांच्या सम्बन्दाचो आदर अितलो वाडटा कि तो अुतरांनी वर्णन करूं नजं. कसलेच तरेचो अधिकार हातांत नासताना, कसलेच सत्तेचो, जावं अुक्तो जावं पोंदयां, पालव नासताना, आपणाल्या मत्ताचो प्रसार करपाच्या कसल्याच तरेच्या साधनांची अनकुळाय नासताना आनी भोवसमाजाचें मत्त प्रामाणीकपणान प्रतिकूळ आसताना, अेक मनीस निखटे आपणाले लिखणेचे तांकीन विचारांचें नवें युग निर्माण करूंक पावता, हें लक्षण कसलें? तर हो मनीस सामन्यांभायलो, अेक म्हा-पुरुश. येवरोपांत ज्याका Génio अशें म्हणटात, आमचो लोक ज्याका अवतारीक पुरुश म्हणटा ते योग्यतायेचो जावन गेलो.

कांय सत्यां सुर्याच्या अुजवाडा अितलीं पर्जळीत आसलीं जाल्यारूय तीं तसल्याच म्हापुरशांच्या तोंडांतल्यान भायर सरचीं पडटात. तेन्नाच तीं भोवसमाजाच्या अन्तस्कर्णाचे खरीचो ठाव घेतात. फ्रांसेज कवी A. Musset हाणें म्हळां—

.........................................................................

Ainsi le vaste echo de la voix du Gênie
Devient du genre humain l'universelle voix.

"हे भाशेन अेका म्हा-पुरशाच्या अुतरांचो पडसाद म्हणचेच मनीस जातीच्या अन्तस्करणाची संसारभर गाजपी भास जाता."

कोंकण देसाच्या तेजवंन्त वंशाक मळबांतले दुदगङ्गेचीच ओपार फावो, अशें सांगून आनी कालिदासाल्या अुतरांत चिके बदल करून म्हा-कोंकणाच्या त्या वंशरुखाची व्हडवीक गायता आसताना, आपणाल्या पदरांत ल्हानपण घेवन ते म्हणटात:

.....................................

प्रांशुलभ्ये फले लोभादुद्बाहुरिव **वामन** :

" ... हांव कसोय जाल्यार मोटवो वामन आनी म्हा-कोंकणाचो वंश म्हळ्यार व्हडलो रूख. हाच्या फळांक हात पावोवंक शेकानशेक लांबरुंद मानायूच जाय. हांवें वामनान वसवसान म्हणले हात कितलेय वैर अुबाल्ले म्हणु कित्याक अुपकारता ?" ८

तांणी जरी अशें म्हळ्ळें आसलें तरी फाल्यांचे कोंकणे आमच्या **वामनबाबांक** ते दुदगङ्गेचोच अेक अितलो तेजवन्त तारो म्हणून मानतले कि ताज्याच अुजवाडांत ती दुदगङ्गा आपणांक पळोवंक मेळ्ळी आनी तांच्याच यसस्वी हातांक लागून म्हा-कोंकणाच्या वंशरुखाच्या फळांची रूच आपुण घेवंक पावले म्हणपाचें केन्नाच विसरचे नात.

पणज, अखेर्तय, शक १८७३
ता. ९ माय १९५१.

**रामचंद्र शंकर नायक**

---

८. 'येवकार-अध्यक्षालें अुलवप,' पान ४९.

# कोंकणिची व्याकरणी बांदावळ



—शणै गोंयबाब

मराठी ग्रंथ संग्रहालय

कोंकणिचे
अशोक
काशीनाथ श्रीधर नायक
हांकां
मायेन
आनी
आदरान

— शणै गोंयबाब

ग्रंथालय

# कोंकणिची व्याकरणी बांदावळ

## १

## कोंकणी अुच्चार

कोंकणींत अ, अे, ओ आनी औ हांचे मूळ संस्कृत अुच्चार आसून, त्या भायर आनीक वेगळे तरेचे अुच्चार जातात.[1]

अ—कोंकणी पणस हांतूंत प' तल्या अ चो ओडिल्लो मोटवो आनी ण' तल्या अ चो ओडिल्लो लांबोडो अुच्चार जाता. असलो अुच्चार बिहार प्रांतांतले भोजपुरी भासेंतूय आयकूंक येता. देखीक—देखलं = तुमी पळेतात, तुमकां दिसता.[2]

ह्या अुच्चाराचें मूळ कितें? हो अुच्चार वेदीक संस्कृतांतसून कोंकणींत आयला. वेदीक संस्कृतांत स्वरित म्हळ्ळो अेक अुच्चार आसा. अुदात्त (चडैल्लो) आनी अनुदात्त (चडोवंक नाशिल्लो) हे दोन अुच्चार अेकठावन जो अुच्चार जाता ताका स्वरित म्हणटात. हो अुच्चार दाखोवंक अक्षराच्या माथ्यार अुबी रेगटी ' दितात. देखीक—अिंद्रं प्रातर्हवामहे ... । (ऋ. १.१६.३) = आमी अिंद्राक सकाळचे होरायतांत. हांतूंत द्रं आनी ह चे अुच्चार स्वरित

---

१ कोंकणी नादशास्त्र, पान ८, १०, १७.

२ नादशास्त्र, पा. ८.

जातात. कोंकणी भासेंतलो हो अुच्चार दाखोवंक रामचंद्रशणै गुंजीकार हांणी १८८४ त असलीच अुबी रेगटी अुपकारायल्या. **नज** हें अुतर पळ्यात.[३] पैलो कोंकणी व्याकरणकार पाद्रि थॉमस स्टीफन्स हाणें हो अुच्चार बारकायेन पारखिल्लो. **आसं, नजं, आयकं, देखं** हांतूंतल्या निमाण्या **अ** चो अुच्चार दाखोवंक ताणें त्या अक्षरांच्या माथ्यार ˇ ही कुरू आनी सकला बारकिली तिकली . घाल्ली[४]; म्हळ्यार तो वैलीं अक्षरां **सॅ, जॅ, कॅ, खॅ** अशीं बरैतालो-सो दिसता. परंत तागेल्या छापिल्ल्या व्याकरणांत ह्यो कुरवो घाल्लूंक नात.[५]

कोंकणी नामां, विशेशणां आनी क्रियापदां हांतूंत स्वरित अुच्चार घोळटा. देखीक—केळिचो **घंड**. **जंड** गुळो. काम **कर**. तो घरा **वचं**. ताच्यान हें काम **करं नजं**.

मराठींत हो अुच्चार ना. देखून अुच्चाराचे नदरेन वेदीक संस्कृत आनी कोंकणी हांचे परस **मराठी वेगळी**.

**अे, ओ**—कोंकणी **तेल** आनी **मोल** हांतूंत **ते**ˑतली **अे** आनी **मो**ˑतलो **ओ** हांचे अुच्चार अुकते जातात. बिहारी, बंगाली, आसामी, ओडियी, पश्चिम राजस्तानी, गुजराथी, अवधी, नेपाळी, कुमावनी बी आर्य भासांनीं तशेंच कानडी, तेलंगी, तामीळ आनी मलयाळी ह्या द्रवीड भासांनीं हे अुकते अुच्चार घोळटात. हिंदुस्ताना-

---

३ सरस्वतीमंडल, मुंबै १८८४, पा. ६५.

4 "...nota-se que estes derradeiros tem dous signaes: o de cima denota a pronunciação, e o debaixo (que he hum pontinho) mostra o accento, que he longo." Estevão, § 19, p. 5.

5 Estevão, p. 5, nota *.

भायल्या सयामी, आर्मेनी, तशेंच येवरोपांतल्या पुर्तुगेज, अिस्पाञ्जोल, फ्रांसेज वी भासांनींय हे अुच्चार आसात.[6]

**ऑ**—कोंकणी बरौप हांतूंत **रौ**·तल्या **औ** चो अुच्चार अुकतो जाता. बिहारी आनी अवधी भाशेंतूय असलो अुच्चार आसा.[7]

हे अुकते अुच्चार खैंच्यान आयले ?

पाली भाशेंत **ॲ** आनी **ओ** चे अुकते अुच्चार आसात. जोड व्यंजना आदीं **ॲ** आनी **ऑ** येतात तेन्ना तांचो अुकतो अुच्चार जाता. देखीक—अे́त्थ = हांगा. **सो́**त्थि (स्वस्ति) = बलायकी.[8]

पुर्विल्ल्या प्राकृत भासांनींय असले अुच्चार आसात. देखीक—**पे́**च्छअि = पळेता (माहा. अर्धमाग. जैनमहा.) **मे́**च्छ = म्लेंछ (अर्धमाग. जैनमाहा. शौर. अप.) **ओ́**ट्ठ = ओंठ (माहा. अर्धमाग. जैनमाहा).[9]

हाचे वैल्यान कोंकणी भाशेंत हे अुच्चार नवेच येवंक नात; फाटल्या अडेच हजार वर्सांपासून ते तांतूंत घोळटात, म्हणपाचें अुकतें दिसता. **मराठींत हे अुच्चार निखाल्स नात.** म्हणटकूच, अुच्चारांचे नदरेन कोंकणी, पाली, वैर सांगिल्ल्यो पुर्विल्ल्यो प्राकृत आनी आतांच्यो कांय आर्य भासो हांचे परस **मराठी वेगळी.**

---

६ नादशास्त्र, पा. ११-१२. LSI., V, ii, 21, 22, 7. LSI., V, i, Introduction, p. 6. LSI., IX, ii, Introduction p. 4. LSI., IX, ii, 329, 338, 344-6. LSI., IV, 369, 584, 307, 352-3. LSI., VI, 14. LSI., IX, iv, 22, 113. Lepsius, Standard Alphabet, pp. 96, 132.

७ नादशास्त्र पा. १८. LSI., V, ii, 21, 22. LSI., VI, 14.

८ Clough, पालि Grammar, p. 1.

९ Pischel, प्राकृत Grammatik, §§ 84, 85, pp. 73-74.

**'अु'कार**—सोळाव्या शेंकड्यांत कोंकणी अुतरांक सोंपल्यार अु लावची चाल आसली, म्हणपाचें पाद्रि स्टीफन्साल्या कोंकणी व्याकरणा-वल्यान दिसता. देखीक—मोरु, परमेस्परु. पुण अुच्चारतना अु गळौन मोर्, परमेस्पर् असो अुच्चार करताले.[10] हो अुकार अजून कारवार थावन त्रावणकोर मेरेनच्या कोंकणी लोकांत घोळटा. परंत ताची गरज आसा-शी दिसना. कोंकणी भास अेकरुपी करूंक हो अुकार सोडून दिल्यार बरें जायत.

पंजाबांत लुधियानाच्या आवांठांत व्यंजनांनी सोंपिल्ल्या अुतरांक अु लावची चाल आसा. देखीक—धनु = गिरेस्तकाय. दुधु = दूद. व्रज हिंदींतूय ही चाल चलता.[11] तशीच सिंधींत चलता. देखीक—धियु = धूव. नूंहु = सून. भेणु = भैण. कनु = कान. तेलु = तेल.[12]

पोरणे हिंदींत हो अुकार घोळटालो. तुळसीदासाल्या रामायणांत शरीरू, बीरू, कपारू, प्रचारू अशीं अुतरां मेळटात. पोरणे मराठींतूय अीश्वरु, करु, नंदनु अशीं अुतरां मेळटात.[13]

अपभ्रंश प्राकृतांतसून हो अुकार आयला हांतूंत दुभाव ना. ह्या प्राकृतांत अुकाराची चाल चंड चलताली. देखीक—दशमुखः > दहमुहु = रावण.[14]

---

१० "Por exemplo acaba o nome substantivo, **moru,** na vogal **u,** e com tudo o ouviremos muitas vezes pronunciar sem tal vogal **u,** senão **mor.**" Estevão, § 29, p. 7.

११ LSI., IX, i, 711.

१२ LSI., VIII, i, 23. Beames, Comparative Grammar, II, 7-8.

१३ Beames, Comp. Gram., II, 5, 215. Kellogg Hindi Grammar, § 174, p. 113.

१४ सिद्धहेम, स्यमोरस्योत । ८.४.३३१.

हो अुकार, सारकीं अुतरां आनी हेर कांय लक्षणां हांचे वैल्यान आतांच्या आर्य भासांचें रगत अेक म्हणपाचें अुकताडा येता. पुण तितलेखातीर, मराठीक हिंद्री वा सिंधी भाशेची पोट-भास म्हणुं नजं. तशीच **कोंकणीक मराठिची पोट-भास म्हणुं नजं.**

**कोंकणींत स्वराचो अुच्चार बदल्ल्यार अंर्थ बदलता**—**अ, अे** आनी **ओ** स्वरांचे अुच्चार बदल्ल्यार कोंकणी अुतराचो अंर्थ बदलता. देखीक—वोंवळ म्हळ्यार वोंवळिचें **फूल** आनी वोंवंळ म्हळ्यार वोंवळिचो **रूख.** पणंस म्हळ्यार **अेक** पणंस आनी **पणस** म्हळ्यार **अदीक** पणस. पेर, बोर म्हळ्यार पेरिचें आनी बोरिचें **फळ** आना पेर, बोर म्हळ्यार पेरिचो आनी बोरिचो **रूख.** **शेर** म्हळ्यार **अेक** शेर आनी **शेर** म्हळ्यार **अदीक** शेर. **मोर** म्हळ्यार **अेक** मोर आनी **मोर** म्हळ्यार **अदीक** मोर.[१५]

स्वराच्या अुच्चारा भाशेन अंर्थ बदलपाचें असलें लक्षण मराठींत दिसना. **देखून कोंकणी परस मराठी वेगळी.**

**'ओ'कार**—कोंकणींत कांय पुरुशलिंगी अेकवचनी नामां, विशेशणां, सर्वनामां, क्रियापदांचीं भूतकाळी, भूतभूतकाळी, रीतभूतकाळी आनी भविश्यकाळी पुरुशलिंगी अेकवचनां तशींच **अ, अी** आनी **अ** न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांचीं भौवचनां, **अी** आनी **अू** न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी विशेशणांचीं भौवचनां, **अी** न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी सर्वनामांचीं भौवचनां आनी क्रियापदांचीं भूतकाळी, भूतभूतकाळी, रीतभूतकाळी आनी भविश्यकाळी स्त्रीलिंगी भौवचनां **ओ** न सोंपतात. देखीक—ताणें **हो** हर**वो** आं**बो** खा**लो**-खा**ल्लो.** **तो हो** हर**वो** आं**बो** खाता**लो**-खात**लो.**

१५ भुरग्यांलें व्याकरण, पा. १३-१८.

**ह्यो** गा**यो** कोणा**ल्यो** ? ता**णें त्यो** का**ळयो** घोड**यो** घोडवळींत बांद**ल्यो**-बांदि**ल्ल्यो**. **त्यो** कुर**वो** तांकां समजता**ल्यो**-समजत**ल्यो**.

कोंकणिच्या कांय भैण-भासांतूय असलो **ओ**कार घोळटा. कोंकणी **घोडो** ह्या अर्थान तांतूंत **ओ** न सोंपिल्लीं पुरुशलिंगी अेकवचनी नामां सकला दिल्यांत :

गुजराथी, सिंधी, राजस्तानी, नेपाळी, कुमावनी, गडवाली, भद्रवाही, डोडा सिराजी काश्मिरी : घो**डो**. शोदोची : गोह**डो**. गिलगिती आनी चिलाशी शीणा : अ**स्पो**.[१६]

कोंकणी **बरो** ह्या अर्थान **ओ** न सोंपिल्लीं तांतूंतलीं पुरुशलिंगी अेकवचनी विशेशणां सकला दिल्यांत :

गुजराथी : सा**रो**, ह्या**रो**, रु**डो**. सिंधी : च**ङो**. राजस्तानी : **भलो**, चो**खो**, आ**च्छ्यो**, चं**गो**. बंगाली : भा**लो**. कनोजी : नी**को**. बुंदेली **भलो**. कुमावनी आनी गडवाली : **भलो**. जंवसारी : भो**लो**. शोदोची : हा**चो**. भद्रवाही : ख**रो**. गिलगिती आनी चिलाशी शीणा : **मिश्टो**. द्रास शीणा : सि**यो**. रामवनी काश्मिरी : चं**गो**.[१७]

कोंकणी **आसलो** ह्या अर्थान **ओ** न सोंपिल्लीं तांतूंतलीं भूतकाळी पुरुशलिंगी अेकवचनी क्रियापदां सकला दिल्यांत : बाराव्या शेंकड्यांत हिंदींत पुरुशलिंगी अेकवचनी भूतकाळ **ओ** न सोंपतालो. देखीक— अिक **हुंतो** सिंगिय रिष्ष. = अेक सिंग रुशी आसलो.[१८] आतां ताचे बदला **आ** न सोंपिल्लो **था** घोळटा. तरी आसतना, कनोजी, बनाफरी,

१६ LSI., I, ii, 161.
१७ LSI., I, ii, 197.
१८ चंद बरदाअी, Beames III, 203.

बुंदेली, व्रज बी हिंदी भासांनीं अजून **ओ**कार घोळटा. **आसलो** ह्या अर्थान तांतूंत ह**तो**, **थो**, **तो**, **हो** हीं अुतरां चलतात. गुजराथींत ह**तो**, राजस्तानींत **हो**, **थो**, **छो**, सिंधींत **हो**, हु**ओ**, नेपाळींत थि**यो**, **थ्यो**, गडवालींत थ**यो**, **छ्यो**, कुमावनींत छि**यो**, भद्रवाहींत थी**यो**, डोडा सिराजी काश्मिरींत बु**तो**, चिलाशी आनी द्रास शिणा भाशेंत आसि**लो** आनी बंगालींत छि**लो** हीं अुतरां घोळटात.[१९]

कोंकणी **मारतलो** ह्या अर्थान **ओ** न सोंपिल्लीं तांतूंतलीं भविश्य-काळी अेकवचनी क्रियापदां सकला दिल्यांत :

सिंधी : मारिं**दो**. राजस्तानी : मारे**लो**, मारै**गो**, मारे**गो**. कनोजी : मारे**गो**. आसामी : मारि**बो**. कुमावनी आनी गडवाली : मार**लो**. भद्रवाही : कुट**लो**. दाह-हनू शीणा : कुति**को**. डोडा सिराजी काश्मिरी : मारे**लो**.[२०]

प्राकृत भासांतली म्हालगडी जी पाली तांतूंत पुरुशलिंगी अेकवचनांत आनी स्त्रीलिंगी भौवचनांत हो **ओ**कार घोळटा. देखीक—सि**हो** = शींव. क**न्नो** = कान. स**द्दो** = साद. ना**दो** = नाद. दे**सो** = देस. स**ग्गो** = सर्ग. रु**क्खो** = रूख. के**सो** = केंस. स**ब्बो** = सगळो. क**ञ्ञायो** = चलयो. रत्ति**यो** = राती. नदि**यो** = न्हंयो. यागुयो = यज्ञयाग. जंबु**यो**=जांब.[२१]

हेर प्राकृत भासांनींय पुरुशलिंगी अेकवचनांत आनी स्त्रीलिंगी भौवचनांत हो **ओ**कार घोळटा. देखीक—माहाराष्ट्री आनी अर्धमागधी :

---

१९ LSI., I, ii, 269. Kellogg, Hindi Grammar, Table 18.
२० LSI., I, ii, 307. Kellogg, Hindi Gr., Table 20.
२१ Clough, Pali Grammar, pp. 19, 36-41, 43, 53.

पुत्तो = पूत. माहाराष्ट्री, अर्धमागधी, जैनमाहाराष्ट्री आनी शौरसेनी : मालाओ = माळो. माहाराष्ट्री : णईओ = न्हंयो. अर्धमागधी : अित्थीओ = बायलो. जैनमाहाराष्ट्री : पलवंतीओ = वडवडण्यो, झांकण्यो, भरभऱ्यो. रडण्यो. शौरसेनी : अैदीओ = बेकार, रिकाम्यो. माहाराष्ट्री : कुलवहूओ = सजनी बायलो. अर्धमागधीः सुरवधूओ=देवांल्यो बायलो.[२२]

हालाले गाथा-सप्तशतींत **ओ** न सोंपिल्लीं तरेकतरा पुरुशलिंगी अेकवचनी आनी स्त्रीलिंगी भौवचनी अुतरां मेळटात. देखीक—(१) **सो** तुज्झ कअे सुंदरि तह छीणो । १.८४ । = सुंदर बायले, तुजे खातीर तो तसोच भागलो. (२)...**को** अम्ह अेत्थ वावा**रो** ? । २.७८ । = हांगा आमचो वात्र कसलो ? (३) तह सोण्हाअि पुलअि**ओ**... । ३.५४ । = तसो सुनेन पळेलो.[२३] (४) सिक्खंतु वोडही**ओ**... । ४.९२ । = वोडव्यो[२४] (आंकवारी) शिकूत.

---

२२ Pischel, Prakrit Grammatik, § 363, p. 247. § 374, p. 259. § 387. p. 270.

२३ कोंकणी **पळेलो** हें अुतर संस्कृत **प्रलोकितः** पासून जालां. गाथा सप्तशतींत हें सुमार आठ खेपो आयलांः २.३७. २.६४. २.१००. ३.२५. ३.५४. ३ ५६. ४.२२. ६.३०. वररुचिल्या प्राकृत व्याकरणांत तें आयलांः "दृशेः **पुलअ,** णिअक्क, अवक्खाः" । ८.६९ । माहाराष्ट्री आनी शौरसेनी प्राकृतांत तें जायतें घोळटालें. सेतुबंध, प्रसन्नराघव, महावीरचरित, बालरामायण बी ग्रंथांत तें मेळटा. ( Pischel, § 104, 88 ). हेमचंद्राल्या प्राकृत व्याकरणांत तें आयलां : "दृशो-निअच्छ-पेच्छा-वयच्छावयज्झ-वज्ज-सव्वव-देक्खौ अक्खावक्खा-वअक्ख-**पुलोअ-पुलअ**-निआवआसपासा :" ।८.४.१८१।

२४ वोडही-वोडवी हें अुतर केळोशी-कुठ्ठाळकार बामणांत जायतें घोळटा. तांगेर देवकाऱ्यांत सवास्णीं वांगडा घरांतल्या आनी नात्यांतल्या आंकवार चलयांची पुजा करतात. तांकां वोडव्यो म्हणटात. शांतादुर्गेक ह्या वोडव्यांची चंड तोखणाय खें. त्यो पुजल्यो नात जाल्यार देवकारें

हो ओकार खेंच्यान आयलो? संस्कृत कः कुसावेल्यान तो आयला अशें भास-शास्त्र्यांलें मत्त आसा.[२५] संस्कृतांत कांय अुतरांक स्वार्थी कः लावची चाल आसा. परंत तितल्यान तांचो अर्थ बदलना.[२६] देखीक—अविः = कांबळगोरूं. अविकः = कांबळगोरूं. यावः = जंवाचो रोंटको. यावकः = जंवाचो रोंटको. अशीच चाल प्राकृत भासांनीं आसा.[२७] देखीक—घटः घटकः > घडओ = बुडकुलो. भ्रमरः भ्रमरकः > भ्रमरओ = भोंवर; म्होंवमूस. घटकः आनी भ्रमरकः हांतूंतलें क् लिपलें[२८] आनी अः चो ओ जावन[२९] घडओ, भ्रमरओ हीं प्राकृत रुपां जालीं.

परंत कः कूस लायनासतनाय, संस्कृतांत अःन सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी अुतरांत अः चो ओ जाता. अः फुडें अ वा मोव व्यंजन आयल्यार विसर्गाचो अु जावन तो आदल्या अ' त मेळून ओ जाता. देखीक—माधवः + जयति = माधवअु + जयति = माधवो[३०] जयति = माधव जिखता.

---

तिका पावना खें. संस्कृत वोढव्या=लग्न जावचेली आंकवार ह्या अुतरा-पासून वोडवी हें अुतर जालां.

२५ Kellogg, Hindi Gr., § 189 a, p. 125, Bhandarkar, WPL., p. 158.

२६ सिकौ २०९६। अवेः कः ।५.४.२८। सिकौ २०९७। यावादिभ्यः कन् । ५.४.२९ ।

२७ सिद्धहेम. । स्वार्थे कश्च वा । ८.२.१६४ ।

२८ वररुचि, प्राप्र. । कगचजतदपयवां प्रायो लोपः । २.२ ।

२९ वररुचि, प्राप्र. । अत ओत्सोः । ५.१ ।

३० सिकौ. १६३ । अतो रोरप्लुतादप्लुते । ६.१ ११३. सिकौ. १६६ । हशि च । ६.१.११४. सिकौ. ६९ । आद्गुणः । ६.१.८७.

वेदीक संस्कृतांत अशीं कांय वाक्यां मेळटात कि तांतूंत कसलोच नेम लागू जायनासतना पैले विभक्तिचें अेकवचन **ओ** न सोंपता. देखीक—"**सो** चिन्नु न मराति नो वयं मरामारे..." = "तो मरना आनी आमीय मरचे नात." (ऋ. १-१९१-१०).[३१]

मराठींत **जो** आनी **तो** हीं सर्वनामां, कर्मी आनी अकर्मी वर्तमान-काळी पैल्या पुरशाचीं पुरुशलिंगी अेकवचनी रुपां आनी पुरुशलिंगी, स्त्रीलिंगी आनी नपुंसकलिंगी भौवचनी रुपां, तिसऱ्या पुरशाचीं पुरुशलिंगी अेकवचनी रुपां आनी अकर्मी भूतकाळी पैल्या पुरशाचीं पुरुशलिंगी अेकवचनी रुपां आनी पुरुशलिंगी, स्त्रीलिंगी आनी नपुंसकलिंगी भौवचनी रुपां **ओ** न सोंपतात. देखीक:

**कर्मी वर्तमानकाळ :—**

(१) मी करितों (पु.). आम्ही करितों (पु. स्त्री. न.).
(३) तो करितो (पु.).

**अकर्मी वर्तमानकाळ :—**

(१) मी असतों (पु.). आम्ही असतों (पु. स्त्री. न.).
(३) तो असतो (पु.).

**अकर्मी भूतकाळ :—**

(१) मी होतों (पु.). आम्ही होतों (पु. स्त्री. न.).

पोरणे मराठींत भोव थोडीं पुरुशलिंगी नामां **ओ** न सोंपिल्लीं मेळटात. परंत विशेशणां मेळनात. आतांचे मराठींत जाल्यार, वैर

---

३१ पाअिअ-सद्द-महण्णवो, पंडित हरगोविंददास शेठ, कलकत्ता १९२८, अुपोद्‍घात् पा. ११.

दिल्ल्या रुपां बादंत आनीक **ओ**कार घोळना. त्या भायर मराठी कर्मी आनी अकर्मी धातुंच्या वर्तमानकाळी **ओ**कारी रुपां बदला कोंकणींत **आ**कारी रुपां घोळटात. दे.—हांव कर**तां** (पु. स्त्री. न.). आमी कर**तां**व, कर**तां**त (पु. स्त्री. न.). हांव आस**तां** (पु. स्त्री. न.). आमी आस**तां**व, आस**तां**त (पु. स्त्री. न.). तो-ती-तें कर**ता.** तो-ती-तें आस**ता.**

निमाणें, बाद-बाकी काडून पळेल्यार, **जो तो** हीं सर्वनामां, अकर्मी भूतकाळाचीं पैल्या पुरशाचीं पुरुशलिंगी अेकवचनी रुपां आनी पुरुशलिंगी, स्त्रीलिंगी आनी नपुंसकलिंगी भौवचनी रुपां अितल्यांतूच **ओ**काराचे नदरेन कोंकणींत आनी मराठींत सारकेपण दाखोवं येता. परंत तें धंड न्हंय. कोंकणी **ओ**काराचो **अुकतो** आनी मराठी **ओ**काराचो **धांकतो** अुच्चार जाता हें ध्यानांत धरूंक जाय. हे तरेन, सारकेपण व्हांवन वेता. असल्या व्हांवण्या सारकेपणाखातीर कोंकणीक मराठिची पोटभास म्हळ्यार, मराठीक लहंदी, पंजाबी, हिंदुस्तानी, अवधी, ओडियी, बंगाली, बिहारी, आसामी, जंवसारी, सिरमावरी, बघाटी, किंवठली, कुलुअी, शोदोची, मंडेआळी, चमेआळी, गादी, पंगवाळी, पाडरी, रामबनी काश्मिरी, गवरबती आनी पशै पैशाची **अितल्या भासांची पोट-भास म्हणची पडली.** कित्याक, **त्या भासांनीं मराठी वरी 'आ'कार जायतो घोळटा.**[१२]

**कोंकणी 'ओ'कार हो कोंकणीक मराठी पासून वेगळा-यणो गडगंज सह्याद्रीच** म्हळ्यार जाता. तेरेखोलाचे अुत्तरेकडच्या कोंकणांत मराठीन धुमशेणां घालून कोंकणीक आजवेर फापसून विद्रूप केल्या आसतनाय, तिचो **ओ**कार अजून सुटूंक ना आनी केन्नाच सुटचो ना.

---

१२ LSI., I, ii, 161, 197, 269.

**श, ष**—संस्कृत अुतरांतल्या **श, ष** चें कोंकणींत चडकरून **स** जाता.[३३] कोंकणींत **ष** निखालूस ना. दे.—आका**श**दीपः=आका**स**दिवो. अुपदे**शः**=अुपदे**स.** क्ले**शः**=किले**स.** द्वे**षः**=द्वे**स,** दुवे**स.** हो बदल पाली आनी प्राकृताक धरून आसा.

**व्यंजनांचे दोडे अुच्चार**—गोकर्णाचे दक्षिणेक मंगळुरामेरेन कोंकणी लोक कांय अुतरांत व्यंजनांचे दोडे अुच्चार करतात. दे.—**गात्तां गात्तां** गांवकारु **जात्ता** (२६१). **तेल्ला** आयदनाची पशा वचना (३६४). **दोग्गां**गेलो न्यायु, तिसऱ्याक आदायु (४०२).[३४] **मेग्गेले, माक्का, नाक्का, सुक्कुनु.**[३५]

सिंधी भाशेंत अशे दोडे अुच्चार करची चाल आसा. दे.—**डुब्बलु**=दुबळो. **ब्बाब्बो**=बापोलयो. **आज्जु**=आज. **वड्डो**=व्हड.[३६]

गोंयां सोळाव्या शेंकड्यांत असले दोडे अुच्चार निखालूस नासले म्हणपाचें पाद्रि स्टीफन्साल्या कोंकणी व्याकरणावेल्यान घणघणीत दिसता. आजूय गोंयां आनी वेल्या कोंकणांत असले अुच्चार घोळनात. कोची-त्रावणकोरांतूय हे अुच्चार घोळनात, म्हणपाचें १६७८ तल्या कोंकणी बरपावेल्यान अुकतें दिसता.[३७] म्हणटकूच, गोकर्णाचे दक्षिणेक मंगळुरामेरेन हे अुच्चार कशे आनी खैंच्यान आयले तें समजना. कोंकणी भाशेक असल्या अुच्चारांची गरज ना. देखून, ती अेकरुपी करूंक ते वेगीन सोडून दिल्यार बरें जायत.

---

३३ वररुचि, प्राप्र., शषोः सः । २.४३.
३४ Talmaki, Konkani Proverbs, pt. 1, pp. 10, 14, 15.
३५ कोंकणी भाषेन बालबोध प्रथम पुस्तक, पा. २७.
३६ LSI., VIII, i, 22.
३७ कोंकणी भाशेचें जैत, पा. ६८.

७५५२
३७/३८५३


**गोंयच्या क्रिस्तांवांच्या तोंडांत रिगिल्ले नवे अुच्चार—** क्रिस्तांव भाव अ बदला ओं आनी ळ बदला व वा य म्हणटात. घरा, मडगांवां हांचे अुच्चार घोरा, मोडगांवां, मेळ्ळें, कळ्ळें हांचे अुच्चार मेवलें, कोवलें आनी पळे चो अुच्चार पोये वा पोय असो करतात. सोळाव्या शेंकड्यांत तांगेले पूर्वज हे अुच्चार सारके रितीन करताले म्हणपाचें पाद्रि स्टीफन्साल्या व्याकरणावैल्यान अुकतें दिसता. ताणें रोमी लिपींत अ चो अुच्चार दाखोवंक O च्या माथ्यार अर्दो चंद्र (˘) दिला आनी ळ चो अुच्चार दाखोवंक दोट्टी ल (ll) काडलां. देखीक— मडगांवच्यान आयलो, घराकडे गेलो, गोयां तूं आजि वचुं नाका, मीस सांगता म्हणु पळे, आमकां मेळलो ना, हीं वाक्यां पळयात.[३८] पाद्रि स्टीफन्स अिंग्रज मनीस आसून, कोंकणी लोकांल्या अुच्चारांकडेन बारकायेन ध्यान दिताली, तांगेल्या अुच्चारांवरी आपुण अुच्चार करतालो आनी ते बरैतात तशें आपुण बरैतालो.[३९] हाचेवैल्यान, ताणें जे तरेन कोंकणी अुतरां बरैल्यांत ते तरेचे अुच्चार आमगेले आनी क्रिस्तांवाले पूर्वज साडेतीनशीं वर्सांफाटीं करताले हांतूंत अिल्लोय दुभाव ना. हिंदुंचे अुच्चार—चंडकरून अ आनी ळ चे अुच्चार—अजून तशाक तशे आसात. क्रिस्तांव भावांलेच अुच्चार बदल्ल्यात. हाचें कारण कितें ?

---

३८ Estevão, §§ 683, 684, 690, 691, 704, pp. 154, 155, 156, 159.

३९ "Pera a pronunciação não basta saber a orthographia, he necessario ouvir as vozes, que se proferem, e attentar como se proferem, pelos que sabem bem fallar" Estevão, § 17, p. 5.

"E esta advertencia nos servirà pera que escrevamos como elles escrevem, e pronunciemos como os ouvirmos pronunciar." Estevão, § 30 p. 8.

दक्षीण येवरोपी पाद्रींकडेन तांचें चंड घोळप जालें हेंच आसूंक जाय. सामान्यताथेन सगळ्याच येवरोपी लोकांक आमगेल्या आर्य भासांतल्या अुतरांचे अुच्चार केन्नाच सारके बरे करूंक येनात. स्रम घेतल्यार ते शुद्ध बरैतीत, पुण अुच्चारांच्या वेळार तांगेली जीब सदींच आडखळटा. ती सारकी बरी दोडना. अुत्तर येवरोपांतले म्हळ्यार जर्मन, डच, अिंग्रज बी लोक सुमाराकशे तेरी अुच्चार करतात; परंत दक्षीण येवरोपांतले आनी तांतूंतूय पुर्तुगेज लोक अुच्चारांत सामकेच दुबळे. ते अ चो अुच्चार **ऑ** करतात; आनी **ळ** चो अुच्चार जाल्यार तांच्या नशिबांत ना. तांगेले भंगिल्ले अुच्चार अिगर्जेंत दिसपट्टे आयकून आनी घोळोवन आमगेल्या क्रिस्तांव भावांचेय अुच्चार भंगले! सतराव्या शेंकड्यापासून गोंयच्या अिगर्जांनीं कोंकणी पाद्री वावरूंक लागले खरे; परंत जिखिल्ल्या लोकांल्या आंगांत जें आत्महीणपण येता तें तांगेल्याय आंगांत आयलें आनी येवरोपी लोक तांकां सगळ्याच गुणांनी आपणा परस खूब अुंच दिसताले. हाचो परिणाम असो जातालो कि तांगेली बरी-वायट देख ते दोळे धांपून घेताले. हे भाशेन, खासा आवें-भाशेचे अुच्चार लेगीत ते पुर्तुगेज आनी हेर येवरोपी पाद्रींवरी करूंक लागले! लोकांक मार्ग दाखेतल्या पाद्रिंची ही दशा जाल्यार किर्कोळ लोकांची गजाल विचारूंकूच नाका. आत्महीणपणा-खातीर अेकल्या पाद्रिंकूच दुशण नाका. वचत थैं सगळ्याच जिखिल्ल्या लोकांची ही पिडा. आजचे हे घडकेकूय, अिंग्रजांक आपणा परस अुंच लेखून जायते देशी लोक तांगेल्या भंगिल्ल्या अुच्चारांचो अणकार करिनात? **कलकत्ता** बदला **केलकता** आनी **ब्रह्मा** बदला **बर्मा** अशें ते म्हणनात? आसूं भंगूं ती गजाल! कोंकणी भास निवळावन अेकरूपी करूंक आमगेल्या क्रिस्तांव भावांनी आपणाले भंगिल्ले अुच्चार बेगीन सोडल्यार बरें.

# २
# लिंग

संस्कृत, पाली आनी प्राकृत ह्या भासांवरी कोंकणींत **पुरुशलिंग, स्त्रीलिंग** आनी **नपुंसकलिंग** अशीं **तीन** लिंगां घोळटात. गुजरार्थींत आनी मराठींतूय ही चाल चलता. सिंधी, हिंदी, पंजाबी बी भासांनीं फक्कत पुरुशलिंग आनी स्त्रीलिंग हीं दोनूच लिंगां घोळटात.[४०]

कोंकणींत लिंग **दों** तरांचें लेखतात : **निजाचें** आनी **अडेचें.** जिवांक निजाचें लिंग आसता आनी जिनसांक तशेंच भाव-नामांक आनी रास-नामांक अडेचें लिंग लायतात. कसलोय जीव दादलो आसा वा बायल आसा हें ताच्या निजाच्या लिंगावैल्यान म्हळ्यार कुरू पळोवन आमकां वळखूंक येता. हे कुरवेवैल्यान आमी बैलाचें पुरुशलिंग आनी गायचें स्त्रीलिंग म्हणटांत. जिवाच्या लिंगाचो जेन्ना आमकां दुभाव आसता तेन्ना आमी ताचें नपुंसकलिंग धरतांत; म्हळ्यार पाडो वा पाडी हें आमकां समजना तेन्ना आमी ताका पाड्डूक, पाडकूं वा वासरूं म्हणटांत. अशी गजाल जिनसांची आनी हेर नामांची न्हय. गुंड्याचें आमी पुरुशलिंग धरतांत. पुर्तुगेजींत ताका पेद्र (pedra) म्हणटात आनी ताचें स्त्रीलिंग धरतात. अिंग्रजींत ताका स्टोन (stone) म्हणटात आनी ताचें नपुंसकलिंग धरतात. हे भाशेन, अेकाच जिनसाचीं तीन भासांनीं तीन तरांचीं लिंगां कित्याक जावचीं? हाचें कारण, जिनसाक निजाचें लिंग म्हळ्यार कुरू ना. अशें आसतना, तीन वेगळ्या वेगळ्या भासांनीं अुलोवपाची गरज भागोवंक मनाक येत तशीं ताका वेगळीं वेगळीं तीन अडेचीं लिंगां लायलीं. अशी गजाल जिवांच्या लिंगांची जायना.

४० Beames, Comp. Gr., II, 147.

किल्याक, तांच्यो कुरवो थारायल्ल्यो आसात. संवसारांत खैंचेय कडेन गेल्यार दादलो तो दादलो आनी वायल ती बायल. ह्या पासावत कोंकणी दादलो, पुर्तुगेज ऑम्में (homem) आनी अिंग्रजी मॅन (man) हांचें तिनूय भासांत अेकूच लिंग, म्हळ्यार पुरुशलिंग. तें बदलना. पुण ह्याय नेमाक केन्नाकेन्ना आडवाद मेळटात. संस्कृतांत आपणाले बायलेक तिनूय लिंगी अुतरां आसात. देखीक—दाराः (पुरुशलिंग). पत्नी (स्त्रीलिंग). कलत्र (नपुंसकलिंग). कोंकणींत कांय स्त्रीलिंगी मनीस-नामां नपुंसकलिंगांतूय अुपकारायतात. देखीक—गंगा, तूं खैं गेल्लें? काशी खेळूंक गेलां. मोगू, गोदू, साजू, बायू, जायू आनी जया आतां घुलांनी खेळटलीं.

कोंकणींत आमी जिनसांचीं लिंगां आमच्या मनाक येत तशीं बदलतांत. रुखाक आमी दादलो म्हणटांत; पुण आमच्या मनांत आयल्यार आमी ताका दादलो न्हय, वायल न्हय, तर ताचें तिसरेंच लिंग करून अुडैतांत. आमी ताका झाड म्हणून ताचें नपुंसकलिंग करतांत! संस्कृतांतूय अशीच चाल आसा. तांतूंत स्वर्ग=सर्ग हें पुरुशलिंगी अुतर. पुण ताका त्रिविष्टप हें नांव दिवन ताचें नपुंसकलिंग केलां.

जिनसांचें लिंग अडेचें आशिल्ल्यान तांच्या नांवांच्या अुतरांत चिके बदल करून पुरुशलिंगाचें स्त्रीलिंग करूं नजे; म्हळ्यार **गुंडो** हाचें स्त्रीलिंग **गुंडी** करूं नजे. पुण जिवांचें लिंग निजाचें आशिल्ल्यान तांच्या नांवांच्या अुतरांत चिके बदल करून पुरुशलिंगाचें स्त्रीलिंग करूं येता. देखीक—घो**डो**–घो**डी**. संस्कृत, पाली आनी प्राकृत भासांनींय ही चाल चलता.

कोंकणींत पुरुशलिंगी अेकवचनी नामां मोनें **अ**, **आ**, **अी**, **अु**, **अू**, **अै** आनी **ओ** न सोंपिल्लीं आसतात. देखीक—हा**त**, मा**मा**, ह**ती**, दे**वु**,

राजू, शणै, घोडो. स्त्रीलिंगी अेकवचनी नामां मोनें अ, आ, अी, अू आनी अै न सोंपिल्लीं आसतात. देखीक—मूय, पिडा, राणी, जळू, आवै. नपुंसकलिंगी अेकवचनी नामां मोनें अ, आ, अी, अू, अीं, अूं आनी अें न सोंपिल्लीं आसतात. देखीक—तोंड, गंगा, काशी, मोगू, मोतीं, तारूं, आवोलें. ह्यो देखी पळेल्यार, मोनें अ, आ, अी आनी अू न सोंपिल्लीं नामां तिनूय लिंगी मेळटात. तशेंच, अै न सोंपिल्लीं नामां पुरुशलिंगी आनी स्त्रीलिंगी मेळटात. देखून ह्या पांच स्वरांनी सोंपिल्ल्या नामांचीं लिंगां सोपेपणान वळखूंक कठीन. अु आनी ओ न सोंपिल्लीं नामां फक्कत पुरुशलिंगीच मेळटात आनी अीं, अूं, अें न सोंपिल्लीं नामां नपुंसकलिंगीच मेळटात. देखून ह्या पांच स्वरांनी सोंपिल्ल्या नामांचीं लिंगां वळखूंक सोपें.

कोंकणींत ओ न सोंपिल्लीं अेकवचनी नामां पुरुशलिंगी आसतात. पुण मराठींत ओ न सोंपिल्लें अेकवचनी वायको हें अुतर स्त्रीलिंगी आसा. अशे तरेचीं कांय स्त्रीलिंगी अुतरां पंजाबींत घोळटात. तीं चडकरून नरव्या बायलांक गाळींवरी लायतात. देखीक—चुड्डो, चुत्तो=चुतडें. झुड्डो, झुट्टो, जद्धो=झोड. नाजो=निलाजरें. दांदो=दांतयें.[४१]

कोंकणींत ओ न सोंपिल्लीं कांय पुरुशलिंगी नामां बायलांकूच लागतात. देखीक—'हो आतां व्होबळो वाडलो.' हांगा व्होबळो (वधू > वहू > व्हअू > व्हो + बळो) म्हळ्यार लग्नाची वाडिल्ली व्होंकल (वधू > वहू > व्हअू > व्हो + कल), व्होंकलेचें बळ आयल्ली चली. 'यमन्या, तूं व्होळो कसो धांवं नाका.' हांगा व्होळो (वधू > वहू > व्हअू > व्हो + ळो) म्हळयार लग्नाची वाडिल्ली व्होंकल. संस्कृतांत दार हें पुरुशलिंगी अुतर आपणाले बायलेक लायतात. तें सदींच भौवचनांत म्हळ्यार दाराः अशें अुपकारायतात.

---

४१ Beames, Comp. Gr., II, 161.

कोंकणी पुरुशलिंगी जिवाच्या नामाचें स्त्रीलिंग करूंक कांय नेम बांदुं येतात. पुण ते सदींच तगतात अशें न्हंय.

मोन्या **अ** न सोंपिल्ल्या कांय पुरुशलिंगी जीव-नामांचें स्त्रीलिंग **अ** वदला **अी** आनी जायते फावटीं **अीण** लावन जाता. देखीक—दा**स**-दा**सी.** वाग-वा**गीण.** हिंदींतूय ही चाल चलता. देखीक—वंद**र** (वानर)-वंद**री.** ना**अी** (म्हालो)-ना**अिन.**

**आ** न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी जीव-नामांचें स्त्रीलिंग **आ** वदला **अी** लावन जाता. देखीक—**मामा-मामी.**

**अी** न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी जीव-नामांचें स्त्रीलिंग **ण** जोडून जाता. देखीक—रांद**पी**-रांद**पीण.**

**ऑ** न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी जीव-नामांचें स्त्रीलिंग **ऑ** बदला **अी** लावन जाता. देखीक—**घोडो-घोडी.** पालींत ही चाल चलता. देखीक—व्याग**घो** (वाग)-व्याग**घी.** सम**नो** (श्रमण)-सम**नी.** सिंधींत आनी गुजराथींत अशीच चाल आसा. देखीक—छोक**रो**-छोक**री.**

कांय पुरुशलिंगी जीव-नामांचें स्त्रीलिंग वेगळेच तरेन जाता. देखीक—घोव-बायल. न्हवरो-व्हॉकल. मांव-मांय. बापूय-आवै. वेय-वेण. साडू-मेवणी. नणंद-नणडावो. देर-जाव. मावळो-मावळण. वामण-बामीण. राजा-राणी. बैल-गाय. रेडो-म्हैस. बोकड-शेळी.

कांय जीव-नामांचें लिंग दादल्या-बायलेचो भेद दाखैनासतना कसलेंय एक थारायलें आसता. देखीक—दादलो वा बायल आसली तरी कीर, मूस, बांगडो, ताल्लो, विस्वण हांचें **सदींच** पुरुशलिंग. कीड, मूय, जळू, साळोरी, वेल्ली, कल्ली, मुड्डशी हांचें **सदींच** स्त्रीलिंग. सुणें, मेरूं, चितळ, सुंगट, विणंग, कापसाळें हांचें **सदींच** नपुंसकलिंग.

# ३

# वचन

कोंकणींत वचनां **दोन: अेकवचन** आनी **भौवचन.** संस्कृतांत आनीक तिसरें वचन आसा. ताका दोगवचन म्हणटात. दोग राम आसल्यार **रामौ** आनी दों परस अदीक राम आसल्यार **रामाः** अशें संस्कृतांत म्हणटात. मनशाक दोन दोळे, दोन कान, दोन हात, दोन पांय आसतात. तशेंच, दोन जिवांच्यो वा जिनसांच्यो जोडयो जातात, देखून तांचें वचन दाखोवंक संस्कृत भाशेक दोगवचनाची गरज लागली खें. परंत वेदीक संस्कृतांत ही चाल कडकडीत चलैल्ली दिसना. तांतूंत जायते फावटीं पुरुशलिंगी दोगवचनी **औ** बदला भौवचनी **आ** घाल्लो मेळटा. आः चो विसर्ग गळून जाल्लें हें रूप. देखीक—**या सुरथा** रथीत**मोभा देवा** दिविस्पृ**शा**। अश्वि**ना ता** हवामहे। (ऋ. १.२२.२.)= 'जे बरे गाडयेंत बसल्यात, जे गाडी-चलोवप्यांत म्हालगडे, जे सर्गाक तेंकल्यात त्या दोगां अश्विन देवांक आमी होरायतांव-त.' हांतूंत **यौ, सुरथौ,** रथीत**मौ, अुभौ,** दे**वौ,** दिविस्पृ**शौ,** अश्वि**नौ, तौ** हांचे बदला **या, सुरथा** बी रुपां घाल्यांत.[४२]

पाली आनी प्राकृत भासांनीं ही चेडशी गरज नाशिल्ली चाल मोडून अुडैली आनी दोगवचना बदला त्यो भौवचन अुपकारावं लागल्यो.

---

४२ येत्यादिष्वष्टसु पदेषु सुपां सुलुगिति **द्विवचनस्याकारः।** सायणालें भाष्य. सिकौ. वैदिकी प्रक्रिया, ३५६१. सुपां सुलुक् पूर्वसवर्णाच्छेयाडाड्यायाजालः। ७.१.३९. पाअिअ-सद्द-महण्णवो, अुपोद्घात, पा. १२.

देखून प्राकृत व्याकरणकार वररुचि म्हणटा कि दोगवचनाचें भौवचन चालतात.[४३] प्राकृतांत वच्छा म्हळ्यार **दोन** वा **अदीक** झाडां.

कोंकणिच्या भैण-भासांतूय दोगवचन घोळना.

कोंकणींत पुरुशलिंगी आनी स्त्रीलिंगी नामांचें भौवचन करतना पैली विभक्ती सोडून हेर विभक्तिनीं, आनी नपुंसकलिंगी नामांचे गजालींत सगळ्याच विभक्तिनीं, कुसां लावचे आदीं नामाच्या आंगार अनुस्वार पडून ताचो नाखयो अुच्चार जाता. देखीक :

| पुरुशलिंगी | | स्त्रीलिंगी | | नपुंसकलिंगी | |
|---|---|---|---|---|---|
| अेकवचन | भौवचन | अेकवचन | भौवचन | अेकवचन | भौवचन |
| घोडो | घोडे | घोडी | घोडयो | घर | घरां |
| घोड्याक | घोड्यांक | घोडयेक | घोडयांक | घराक | घरांक |
| घोड्यान | घोड्यांनी | घोडयेन | घोडयांनी | घरान | घरांनी |
| घोड्याथावन | घोड्यांथावन | घोडयेथावन | घोडयांथावन | घराथावन | घरांथावन |
| घोड्याचो | घोड्यांचो | घोडयेचो | घोडयांचो | घराचो | घरांचो |
| घोड्यार | घोड्यांर | घोडयेर | घोडयांर | घरार | घरांर |
| घोड्या | घोड्यांनू | घोडये | घोडयांनू | घरा | घरांनू |

४३ प्राप्र. द्विवचनस्य बहुवचनम् । ६.६३.

बंगाली, आसामी, ओडियी, नेपाळी, सिरमावरी, बघाटी, किंवठली, शोदोची, कुलुयी, मंडेआळी, गादी, पंगवाळी आनी पाडरी ह्यो भासो सोडून कोंकणिच्या हेर भैण-भासांत हो भौवचनी नाखयो अुचार घोळटा वा ताचे बदला **न**, **नि** वा **ण** येता. देखीक—**बापायंचो** ह्या अर्थान फुडलीं अुतरां पळयातः डोडा सिराजी काश्मिरीः बब्बां**णो**. रामबनी काश्मिरीः बब्बण**सुण**. लहंदीः पे**वां**दा. सिंधीः पि**अुं**जो. पंजाबीः पि**औं**दा. राजस्तानीः बा**पां**रो. हिंदुस्तानीः बा**पों**का. मराठीः बा**पां**चा. गडवालीः बावा**औं**को. जंवसारीः बावा**अूं**का. चमेआळीः बब्**वां**रा. भोजपुरी बिहारीः बाप**न**के. अवधीः बाप**न**कर. कुमावनीः बाव**न**को.[४४]

गुजराथी भाशेंत नपुंसकलिंगी अुतरांच्या भौवचनांत नाखयो अुचार घोळटा. देखीक—के**ळां**=केळीं. छोक**रां**=भुरगीं. कुत**रां**=सुणीं. पाद**डां**=पानां.

पाली भाशेंत पुरुशलिंगी, स्त्रीलिंगी आनी नपुंसकालिंगी अुतरांच्या चौथिच्या आनी सटवेच्या भौवचनी रुपांत **न**कार घोळटा. देखीक—पूरिसा**नं**=पुरशांक, पुरशांलो. अग्गी**नं**=अुज्यांक, अुज्यांचो. कञ्ञा**नं**=चलयांक, चलयांलो. नदी**नं**=न्हंयांक, न्हंयांचो. धेनू**नं**=गायांक, गायांलो. रूपा**नं**=रुपड्यांक, रुपड्यांचो.

पालींत नपुंसकलिंगी अुतरांचें पैले आनी दुसरे विभक्तिचें भौवचन **आनि, ईनि** आनी **अूनि** अंतान जाता. देखीक—**मनानि**=मनां. **अट्ठीनि**=हाडां. **आयूनि**=पिरायो. **सब्बांनि**=सगळीं.

प्राकृतांतूय चौथिचें आनी सटवेचें भौवचन **ण**कारान वा नाखया अुचारान जाता. देखीक—वच्छा**णं-ण**=रुखांक, रुखांचो.

---

४४ LSI., I, ii, 135.

अग्गीणं-ण=अुज्यांक, अुज्यांचो. मालाणं-ण=माळांक, माळांचो. तुज्झाणं-ण, तुम्हाणं-ण=तुमकां, तुमचो. मज्झाणं-ण, अम्हाणं-ण=आमकां, आमचो.

प्राकृतांत **अ, अि** आनी **अु** न सोंपिल्ल्या नपुंसकलिंगी नामांचें पैले आनी दुसरे विभक्तिचें भौवचन अनुक्रमान **आअि, ईअि** आनी **ऊअि** अंतान जाता. देखीक—**वणं-वणाअि. दहिं-दहीअिं. महुं** (म्होव)-**महूअि.**

भौवचनांत हो नाखयो अुच्चार, **न**कार वा **ण**कार खैंच्यान आयलो?

संस्कृत विभक्तिंचे अंत बारकायेन विसकून पळेल्यार पुरुशलिंगी, स्त्रीलिंगी आनी नपुंसकलिंगी नामांच्या आनी सर्वनामांच्या सटवेच्या भौवचनी अंतांत ही नाखयी कुरू अदूण दिस्टी पडा. हे कुरवे बगर सटवेचें भौवचन जायनाच म्हळ्यार जाता. देखीक—(पु.) देवाना**म्**=देवांलो. पुंसा**म्**=पुरशांलो. (स्त्री.) विद्याना**म्**=विद्यांचो. भासा**म्**=अुजवाडांचो. (न.) वनाना**म्**=रानांचो. स्वपा**म्**=( ? ). (पु. आनी न.) सर्वेषा**म्**=सगळ्यांचो. (स्त्री.) सर्वासा**म्**=सगळ्यांचो. (पु., स्त्री. आनी न.) अस्माक**म्**=आमगेलो. युष्माक**म्**=तुमगेलो.

ह्या भायर, जायत्या नपुंसकलिंगी नामांचें आनी सर्वनामांचें पैले आनी दुसरे विभक्तिचें तशेंच अुल्याचें भौवचन **आनि, ईनि, ऊनि** अंत लावन वा **नाखया** अुच्चारान जाता. देखीक—**वनानि**=रानां, रानांनू. **वारीणि**=अुदकां, अुदकांनू. **मधूनि**=म्होवां, म्होवांनू. **अर्चीं**षि=किरणां, किरणांनू. परंत ह्या नेमाक कांय आडवाद मेळटात. देखीक—कम**ल्**=( ? ) अुतराचें भौवचन कम**लि** जाता.

संस्कृतांत दुसरे विभक्तिच्या पुरुशलिंगी भौवचनी कुसांत **न**कार घोळटा. देखीक—देवा**न्**=देव. अग्नी**न्**=अुजे. सूनू**न्**=पूत. ह्याय नेमाक

कांय अुतरांचे आडवाद मेळटात. देखीक—विशः = मनशां. ह्या भायर, स्त्रीलिंगी अुतरांचें दुसरे विभक्तिचें भौवचन केन्नाच नाखया अुच्चारान वा **न**कारान जायना. देखीक—विद्याः = विद्या. लक्ष्मीः = लक्ष्मुम्यो. चमूः = सैन्यां. समिधः = समिदा, होमाचो जळॅव. सर्वाः = सगळ्यो.

वैली फोडणिशी ध्यानांत घेतल्यार, पाली आनी प्राकृत भासांनीं चौथिच्या आनी सटवेच्या भौवचनी रुपांत सदींच **न**काराचो वा **ण**काराचो अेकचार चलता म्हणपाचें अुकतें दिसता. संस्कृत सटवेच्या भौवचनी रुपांत असोच अेकचार म्हळ्यार **न**कार वा नाखयो अुच्चार सदींच घोळटा. म्हणटकूच, संस्कृताचे देखीन पाली, प्राकृत, कोंकणी आनी तिगेल्या कांय भैण-भासांत भौवचनांत **न**कार वा नाखयो अुच्चार रिगलो हांतूंत दुभाव ना.

कोंकणींत **ओ** न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी अुतरांचें भौवचन **ओ** बदला **अे** घालून जाता. देखीक—**घोडो-डे. बरो-रे. हो-हे.** बांद**लो-ले.** बांदता**लो-ले.** बांदत**लो-ले.**

कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनींय पुरुशलिंगी अुतरांचें भौवचन **अे** न सोंपता. देखीक **घोडे** ह्या अर्थाचीं सकैल्या भासांतलीं अुतरां पळ्यातः वैअला पैशाचीः **गुडे.** चिलाशी शीणा पैशाचीः **अश्पे.** लहंदी, हिंदुस्तानी, जंवसारी, सिरमावरी, मंडेआळी, चमेआळी, गादी, पंगवाळी, भद्रवाही, पाडरी, मराठीः **घोडे.** पंजाबीः **घोडे, कोडे.** बघाटी, किंवठली, कुळुअीः **गोहडे.**[४५]

पालींत पुरुशलिंगी **भौवचनांत ओ** चो **आ** जाता. देखीक— पूरि**सो** (दादलो)–**सा.** **अशेंच** प्राकृतांत जाता. देखीक—**वच्छो**

---

[४५] LSI., I, ii, 165.

(झाड)-**च्छा.** ही चाल कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनींय चलता. देखीक—डोडा सिराजी काश्मिरी, सिंधी, चरोतरी, राजस्तानी, गडवाली : 'घोडो-डा. कुमावनी : घोडो-घ्वाडा.[४६]

पोरणे गुजराथींत **ओ** चो **आ** जातालो. देखीक—भालो-ला. परंत आतां ताका आनीक **ओ** जोडून भालाओ करतात.[४७]

कोंकणींत आनी तिगेल्या कांय भैण-भासांत पुरुशलिंगी भौवचनी **अे** खैंच्यान आयली? बीम्साल्या मत्तान संस्कृत सर्वनामांचे देखीन ती आयली. संस्कृतांत पुरुशलिंगी **सर्वः** (सगळो) चें भौवचन **सर्वे** जाता.[४८] अशेंच आनीक जायत्या पुरुशलिंगी सर्वनामांचें भौवचन **अे** न जाता. देखीक—**ये**=जे. **के**=कोण. **ते**=ते. **अेते**=हे. **इमे**=हे. **अन्ये**=दुसरे. **इतरे**=हेर.

पाली भासेंतूय जायत्या सर्वनामांचें भौवचन **अे** न सोंपता. देखीक—(पु.) **सब्बो** (सगळो)-**ब्बे. सो** (तो)-**ते, ने. अेसो** (हो)-**अेते. अयं** (हो)-**इमे. यो** (जो)-**ये. को** (कोण)-**के.** (पु., स्त्री. आनी न.) **अहं** (हांव)-**अम्हे. त्वं** (तूं)-**तुम्हे.**

प्राकृतांत 'सर्व' पंगडांतल्या पुरुशलिंगी सर्वनामांचें भौवचन **अे** न जाता. देखीक—**सव्वो-व्वे. जो-जे. सो-ते, णे. को-के.**[४९] तशेंच, **अहं** चें भौवचन **अम्हे**[५०] आनी **तुमं** (तूं) चें भौवचन **तुज्झे, तुम्हे.**[५१]

---

४६ LSI., I, ii, 165.
४७ Beames, Comp. Gr., II, 204.
४८ Beames, Comp. Gr., II, 205.
४९ वररुचि, प्राप्र. सर्वादेर्जस अेत्वं। ६.१.
५० वररुचि, प्राप्र. अम्हे जश्शसोः। ६.४३.
५१ वररुचि, प्राप्र. तुज्झे तुम्हे जसि। ६.२८.

श्री. ना. शि. वाल.
९२८



कोंकणींत **आ** न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी नामांचें भौवचन अेकवचना-सारकेंच अुरता. देखीक—**मामा-मामा**. मराठींतूय ही चाल चलता. ही संस्कृताक धरून आसा. संस्कृतांत **अ** न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी नामांचें भौवचन **अ** बदला **आः** घाल्लून जाता. देखीक—**देव-देवाः** कोंकणींत **आ** फुडलो विसर्ग गळ्ळो. **आ** न सोंपिल्लीं पुरुशलिंगी नामां मुदलाक **अ** न सोंपतालीं जावंयें. **मामा** हें अुतर **माम** अशें अुचारताले जातले.

कोंकणींत **अी** आनी **अू** न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी नामांचें भौवचन अेकवचना सारकेंच अुरता. देखीक—**दुदी-दुदी. वाणी-वाणी. तेली-तेली. विनाणी-विनाणी. यजमानी-यजमानी. बरपी-बरपी. हती-हती. राजू-राजू.**

सिंधींत आनी मराठींत ही चाल चलता. देखीक—सिंधी: **वेली-वेली** (चाकर).[५२] मराठी: **न्हावी** (म्हालो)-**न्हावी. पेरू** (पेर)-**पेरू.**

ही चाल पाली आनी प्राकृत भासांचे देखीन कोंकणींत, सिंधींत आनी मराठींत रिगल्या जातली. पालींत आनी प्राकृतांत **अी** आनी **अू** न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी नामांचें भौवचन अेकवचना सारकेंच अुरता. देखीक—पाली: **दंडी-दंडी** (यात्रेकार), **सखी-सखी** (सोंशे), **सीखी-सीखी** (मोर), **अभिभू-अभिभू** (सरदार). प्राकृत: **गामणी-गामणी** (गांवकार), **खलपू-खलपू** (खळें—आंगण झाडून निवळ करतले मानाय; झाडपी).

कोंकणींत **अु** न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी नामांचें भौवचन **अु** बदला **अ** घाल्लन जाता. ह्या वेळार, निमाण्या-आदल्या अक्षरांत धांकती अॅ

---

५२ Beames, Comp. Gr., II, 203.

वा ओ आसता तांचे बदला अनुक्रमान अुकती अे वा ओ जाता. देखीक—**देवु-देव. मोरु-मोर.** सिंधींत ही चाल चलता. पुण तांतूंत धांकते-अुकते अुचार नात. देखीक—दासु-दास (वंदे), खुहु-खूह (बांयो).[५३]

ही चाल अपभ्रंश प्राकृतांतसून कोंकणींत आनी सिंधींत आयल्या. अपभ्रंशांत पुत्तुचें भौवचन पुत्त (पूत) जाता.[५४]

कोंकणींत मोन्या **अ** न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी नामांचें भौवचन अेकवचनावरीच अुरता. ह्या वेळार, निमाण्या-आदल्या अक्षरांत ओडिल्लें अ, धांकती अे, वा धांकतो ओ आसल्यार तांचे बदला अनुक्रमान बसकें **अ**, अुकती अे वा अुकतो **ओ** जाता. देखिक—हात–हात. पांय–पांय. फातर–फातर. देर–देर. ओंठ–ओंठ.

कोंकणींत औ न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी नामांचें भौवचन अेकवचनावरीच अुरता. देखीक—शणै–शणै.

कोंकणींत **ई** आनी **ऊ** न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांचें भौवचन **ई** आनी **ऊ** बदला अनुक्रमान **अियो, अयो** वा **यो** आनी **अवो** लावन जाता. देखीक—राणी-**राणियो, राणयो.** बावली-बावल्यो. जळू-जळवो.

पालींत **ई** बदला **अियो** आनी **ऊ** बदला **अुयो** जाता. देखीक—नदी-न**दियो** (न्हंयो). जंबू-जंबुयो (जांव फळां). प्राकृतांत **ई** आनी **ऊ** फुडें **ओ** लायतात. देखीक—नअी-नअीओ (न्हंयो). वहू-वहूओ (व्हॉकलो).

---

५३ Beames, Comp. Gr., II, 194, 202.

५४ Pischel, Prakrit Grammatik, § 363, pp. 247-248.

कोंकणी चाल संस्कृताक धरून आसा. संस्कृतांत **नदी** ह्या **अी** न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामाचें भौवचन **नद्यः** जाता. हांतूंत **अी** बदला **यः** जालो. तशेंच, **चमू** (सैन्य) ह्या **अू** न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामाचें भौवचन **चम्वः** जाता. हांतूंत **अू** बदला **वः** जालो. प्राकृतांत **अः** चो **ओ** जाता. ह्या नेमान **यः** आनी **वः** हांचो अनुक्रमान **यो** आनी **वो** जाता. हे भाशेन, **नदी, चमू** हांचीं **नद्यो, नदयो, चम्वो, चमवो** अशीं रुपां जातात. कोंकणी **राणयो, जळवो** हांतूंत हीच देख दिस्टी पट्टा. मराठीनूय ही देख घेतल्या. देखीक—**काठी-काठ्या. सासू-सास्वा.** तरी आसतना, हेय गजालींत **कोंकणी परस मराठी वेगळी.** कित्याक, कोंकणी भौवचनां **ओ** न सोंपतात आनी मराठी भौवचनां **आ** न सोंपतात.

कोंकणींत **आ** न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांचें भौवचन अेकवचना सारकेंच अुरता. देखीक—**वडा** (पैज)-**वडा. पिडा** (रोग)-**पिडा. फोडा** (सोरपाची)-**फोडा.** पालींत अशीच चाल चलता. देखीक—**कञ्ञा-कञ्ञा** (चलयो). **वीना-वीना** (विणे). प्राकृतांतूय ही चाल आसा. देखीक—**माला-माला** (माळो). मराठीनूय ही देख घेतल्या. देखीक—**जागा-जागा.** ही चाल संस्कृताक धरून आसा. संस्कृतांत कन्या ह्या **आ** न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामाचें भौवचन **कन्याः** जाता. हांतूंत **आ** चो **आः** जालो. कोंकणींत, पालींत, प्राकृतांत आनी मराठींत विसर्ग गळून निखटो **आ** अुल्लो.

कोंकणींत मोन्या **अ** न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांचें भौवचन दों तरांनीं जाता. (१) **अ** बदला **ओ** घालून. देखीक—**माळ-माळो. मुय-मुयो.** जीव-**जिवो.** वायल-**वायलो.** पालींत **आ, अि, अी, अु** आनी **अू** न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांचें भौवचन अेकवचना सारकेंच अुरता वा ताका **यो** जोड्टात. देखीक—**कञ्ञा-कञ्ञा,** कञ्ञा**यो. रत्ति-रत्ति,**

रत्तियो (राती). नदी-नदी, नदियो. यागु-यागु, यागुयो (यज्ञ-याग). जंबू-जंबू, जंबुयो (जांव फळां). हांतूंत निमाण्या यो 'त ओ आसा. तसोच कोंकणी भौवचनांत आसा. प्राकृतांत आ न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांचें भौवचन अेकवचना सारकेंच अुरता वा ताका ओ, अु जोडतात. देखीक—माला-मालाओ, मालाअु. गुजराथींत स्त्रीलिंगी भौवचन ओ न जाता अितलेंच न्हंय तर, पुरुशलिंगी भौवचनूय ओ न जाता; आनी नपुंसकलिंगी भौवचनाक ओ जोडून ताचें दोट्टी भौवचन करतात. देखीक—(पु.) घोडो-घोडाओ. (स्त्री.) बकरी-बकरीओ. (न.) अिंडुं (तांतीं)-अिंडां, अिंडांओ. पालींत अि, अी, अु, अू न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी नामांचेंय भौवचन ओ न सोंपता. देखीक—अग्गि (अुजो)-अग्गयो, दंडी (यात्रेकार)-दंडिनो. भिक्खु (संन्याशी)-भिक्खवो. अभिभू (सरदार)-अभिभुवो. प्राकृतांतूय अि, अी, अु, अू न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी नामांचें भौवचन ओ न जाता. देखीक—गिरि (दोंगर)-गिरओ. गामणी-गामणओ. गुरु-गुरवो. खलपू-खलपवो. हे फोडणिशे वैल्यान कोंकणीन, गुजराथीन आनी प्राकृतान पालिची देख घेतल्या अशें दिसता. मराठींत ही देख दिसना. तांतूंत अ बदला आ जाता. देखीक—सून-सुना. देखून, कोंकणी परस मराठी वेगळी. (२) मोन्या अ बदला अी घालून. ह्या वेळार अुतरांतलें निमाणें अक्षर स आसल्यार भौवचनांत ताचे बदला श जाता. देखीक—पाल-पाली. कापशीण-कापशीणी. म्हेस-म्हशी.

कोंकणींत अै न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांचें भौवचन अै बदला अयो लावन जाता. देखीक—आवै-आवयो. पै-पयो. झोंपै-झोंपयो.

कोंकणींत मोनें अ, अीं आनी अूं न सोंपिल्ल्या नपुंसकलिंगी नामांचें भौवचन ह्या अंतां बदला अनुक्रमान आं, अयां वा अियां आनी

**अवां** वा **अुवां** हे अंत लावन जाता. देखीक—**तोंड-तोंडां. मोतीं-मोतयां,** बीं-**बियां,** तारूं-तार**वां, रूं-रुवां.** ह्या तिनूय अंतांत सोंपतो स्वर **आं** आसा. गुजराथींत **अुं** न सोंपिल्ल्या नपुंसकलिंगी नामांचें भौवचन **अुं** बदला **आं** घालून करतात. देखीक—**केळुं-केळां.** कुतरुं-कुत**रां.** हें **आं** खैंच्यान आयलें? सस्कृतांत **अ** न सोंपिल्ल्या नपुंसकलिंगी नामांचें भौवचन **आनि** घालून जाता. देखीक—**वनम्-वनानि** (रानां). पालींतूय अशेंच जाता. देखीक—**मनं-मनानि.** प्राकृतांत **आनि** बदला **आअिं** जाता. देखीक—**वणं-वणाअिं.** म्हणटकूच, **आनि>आअिं>आं** अशे तरेन कोंकणी **आं** जालां. मराठींत **आं** बदला **अें** येता. देखीक—**घर-घरें. मिरीं-मिऱ्यें.** वासरूं-**वासरें.** देखून, **कोंकणी परस मराठी वेगळी.**

गोंयासकैल्या कोंकणांत त्रावणकोरामेरेन **आं** बदला **अं** घालची चाल आसा. कोचिच्या १६७८ च्या कोंकणी बरपांत **नांवां, वर्सां** हांचे बदला **नांवं,** वर्षं हीं अुतरां घाल्यांत.[५५] 'आजेलीं **नात्रं** (नातरां) बाळांतेलिं **बोंत्रं** (बोंतरां), म्हाळांतुलिं **पित्रं** (पितरां), हांकां लेकचीं ना.'[५६] हे म्हणणेंत **आं** बदला **अं** घालां. सोळाव्या शेंकड्यांत बरैल्ल्या स्टीफन्साल्या कोंकणी व्याकरणांत ही चाल दिसता. तांतूंत **घर** आनी **धणूं** हांचें भौवचन अनुक्रमान **घरं** आनी **धणुअं** (धणुवं) अशें दिलां. पुण **तांतीं** हाचें भौवचन **तांतिआं** (तांतयां) अशें दिलां.[५७] म्हणटकूच, त्या वेळार गोंयां **अं** आनी **आं** हीं दोनूय रुपां घोळटालीं अशें दिसता. आज गोंयां आनी वैल्या कोंकणांत **आं** हेंच

५५ कोंकणी भाशेचें जैत, परिशिष्ट 'ब,' पा. ६८.

५६ Talmaki, Konkani Proverbs, pt. 1, p. 3, Proverb No. 18.

५७ Estevão, § 40, pp. 12, 13.

अेक रूप घोळटा. संस्कृत, पाली आनी प्राकृत हांकां **अं** परस **आं** चंड लागीं आसा. देखून, कोंकणी भास अेकरुपी करचेखातीर, गोंयासकैल्या कोंकणांत **अं** बदला **आं** घालचें हें बरें.

कोंकणींत **अें** न सोंपिल्या नपुंसकलिंगी नामांचें भौवचन **अें** बदला **ऑं** घालून जाता. देखीक—**आबोलें-लीं.** **शेंवतें-तीं.** मराठींतूय ही चाल चलता. देखीक—**भांडें-डीं.** हें **ऑं** खैंच्यान आयलें ? संस्कृतांत आनी पालींत **अि** न सोंपिल्या नपुंसकलिंगी नामांचें भौवचन **अि** बदला **ऑनि** घालून जाता. देखीक—संस्कृत: **दधि** (धंय)- **दधीनि.** पाली: **अट्ठि** (हाड)-**अट्ठीनि.** प्राकृतांत **ऑनि** बदला **ऑअिं** जाता. देखीक—**दहिं-दहीअिं.** म्हणटकूच, **ऑनि>ऑअिं>ऑं** अशे तरेन कोंकणी **ऑं** जालां.

कोंकणींत अुच्चार बदलून वचन बदलूं येता. मोन्या **अ** न सोंपिल्या पुरुशलिंगी नामांत ओडिल्लें **अ** आसल्यार त्या **अ** चो बसको अुच्चार करतकूच भौवचन जाता. देखीक—फातर-फातर. **वंड-वड.**

मोन्या **अ** न सोंपिल्या पुरुशलिंगी नामांत धांकती **अें** वा धांकतो **ऑ** आसल्यार, तांचो अुकतो अुच्चार करतकूच भौवचन जाता. देखीक—**देर-देर.** **ओंठ-ओंठ.**

अुच्चार बदलून वचन बदलपाची चाल मराठींत ना. देखून, **कोंकणी परस मराठी वेगळी.**

# ४

# विभक्ती

**पैली विभक्ती**—कोंकणींत नामांचें आनी सर्वनामांचें जें मूळ रूप आसता तेंच पैले विभक्तिच्या अेकवचनांत अुरता. तें बदलना. देखीक— राम, घर, दादलो, बायल, भुरगें, तो, ती, तें. नामांचीं आनी सर्वनामांचीं जीं भौवचनी रुपां आसतात तींच पैले विभक्तींत भौवचनी रुपां अुरतात. देखीक—राम, घरां दादले, बायलो, भुरगीं, ते, त्यो, तीं.

**दुसरी विभक्ती**—कोंकणींत हे विभक्तिचीं तीन रुपां घोळटात.
(१) माजर **हुंदीर** धरता. माजर **मूय** धरता. माजर **पाल** धरता.
(२) माजर **हुंदरा** धरता. माजर **मुये** धरता. माजर **पाली** धरता.
(३) माजर **हुंदराक** धरता. माजर **मुयेक** धरता. माजर **पालीक** धरता. हांतूंत पैलें रूप नामांच्या मूळ रुपावरीच आसा. तें बदलूंक ना. दुसऱ्यांत नामां **आ, अे, अी** न सोंपून हुंद**रा**, मु**ये**, पा**ली** अशीं अुतरां जाल्यांत. तिसऱ्यांत नामांक **क** लागून हुंदरा**क**, मुये**क**, पाली**क** अशीं अुतरां जाल्यांत.

दुसऱ्या रुपांतल्या **आ, अे, अी** 'त अेक कूस भर्लां. तें तांतूंत विरगळ्ळां; देखून आमकां दिसना. हें कूस कोण तें पळोवंक जाय. संस्कृत विभक्तिचीं कुसां विसकून पळेल्यार, तांतूंत **अ** न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी आनी नपुंसकलिंगी नामांचें चौथिचें अेकवचन **य** कुसान जाता आनी हें कूस लागचे आदीं आदल्या **अ** चो **आ** जाता. देखीक—(पु.) दे**व**+य=दे**वा**+य=दे**वाय**–देवाक. (न.) व**न**+य=व**ना**+य=व**नाय**=रानाक. प्राकृतांत ह्या **य** चें **अ** जाता, म्हळ्यार **य्** लिपून **अ** अुरता [५८] देखीक—

---

५८ वररुचि, प्राप्र. कगचजतदपयवां प्रायो लोपः । २.२.

(पु.) चारुदत्तविनाशाय > चालुदत्तविनाशाअ=चारुदत्ताक ना करूंक. (न.) वनाय > वनाअ=रानाक.[५९] हांगाय अ कूस लागचे आदीं संस्कृतावरी आदल्या अ चो आ जाला तो ध्यानांत धरचो. ह्या भायर, आ, अि, अी, अु, अू आनी ऋ न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांचे चौथिचें अेकवचन प्राकृतांत अ लागून जाता. हेंय संस्कृत य पासून जालां. देखीक—रमाअ=रमेक. रुअीअ=रुचीक. नअीअ=न्हंयेक. थीअ= बायलमनशेक. धेणूअ=गायक. वहूअ=व्हॉकलेक. माअूअ=आवैक. दुहिआअ=धुवेक. संस्कृत चौथिच्या य पासून जाल्लें हें प्राकृत अ कूस कोंकणी आ, अे, अी ' त सांदून लिपलां;[६०] म्हळ्यार हुंदरा, मुये, पाळी हीं रुपां अनुक्रमान हुंदराअ, मुयेअ, पालीअ पासून जाल्यांत. हांगा दोन गजाली ध्यानांत भरतात त्यो ह्यो : (१) कोंकणी, दुसरे विभक्तींत संस्कृत चौथिचें य > अ कूस घोळटा. (२) हें कूस लागचे आदीं संस्कृतावरी कोंकणी नामाच्या निमाण्या स्वरांत बदल जाता. नाम पुरुशलिंगी आनी नपुंसकलिंगी आसल्यार, कूस लागचे आदीं नामाच्या निमाण्या अक्षरांत आ येता आनी भौवचनांत ताचेर अनुस्वार पडून आं जाता. देखीक—पुरुशलिंगी अेकवचन : हुंदीर-हुंदरा; भौवचन : हुंदरां. नपुंसकलिंगी अेकवचन : बोट-बोटा; भौवचन : बोटां. नाम स्त्रीलिंगी आसल्यार, कूस लागचे आदीं नामाच्या निमाण्या अक्षरांत अे आनी केन्नाकेन्ना अी येता आनी भौवचनांत तांचें अनुक्रमान आं आनी अीं जाता. देखीक—स्त्रीलिंगी अेकवचन : मूय-मुये ; भौवचन : मुयां. पाळ-पाळी ; भौवचन : पाळीं. नामांच्या निमाण्या अक्षरांत अे वा अी येवची चाल संस्कृतांतसून कोंकणींत आयल्या. संस्कृतांत आ, अि,

---

५९ Pischel, Prakrit Grammatik, § 361, p. 246.

६० वररुचि, प्राप्र. संधावचामज्लोप विशेषा बहुलं । ४. १.

ऑी, अु, अू आनी ऋ न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांचीं चौथिचीं अकवचनीं कुसां अै वा अे न सोंपतात. देखीक—मालायै=माळेक. मतये, मत्यै=मतीक. नद्यै=न्हंयेक. धेनवे, धेन्वै=गायक. वध्वै=व्हॉकलेक. दुहित्रे=धुवेक. हांतूंत अै आनी अे हे दोनूय निमाणे स्वर घोळटात. ह्या भायर अुच्चार-बदलाच्या नेमान अै ची अे आनी ऑी जाता. देखीक—कैलास > केलासो. धैर्य > धीर.[61] प्राकृतानूय ही देख घेतल्या. तांतूंत आ, अि, ऑी, अु, अू आनी ऋ न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांचें चौथिचें अकवचन अे आनी अि कुसां लावन जाता. देखीक—रमाअे, रमाअि=रमेक. रुऑअे-अि=रुचीक. नऑअे-अि=न्हंयेक. धेणूअे-अि=गायक. वहूअे-अि=व्हॉकलेक. दुहिआअे-अि=धुवेक. संस्कृतांत चौथे विभक्तिच्या अकवचनांत अ न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी आनी नपुंसकलिंगी नामांच्या रुपांत जो बदल जाता तो बाकिच्या विभक्तींत तगना. पुण कोंकणी नामांत जो बदल जाता तो दुसरे विभक्तीपासून अुल्याचें विभक्तीमेरेन तसोच तगता. बारकायेन येवजिल्यार, संस्कृत चौथे विभक्तिचे देखीन, अंत लागचे आदीं कोंकणी नामांच्या रुपांत बदल जावची चाल पडली जातली.

तिसऱ्या रुपांत नामांक क अंत लागला; आनी तो लागचे आदीं, वैर सांगिल्ल्या कारणान नामांच्या निमाण्या अक्षरांत आ, अे, ऑी हे बदल जाल्यात.

क कूस नामांक आनी कांय सर्वनामांक अेकवचनांत आनी भौवचनांत लागता. ह्या भायर, का कूस फक्त कांय सर्वनामांक अेकवचनांत लागता आनी भौवचनांत ताचें कां जाता. देखीक—हाताक-हातांक. जिबेक-जिबांक. घराक-घरांक. कोणाक-कोणांक.

---

६१ वररुचि, प्राप्र. अैत अेत् । १ ३५. औद्धैर्ये । १.३९.

आपणाक–आपणांक. हेराक–हेरांक. म्हाका–आमकां. तुका–तुमकां. ताका, तिका–तांकां. हाका, हिका–हांकां. जाका, जिका–जांकां.

कोंकणींत काळ आनी अंतर दाखोवंक दुसरे विभक्तिच्या पैल्या रुपाचो संस्कृतावरीच अुपयोग जाता, म्हणपाचें सकैल्या देखींवेल्यान ध्यानांत येतलें:

शाणू अेक **वर्स** शिकलो. राणू दोन **कोस** भोंवलो. हांतूंत वर्स ह्या अुतरांत **काळाची** आनी कोस ह्या अुतरांत **अंतराची** दुसरी विभक्ती घाल्या.[६२]

**चौथी विभक्ती**—कोंकणींत हे विभक्तिचीं दोन रुपां घोळटात: (१) बापूय **पुता** बरप शिकैता. आवै **धुवे** शिवंण शिकैता. मानाय **पानवेली** अुदक घालता. (२) बापूय **पुताक** बरप शिकैता. आवै **धुवेक** शिवंण शिकैता. मानाय **पानवेलीक** अुदक घालता. हांतूंत पैल्यांत नामां **आ, अे, अी** न सोंपून तांतूंत संस्कृत चौथिचें **य > अ** कूस सांदलां. दुसऱ्यांत नामांक **क** कूस लागलां आनी तें लागचे आदीं नामांच्या निमाण्या अक्षरांत **आ, अे, अी** हे बदल जाल्यात. हे भाशेन, चौथे विभक्तिचीं हीं दोन रुपां दुसरे विभक्तिच्या दुसऱ्या आनी तिसऱ्या रुपांक जमतात अशें जालें. म्हणटकूच, दुसरे आनी चौथे विभक्तींत अंतर कितें? दुसरे विभक्तींत **हुंदरा, मुये, पाली** आनी **हुंदराक, मुयेक, पालीक** हीं नामां **कर्माचे सुवातेर आसात** आनी चौथे विभक्तींत **पुता, धुवे,** पानवे**ली** आनी पु**ताक, धुवेक,** पानवे**लीक** हीं नामां **कर्माचे सुवातेर नात,** हेंच दों भितल्लें अंतर. देखून, असलीं रुपां कर्माचे सुवातेर आसतीत तेन्ना तांची दुसरी विभक्ती आनी कर्माचे सुवातेर नासतीत तेन्ना चौथी विभक्ती जाता.

---

६२ सिकौ. ५५८। कालाध्वनोरत्यन्तसंयोगे। २.३.५.

कोंकणींत चौथी विभक्ती जायते फावटीं सातवे विभक्ती बदलाय अुपकारायतात. देखीक—रामाच्या **बोटाक** कांटो तोपलो. तो **दिवाळेक** घरा गेलो. हांगा बोटाक म्हळ्यार **बोटांत** आनी दिवाळेक म्हळ्यार **दिवाळेचे परवेंत.** देखून तांची सातवी विभक्ती.

कोंकणींत दुसरे आनी चौथे विभक्तींत **क, का, कां** कुसां घोळटात तशींच वा कांय बदलान तिगेल्या कांय भैण-भासांनीय घोळटात. कांय भासांनी **ख** रुपानूय तीं दिसतात. अुचार-बदलाच्या नेमान **क** चें **ख** जाता. देखीक—संस्कृत : **कीलक** > **खिळो.**[६३] **बापायक** ह्या अर्थान मकैल्या भासांतलीं अुतरां पळयात : वैअला पैशाची : ततो**क.** बशगली पैशाची : तोत**कें.** गवरबती पैशाची : बाबं**के.** गारवी कोहिस्तानी : बब**कि.** तोरवाली कोहिस्तानी : बप**कि.** मुलतानी लहंदी : पिअ**ूकूं.** तिनावली लहंदी : अद्धे**को.** सिंधी : पिअु**खे.** ओडियी : बाप**कु.** मैथिली बिहारी : पिता**कें.** बंगाली : बाप**के.** आसामी : बापेक, बापोक. अवधी : बाप**कां.** हिंदुस्तानी : बाप**को.** कांगडी पंजाबी : बब्बे**की.** माळवी राजस्तानी : बाप**के.** गडवाली : बाबा**कु.** जंवसारी : बाबा**ख.** बघाटी : बाओ**खे.** किंवठली : बापू**खे.**[६४]

आतां दुसरे आनी चौथे विभाक्तिच्या **क, का, कां** कुसांचें मूळ सोदुंया. कांय भास-शास्त्र्यांल्या मत्तान हीं कुसां संस्कृत **कृते, कृतं, कक्षं** पासून जाल्यांत.[६५] डॉ. सर भाण्डारकारांल्या मत्तान प्राकृत **कहिं** > **कहं** जावन ताचे वैल्यान **कां** अंत जालो.[६६] संस्कृत **कृते** चें प्राकृतांत

---

६३ सिद्धहेम. कुब्ज–कर्पर–कीले कः खोऽपुष्पे । ८.१.१८१.

६४ LSI., I, ii, p. 127.

६५ Beames, Comp. Gr., II, 255, 257. Katre, Formation of Konkani, § 218, p. 109.

६६ Bhandarkar, WPL., pp. 245, 248.

**कअे** > **के** जावं येता. गाथासप्तशतींत ‘सो तुज्झ **कअे**’ (१.८४) हें ‘स तव **कृते**’=‘तो तुजेखातीर’ ह्याचे बदला घालां. परंत कोंकणी कुसां किसौन पळेल्यार, तीं कृते, कृतं, कक्षं वा कहं पासून जावंक नात, म्हणपाचें सणसणीत दाखोवन दिवं येता. कोंकणी आमकां आनी तुमकां हीं अुतरां विसकिल्यार, हांतूंतलें **कां** कूस संस्कृत **कम्** पासून जालां हें अुकतें दिसता. संस्कृत अस्मा**कम्** आनी युष्मा**कम्** हांचेपासून अनुक्रमान आम**कां** आनी तुम**कां** हीं अुतरां जाल्यांत हांतूंत अिल्लोय दुभाव ना. पुण अस्माकम् आनी युष्माकम् हीं संस्कृतांत सटवेचीं रुपां; आनी आमकां आनी तुमकां हीं कोंकणींत दुसरेचीं आनी चौथिचीं रुपां. म्हणटकूच हांचो मेळ कसो जमत? परंत वेदीक संस्कृतांत जायते फावटीं चौथिच्या अर्थान सटवी अुपकारावची चाल आसा. देखीक—‘पुरुषमृगश्चंद्रमसः। २४.३५’ (वाजसनेयि संहिता)=‘हरण-चंद्राक (दादले-हरणासारक्या चंद्राक)’ हांगा चंद्रम**से** हे चौथी बदला चंद्रम**सः** ही सटवी अुपकारायल्या.[६७] खासा ऋग्वेदांत अस्माकम् हें अुतर दुसरे विभक्तिच्या अर्थान अुपकारायलें मेळटा. देखीक—‘मा मघोनः परिख्यतं मो **अस्माकम्**ऋषीणाम्’= ‘तुमकां निवेद दाखैतल्यांक सोडुं नाकात; **आमकां** ऋषिंल्या पुतांक सोडुं नाकात.’ (ऋ. ५.६५.६.) पाळी भाशेंत अम्ह आनी तुम्ह ह्या सर्वनामांचें दुसरेचें आनी चौथिचें भौवचन अनुक्रमान अम्हाकं= आमकां आनी तुम्हाकं=तुमकां अशें घोळटा. तशेंच सटवेचें भौवचन अम्हाकं=आमचें आनी तुम्हाकं=तुमचें अशें घोळटा.[६८] हीं रुपां संस्कृत

६७ सिकौ. ३३९६। चतुर्थ्यर्थे बहुलं छन्दसि। २ ३ ६२. पाअिअ-सद्द-महण्णवो, अुपोद्घात, पा. ११.

६८ Mason, काच्छायनो's पालि Gr., p. 48.

अस्माकम् आनी युष्माकम् ह्या सटवेच्या रुपां पासून जाल्यांत हांतूंत कसलोच दुभाव ना. म्हणटकूच, पाली भाशेनूय वेदीक संस्कृताची देख घेतल्या हें अुकतें दिसता. हेर प्राकृत भासोय ही देख चलैतात. देखून, 'चतुर्थ्याः षष्ठी। ६.६४' हें सूत्र वररुचीन घडलें. प्राकृतांत केन्ना-केन्ना दुसरे विभक्तिचे मुवातेरूय सटवी अुपकारायतात.[69] हे तरेन, संस्कृत अस्मा**कम्** > अम्हा**कं** > आम**कां** आनी युष्मा**कम्** > तुम्हा**कं** > तुम**कां** अशे तरेन कोंकणी रुपां जालीं, प्राकृतांत अहं–हांव आनी तुमं–तूं हांचीं चौथिचीं आनी सटवेचीं भौवचनी रुपां अनुक्रमान अम्हाणं-ण वा मज्झाणं-ण=आमकां, आमचें आनी तुम्हाणं-ण वा तुज्झाणं-ण=तुमकां, तुमचें अशीं जातात. हांतूंत **कां** कूस दिस्टी पडना. देखून, कोंकणी **कां** कूस संस्कृतांतसून आनी पालींतसून आयलां. ह्या कां चें अेकवचनी रूप **का** आनी ताचेच वैल्यान **क** रूप घोळटेंत आयलें. हें कूस मराठींत शास्त्राकूय दिसना. **मराठीक आनी कोंकणीक वेगळायणो हो सह्याद्रीच म्हळ्यार जाता. देखून कोंकणी परस मराठी वेगळी.**

कोंकणींत संस्कृतावरीच चौथिचो अुपयोग जाता म्हणपाचें सकैल्या देखींवैल्यान ध्यानांत येतलें :

शाणू राणूक आंबो दिता. हांतूंत ज्या कोणाक कसलीय वस्त दितात ताची म्हळ्यार राणुची चौथ घाल्या.[70]

बाबुल्याक नेवरी रुचता वा बरी लागता वा जाय. हांगा रूच घेतल्याची म्हळ्यार बाबुल्याची चौथ घाल्या.[71]

---

६९ सिद्धहेम. क्वचिद् द्वितीयादेः। ८.३.१३४.
७० सिकौ. ५७०। चतुर्थी संप्रदाने। २.३.१३.
७१ सिकौ. ५७१। रुच्यर्थानां प्रीयमाणः। १.४.३३.

आवै पुताक तोखेता. ताचेकडेन आंबो आसून म्हाका लिपैता (दाखैना). राणू अजून खेळूंक वचूंक ना; तो नानूक तिश्टता (रावता). सोनू गुणूक सवता वा गाळी सांगता. हांगा तोखेवप, लिपोप, तिश्टप आनी सवप जांकां लागून जाता तांची चौथ घाल्या.[७२]

राणू नानूक पांच आणे देणे जाता वा लागता. शाणू राणूक भाचो लेखता वा लागता. हांगा घेणेकार आनी नातेकार हांची चौथ घाल्या.[७३]

मोगू फुलांक आशेलां. तातुबाव चलयेक वथरेता. भिकारी पेजेच्या निवळाक वळवळटा. हांगा आशेवप, वथरेवप आनी वळवळप ज्या जिवांक वा जिनसांक लागून जाता तांची चौथ घाल्या.[७४]

तागेलो धनी ताका बरो. तुगेलो धनी तुका वायट. हांगा बरेपण वा वायटपण जांकां लागून येता तांची चौथ घाल्या.[७५]

हो मानाय बारा आण्यांक लायला. हो बैल वीस रुपायांक घेतला. हांगा वावरा-कामाक लावप, विकतें घेवप जांकां लागून येता तांची चौथ घाल्या.[७६]

तो जेवणाक हांगा येता. हांगा 'खातीर' हो अर्थ जाका लागून येता ताची चौथ घाल्या.[७७]

---

७२ सिकौ. ५७२। श्लाघह्नुङ्स्थाशपां ज्ञीप्स्यमानः। १.४.३४.

७३ सिकौ. ५७३। धारेरुत्तमर्णः। १.४.३५.

७४ सिकौ. ५७४। स्पृहेरीप्सितः। १.४.३६.

७५ सिकौ. ५७७। राधीक्ष्योर्यस्य विप्रश्नः। १.४.३९.

७६ सिकौ. ५८०। परिक्रयणे संप्रदानमन्यतरस्याम्। १.४.४४.

७७ सिकौ. वार्तिक। तादर्थ्ये चतुर्थी वाच्या।

बैल जोताक अुपकारता. हांगा ज्या कामाक कितेंय अुपकारता त्या कामाची चौथ घाल्या.[७८]

हें शेत खर्चाक म्हारग. हांगा कसलोय परिणाम जाता ताची चौथ घाल्या.[७९]

किरायतें जोराक बरें. तेल खांकेक वायट. हांगा बरेपण वा वायटपण जांचेर पड्टा तांची चौथ घाल्या.[८०]

आज तो पणजे गेलो. थैंच्यान तो मुंबै वेतलो. हांगा ज्या जाग्यार वचप जाता ताची चौथ घाल्या.[८१]

राणू पोरसांत किल्याक गेला? फुलांक गेला. हांगा कारणाची चौथ घाल्या.[८२]

राणू आवैक पांया पड्टा. ताका बलायकी जावं. हांगा पांया पडप, बरें मागप जांकां लागून येता तांची चौथ घाल्या.[८३]

तो मर्नास अेके दमडेक फावना. हांगा कसलोय जीव वा जिर्नस जे वस्तीन कुस्कुटायतात ते वस्तिची चौथ घाल्या.[८४]

**तिसरी विभक्ती**—कोंकणींत नामाचें तिसरे विभक्तिचें अेकवचन **न** कूस लावन जाता. देखीक—राम-राम**ान**. मूय-मुये**न.** घर-घर**ान.** कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनींय हें कूस तशेंचें तशें वा

---

७८ सिकौ. वार्तिक। क्लृपि संपद्यमाने च।
७९ सिकौ. वार्तिक। अुत्पातेन ज्ञापिते च।
८० सिकौ. वार्तिक। हितयोगे च।
८१ सिकौ. ५८५। गत्यर्थकर्मणि द्वितीयाचतुर्थ्यौ चेष्टायामनध्वनि। २.३.१२.
८२ सिकौ. ५८१। क्रियार्थोपपदस्य च कर्मणि स्थानिनः। २.३.१४.
८३ सिकौ. ५८३। नमः स्वस्तिस्वाहास्वधाऽलंवषड्योगाच्च। २.३.१६.
८४ सिकौ. ५८४। मन्यकर्मण्यनादरे विभाषाऽप्राणिषु। २.३.१७.

कांय बदलान घोळटा. कांय भासांनीं **न** बदला **ळ** येता. हो बदल प्राकृत नेमाक धरून आसा. देखीक—**निम्ब > लिंबू.**[८५] आतां सकैल्या भासांतलीं अुतरां पळ्यात: अवधी: भूख**न**=भुकेन. छत्तीसगडी: भूंख**न**=भुकेन. व्रज: भूख**न**=भुकेन. गडवाली: भूख**न**=भुकेन; घोडा**न**=घोड्यान. हिंदुस्तानी: अेक पुरुष**ने**=अेका दादल्यान. मराठी: भुके**नें**=भुकेन. कुमावनी: बबै**ल**=बापायन; भुखै**ल**=भुकेन. नेपाळी: छोरा**ले**=पुतान.[८६] पंजाबींत **नें** कूस घोळटा.[८७]

पाली आनी प्राकृत भासांनींय हें **न** कूस घोळटा. देखीक—पाली: पूरिसे**न**=दादल्यान; रूपे**न**=रुपड्यान; राजे**न**=राजान. प्राकृत: वच्छे**ण**=रुखान; पुत्ते**ण**=पुतान.[८८]

हें **न** कूस खैंच्यान आयलें? संस्कृतांत **अ** न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी आनी नपुंसकलिंगी नामांचें तिसरेचें अेकवचन **अिन** कूस लावन जाता. हें लायतना, नामाचें निमाणें **अ** आनी हांतूंतली **अि** हांचे बदला **अे** जाता, म्हळ्यार **अिन** चें **अेन** जाता. देखीक—गोविंद + **अिन**=गोविंदे**न**=गोविंदान. वन + **अिन**=व**नेन**=रानान. हें संस्कृत **अिन** वा **अेन** कूस पालींत, प्राकृतांत आनी कोंकणींत आनी हेर भासांत आयलां. मराठींत **न** बदला **नें** घोळटा.

चित्रापुर बामणांत **न** बदला **नें** अंत चलता. देखीक—'हांव भुके**नें** मरतां.' 'तुगेल्या पुत्ता**नें**.'[८९] हे बामण मुदलचे गोंयचे

---

८५ सिद्धहेम. निम्बनापिते ल–ण्हं वा। ८.१.२३०.

८६ LSI., VI, 16, 29; LSI., IX, i, 71; LSI., IX, iv, 282, 312, 25, 182.

८७ Beames II, 262. LSI., IX, i, 630.

८८ वररुचि, प्राप्र., टामोर्णः। ५-४.

८९ LSI., VII, 192-193.

१२५५२
३९१३५३

सास्टींतले केळोशी-कुठ्ठाळकार. शान्तादुर्गा आनी मंगेश हे तांगेले कुळदेव. क्रि. स. १५६० च्या सुमाराक सास्ट म्हालाचे बाटौणेक पालंव लागलें तेन्ना तांगेले पूर्वज गोंय सोडून सकैल्या कोंकणांत गेले. त्या अुप्रांत सुमार ४० वर्सांनीं पाद्रि स्टीफन्सान कोंकणिचें व्याकरण रचलें. तांतूंत ताणें **न** हेंच कूस दिलां. देखीक—हाता**न**.[९०] आजूय गोंया आनी वैल्या कोंकणांत हेंच कूस घोळटा. सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टिचे जे बामण कोची गेल्ले ते हेंच कूस अुपकारायताले म्हणपाचें क्रि. स. १६७८ त छापिल्ल्या तांगेल्या अेका कोंकणी बरपावैल्यान अुक्तें दिसता. तांतूंत निरोपा**न**, अनुभवा**न**, बरपा**न** अशीं तिसरेचीं रुपां मेळटात.[९१] म्हणटकूच, आतांचेच वरी सोळा-सतराव्या शेंकड्यांत गोंया तिसरेचें **न** हेंच कूस घोळटालें ह्यांतूंत दुभाव ना; आनी चित्रापुर बामणांल्या पूर्वजांल्या तोंडांतूय तेंच कूस, घोळूंक जाय. अशें आसतना, तांगेले पिळगेच्या तोंडांत **नें** कूस कशें घोळूंक लागलें तें समजना. सोळा-सतराव्या शेंकड्यांतल्या कोणाय येवरोपी बरप्याल्या कोंकणी लेखांत **नें** लायल्लें अेकाद्रें अुतर मेळ्ळेंय जाल्यार ती तागेली चूक आसूंक जाय. तिचे वैल्यान नेम बांदुं नजे.

कोंकणी भास अेकरुपी करचे खातीर चित्रापुर बामणांनी अडेच्या **नें** बदला निजाचें **न** अुपकारायल्यार भौ बरें जायत. तें संस्कृताक चेंड लागीं आसा.

कोंकणींत नामाचें तिसरे विभक्तिचें भौवचन **नी** कुसान जाता. देखीक—रामां**नी**, मुयां**नी**, घरां**नी**. हें **नी** कूस खैंच्यान आयलें? संस्कृतांत तिसरेच्या भौवचनांत **अैः** आनी **भिः** कुसां घोळटात.

---

[९०] Estevão, § 63, p. 20.

[९१] कोंकणी भाशेचें जैत, पा. ६८.

देखीक—देवैः=देवांनी. भानुभिः=सूर्यांनी. धेनुभिः=गायांनी; पालींत ऐः आनी भिः हांचे बदला अनुक्रमान हि आनी भि घोळटात. देखीक—पूरिसेहि, पूरिसेभि=दादल्यांनी. कञ्ञाहि, कञ्ञाभि=चलयांनी. प्राकृतांत हि वा हिं अंत घोळटा. देखीक—वच्छेहि, वच्छेहिं=रुखांनी. पुत्तेहि, पुत्तेहिं=पुतांनी.[९२] ह्या देखीं वैल्यान अशें दिसता कि संस्कृत ऐः चें हि > हिं अशें रूप जावन ताचें कोंकणी नी जालें. आदीं हिं मोवाळून इं (इ+ ं) जालें. मागीर हांतूंतल्या अनुस्वाराचें न् जावन आदले इ ' त मेळ्ळें आनी नि वा नी कूस जाली. संस्कृतांत न् आनी म् हांचो जायते फावटीं अनुस्वार जाता.[९३] हे भाशेन हीं नाखयीं व्यंजनां अनुस्वाराचींच रुपां आसात म्हळ्यार जाता. सर भाण्डारकारांल्या मत्तान तिसरेचें अेकवचनी कूस न आनी अपभ्रंशांतल्या भौवचनी हिं कुसापासून जाल्लें इं मेळून नीं हें दोडें•कूस जालें.[९४]

कोंकणींत हांव, तूं, आपुण आनी कोण ह्या सर्वनामांक तिसरेच्या अेकवचनांत अें कूस लागता. देखीक—हांवें, तुवें, आपणें, कोणें. कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनीं हांव आनी तूं ह्या सर्वनामांचें अेकवचन अें न सोंपता. देखीक—जंवसारी : मे, मेंहे=हांवें, तें=तुवें. किंवठली : मोयें=हांवें. तोअें=तुवें.[९५] पालींत आनी प्राकृतांत अे अंत घोळटा. देखीक—पाली : मे=हांवें. ते=तुवें. प्राकृत : मे, मअे, ममअे=हांवें. ते, तअे, तुमअे, तुमे=तुवें. प्राकृतांत तूं चें

९२ सिद्धहेम. भिसो हि हिँ हिं । ८.३.७.

९३ सिर्का. १२२ । मोऽनुस्वारः । ८.१.२३. सिर्को. १२३ । नश्चापदान्तस्य झलि । ८.१.२४.

९४ Bhandarkar, WPL., p. 204.

९५ LSI, IX, iv, 390, 565.

तिसरेचें अेकवचन तुअे अशेंय घोळटा.[९६] पालींत आनी प्राकृतांत **अे** चेर अनुस्वार ना. म्हणटकूच, कोंकणींत **अें** कशें जालें? **अ न** सोंपिल्ल्या संस्कृत नामांचीं तिसरेचीं अेकवचनी रुपां **अेन** कुसान सोंपतात. हांच्यो देखी वैर दिल्यात. ह्या **अेन** कुसाची देख हांव, तूं, आपुण आनी कोण ह्या सर्वनामांच्या तिसरेच्या अेकवचनांत दिस्टी पड्टा. **अेन** कुसांतल्या **न** चो अनुस्वार जावन आदले **अे** चेर पडलो आनी **अें** कूस घडलें. हे तरेन, हांव+**अेन** >**अें**=**हांवें.** तूं+**अेन** > **अें**=तूंअें=**तुवें.** आपुण+**अेन** > **अें**=**आपणें.** कोण+**अेन** > **अें**=**कोणें.** मराठींत हांचे बदला **मीं–म्यां, तूं–त्वां,** आपण व **कोणीं** अशीं रुपां घोळटात. **अेन** चें **अें** जावची चाल अपभ्रंश प्राकृतांत आसा. तांतूंत **पुत्तेण** हाचें **पुत्तें** अशेंय रूप घोळटा.[९७] पोरणे मराठींत आनी आतांची पंजाबी, जंवसारी, किंवठली, भद्रवाही आनी लहंदी ह्या भासांनीं नामांचें तिसरेचें अेकवचन **अें** वा **अे** कुसान जाता. देखीक—पोरणी मराठी : गोविंदें=गोविंदान. कांगडी आनी भटेआली पंजाबी : घोडें=घोड्यान. जंवसारी : घोडेअें, घोडें=घोड्यान. किंवठली: बापूअे=बापायन. बेटीअे=धुवेन. भद्रवाही : घोडे=घोड्यान. लहंदी: घोडे=घोड्यान.[९८]

**तो-ती-तें, हो-ही-हें, जो-जी-जें** ह्या सर्वनामांचें तिसरेचें अेकवचन **णें** कुसान जाता. देखीक—**ताणें, तिणें. हाणें, हिणें. जाणें, जिणें.** जंवसारी हिमालयींत **णें** लायल्लीं कांय सर्वनामांचीं रुपां

---

९६ Pischel, Prakrit Grammatik, § 421, p. 297.

९७ Pischel, Prakrit Grammatik, § 363, p. 247.

९८ LSI., IX, i, 777, 794. LSI., IX, iv, 387, 561, 888. LSI , VIII, i, 258.

घोळटात. देखीक अिणें, तिणें–ताणें.[९९] मराठींत सगळ्याच नामांचें आनी ह्या सर्वनामांचें तिसरेचें अेकवचन **नें** कुसान जाता. देखीक— रामा**नें**, मुंगी**नें**, घरा**नें**, त्या**नें**, ति**नें**, ह्या**नें**, हि**नें**, ज्या**नें**, जि**नें**. पालींत आनी प्राकृतांत **णें** वा **नें** कुसान सोंपिल्लीं रुपां दिस्टी पडनात. म्हणटकूच, कोंकणींत हें कूस खैंच्यान आयलें? सर भाण्डारकारांल्या मत्तान हें दोडें कूस आसून, तिसरेचीं अेकवचनी दोन कुसां गांठावन जालां; म्हळ्यार **न** आनी **अेन** पासून जाल्लें अपभ्रंशांतलें **अें** मेळून तें जालां.[१००] अेकाद्रें दुसरेय तरेन हें रूप घोळटेंत आयलें जावंये. संस्कृत **अिदम्** चें पुरुशलिंगी तिसरेचें अेकवचन **अनेन** जाता. हांतूंतल्या निमाण्या **न** चो अनुस्वार जावन कोंकणींत **अनें** > **अणें** > **हणें** > **हाणें** अशें रूप घडलें जावंये. **अेतद्** चेंय पुरुशलिंगी तिसरेचें अेकवचन **अेनेन** अशें जाता. हांतूंतल्या निमाण्या **न** चो अनुस्वार जावन कोंकणींत **अेनें** > **अेणें** > **हेणें** अशें रूप घडलें जावंये. **हाणें** आनी **हेणें** हीं दोनूय रुपां कोंकणींत घोळटात. हांचेच देखीन **जाणें** आनी **ताणें** हीं रुपां घोळूंक लागलीं जातलीं.

कोंकणी सर्वनामांतलें **अें** आनी **णें** आनी मराठी नामांतलें आनी सर्वनामांतलें **अें** आनी **नें** हांच्या रुपांत जरी सारकेपण दिसलें तरी अुच्चारांत अंतर आसा. कोंकणींत तांचे **अुक्ते** अुच्चार आनी मराठींत **धांकते** अुच्चार जातात.

**हांव** आनी **तूं** ह्या सर्वनामांचें तिसरेचें भौवचन अनुक्रमान **आमी** आनी **तुमी** अशें जाता. हीं रुपां पाली अम्हेहि आनी तुम्हेहि आनी प्राकृत अम्हेहिं आनी तुम्हेहिं हांचे पासून

९९ LSI., IX, iv, 391.
१०० Bhandarkar, WPL, p. 204.

जाल्यांत. आपुण आनी कोण त्यांचीं तिसरेचीं भौवचनां कोंकणींत घोळनात. **तो-ती-तें, हो-ही-हें, जो-जी-जें** हांचीं तिसरेचीं भौवचनां अनुक्रमान **तांणी, हांणी, जांणी** अशीं जातात. संस्कृत **भिः** पासून जाल्ल्या **हिं** कुसावैल्यान हीं रुपां जाल्यांत. हाची फोडणिशी वैर केल्या.

कोंकणींत संस्कृतावरीच तिसरे विभक्तिचो अुपयोग जाता म्हणपाचें सकैल्या देखींवैल्यान ध्यानांत येतलें:

रामान बाणान वालीक माल्लो. हांतूंत रामान ह्या अुतरांत करणी करतल्याची आनी बाणान ह्या अुतरांत करणेच्या सादनाची तिसरी विभक्ती घाल्या.[१०१]

तो बैल अेका दोळ्यान कुड्डो. ती बायल हातान अचकूल आनी पांयान थोंटी. हो भुरगो रुपान सुंदर. हांतूंत दोळ्यान, हातान, पांयान, रुपान ह्या अुतरांत कुडिच्या गात्रांची विद्रुपाय वा सुरुपाय दाखोवंक तिसरी विभक्ती घाल्या.[१०२]

**पांचवी विभक्ती**—कोंकणींत पांचवे विभक्तींत अेकवचनांत आनी भौवचनांत नामांक **सून, थावन, थान, आन, च्यान, साकून, थाकून, पासून, पासि, पास्ट** आनी **कूय** हीं चंड घोळटेतलीं अव्ययां लागतात. देखीक—घर**सून**, घरा**थावन**, घरा**थान**, घर**च्यान**, घरा**साकून**, घरा**थाकून**, घरा**पासून**, घरा**पासि**, घरा**पास्ट**, घरा**कूय**, घरां**थाकून**, घरां**पासून**, घरां**कूय**.

हीं अव्ययां खैंच्यान आयलीं? प्राकृतांत नामांक आनी सर्वनामांक पांचवेच्या अेकवचनांत **हिन्तो** आनी भौवचनांत **हिन्तो** आनी **सुन्तो**

---

१०१ सिकौ. ५६१। कर्तृकरणयोस्तृतीया। २-३-१८.

१०२ सिकौ. ५६५। येनाङ्गविकारः। २-३-२०.

हीं अव्ययां लागतात. देखीक—वच्छाहिन्तो=रुखाकडसून. वच्छाहिन्तो, वच्छासुन्तो=रुखांकडसून. हांतूंतल्या **सुन्तो** पासून कोंकणी **सून** आनी **हिन्तो** पासून **अून** जावन हेर अव्ययां घडलीं. **सुन्तो** चे देखीन **हिन्तो** चें **हुन्त** जालें. अुच्चार-बदलाच्या नेमान **अि** चो **अु** जाता. देखीक—**अिक्षु** > **अुच्छु** > **अूंस**. विश्णू > **वुश्णा**. पाली : **द्वितीया** > **दुतिया**.[१०३] **हिन्तो** पासून जाल्लें **हूंत** रूप बाराव्या शेंकड्यांत हिंदी भाशेंत घोळटालें. देखीक—केतीक दूर अजमेर **हूंत**?=अजमेरसून कितलें पैस?[१०४]

**सून**—अुतराच्या सोंपत्यार नाखया व्यंजनाक जोडून **क** पासून **प** वर्गांतलें जें व्यंजन येता तें चेडकरून त्या नाखया व्यंजनाचें रूप घेता. देखीक—**कदम्ब** > **कदम्म** > **कर्दम**. **गोविन्द** > **गोविन्न** > **गोंवीन**. **मुकुन्द** > **मुकुन्न** > **मुकून**. गुजराथी : **मकन**. **करण्ड** > **करण्ण** > **करंण**. **राजेंद्र** > **राजेन्न** > **राजेन** (बावू). **शुण्डा** > **सुण्ड** > **सुन्न** = **सोंड**. **खण्ड** > **खन्न** = (कुडको). **स्तम्भ** > **थम्म** = **खांबो**.[१०५] **जांदा** (**जान्दा**) > **जाना** = वचत. **हुंदा** (**हुन्दा**) > **हुना** = आसत. **मारन्तो** > **मारनू** = मारीत.[१०६] हेच रितीन **सुन्त** > **सुन्न** > **सून** हें कोंकणी अव्यय जालें. ह्या भायर जोड व्यंजनांतलें निमाणें व्यंजन लिपता म्हणपाचें पाणिनिलें सूत्र आसा.[१०७] हे भाशेन **सुन्त** हांतूंतलें **त्** लिपून **सुन्** > **सून** अशेंय कोंकणी अव्यय जावं येता. **घरसून** म्हळ्यार **घराकडसून**.

---

१०३ वररुचि, प्राप्र. अुदिक्षुवृश्चिकयोः । १-१५.

१०४ Beames, Comp. Gr., II, 234.

१०५ Bhandarkar, WPL., p. 200.

१०६ Beames, Comp. Gr., III, 123, 124.

१०७ सिकौ. ५४ । संयोगान्तस्य लोपः । ८.२.२३.

कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनी हें अव्यय थोड्याशा बदलान घोळटा. **बापायकडसून** ह्या अर्थाचीं सकैल्या भासांतलीं अुतरां पळ्यातः व्रजः दाअू**सूं**. मारवाडी, जयपुरी, माळवीः बाप**सूं**. बनाफरीः बापस**अुं**. नेपाळीः बाबु**सुं**.[१०८] **सून** हांतूंतल्या **न** चो अनुस्वार जावन **सू** चेर पडून **सूं** हें रूप जालें.

**थावन**—प्राकृत **तद्** चें पुरुशलिंगी आनी नपुंसकलिंगी पांचवेचें अेकवचन **ताहिन्तो**=ताचेकडसून हाचे पासून **थावन** हें अव्यय जालें. ताहिन्तो > ताहुन्तो > ताहुन्त > ताहुन्न > ताहून >**थाअून**>**थावन** अशे तरेन हें रूप घडलां. **घराथावन** म्हळ्यार घर + ताचेकडसून = **घरसून. ताचेकडसून** हांतूंतलें **तें** म्हळ्यार **घर. ताचे** म्हळ्यार **घराचे.**

**थान**—हें **थावन** चें मोटवें रूप. **घराथान** म्हळ्यार **घराथावन.**

कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनी हीं अव्ययां थोड्याशा बदलान घोळटात. **बापायकडसून** ह्या अर्थाचीं सकैल्या भासांतलीं अुतरां पळ्यातः लहंदीः पिअू**थाओं**. गादी हिमालयीः बबा**थअुं**. रामबनी काश्मिरीः बाब्बा**थां**. बशगलीः तोत**तां**. कच्छीः पेव**टां**. पंजाबीः पिओ**थों**. कुमावनीः बाब**थैं**. चमेआळीः बाबा**थौं**.[१०९]

**आन**—वैल्या **थान** पासून हें अव्यय जालां. अुच्चार-बदलान **था** चो **हा** जालो[११०] आनी तो मोवाळून **आ** जालो. हें अव्यय थळ आनी काळ दाखैतल्या कांय विशेशणांक लागता. देखीक—आदलो +

---

१०८ LSI., I, ii, 129. LSI., IX, iv, 88, 89.

१०९ LSI., I, ii, 129. LSI., IX, iv, 360, 361, 380.

११० वररुचि, प्राप्र. खघथधभां हः। २.२७. शपथ > सव**हो**=सपूत.

**थान**=आदलो+**आन**=आदल्**यान.** हेंच भाशेन भायल्**यान**, फाटल्**यान**, फुडल्**यान**, भितल्ल्**यान**, मकल्**यान**, वेल्**यान**, लागशिल्**यान**, पेंशिल्**यान**, आयल्**यान**, पल्**यान.**

**च्यान**—वेदीक संस्कृत **त्यद्** आनी प्राकृत **हिन्तो** मेळून हें अव्यय जालां. ऋग्वेदांत **तद्** सर्वनामावरी **त्यद्** हेंय सर्वनाम जायतें घोळटा. पाणिनीन तें कांय सर्वनामांच वळेरेच्या माथ्यार घालां.[१११] पूरंत लोकीक संस्कृतांत तें सामकेंच फाटीं पडून गळ्ळें. ताची अकवचनी पेली विभक्ती पुरुशलिंगी **स्य:**, स्त्रीलिंगी **स्या** आनी नपुंसकलिंगी **त्यत्.**[११२]

**तद्**+हिन्तो मेळून जशें **ता**हिन्तो तशेंच **त्यद्**+हिन्तो मेळून **त्या**हिन्तो. **ता**हिन्तो चें जशें **थावन**>**थान** हें रूप जालें तशेंच **त्या**हिन्तो चें **च्यावन**>**च्यान** हें रूप जालें. अुचार-बदलाच्या नेमान **त्य** चें **च्च** जाता.[११३] ह्या **च्च** चें कोंकणींत **च्य** जालें. घर**च्यान** म्हळ्यार घर+**त्या**हिन्तो घर+**ना**चेकडसून=घरा**चे** कडसून=घरसून.

**साकून**—संस्कृत **साकम्**=वांगडा, हांतूंत **हिन्तो** मेळून हें अव्यय जालें. **हिन्तो** चें **हुन्त**>हुन्न>**हून**>**अून** जाता. घरा**साकून** म्हळ्यार घर+**वांगडा**+अून=घरा **वांगडून**=घर**सून.**

**थाकून**—हें साकूनचें बदल्लें रूप. कोंकणींत जायते फावटीं **स** चें **थ** जाता. ना**सून** बदला ना**थून** आनी ना**सिल्लो** बदला ना**तिल्लो** वा ना**थिल्लो**[११४] अशेंय म्हणटात. कोंकणींत ही देख वेदीक संस्कृतांतसून

---

१११ सिकौ. २६५ । त्यदादीनाम । ७.२.१०२

११२ Whitney, Sanskrit Gr., § 499a, p. 191.

११३ वररुचि, प्राप्र. त्यथ्यद्यां चछजाः । ३.२७. सिद्धहेम, त्योऽचैत्ये । ८.२.१३.

११४ Estevão, § 507, p. 105. लेख नाथिललो-दुइ नासिल्लो, नातिल्लो, नाथिल्लो, नाथलल्लो.

आयल्या. तांतूत **त** बदला **स** घोळटा; म्हळ्यार तस्मिन् बदला जायते कडेन **सस्मिन्** घाल्लें मेळटा.[११५] पंजाबी **सा**=आसलो, **सी**=आसली हांचे बदला हिंदुस्तानींत अनुक्रमान **था, थी** हीं अुतरां घोळटात.[११६]

कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनीं हें अव्यय थोड्याशा बदलान घोळटा. बंगाली: बाप**थेके**=बापायथाकून, बापायकडसून. बरीपांत **थाकिया** वरीन अुच्चार **थेके** असो करतात.[११७] गुजराथी: झाड**थकी** पादडां पडे छे=रुखाथाकून पानां पडात.[११८]

**पासून**—संस्कृत: **पार्श्व**, पाली: **पस्स**, प्राकृत: **पस्स, पास**=कूस. हांतूंत **हिन्तो** पासून जाल्लें **अून** मेळून **पासून** हें अव्यय जालें. घरा **पासून** म्हळ्यार घर + **पास + अून** = घरा**कुशीसून.** दक्षिण-पश्चिम बंगालींत हें अव्यय घोळटा. देखीक—बापुर-**पास्नु** = बापायपासून.[११९]

**पासि**—हेंय अव्यय संस्कृत **पार्श्व** पासून जालां. ताचे **पासि** हो वायट.[१२०] हांगा ताचे **पासि** म्हळ्यार ताचे **कुशीक,** ताचे **परस.** केळ्या **पासि** आंबो बरो = केळ्या **कुशीक,** केळ्या **परस** आंबो बरो.

**पास्ट**—हें अव्यय **पार्श्वस्थ**=कुशीक आशिल्लो, ह्या अुतरापासून जालां. अुच्चार-बदलान **स्थ** चें **ठ** जाता.[१२१] देखीक—**स्थान > ठाण**

---

११५ Whitney, Sanskrit Gr., § 495$^{b}$, p. 190.

११६ LSI., IX, i, pp. 57, 631.

११७ LSI., I, ii, p. 129. LSI., V, i, p. 34.

११८ Shapurji Edalji, Grammar of the Gujarati Language, p. 32. LSI., IX, ii, p. 354.

११९ LSI., I, ii, p. 129.

१२० Estevão, § 573, p. 126.

१२१ सिद्धहेम. ठो ऽस्थि विसंस्थुले । ८.२.३२. अस्थि>अठी=हाड.

हे भाशेन **पार्श्वस्थ > पासठ > पासट > पास्ट** हें अुतर जालें. दोगांचे सराबरींत अेका परस दुसरो अुणो वा वायट ह्या अर्थान हें अव्यय अुपकारायतात. देखीक—ताचे **पास्ट** हो.[१२२] म्हळ्यार ताचे कुशीक आशिल्लो हो; ताचे सराबरिचो न्हंय; ताचे परस अुणो, वायट.

वैल्या अव्ययांतलें फक्कत **पासून** हें अेकूच अव्यय मराठींत घोळटा.

**सून, थावन, थान, च्यान, साकून, थाकून, पासून** हीं अव्ययां क्रियाविशेशणांकूय लायतात. देखीक—हांगा**सून**, हांगा**थावन**, हांगा**थान**, हांगा**च्यान**, हांगा**साकून**, हांगा**थाकून**, हांगा**पासून**. हेच भाशेन **खैं, थैं, जैं, भितर, भायर, वैर, सकैल, पैस, लागीं** बी क्रियाविशेशणांक हीं अव्ययां लावचीं. **लागीं** हाका **सून** आनी **च्यान** लावन **लागसून, लागच्यान** अशीं रुपां जातात.

**कूय**—संस्कृत **कुतः** पासून हें अव्यय जालां. **किम्** सर्वनामाक पांचवे विभक्तिचें पुरुशलिंगी आनी नपुंसकलिंगी अेकवचनी **स्मात्** हें कूस लावन क**स्मात्**=कोणाकडसून अशें रूप जाता. तशेंच, **तस्** हें कूस लावन **कुतः** हें रूप जाता. हें कूस लागच्या वेळार **किम्**चो **कु** जाता.[१२३] **कुतः**चो अर्थ **कस्मात्** सारकोच जाता. अुच्चार-बदलाच्या नेमान **कुतः** चें कुअः>**कुओ** जाता.[१२४] हाचेंच कांय काळान कुअ > कुय > **कूय** जालें. **कूय** बदला जायते फावटीं **कंय, कअी, की, क** हींय कुसां अुपकारायतात. देखीक—ह्या

१२२ Estevão, § 577., pp. 126, 127.

१२३ सिकौ. १९५३। पंचम्यास्तसिल्। ५.३.७. सिकौ. १९५४। कु तिहोः। ७.२.१०४.

१२४ वररुचि, प्राप्र. कगचजतदपयवां प्रायो लोपः। २.२.

घराकूय तें घर बरें. हांतूंत घराकूय म्हळ्यार, घर+कोणाकडसून=घराकडसून=घरा परस. हांतूंतलें कोण हें अंतर [illegible] लागता. संस्कृत **किम्** वा **कु** हाचो अर्थ तांतूंत भल्ला. घराकूय हाचे बदला घराकय, घराकी, घराक अशेंय म्हणटात. पंगवाली हिमालयींत **कियां** हें अव्यय लायतात. देखीक—दहीकियां लम्मा=भैणीकूय अुंच.[125] **कूय** कूस सर्वनामांक आनी क्रियाविशेशणांकूय लागता.

सर्वनामां आनी क्रियाविशेशणां हांकां **कूय** अव्यय लागतना ताचे आदीं **चे** लागून **चे**कूय अशें रूप जाता. वेदीक संस्कृत **त्यद्** पासून ही **चे** जाल्या. त्यद्+कुतः=**च्च**[126]+कूय=च्य+कूय > **चे**कूय=चो (तो) कोणाकडसून. देखीक—हाचेकूय शाणू बरो; म्हळ्यार हो+चो (तो) कोणाकडसून शाणू बरो; म्हळ्यार ह्या–त्या कोणापरस शाणू बरो. हा**चे**कूय बदला हा**जे**कूय अशेंय म्हणटात. हेच भाशेन ता**जे**कूय, म**जे**कूय वा म्हजेकूय, तु**जे**कूय हीं रुपां अनुक्रमान ता**चे**कूय, म**चे**कूय वा म्हचेकूय, तु**चे**कूय हांचे पासून जाल्यांत. अुच्चार-बदलान **च** चें **ज** जाता.[127] देखीक—पिशा**ची**>पिसा**जी**=पिशें लागिल्लो. हाजो, ताजो, मजो वा म्हजो, तुजो ह्या धन-विशेशणांक **कूय** कूस लागून हाजेकूय, ताजेकूय, मजेकूय वा म्हजेकूय, तुजेकूय हीं रुपां जावंक नात हें ध्यानांत दवरचें. तीं तशीं जाल्लीं जाल्यार हाजे**चे**कूय, ताजे**चे**कूय, मजे**चे**कूय वा म्हजे**चे**कूय, तुजे**चे**कूय अशीं जातलीं आसलीं. **चे**कूय वा **जे**कूय हांचे बदला **च्याक**, **ज्याक** अशेंय म्हणटात. देखीक—हा**च्याक**,

१२५ LSI., IX, iv, p. 850.

१२६ वररुचि, प्राप्र. त्यथ्यद्यां चछजाः । ३.२७.

१२७ Pischel, Prakrit Grammatik, § 202, p. 145. सिद्धहेम. ८.१.१७७. पिशाची तु पिसाजी स्याचस्य जत्वेन कुत्राचित्।

हाज्याक, ताऱ्याक, ताज्याक, मज्याक वा म्हज्याक, तुज्याक. क्रियाविशेशणांक **चेकूय** लागिल्ल्यो देखीः—हांगा**चेकूय**, थैंचेकूय, खैंचेकूय. हांगाचेकूय=हांगा + **चो** (तो) कोणाकडसून म्हळ्यार हांगा + **ऱ्या** (त्या) जाग्याकडसून, जाग्यापरस.

**सटवी विभक्ती**—कोंकणींत हे विभक्तिचीं दों तरांचीं रुपां घोळटातः (१) **रुखा** खांदो. **धुवे** घोव. **केळी** पान. (२) **रुखाचो** खांदो. **म्हजो** हात. **म्हगेलो हात.** धुवे**लो** घोव. हांतूंतल्या पैल्या रुपांत दुसरे आनी चौथे विभक्तीवरी कूस भरून सांदलां. तें आमकां दिसना. दुसऱ्या रुपांत **चो, जो, गेलो** आनी **लो** हीं कुसां आमकां दिसतात.

पैल्या रुपांत कसलें कूस सांदलां? संस्कृतांत **अ** न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी आनी नपुंसकलिंगी नामांचें सटवेंचें अकवचनी कूस **स्य** आसा. देखीक—देव**स्य**=देवाचो. वन**स्य**=रानाचो. पालींत आनी प्राकृतांत ह्या **स्य** चें **स्स** जाता. देखीक—पाली : पूरि**स्स**= दादल्याचो. प्राकृत : वच्छ**स्स**=रुखाचो. मागधींत ह्या **स्स** चें **ह** जावन, नामाक हें लागच्या वेळार नामाच्या निमाण्या **अ** चो **आ** जाता; म्हळ्यार **स्स** बदला नामाक **आह** लागता.[१२८] देखीक—पु**त्ताह** =पुताचो.[१२९] हांतूंतलें **ह** मोवाळून **अ** जालें आनी तें आदल्या **अ** 'त सांदून पुत्ताह > पुत्ताअ > पुत्ता, पुता हें कोंकणी रूप जालें. हे फोडणिशेवैल्यान पैल्या रुपांत संस्कृत **स्य** पासून जाल्लें **स्स** > **ह** कूस मोवाळून सांदलां म्हणपाचें रुजू जाता. हें कूस लागच्या वेळार पुरुशलिंगी आनी नपुंसकलिंगी नामांच्या निमाण्या अक्षरांत **आ** आनी

---

१२८ सिद्धहेम. अवर्णाद्वा ङसो डाहः । ८.४.२९९.

१२९ Pischel, Prakrit Grammatik, § 363, p. 248.

३४५२ २७।३।५३

स्त्रीलिंगी नामांच्या निमाण्या अक्षरांत अे आनी केन्नाकेन्ना **अी** घोळ्टा. रुखा खांदो, धुवे घोव, केळी पान ह्या देखींत हें अुकतें दिसता. कोंकणींत स्त्रीलिंगी नामांचीं संटवेचीं अेकवचनी रुपां अे आनी अी न सोंपून धुवे, केळी अशीं जाल्यांत, तशींच प्राकृतांत जातात. देखीक—रमाअे, रमाअि = रमेचो. रुअीअे-अि = रुचिचो. नअीअे-अि = न्हंयेचो. धेणूअे-अि = गायचो. वहूअे-अि = व्होंकलेचो. दुहिआअे-अि = धुवेचो.

दुसऱ्या रुपांत **चो, जो, गेलो** आनी **लो** हीं विशेशणी कुसां आसून गुण-वस्तिच्या वा धन-वस्तिच्या लिंग-वचना भाशेन बदलतात; म्हळ्यार **चो-चे, ची-च्यो, चें-चीं; जो-जे, जी-ज्यो, जें-जीं; गेलो-गेले, गेली-गेल्यो, गेलें-गेलीं; लो-ले, ली-ल्यो, लें-लीं**; अशीं ह्या कुसांचीं रुपां जातात. देखीक—रुखा**चो** खांदो, रुखा**चे** खांदे; रुखा**ची** साल, रुखा**च्यो** साली; रुखा**चें** पान, रुखा**चीं** पानां.

आतां हीं कुसां कशीं जालीं पळौंया.

**चो**—संस्कृत **त्य** कुसापासून हें कूस जालां.[130] संस्कृतांत कांय अव्ययांक **त्य** कूस लावन अमकेकडेन जाल्लो, वाडिल्लो वा अमकेकडचो ह्या अर्थाचीं विशेशणां घडटात. देखीक—दक्षिणा + **त्य** = **दा**क्षिणा**त्य** = दाक्षिण दिशेक जाल्लो, दक्षिण दिशेंत वाडिल्लो, दक्षिण दिशेकडचो, दक्षिणेचो.[131] हें कूस गुण-वस्तिच्या वा धन-वस्तिच्या लिंगाभाशेन बदलता; म्हळ्यार पुरुशलिंगी **त्यः**, स्त्रीलिंगी **त्या** आनी नपुंसकलिंगी **त्यम्** जाता. तशेंच तें वचनाभाशेनूय बदलता. हांतूंतल्या पुरुशलिंगी **त्यः**चो आदीं **त्यो** जालो. **अः** चो **ओ** कसो जाता म्हणपाचो समज

१३० Bhandarkar, WPL., p. 257. Beames, Comp. Gr., II, p. 110. Katre, § 220, p. 110.

१३१ सिकौ. १३१८। दाक्षिणापश्चात्पुरसस्त्यक्। ४.२.९८.

ओकाराचे फोडणिशेंत घाला. अुच्चार-बदलाच्या नेमान ह्या **त्यो** चें कोंकणींत **चो>ची** हें गुण-विशेशणी आनी धन-विशेशणी क्रूस घडलें.[१३२] कोंकणी रुखा**चो** हें रूप वृक्ष**त्यः**> वृक्ष**त्यो**> **रुक्ख**त्यो> रुक्ख**च्चो**> **रुखाचो** हे तरेन जालां. रुखाचो म्हळ्यार रुखाक जाल्लो, रुखाक वाडिल्लो. हांगा अेक गजाल ध्यानांत येता ती ही: संस्कृतांत **त्य** क्रूस, कांय अव्ययांकूच लागून तांचें विशेशण घट्टा. परंत ताचेपासून जाल्लें **चो** क्रूस कोंकणींत अव्ययांचीं, नामांचीं आनी सर्वनामांचीं विशेशणां घट्टा. देखीक—हांगा**चो**, थैं**चो**, काल**चो** हीं अव्ययी गुण-विशेशणां वा धन-विशेशणां. रुखा**चो**, धुवे**चो**, केळि**चो** हीं नामी धन-विशेशणां. आम**चो**, तुम**चो** हीं सर्वनामी धन-विशेशणां.[१३३]

कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनीं **चो** क्रूस तशेंचें तशें वा कांय बदलान घोळटा. देखीक—सिंधीः वेडहीं**चो**=रानाचो. गोठे**चो**=गांवाचो. पाडे**चो**=वाड्याचो.[१३४] तोरवाली कोहिस्तानी : बप**चे**=बापाय**चो**. मराठीः बापा**चा**=बापायचो.[१३५]

**जो**—संस्कृत **ईय** कुसापासून हें क्रूस जालां.[१३६] सर्वनामांच्या देंटांक हें क्रूस लावन सर्वनामी धन-विशेशणां घडची चाल संस्कृतांत

---

१३२ वररुचि, प्राप्र. त्यध्ययां चछजाः। ३.२७. नित्य>णिच्चं=सदीं.

१३३ अस्मत्+त्यः = अस्मत्त्यः > अस्मत्त्यो > अम्हच्चो > आमचो. युष्मत्+त्यः>युष्मत्त्यः>युष्मत्त्यो>तुम्हच्चो>तुमचो. प्राकृतांत अम्हेच्चयं =आमचें, तुम्हेच्चयं=तुमचें हीं नपुंसकलिंगी रुपां घोळटात. हेमचंद्राच्या व्याकरणांत तीं मेळटात. (सिद्धहेम, ८.२.१४९). तीं अनुक्रमान अस्मत्यं आनी युष्मत्यं पासून जाल्यांत, हांतूंत दुभाव ना.

१३४ Beames, Comp. Gr., II, p. 110.

१३५ LSI., I, ii, p. 125.

१३६ Bhandarkar, WPL., p. 257.

आसा. अमक्याक जाल्लो, अमक्याचो ह्या अर्थान हें कूस लायतात. देखीक—मत्+**ईय=मदीय.** त्वत्+**ईय=त्वदीय.** तत्+**ईय=तदीय.** अेतत्+**ईय=अेतदीय.**[१३७] हें कूस धन-वस्तिच्या लिंगा-भाशेन बदलता; म्हळ्यार पुरुशलिंगी **ईयः**, स्त्रीलिंगी **ईया** आनी नपुंसकलिंगी **ईयम्** जाता. तशेंच तें वचनाभाशेनूय बदलता. हांतूंतल्या पुरुशलिंगी **ईयः** चो **ईयो** जावन मागीर अुच्चार-बदलाच्या नेमान कोंकणींत **ज्जो>जो** हें धन-विशेशणी कूस घडलें.[१३८] हे तरेन, वेर दिल्ल्या संस्कृत देखिंचीं अनुक्रमान म**जो** वा म्ह**जो**, तु**जो**, ता**जो** आनी हा**जो** अशीं रुपां जालीं. हें कूस चडकरून सर्वनामांकूच लागता. नामांक लागिल्लें दिसना. देखीक—

"ता**जी** दशा पळोन हरी हांसुन ताका अुलैलो."
"ता**जें** फळ मोक्ष शांति मेळतली रे ती तुका."
"हा**जो** विचार करन तूं कर अिश्ट दिसता जें मना."[१३९]

सिंधींत **जो** कूस जायतें घोळटा.[१४०] तांतूंत तें सर्वनामांक तशेंच नामांकूय लागता. देखीक—तहिं**जे** भेणु=ताजी भेण. मृ**ज़े** भाअु**जो** सिरु=मज्या भावाची तकली.[१४१]

---

१३७ सिकौ. १३३६ । त्यदादीनि च । १.१.७४. सिकौ. १३३७ । वृद्धाच्छः । ४.२.११४.

१३८ वररुचि, प्राप्र. अुत्तरीयानीययोर्ज्जो वा । २.१७. अुत्तरीय> अुत्तरिज्जं=खांदार घेवचें मूण.

१३९ तेलंग, भगवद्गीतासार, पा. १,१०.

१४० LSI., I, ii, 125. Bhandarkar, WPL., p. 256. Beames, Comp. Gr., II, p. 276.

१४१ Bhandarkar, WPL., p. 122.

मराठींत **माझा–झा, तुझा–झा** हीं दोनूच रुपां कोंकणी **जो** कुसाकडेन नातें दाखैतात. **जो** चो **जा** करून कोंकणींतसून तीं मराठींत गेल्यांत जातलीं.

**गेलो**—हें धन-विशेशणी कूस[१४२] आसून सर्वनामांक आनी मनीस-नामांक लागता. देखीक—**मगेलो,** आम**गेलो,** तु**गेलो,** तुम**गेलो,** रामा**गेलो.** हें कूस संस्कृत **अकीन** कुसापासून जालां. **अक्** आनी **ईन** मेळून दोन कुसांचें हें घडलां. पुरुशलिंगी **अकीनः,** स्त्रीलिंगी **अकीना** आनी नपुंसकलिंगी **अकीनम्.** ऋग्वेदांत **अकीना** कूस लायल्लें स्त्रीलिंगी **माकीना**=मगेली हें सर्वनामी धन-विशेशण मेळटा. 'आ प्र यात मरुतो विष्णो अश्विना पूषन् **माकीनया** धिया' (ऋ. ८.२०.८)= 'मरुत, विश्णू, अश्विन आनी पूषा मेळून देवांनू, **मगेले** (हांवें केल्ले) तोखणायेन तुमी बेगीन (पुजेक) येयात.'[१४३] पुरुशलिंगी **माकीनः** हाचेपासून **माकीनो** > माकेनो > मागेनो > मागेलो > **म**गेलो हें कोंकणी सर्वनामी धन-विशेशण जालें. **त्यः** आनी **ईयः** ह्या कुसांचीं अनुक्रमान **त्यो** आनी **ईयो** रुपां जालीं तशेंच माकी**नः** चें माकी**नो** रूप जालें. हांतूंतले **की** ची **के** जावन मा**के**नो रूप जालें **ई** ची **ए** जाता. देखीक—संस्कृत **की**दृशः पासून **के**द्दह>केदो, वा **के**ह>**के**हो, वा **के**रिसो>**के**सोलो, कसलो हीं अुतरां जाल्यांत.[१४४] मागीर **क** चें **ग** जावन मा**के**नो चें मा**गे**नो[१४५] आनी **न** चें **ल** जावन मागे**नो** चें मागे**लो**

---

१४२ Estevão, § 64, p. 20; § 104, p. 34.

१४३ Whitney, Sanskrit Gr., § 516$^{b}$, p. 197.

१४४ Pischel, Prakrit Gr., § 122, p. 98 . § 262, p. 182. सिद्धहेम, अेत् पीयूषापीड बिभीतक कीदृशेदृशे । ८.१.१०५.

१४५ सिद्धहेम, मरकतमदकले गः कन्दुके त्वादेः । ८.१.१८२. कन्दुक>गेंदुअ=चेंडू. आकाश>आगास=मळब. Pischel, Prakrit Gr., § 202, p. 145.

आनी निमाणें **मगेलो** हें रूप जालें.[१४६] संस्कृत आत्म**नः** पासून आत्म**नो**>**अप्पणो**>आप**लो** हें कोंकणी अुतर जालां. हे भाशेन **न** चें **ल** जाता. वेदीक **माकीनः** हाचे बदला लोकीक संस्कृतांत **मामकीनः** हें अुतर चंड घोळटा. परंत हाचेपासून कोंकणी **मगेलो** हें अुतर जावंक ना. वैले फोडणिशे भाशेन तें **माकीनः** पासून जालां हांतूंत दुभाव ना. हेच तरेन **आस्माकीनः** पासून आस्माकी**नो**>आस्माकेनो> **आम्हागे**नो > आम्हागे**लो** > आम**गेलो**; **यौष्माकीणः** पासून यौष्मा-की**णो** > यौष्माके**णो**>**तुम्हागे**णो>तुम्हागे**लो**>तुम**गेलो** ; **त्वाकीनः** पासून त्वाकी**नो** > त्वाके**नो** वा **तुके**नो > **तुगे**नो > तुगे**लो.** पालींत आनी प्राकृतांत **युष्म्** चें **तुम्ह** जाता. संस्कृतांत अेकवचनांत ताका **त्वम्, त्व, तव, तु** हीं रुपां येतात. वैल्या धन-विशेशणांचे देखीन हागेलो, हिगेलो, तागेलो, तिगेलो, जागेलो, जिगेलो, आपणागेलो, कोणागेलो, अेकागेलो, अमक्यागेलो, हेरागेलो हीं सर्वनामी धन-विशेशणां जाल्यांत.

वैर दिल्लीं संस्कृत धन-विशेशणां **अक्** आनी **ईन** कुसां लावन जाल्यांत. संस्कृतांत नेर्ण-आशिल्ली वस्त वा मनीस हांचे संबंधान अुलोवचें आसल्यार अुतराक **क** वा **अक्** कूस लायतात.[१४७] हे चालीन संस्कृत **मत्, त्वत् , अस्मत्** आनी **युष्मत्** हांकां **अक्** कूस लावन अनुक्रमान म**कत्** (म्+अक्+अत्), त्व**कत्** (त्व्+अक्+अत्), अस्म**कत्** (अस्म्+अक्+अत्) आनी युष्म**कत्** (युष्म्+अक्+अत्) हीं सर्वनामी अुतरां जालीं.[१४८] हांचीं विभक्ती लायल्लीं रुपां लोकीक संस्कृतापरस

---

१४६ सिद्धहेम, निम्बनापिते ल अेहं वा । ८.१ २३०. निम्ब>लिंबू. नवनीत>लोणी.

१४७ सिकौ. २०२८। अज्ञाते। ५.३.७३.

१४८ सिकौ. २०२६। अव्ययसर्वनाम्नामकच् प्राक् टेः । ५.३ ७१.

वेदीक संस्कृतांत जायतीं मेळटात. देखीक—'अस्माकेन वृजनेना जयेम'= 'आमच्या बळान आमी जिखूं.'[१४९] 'अस्माकेभिर्नृभिः'=' आमच्या लोकां वांगडा.'[१५०] 'युष्माकाभिरूतिभिः'=' तुमचे राखणेन वा पालवान.'[१५१] हांतूंतलीं दोनूच अुतरां म्हळ्यार **अस्माकम्** आनी **युष्माकम्** हीं लोकीक संस्कृतांत अुल्यांत. हीं अनुक्रमान अस्मकत् आनी युष्मकत् हांचीं नपुंसकलिंगी अेकवचनी रुपां. संस्कृतांत सर्वनामांचो सटवेचो भौवचनी अंत **साम्** आशिल्ल्यान अस्मत् आनी युष्मत् हांचीं अनुक्रमान **अस्मेषाम्** आनी **युष्मेषाम्** अशीं रुपां जावंक जाय आशिल्लीं. परंत पाणिनीन **साम्** बदला **आकम्** असो हांचो अंत दिवन **अस्माकम्** आनी **युष्माकम्** अशीं रुपां जातात अशें म्हळां.[१५२] हाचें कारण अस्मकत् आनी युष्मकत् ह्या नेणविकायेच्या सर्वनामांवेल्यान हीं जाल्यांत हेंच आसूंक जाय. अस्मत् आनी युष्मत् हांचेपासून तीं जावंक नात.

मकत्, त्वकत्, अस्मकत् आनी युष्मकत् हांकां **अीन** कूस लावन अनुक्रमान मा**कीन,** त्वा**कीन,** आस्मा**कीन** आनी यौष्मा**कीण** हीं धन-विशेशणां जालीं. अमक्याक जाल्लो वा अमक्याचो ह्या अर्थान **अीन** कूस लायतात. हे भाशेन, ह्या अुतरांचो अर्थ म्हाका जाल्लो वा मगेलो, तुका जाल्लो वा तुगेलो, आमकां जाल्लो वा आमगेलो, तुमकां जाल्लो वा तुमगेलो असो जाता. होच अर्थ कोंकणींत घोळटा.

मराठींत **गेलो-ली-लें** हें कूस लायल्लीं धन-विशेशणां निखाल्स नात. देखून, **कोंकणी परस मराठी वेगळी.**

---

१४९ ऋग्वेद १०.४२.१०; ४३.१०; ४४.१०.
१५० ऋग्वेद १.१००.६.
१५१ ऋग्वेद १.३९.८.
१५२ सिकौ. ४०० । साम आकम् । ७.१.३३

कोंकणी आमगेलो आनी तुमगेलो ह्या अर्थाचीं आनी हांकां जमणीं अम्हकेरो आनी तुम्हकेरो हीं अुतरां प्राकृतांत घोळटात. हेमचंद्रान आपल्या व्याकरणांत तीं दिल्यांत.[१५३] संस्कृत आस्माकीनः आनी यौष्माकीणः हांचेवैल्यान तीं जाल्यांत. अुच्चार-बदलाच्या नेमान कोंकणींत **कीनः** चें **गेलो** हें रूप जालें तशेंच प्राकृतांत **केरो** हें रूप जालें. **न** वा **ण** चें **र** आनी **र** चें **ण** जाता. देखीक—क**र्ण**पूर>का**रा**फूल (बायलांची कानांत घालची भांगराची अेक वस्त). क**र्ण**पालि>का**रा**ब (बायलांची कानांत घालची भांगराची दुसरी अेक वस्त). क**रे**णु>क**णे**रू=हतीण.[१५४] क**र**वीर>क**ण**वीर-क**र**वील (रोसाक, गांठींक, तोयाक बी फोडणा घालचो पालो.[१५५]) पालींतूय **ण** चें **र** जाता. देखीक—पू**र्ण**ः>पु**ण्णो**>पू**रो**= भरिल्लो. हेच तरेन, आस्माकी**नः**>आस्माकी**नो**> आ**म्ह**ा**के**नो > आम्हाके**रो**> **अम्ह**केरो आनी यौष्माकी**णः**>यौष्माकी**णो**>**तुम्हा**के**णो** >तुम्हाके**रो**>तु**म्ह**केरो हीं प्राकृत अुतरां जालीं. कोंकणींत जशीं **गेलो-गेली-गेलें** हीं तीन लिंगी रुपां घोळटात तशींच प्राकृतांत **केरो-केरी-केरं** हीं रुपां घोळटात. मुदलाक संस्कृतांत **अकीन** हें कूस सर्वनामांक लागतालें. परंत ताचेपासून जाल्लीं कोंकणी आनी प्राकृत रुपां नामांकूय लागूंक लागलीं. देखीक—कोंकणी : **राया**गेलें. प्राकृत : **राय**केरं.

पोरणे हिंदींत आनी गुजराथींत **केरो** कूस घोळटालें. देखीक— हिंदी : दिष्टि चाहुवान **केरी**=चाहुवानागेली (चाहुवानाली) नदर. गुजराथी : चंपक **केरो** बेटडो=चंपकागेलो (चंपकालो) पूत.[१५६]

---

१५३ सिद्धहेम. अिदमर्थस्य केरः। ८.२.१४७। प्रत्ययस्य अिदमर्थस्य 'केर' आदेश अिष्यते। **तुम्हकेरो अम्हकेरो** युष्मदीयास्मदीययोः ।

१५४ सिद्धहेम. करेणू-वाराणस्योः र-णोर्व्यत्ययः । ८.२ ११६.

१५५ सिद्धहेमः करवीरे णः । ८.१.२५३.

१५६ Beames, Comp. Gr., II, pp. 281, 283.

कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनीं अजुनूय हें कूस कांय बदलान घोळटा. देखीक—**चापायगेलो, वापायलो** ह्या अर्थाचीं सकैलीं अुतरां पळ्यात. नगपुरिया, बिहारी, अवधी आनी बघेली: बाप**केर.** बनाफरी हिंदी: **बापकेरौ.** आसामी: बापे**कोर.**[१५७]

भास-शास्त्र्यांल्या मत्तान **केरो** हें कूस कार्य, कृत, कृतम् ह्या संस्कृत अुतरांवैल्यान जालां.[१५८] जावंये. पणून कोंकणी **गेलो** हें कूस **अकीनः > कीनः** पासून जालां म्हणपाचें घणघणीत दिसता.

**लो**—हें धन-विशेशणी कूस[१५९] आसून आपुण, कोण, हेर, अमको ह्या सर्वनामांक आनी मनशांच्या तशेंच मोनजातिच्या नामांक लागता. देखीक—आपणा**लो,** कोणा**लो,** हेरा**लो,** अमक्या**लो,** रामा**लो,** बैला**लो.**

हें कूस कशें जालें? **गेलो** कुसांतली **गे** गळून जालें? हाचेकूय तें दुसरे तरेन जालां-शें दिसता. संस्कृत **अि** आनी **अु** न सोंपिल्ल्या नपुंसकलिंगी नामांचो संटवेचो अेकवचनी अंत **नः** आसा. देखीक—वारि**णः** =अुदकाचो. मधु**नः** =म्होंवाचो. प्राकृतांत **अ** आनी **आ** न सोंपिल्लीं नामां सोडून हेर सगळ्या पुरुशलिंगी नामांच्या संटवेचो अेकवचनी अंत **णो** मेळटा. देखीक—गिरि**णो**=दोंगराचो. गुरु**णो**=शणैचो. राया**णो**=रायाचो. पिअु**णो**=बापायचो. संस्कृत **नः** चो **नो, णो** जावन अुच्चार-बदलाच्या नेमान कोंकणी **लो** जालो.[१६०] संस्कृत आत्म**न्** चें संटवेचें अेकवचन आत्म**नः** हाचें अप्प**णो** जावन ताचेंच अप्प**लो** > आप**लो** हें कोंकणी सर्वनामी धन-विशेशण जालें. हेच तरेन वैर देखीक दिल्लीं आपणा**लो,** कोणा**लो** बी रुपां जाल्यांत.

---

१५७ LSI., I, ii, p. 125.

१५८ Bhandarkar, WPL., p, 257. Pischel, Prakrit Gr., § 176, p. 130. Beames, Comp. Gr., II, pp. 285-287.

१५९ Estevão, § 64, p. 20.

१६० सिद्धहेम, निम्बनापिते लअेहं वा । ८.१.२३०. निम्ब > लिंबू.

सं. ... स्था ...



मेवाडी राजस्तानींत हें कूस **ळो** ह्या रुपान घोळटा. देखीक—घोडा**ळो**=घोड्यालो.[१६१] अुचार-बदलाच्या नेमान **ल** चें **ळ** जाता.[१६२]

**णो** कूस तशेंचें तशें वा कांय बदलान कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनीं अजून घोळटा. **बापायचो** ह्या अर्थाचीं सकैलीं अुतरां पळ्यात. डोडा सिराजी काश्मिरीः बब्बा**णो.** गुजराथीः बाप**नो.** लहंदीः पिअू**ना.** गवरबतीः बाव**नि.**[१६३]

कोंकणी धन-विशेशणी **लो–ली–लें** कुसाचें मराठी **ला–ली–लें** रूप फक्कत आपण ह्या अेकाच अुतरांत मेळटा.

**चो, गेलो आनी लो हांचे संबंधाची बारकाय—चो** हें कूस सर्वनामांक, सगळे तरेच्या नामांक आनी थळ आनी काळ दाखैतल्या अव्ययांक लागता. देखीक—आम**चो**, रामा**चो**, बैला**चो**, रुखा**चो**, घरा**चो**, सुखा**चो**, करणे**चो**, भिन्या**चो**, हांगा**चो**, काल**चो. गेलो** हें कूस फक्कत मनीसजातिच्या नामांक आनी तांचे बदला येतल्या सर्वनामांक लागता. हेर नामांक लागना. देखीक—रामा**गेलो** बैल आनी ता**गेली** गाय अशें म्हणटात; परंत बैला**गेलो** राखणो आनी ता**गेलो** धनी अशें म्हणनात; बैला**चो** राखणो आनी ता**चो** धनी अशें म्हणूंक जाय. तशेंच रुखा**गेलो** अशें म्हणनात. रुखा**चो** अशें म्हणटात. **गेलो** हाका चंडकरून '**घरचो**' असो अर्थ लागू जाला. रामा**गेलो** म्हळ्यार रामा**चो** असो अर्थ जायना; **रामाचे घरचो** असो अर्थ जाता. परंत रामा**लो** म्हळ्यार **रामाचो** असो अर्थ जाता. **लो** कूस मनीस-जातिच्या तशेंच मोनजातिच्या नामांक लागता. जिनस-नामांक आनी हेर नामांक लागना. देखीक—रामा**लो** पांय, बैला**लो** कान अशें म्हणटात.

---

१६१ Kellogg, Hindi Gr., Tables II, III.

१६२ सिद्धहेम, लो ळः । ८.४.३०८. बल > बळ.

१६३ LSI., I, ii, p. 125.

रुखालो खांदो, सुखाली वान्सा अशें म्हणनात. रुखाचो खांदो, सुखाची वान्सा अशें म्हणूंक जाय. हे भाशेन **गेलो** आनी **लो** हीं कुसां फक्कत जिवांच्याच नामांक लागतात. हेर नामांक लागनात. **चो** कूस कसल्याय नामांक लागता. कोंकणी **चो** आनी **गेलो, लो** हीं कुसां लावपांत जी बारकाय आसा तीच अिंग्रजी of आनी 's लावपांत आसा. अिंग्रजींत Rama'*s* son वा the son *of* Rama अशें म्हळ्यार जाता. पुण tree'*s* twig अशें म्हणुं नजं; twig *of* a tree अशें म्हणूंक जाय. कोंकणींतूय रामा**लो** चलो वा रामा**चो** चलो अशें म्हणुं येता. पुण रुखा**ली** खांदी अशें म्हणुं नजं. रुखा**ची** खांदी अशें म्हणूंक जाय.[१६४]

**लो** कूस लावन थळ आनी काळ दाखैतल्या कांय अव्ययांचीं गुण-विशेशणां जातात. देखीक—फाटीं + **लो** = फाट**लो**. फुडें+**लो**= फुड**लो**. आर्दी+**लो**=आद**लो**. हेच भाशेन भाय**लो**, भित**लो**, सकै**लो**, वै**लो**, पै**लो**, लागशि**लो**, पैशि**लो**, आंत**लो**, कड**लो**, आय**लो**, पे**लो**. हें कूस कशें जालें? संस्कृतांत काळ दाखैतल्या अव्ययांक धनीपणाचे अर्थ हाडूंक **तनः** कूस लायतात. देखीक—अद्य**तनः**=आजचो. चिरं**तनः**= पुर्विलो.[१६५] पुरा**तनः**=पुर्विलो. ह्याच कुसापासून कोंकणी **लो** कूस जालें. संस्कृत **तनः** चें **तनो**>[१६६] **अनो**>[१६७] **अलो**>[१६८] **लो**[१६९] अशे तरेन हें कूस घडलें.

---

१६४ Chavan, The Konkan and the Konkani Language, p. 38.

१६५ Bhandarkar, WPL, p. 257.

१६६ वररुचि, प्राप्र. अत ओत्सो : । ५.१.

१६७ वररुचि, प्राप्र. कगचजतदपयवां प्रायो लोपः । २.२.

१६८ सिद्धहेम, निम्बनापिते लअेहं वा । ८.१.२३०.

१६९ वररुचि, प्राप्र. संधावचामज्लोपविशेषा बहुलं । ४.१.

**सातवी विभक्ती**—कोंकणींत हे विभक्तिचीं दों तरांचीं रुपां घोळटातः (१) नामाक कुसां लावन आनी (२) नामाक अव्ययां लावन.

(१) **नामाक कुसां लावन**—देखीः राणू **घरा** ना. नानू कांसारपा**ळी** आसा. विनू करा**ची** रावतालो. गुणू पण**जे** आसता. शाणू मुं**बै** शिकता. ह्या वाक्यांनी **घरा**, कांसारपा**ळी**, करा**ची**, पण**जे** आनी मुं**बै** हांतूंतल्या निमाण्या अक्षरांत अनुक्रमान **आ, औ, औ, अे** आनी **अे** हीं सातवे विभक्तिचीं अेकवचनी कुसां भल्यांत. हांचें मूळ सोदुंया.

**घर+आ** मेळून **घरा.** ह्या **आ** चें मूळ वेदीक संस्कृतांत मेळटा. तांतूंत तिनूय लिंगी नामांचीं **आ** न सोंपिल्लीं सातवेचीं अेकवचनी रुपां मेळटात.[१७०] 'प्र सू न अेत्वध्वरो **ऽ ग्ना** देवेषु पूर्व्यः'='आमगेलो पुर्विल्लो यज्ञ अुज्यांत आनी देवांत बेगीन बरे तरेन पावं.'[१७१] हांतूंत अग्**नौ** बदला अग्**ना** घालां. 'ना**भा** पृथिव्याः'='धर्तरेचे बोंबलेंत'.[१७२] हांतूंत ना**भौ** बदला ना**भा** घालां.[१७३] प्राकृतांत हें कूस स्त्रीलिंगी नामांच्या सातवेच्या अेकवचनी रुपांत दिस्टी पडटा. देखीक—रमा**आ** = रमेंत. रुअी**आ**=रुचींत. नअी**आ**=न्हंयेंत. धेणू**आ**=गायंत. वहू**आ**=व्हॉकलेंत. माअू**आ** = आवैंत. कोंकणींत हें कूस मोनें **अ** आनी **अें** न सोंपिल्ल्या नपुंसकलिंगी नामांत जायतें घोळटा. देखीक—रु**खा** मुळा. **अुंशा** तळा. हा**ता** सकला. पे**टे** पोंदा. चित्रापु**रा**, कारवा**रा**, मंगळु**रा**, गों**या** (**यां**), मडगां**वा** (**वां**), म्हाप**शां**, पेड**ण्यां**, नार**व्यां**. मारवाडी राजस्तानींतूय हें कूस घोळटा. देखीक—घ**रा** = घरांत.[१७४]

---

१७० Whitney, Sanskrit Gr., § 340, p.120.

१७१ ऋग्वेद, ८.२७.३.

१७२ ऋग्वेद, १.१४३.४.

१७३ सिकौ. ३५६१. सुपां सुलुक् पूर्व सवर्णाच्छेयाडाड्यायाजालः। ७.१.३९.

१७४ LSI., IX., ii., p. 20.

कांसारपाल + अि मेळून कांसारपालि (ली). संस्कृतांत अ न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी आनी नपुंसकलिंगी नामांचें सातवेचें अेकवचनी कूस अि आसा. देखीक—देव+अि=देवे=देवांत. फल+अि=फले=फळांत. प्राकृतांत स्त्रीलिंगी नामांच्या सातवेच्या अेकवचनी रुपांत हें कूस घोळटा. देखीक—रमाअि=रमेंत. रुअीअि. नअीअि. धेणूअि. वहूअि. माअूअि. कोंकणींत मोन्या अ न सोंपिल्ल्या जायत्या स्त्रीलिंगी नामांत हें कूस घोळटा. देखीक—अालतड-डी. पलतड=डी. माटट-टटी. सकाळ=ळी (ळीं). रात-ती (तीं).

वैल्या देखींत गांयां, मडगांवां, सकाळीं, रातीं हांतूंतल्या निमाण्या स्वरांचेर अनुस्वार आयला तो अडेचो, अगान्तूक. संस्कृतांतूय असोच अडेचो अनुस्वार येता. अ, आ, अि, अी, अु, अू हे स्वर अुतराच्या सोंपत्यार आसल्यार संस्कृतांत तांचो अुच्चार नाखयो जाता वा जायना. देखीक—दधि (धंय) हें अुतर दधिं अशेंय अुच्चारतात.[१७५]

कराची+अि मेळून कराचीं. हांतूंतल्या अि कुसाक वैलीच फोडणिशी लागू आना. अी न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांत हें कूस घोळटा.

पणजी+अे मेळून पणजीअे>पणज्ये>पणजे. ह्या अे कुसाचें मूळ संस्कृत अि कुसांत मेळटा. संस्कृतांत अ न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी आनी नपुंसकलिंगी नामांक सातवेचें अेकवचनी अि कूस लावन अे हो निमाणो स्वर घडटा. देखीक—देव+अि=देवे. फल+अि=फले. पाली आनी प्राकृतांत अ न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी आनी नपुंसकलिंगी नामांचीं सातवेचीं अेकवचनी रुपां अे न सोंपतात. देखीक—पाली : पूरिसे= दादल्यांत. चित्ते=चित्तांत. प्राकृत : वच्छे=रुखांत. वणे=रानांत.

१७५ सिकौ. ११० । अणोऽप्रगृह्यस्यानुनासिकः । ८.४.५७.

प्राकृतांत स्त्रीलिंगी नामांच्या सातवेच्या अेकवचनी रुपांतूय **अे** स्वर घोळटा. देखीक—रमा**अे**=रमेंत. रुअी**अे**. नअी**अे**. धेणू**अे**. वहू**अे**. माअू**अे**. कोंकणी पण**जे** ह्या रुपांत होच स्वर घोळटा. कोंकणींत **अी** आनी मोनें **अ** न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांत हो स्वर घोळटा. देखीक—चिख**ली=ले**. कांदो**ळी=ळे**. दिवच**ली=ले**. कोलवा**ळ=ळे** सांकवा**ळ=ळे**.

कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनीय **अे** कूस घोळटा. देखीक—गुजराथीः छोक**रे**=भुरग्यांत. **घरे**=घरांत.[१७६] बंगाली, आसामी, ओडियी, बिहारीः **घरे**=घरांत.[१७७] पंजाबीः **घरे**=घरांत.[१७८] लहंदीः **घोडे**=घोड्यांत.[१७९] मारवाडी आनी माळवी राजस्तानीः **घोडे**=घोड्यांत.[१८०]

**मुंबै**+**अे** मेळून **मुंबैअे**>**मुंबै**. आदले **अै** ' त **अे** कूस लिपलें, देखून दिसना. पण**जे** ह्या रुपा संबंधान जी फोडणिशी केल्या ती ह्याय रुपाक लागता. **अै** न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांत हें कूस जायतें घोळटा. देखीक—शाणू कुं**डै** जल्मलो. ताचो बापूय मड**कै** आसलो. ताचें आजवळ आट**पै**. ताचो मावळो वाळ**पै** रावतालो; आतां तो रा**सै** आसा; फाल्यां तो व**सै** वेतलो.

कोंकणींत सातवे विभक्तिचें भौवचन तिसरे विभक्तिच्या भौवचनाचें **नी** कूस लावन जाता; म्हळ्यार भौवचनांत सातवे विभक्ती बदला तिसरी विभक्तीय अुपकारायतात. देखीक—तो जायत्या गांवां**नी** भोंवलो म्हळ्यार जायत्या गांवांत भोंवलो. हेच भाशेन शेतां**नी** = शेतांत, घरां**नी**=घरांत. पुस्तकां**नी**=पुस्तकांत. ही चाल संस्कृतांतसून कोंकणींत

१७६ LSI., IX, ii, p. 340.
१७७ LSI., V, i, p. 7.
१७८ LSI., IX, i, p. 630.
१७९ LSI., VIII, i, p. 258.
१८० LSI., IX, ii, pp. 22, 55.

आयल्या. संस्कृतांत जायते फावटीं दोनूय वचनांत सातवे बदला तिसरी विभक्ती अुपकारायतात.[१८१] देखीक—**पुष्येण** पायसमश्नीयात् = पुष्य नक्षत्रांत चंद्रीम आसता तेन्ना पायस खावचो. हांतूंत **पुष्ये** हे अेकवचनी सातवे विभक्ती बदला **पुष्येण** ही अेकवचनी तिसरी विभक्ती घाल्या. **मघाभिः** पललौदनम्=मघा नक्षत्रांत चंद्रीम आसता तेन्ना तिळां-खिचडी खावची. हांतूंत **मघासु** हे भौवचनी सातवे विभक्ती बदला **मघाभिः** ही भौवचनी तिसरी विभक्ती घाल्या.

(२) **नामाक अव्ययां लावन**—देखीः **घरांत**, कांसारपा**ळींत**, करा**चींत**, हे**तूंत**, पण**जेंत**, मुं**बैंत**. हांतूंत **आंत**, **ईंत**, **ऊंत**, **ऐंत**, **ऐंत** हें अव्यय भल्लां. संस्कृत **अन्तः**=भितर ह्या अव्ययापासून तें जालां. पाली आनी प्राकृत **अंतो**. हें अव्यय दोनूय वचनांत अुपकारायतात. **घरांत** म्हळ्यार **अेका** घरांत वा **अदीक** घरांत.

**पोटार मारुं नाका; फाटीर मार**—हांतूंत पो**टार** आनी फा**टीर** ह्या अुतरांनी **आर**, **ईर** हें अव्यय भल्लां. संस्कृत **अुपरि** पासून तें जालां. अुच्चार-बदलान **अुपरि** चें **अुवरि**[१८२] जालें. **प** चें **व** जाता.[१८३] देखीक—**कच्छप**>कांसव. मागीर **अुवरि** चें **अुयरि** जालें. **व** चें **य** जाता. देखीक—**नव** पासून हिंदींत **नया**=नवो हें अुतर घोळटा. **अुयरि** चें **वुयरि**>**वैरि** जालें. **अु**, **अू** स्वरांचो **वु**, **वू** असोय अुच्चार जाता. **वैरि** हांतूंतलें **व्** लिपून[१८४] **ऐरि** अुलें. **ऐरि** चें **अेरि** जालें. **ऐ** ची **अे**

---

१८१ सिकौ. ६४१। प्रसितोत्सुकाभ्यां तृतीया च। २.३.४४: ६४२। नक्षत्रे च लुपि। २.३.४५.

१८२ सिद्धहेम. वोपरौ। ८ १.१०८। अुपरौ स्यादुतो वाऽत्त्वम् अवरिं अुवरिं यथा।

१८३ वररुचि, प्राप्र. पो वः। २.१५.

१८४ वररुचि, प्राप्र. कगचजतदपयवां प्रायो लोपः। २ २.

जाता.[१८५] देखीक—**कै**लास>**के**लासो=कैलास. निमाणें **अे**रि हांतूंतली **अे** लिपून [१८६] **रि** अुल्ली आनी तिचें **र** जालें. **पोटार** म्हळ्यार पोटा+अुपरि= पोटा+र=पोटार. फाटीर=फाटी+अुपरि=फाटी+र. हें अव्यय दोनूय वचनांत अुपकारायतात. देखीक—पोटा**र**, पोटां**र**. फाटी**र**, फाटीं**र**. मुये**र**, मुयां**र**.

नामाक **चेर** अव्यय लावनूय सातवी विभक्ती करतात. देखीक—पोटा**चेर**, पो**टांचेर**. फा**टिचेर**, फाटिं**चेर**. मुये**चेर**, मु**यांचेर**. संस्कृत **त्यत्** पासून जाल्ल्या कोंकणी **च** कुसांत **अुपरि** पासून जाल्लें **वेर** हें अव्यय मेळोन **चवैर**>चअैर>**चैर**>**चेर** हें अव्यय जालां. पोटाचेर म्हळ्यार पोटा**च** वैर, पोटा**चे** वैर.

**मगेर, आमगेर, तुमगेर, तांगेर, रामागेर**—हांतूंत **हांव, आमी, तुमी, ते** आनी **राम** हांकां **गेर** हें अव्यय जोडलां. संस्कृत **गृहे**>**घरे** ह्या अुतराचें **घेर** जावन ताचें मोवळायल्लें रूप **गेर** जालें. **गेर** म्हळ्यार घरांत. हे भाशेन **मगेर** म्हळ्यार मज्या **घरांत.** 'रामा**गेर** म्हळयार रामाच्या **घरांत.** चडकरून मनशांचीं नामां आनी तांचे बदला येतलीं सर्वनामां हांचे सातवे विभक्तींत तें अुपकारायतात. तें दोनूय वचनांत घोळटा. गुजराथींत **घरे** आनी **घेर** हीं सातवेचीं अेकवचनी दोनूय रुपां आसात.[१८७]

**आठवी विभक्ती**—हे विभक्तीक कोंकणींत **अुलो** म्हळ्यार बरें. कोणाकूय अुलो करूंक ही विभक्ती अुपकारायतात.

मोनें **अ, आ, अी, अु, अू** आनी **ओ** न सोंपिल्लीं पुरुशलिंगी नामां आनी मोनें **अ, अीं, अूं** आनी **अें** न सोंपिल्लीं नपुंसकलिंगी नामां

---

१८५ वररुचि, प्राप्र. अैत अेत् । १.३५.

१८६ वररुचि, प्राप्र. संधावचामज्लोपविशेषा बहुलं । ४.१.

१८७ LSI., IX, ii, p. 340.

हांकां अुल्याच्या अेकवचनांत **आ** कूस लागता. देखीक—पुरुशलिंगी: राम + **आ**=राम**ा**. माम**ा**. हत**या**. दे**वा**. राज**वा**. घो**ड्या**. नपुंसकलिंगी: तोंड + **आ**=तोंड**ा**. मोत**या**. तार**वा**. आबोल**या**.

मोनें **अ**, **आ**, **अी** आनी **अू** न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांक अुल्याच्या अेकवचनांत **अे** कूस लागता. देखीक—मूय + **अे**=मु**ये**. पि**डे**. राण**ये**. जळ**वे**.

ह्या **आ** आनी **अे** कुसांचें मूळ कितें ?

**आ कूस**—पाली भाशेंत पुरुशलिंगी आनी नपुंसकलिंगी नामांच्या अुल्या अेकवचनांत हें कूस मेळटा. देखीक—बु**द्धा**, **अत्ता** (आत्म्या), रा**जा**, चि**त्ता**, **मना**. प्राकृतांत **अ** न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी आनी नपुंसकलिंगी नामांच्या अुल्या अेकवचनांत हें कूस घोळटा. देखीक—व**च्छा**=रुखा. व**णा**=राना. हे भाशेन, पाली आनी प्राकृत भासांनीं ह्या कुसाचें मूळ दिस्टी पडटा. लहंदी भाशेंतूय हें कूस घोळटा. देखीक—घो**ड्या**.[१८८]

**अे कूस**—संस्कृतांत **आ** आनी **अि** न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांच्या अुल्या अेकवचनांत हें कूस घोळटा. देखीक—मा**ले**= माळे. म**ते**=मती. पालींत आनी प्राकृतांत **आ** न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांच्या अुल्या अेकवचनांत हें कूस घोळटा. देखीक—पाली: क**ञ्ञे**= चलये. प्राकृत: र**मे**=रमे. हे भाशेन, संस्कृत, पाली आनी प्राकृत भासांनीं ह्या कुसाचें मूळ दिस्टी पडटा.

**अी** आनी **अू** न सोंपिल्लीं कांय पुरुशलिंगी नामां अुल्या अेकवचनांत बदलनात. मूळ रुपांतूच अुरतात. देखीक—ह**री**, मुरा**री**, शा**णू**, सो**नू**. पालींत आनी प्राकृतांत अशीच चाल चलता. देखीक—पाली: दं**डी**=

१८८ LSI., VIII, i, p. 254.

यात्रेकारा, स्वयंभू=आपशीं जल्मल्ल्या (बुद्धा). प्राकृत: गामणी= गांवकारा, खलपू=खळें निवळ करतल्या झाडण्या. हे भाशेन पाली आनी प्राकृताची देख कोंकणीन घेतल्या.

मोन्या अ न सोंपिल्ल्या कांय स्त्रीलिंगी नामांक अुल्या अेकवचनांत ई कूस लागता. देखीक—केळ-केळी, म्हैस-म्हशी. संस्कृतांत ई न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांचें अुल्या अेकवचन निमाणे ईची इ करून जाता. देखीक—नदी-नदि. पाली आनी प्राकृतांत इ आनी ई न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांचें अुल्या अेकवचन ई स्वरांत अुरता. देखीक—पालीः मती=मती, नदी=न्हंये. प्राकृतः रुई= रुची, नई=न्हंये.

आ, ई आनी अू न सोंपिल्लीं नपुंसकलिंगी नामां अुल्या अेकवचनांत बदलनात. देखीक—गंगा, काशी, मोगू. हीं अुतरां जरी नपुंसकलिंगांत घोळटात तरी मुळचीं स्त्रीलिंगी. हे चालिचें मूळ आमकां संस्कृत, पाली आनी प्राकृत स्त्रीलिंगी अुतरांत मेळटा. प्राकृतांत आ न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांचें अुल्या अेकवचन अे लावन जाता, तशेंच मूळ रुपांत अुरता. देखीक—गंगे, गंगा. संकृतांत ई आनी अू न सोंपिल्ल्या स्त्रीलिंगी नामांचें अुल्या अेकवचन निमाणी ई आनी अू मोटवीं करून जाता. देखीक—नदि=न्हंये. वधु=व्हॉंकले. पालींत आनी प्राकृतांत ई आनी अू न सोंपिल्लीं स्त्रीलिंगी नामां अुल्या अेकवचनांत बदलनात. देखीक—पालीः नदी=न्हंये. वधू=व्हॉंकले. प्राकृतः नई=न्हंये. वहू=व्हॉंकले.

अै न सोंपिल्लीं पुरुशलिंगी आनी स्त्रीलिंगी नामां अुल्या अेकवचनांत बदलनात ; मूळ रुपांत अुरतात. देखीक—शणै, आवै.

मोन्या अ न सोंपिल्लीं पुरुशलिंगी, स्त्रीलिंगी आनी नपुंसकलिंगी नामां अुल्या अेकवचनांत जायते फावटीं मूळ रुपांतूय अुरतात. देखीक—राम,

रामबाय, वत्सलबाय, वत्सल. हे चालिचें मूळ संस्कृतांत मेळटा. तांतूंत अ न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी आनी नपुंसकलिंगी नामांचें अुल्या अेकवचन मूळ रुपांत अुरता. देखीक—राम, वन. पाली आनी प्राकृतांतूय ही चाल दिस्टी पडटा. देखीक—पाली: बुद्ध, अत्त, राज, चित्त, मन. प्राकृत: वच्छ=रुखा, वण=राना.

कोंकणींत अुल्या भौवचनांत नू कूस लागता. देखीक—रामांनू, मामांनू, हतयांनू, घोड्यांनू, तोंडांनू, मोतयांनू, आबोल्यांनू, मुयांनू, राणयांनू, जळवांनू, हरिंनू, शाणुंनू, केळिंनू, मोगुंनू, शणेंनू, आवेंनू. पाद्रि अिस्तेव्हंवाल्या कोंकणी व्याकरणांत हें कूस नो म्हणु दिलां.[१८९] पालींत अी आनी अू न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी नामांचें अुल्या भौवचन नो लावन जाता. देखीक—दंडिनो=यात्रेकारांनू, स्वयंभुनो=आपशींच जल्मल्ल्यांनू. प्राकृतांत अि, अी, अु, अू, ऋ आनी न् न सोंपिल्ल्या पुरुशलिंगी नामांचें अुल्या भौवचन णो लावन जाता. देखीक—गिरिणो=दोंगरांनू, गामणिणो=गांवकारांनू, गुरुणो=शणेंनू, खलपुणो=खळें निवळ करतल्यांनू, पिअुणो=बापायंनू, रायाणो=राजांनू, अप्पाणो=आत्म्यांनू. हे भाशेन पाली आनी प्राकृतांत कोंकणी नू कुसाचें मूळ मेळटा. कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनीं हें कूस कांय बदलान घोळटा. घोड्यांनू ह्या अर्थाचीं सकैलीं अुतरां पळयात. अवधी: घोडवन. भोजपुरी: घोडन. मैथिली: घोडनि.[१९०]

कोंकणी अुल्यांत नामाआदीं वा फुडें वा त्या नामाच्या नाल्यान वाक्यांत हेर खैंचेय कडेन कांय अुमाळ्या अुतरां घालतात; तांचें मूळ पळौंया.

---

१८९ Estevão, § 58, p. 19.

१९० Kellogg, Hindi Gr., Table III.

अे—हें अुतर तिनूय लिंगांच्या नामांआदीं येता. देखीक—अे रामा, अे भागीर्थी, अे यमन्या. संस्कृत, पाली आनी प्राकृत भासांनीं हे हें अुतर घोळटा; ताचेंच अे हें कोंकणी रूप. आपले वांगडच्या, आपलेकूय ल्हान वा सकैल्या पांवड्याच्या लोकांक तें लायतात. हिंदींत हे हें अुतर अुंच पांवड्याच्या मनशांक लायतात. देखीक—हे धर्मावतार= अे धर्मावतारा.[१९१]

आहो (अहो), हो—पुरुशलिंगी नामांक भौमानान हीं अुतरां लायतात. आहो अुतर नामाआदीं येता; हो अुतर त्या नामाच्या नाल्यान वाक्यांत हेर खैंचेयकडेन येता. देखीक—आहो तातुबाब, खैं आसले हो तुमी ? संस्कृतांत अघवत्=पातकी हाचें अघोस् हें अुल्याचें रूप मेळटा. स्वर वा मोव व्यंजन फुडें आयल्यार अघोस् चें अघो जाता. अुच्चार-बदलाच्या नेमान घ चें ह जावन अहो हें रूप जालें.[१९२] हांतूंतलें आदलें अ लिपून हो हें रूप जालें.[१९३] हे भाशेन अहो आनी हो हांचो मुळचो अर्थ पातकया असो आसून फुडें तांकां भौमानीक अर्थ लागू जालो! पालींत अहो आनी प्राकृतांत अघो आनी अहो हीं अुतरां भौमानीक अर्थान घोळटात.

हो हें अुतर अेकाद्रें भोस्>भोः हाचेवैल्यानूय जालां जावंये. भ चें ह जाता. भवति=जाता हाचें पालींत होति आनी प्राकृतांत होअि जालां.[१९४] भवत्=तुमी हाचें अुल्याचें रूप भवस् वा भोस् हाचेपासून भो हें अुतर जालां. हें भौमानीक अर्थान अुपकारायतात. पालींत हें अुतर घोळटा.

---

१९१ Beames, Comp. Gr., III, p. 273.

१९२ सिद्धहेम. खघथधभाम्। ८.१.१८७। मेघ > मेहो = पावसाचें रूप. माघ>माह=माग (म्हैनो).

१९३ सिद्धहेम. वाऽलाब्वरण्ये लुक्। ८.१.६६। अरण्य>रण्णं=रान.

१९४ सिद्धहेम. भुवेर्हो-हुव-हवाः। ८.४.६०.

**आगा (अगा), गा**—पुरुशलिंगी नामाआदीं **आगा** आनी नामाफुडें वा त्या नामाच्या नात्यान वाक्यांत हेर खैंचेयकडेन **गा** येता. चंडशी संवकळ नाशिल्लो वा परको मनीस हांकां हीं अुतरां लागतात. देखीक—**आगा** सोनू परोब, खैं चल्लो **गा?** **आगा** देवा, देवा **गा.** संस्कृत **अघवत्** पासून हीं अुतरां जाल्यांत. अुच्चार-बदलाच्या नेमान **घ** मोवाळून **ग** जाता. देखीक—व्याघ्र>वाग. माघ>माग (म्हैनो).

**आरे, रे**—बामणांल्या बायलांक आनी चलयांक हीं अुतरां भौमानान लायतात.[१९५] नामाआदीं **आरे** आनी नामाफुडें वा त्या नामाच्या नात्यान वाक्यांत हेर खैंचेयकडेन **रे** येता. देखीक—**आरे** लक्षिमे, लक्षिमे **रे**, **आरे** लक्षीमबाय, **आरे** सत्यभामे, **आरे** यमन्या, **आरे** कत्रिनी. संस्कृत **आर्ये** पासून हीं अुतरां जाल्यांत. अुच्चार-बदलाच्या नेमान **र्य** चें **र** जाता.[१९६] चंड पुर्विल्ल्या काळांत बायलांक भौमानान चलैताले म्हणपाची ही घसघशीत नाट कोंकणी भाशेंत अजून अुल्या. 'पत्नी**चार्येति** संभाष्या.'[१९७] बायलेक अुलो करतना **आर्ये** म्हणचें अशी पुर्विल्ली चाल आसली. भास कविल्या स्वप्नवासवदत्ता नाटकांत अुंच पांवड्याच्या बायलांक **अय्ये** (आर्ये) हें अुतर लायलां. बृहदारण्यक अुपनिषदांत याज्ञवल्क्य आनी तागेली बायल मैत्रेयी हांच्या गोड आनी रसाळ अुलोवपांत **अरे** हें अुतर बावीस खेपो आयलां. याज्ञवल्क्य बायलेक म्हणटा, "न वा **अरे** पत्युः कामाय पतिः प्रियो भवत्यात्मनस्तु कामाय पतिः प्रियो भवति न वा **अरे** जायायै कामाय जाया प्रिया

१९५ "Are (आरे), pera as meninas bramanas." Estevão, § 529, p. 116.

१९६ सिद्धहेम. ब्रह्मचर्य-तूर्य-सौन्दर्य-शौण्डीर्ये र्यो रः । ८.२.६३ । ब्रह्मचर्यम्>ब्रह्मचेरं. सौन्दर्यम्-सुंदेरं=सुंदरकाय.

१९७ श्रीभरतमुनिप्रणीतं नाट्यशास्त्रम्, अ.१९, श्लो. २६.

१०३ 920

भवत्यात्मनस्तु कामाय जाया प्रिया भवति न वा अरे पुत्राणां कामाय पुत्राः प्रिया भवन्त्यात्मनस्तु कामाय पुत्राः प्रिया भवन्ति न वा अरे वित्तस्य कामाय वित्तं प्रियं भवत्यात्मनस्तु कामाय वित्तं प्रियं भवति." [१९८] ='**अरे,** बायल घोवाखातीर घोवाचो मोग करिना; आपलेखातीर घोवाचो मोग करता. **अरे,** घोव बायलेखातीर बायलेचो मोग करिना; आपलेखातीर बायलेचो मोग करता. **अरे,** आवै-बापूय पुतांखातीर पुतांचो मोग करिनात; आपलेखातीर पुतांचो मोग करतात. **अरे,** मनशां दुडवांखातीर दुडवांचो मोग करिनात; आपलेखातीर दुडवांचो मोग करतात.' हांतूंत **अरे** हें अुतर मैत्रेयीक कुस्कुटावचेखातीर याज्ञवल्क्यान घालूंक ना. तो तिचेकडेन माना-भौमानान आनी अपुर्बायेन अुलैतालो. ताणें तिका ह्याच अुलोवपांत अेकेकडेन '**भवती**'='तुमी' हें अुतर लायलां. तिणेंय ताका 'भगोः, भगवान्' हीं भौमानाचीं अुतरां लायल्यांत. म्हणटकूच, याज्ञवल्क्यालें **अरे** अुतर भौमानाचेंच आसूंक जाय हांतूंत दुभाव ना. तें **आर्ये** ह्या अुतराचें चंड पुर्विल्लें वेदीक रूप जावचें ना मू? तशें आसल्यार, **कोंकणी आरे** अुतर वेदीक काळापासून आमगेले भाशेंत घोळटा अशें म्हणूंक जाय. त्या पुर्विल्ल्या काळांतली अुंच संस्कृताय कोंकणीन अजून तगौन धल्ल्या म्हणपाचो हो अेक पुरावोच आसा. वैष्णव बामणांत आनी चंडकरून क्रिस्तांव बामणांत हें अुतर कडकडीत चलता. क्रिस्तांव बामण आपणांल्या बायलांक **आगे** हें अुतर केन्नाच लायनात. तांतूंत ते अपमान जाल्ल्यावरी समजतात. कोंकणिचे हेर खैंचेच भैण-भाशेंत बायलांक **आरे** हें अुतर लायल्लें दिसना.

**हयवंय, वंय**—मांयो आनी मांयां वांगडच्यो वा हेर अुंच पांवड्याच्यो बायलो हांचेकडेन अुलैतना, तांगेलें नांव घेनासतना सुनो आनी हेर बायलो हीं अुतरां अुपकारायतात. ही चाल बामणांत चलता.

---

१९८ बृहदारण्यकोपनिषत् ४.५.६.

**हयवंय** हें अुतर वाक्यांत पैलीं आनी **वंय** हें निमाणें येता. देखीक—**हयवंय,** हांव देवळांत कशेक वचुं **वंय?** **हयवंय,** फाल्यां आमगेर सवाश्णीक रावशात **वंय?** काल तुमी खैं गेल्लीं **वंय?** संस्कृत **भोभो** ह्या दोड्या अुतरापासून **हयवंय** हें अुतर जालें जावचें ना मू? **भोस्** चें **भोय्** अशेंय रूप जाता.[१९९] हे भाशेन भोय्भोय् > **होय-होय**>हयवंय अशें रूप घडुंये.

**आगाय (अगाय), गाय**—बामण बायलांकडेन हेर जातिच्यो बायलो अुलैतना तांगेलें नांव घेवन वा घेनासतना हीं अुतरां अुपकारायतात. **आगाय** अुतर वाक्यांत पैलीं आनी **गाय** अुतर निमाणें येता. देखीक—**आगाय** शांताबाय, अिल्लो सांबार दिशात **गाय?** **आगाय,** आयकलें **गाय?** संस्कृत **अघवत्** आनी **अयि** ह्या दोन अुतरांचें हें घडलां. भौमानाच्या अर्थान **अयि** अुतर लायतात.[२००]

**आगें (अगे), गे**—स्त्रीलिंगी अेकवचनी नामाआदीं **आगे** आनी नामाफुडें वा त्या नामाच्या नात्यान वाक्यांत हेर खैंचेयकडेन **गे** येता. वांगडची, परकी वा सकैल्या पांवड्याची बायल हांकां हीं अुतरां लायतात. देखीक—**आगे** गोपिके, खैं **गे** चल्ली तूं? **आगे,** हांगा यो **गे.** **आगे** देवी, देवी **गे,** पाव **गे** सायबिणी! संस्कृत **अघवत्** पासून हीं अुतरां जाल्यांत.

**आगो (अगो), गो**—नपुंसकलिंगी नामाआदीं **आगो** आनी नामाफुडें वा त्या नामाच्या नात्यान वाक्यांत हेर खैंचेयकडेन **गो** येता. देखीक—**आगो** यमन्या, यमन्या **गो!** बावुल्याक खेळै **गो.** संस्कृत **अघो** पासून हीं अुतरां जाल्यांत. सोळाव्या शेंकड्यांत हीं अुतरां

---

१९९ सिकौ. १६७। भो भगो अघो अपूर्वस्य **यो**ऽशि। ८.३.१७.
२०० सिद्धहेम. अयि संभावने। ८.२.२०५.

बामणां भायल्या जातींतूच घोळटालीं.[२०१] आतां तीं स्मार्त बामणांतूय चलतात. वैष्णव बामणांत सुमाराचीं रिगल्यांत. पुण क्रिस्तांव बामणांत पुर्विल्ली चाल कडकडीत चलता. ते आपणांल्या धुवांक आनी भैणींक केन्नाच **आगो** म्हणनात; **अरे** म्हणटात. **आगो** म्हळ्यार तांकां पात्सो जाता आनी व्हडलो अपमान जाल्ल्यावरी दिसता. बंगालींत जाणट्या बायलांक **गो** अुतर लायतात. देखीक— 'निबेदये धनी शुन **गो** जननि'[२०२] = 'ती बायल विनैता, 'आगे आवै, म्हजें आयकून घे'.'

**अरे, रे**—पुरुशलिंगी नामाआदीं **अरे** आनी नामाफुडें वा त्या नामाच्या नात्यान वाक्यांत हेर खेंचेयकडेन **रे** येता. देखीक—**अरे** रामा, रामा **रे**, खैं **रे** पावलो तूं? **अरे** देवा, देवा **रे**. संस्कृत **अरि**= दुस्मान हाचें अुल्या अेकवचन **अरे** जाता; तेंच ह्या अुतरांचें मूळ.[२०३] संस्कृत, पाली आनी प्राकृत भासांनीं हीं दोनूय अुतरां कुस्कुटायणे रितीन लायतात. कोंकणिच्या चंडकरून सगळ्या भैण-भासांनीं हीं अुतरां घोळटात.

कोणाकूय अुलो करतकूच तो **ओ** म्हणटा. **ओ** हें अुतर **भोस्**>**भोः**>**हो**>**ओ** अशे तरेन जालां.

---

२०१ "Ago (आगो), pera com as meninas baixas, e que não são bramanas, e pera as escravas." Estevão, Arte da Lingoa Canarin, § 529, p. 116.

२०२ Beames, Comp. Gr., III, p .275.

२०३ Whitney, Sanskrit Gr., § 1134 c, p. 417.

# ५

# काळ

कोंकणींत मुखेल काळ **तीनः वर्तमान** (आतांचो), **भूत** (फाटलो) आनी **भविश्य** (फुडलो). हे काळ दों तरांनी घडात: (१) करणेच्या धातूक कर्त्याच्या पुरशाचें कूस लावन. (२) करणेच्या धातुविशेशणाक कर्त्याच्या पुरशाचें कूस लावन.

कूस लावचे आदीं करणेचें जें मुळचें रूप आसता ताका धातू म्हणटात. हे धातू मोनें **अ, आ, ई, ऊ, ए** आनी **ऐ** ह्या स्वरांनी सोंपिले आसतात. देखीक—**आस, मार,** शीक**, जा, दी, धू, घे, अुलै.** हे धातू कसलोच बदल करिनासतना दुसऱ्या पुरशाक अेकवचनांत आज्ञा करूंक अुपकारतात. देखीक—शाणू, हो आंबुलेचो रोंपो **घे** आनी पोरसांत **रोय.**

## वर्तमानकाळ

कोंकणी वर्तमानकाळांत धातूक सकला दिल्लीं कर्त्याच्या पुरशाचीं कुसां लागतात. हीं कुसां **अेकवचनी तीन** आनी **भौवचनी तीन** मेळून **स** आसात.

| पुरुश | अेकवचन | भौवचन | देख :— अेकवचन | भौवचन |
|---|---|---|---|---|
| १ | **आं** | **आंव** | आस+**आं**=आस**ां** | आस+**आंव**=आस**ांव** |
| २ | **आय**<br>**आ** | **आत** | आस+**आय**=आस**ाय**<br>आस+**आ**=आस**ा** | आस+**आत**=आस**ात** |
| ३ | **आ** | **आत** | आस+**आ**=आस**ा** | आस+**आत**=आस**ात** |

हांतूंत **पैले तरेन** म्हळ्यार करणेच्या धातूक कर्त्याच्या पुरशार्चीं कुसां लावन वर्तमानकाळ घडला. हीं कुसां खैंच्यान आयलीं ?

वेदीक संस्कृतांत **लेट्** नांवाच्या अेका काळाची जात जायती घोळटा. हेर काळांपरस ह्या काळाची घडण भौंच सोपी. पणून लोकीक संस्कृतांत हो काळ फाटीं पडून चंड आळख्या-विळख्यांचे हेर काळ फुडें सल्ले. ह्या काळाचो सभावगुण पळेल्यार, धातूक कूस लागचे आदीं **अ** भाशेन **आ** चीय भर पडटा.[204] देखीक, **भू** धातुचीं भवति आनी भ**वा**ति अशीं तिसऱ्या पुरशार्चीं वर्तमानकाळी अेकवचनी दोन रुपां जातात. हांतूंतलें दुसरें म्हळ्यार **आ** ची भर घाल्लें वर्तमानकाळी रूप ऋग्वेदांत जायतें घोळटा. तांतूंत ५ व्या मंडळाच्या ३७ व्या सूक्तांत भ**वा**ति=जाता, ज**या**ति=जिखता, ज**रा**ति=तोखेता, व**हा**ति=धरता, वर्त**या**ति=मेळोन दिता हांचे बदला अनुक्रमान भ**वा**ति, ज**या**ति, ज**रा**ते, व**हा**ते, वर्त**या**ते अशीं वर्तमानकाळार्चीं परस्मैपदी आनी आत्मनेपदी रुपां मेळटात. ‘प्रियः सूर्ये प्रियो अग्ना **भवाति** य अिंद्राय सुतसोमो ददाशत्’=‘अिंद्राक जो पिळिल्लो सोमरोस दिता तो सुर्याचो आनी अुज्याचो अपुर्बायेचो जाता.’[205] ‘यो **यजाति यजात** अित्सुनवच्च **पचाति** च’=‘जो (देवांक) पुजता आनी पर्थून पुजता आनी सोमरोस पिळून निवेद्याचो पोळो आनी मास भाजता.’[206] हांतूंत य**जा**ति, य**ज**ते आनी प**च**ति हांचे बदला अनुक्रमान य**जा**ति, य**जा**ते आनी प**चा**ति हीं अुतरां घाल्यांत.

**लेट्** जातिच्या काळांत **आ** ची भर पडटा; त्या भायर, पैल्या पुरशाच्या भौवचनी कुसांतलो विसर्ग सोडून दितात; म्हळ्यार **मः** बदला

---

२०४ सिकौ. ३४२७। लेटो ऽडाटौ। ३.४.९४.

२०५ ऋग्वेद ५.३७.५.

२०६ ऋग्वेद ८.३१.१.

म घालतात.[२०७] हे भाशेन लेट् चीं वर्तमानकाळी कुसां सकला दिल्ले तरेन जातात :—

| पुरुश ... | १ | २ | ३ |
| --- | --- | --- | --- |
| अेकवचन ... | **आमि** | **आसि** | **आति** |
| भौवचन ... | **आम** | **आथ** | **आन्ति** |

हीं कुसां कोंकणी **आस** (संस्कृत **अस्**) धातूक लायल्यार ताचो वर्तमानकाळ सकैलेवरी जाता :—

| पुरुश ... | १ | २ | ३ |
| --- | --- | --- | --- |
| अेकवचन ... | **आसामि** | **आसासि** | **आसाति** |
| भौवचन ... | **आसाम** | **आसाथ** | **आसान्ति** |

अुचार-बदलाच्या नेमान चिक्के बदल जावन हींच वेदीक **लेट्** चीं वर्तमानकाळी रुपां आजचे कोंकणींत घोळटात. बदल्लीं रुपां वैर दिल्यांत. आतां हो बदल कसो जालो तो पळौंया.

**आसामि**—हांतूंतल्या **म्** चो अनुस्वार जावन[२०८] आदल्या **आ** चेर पडून **आसांअि** हें रूप जालें. हांतूंतले **अि** चें **अ** जावन[२०९] आसांअ जालें. हांतूंतलें अ आदल्या **आं** 'त सांदून **आसां** जालें. सास्टींत आनी बारदेसांत हेंच रूप घोळटा. गोकर्णाचे दक्षिणेक **आस्सं** आनी तेरेखोलाचे अुत्तरेक **आसैं** हीं रुपां घोळटात.

---

२०७ सिकौ. ३४२८। स अुत्तमस्य। ३.४.९८.

२०८ सिकौ. १२२। मोऽनुस्वारः। ८.३.२३. हरिम् + वन्दे=हरिं वन्दे=हरीक पांयां पड्टां. वररुचि, प्राप्र. मो विन्दुः। ४.१२। वणम्>वणं. सिद्धहेम. मोऽनुस्वारः। ८.१.२३.

२०९ सिद्धहेम. पृथ्विपृथिविप्रतिश्रुन्मूषिकहरिद्राबिभीतकेष्वेत्। ८.१.८८। हरिद्रा > हलद्दा.

**आसाम**—हांतूंतल्या **म** चें **व** जावन [210] आसाव जालें. कोंकणींत अ, अि, अी, अु, अू, अे स्वरांफुडें **व** येत जाल्यार त्या स्वरांचो चंड करून नाखयो अुच्चार जाता. देखिक—ना**म** > नाव > **नांव**. ग्रा**म** > गाव > **गांव**. हेच भाशेन आ**साव** चें आ**सांव** जालें. बारदेसांत हें रूप घोळटा. सास्टींत आ**सायि**, गोकर्णाचे दक्षिणेक आ**स्मति** आनी तेरेखोलाचे अुत्तरेक आ**सौं** हीं रुपां घोळटात. आसां**व** बदला आसां**त** अशेंय म्हणटात.

**आसासि**—हांतूंतले **सि** ची **हि** जावन [211] आसा**हि** हें रूप जालें. **हि** मोवाळून आसा**अि** वा आसा**यि** जालें. **अि** वा **यि** चें **अ** वा **य** जावन [212] आसा**अ** वा आसा**य** जालें. आसाय रूप बारदेसांत घोळटा. आसाअ हांतूंतलें **अ** आदल्या **आ**'त सांदून आ**सा** हें रूप जालें. हें सास्टींत घोळटा. गोकर्णाचे दक्षिणेक आ**स्स** आनी तेरेखोलाचे अुत्तरेक आ**सस** हीं रुपां घोळटात.

**आसाथ**—हांतूंतलें **थ** मोवाळून आसा**त** हें रूप जालें. संस्कृत वीरकाव्यांत **थ** बदला **त** घाल्लें जायतेकडेन मेळटा.[213] आसात हें रूप बारदेसांत आनी तेरेखोलाचे अुत्तरेक घोळटा. सास्टींत **आसायि** आनी गोकर्णाचे दक्षिणेक आ**स्सति** हीं रुपां घोळटात.

**आसाति**—हांतूंतले **ति**'तलें **त्** लिपून **अि** अुल्लें [214] आनी आसा**अि** हें रूप जालें. **अि** चें **अ** जावन [215] आसा**अ** जालें आनी हांतूंतलें

२१० वररुचि, प्राप्र. मन्मथे वः।२.३९। मन्मथ>वम्महो=मदन.
२११ वररुचि, प्राप्र. दिवसे सस्य।२.४६। दिवस > दिअहो.
२१२ सिद्धहेम. ८.१.८८
२१३ Whitney, Sanskrit Gr., § 542a, p. 204.
२१४ वररुचि, प्राप्र. कगचजतदपयवां प्रायो लोपः।२.२. ततिपोरिदेतौ।७.१।पठति > पढअि=शिकता.
२१५ सिद्धहेम. ८.१.८८.

अ आदल्या **आ**'त सांदून **आसा** जालें. सास्ट, बारदेस आनी तेरेखोलाचे अुत्तरेक हें रूप घोळटा. गोकर्णाचे दक्षिणेक **आस्स** म्हणटात.

**आसान्ति**—हांतूंतलें **न्** गळून आसाति हें रूप जालें. वेदीक आनी लोकीक संस्कृतांत तिसऱ्या पुरशाच्या वर्तमानकाळी भौवचनी कुसांतलें **न्** गळपाची चाल चलता. देखीक—'चषालं ये अश्वयूपाय तक्षति'[216]='यज्ञांत घोडो बांदचे मेडीखातीर जे कोण थोंबो[217] तासतात.' हांगा तक्षन्ति बदला तक्ष**ति** घालां.[218] तिसऱ्या गणाच्या धातुंच्या वर्तमानकाळांत तिसऱ्या पुरशाच्या भौवचनी कुसांतल्या **अन्ति** चें **अति** जाता. देखीक—बिभ्रति=ते धरतात; पोसतात. जुव्हति=ते होम करतात.[219] हे संस्कृत देखीन आसा**न्ति** चें आसा**ति** जालें आनी **ति** चें **न** जावन[220] आसा**न** हें रूप घडलें. बारदेसांत आनी तेरेखोलाचे अुत्तरेक हें रूप घोळटा. सास्टींत आसा**यि** आनी गोकर्णाचे दक्षिणेक **आस्सति** हीं रुपां घोळटात.

---

२१६ ऋग्वेद १.१६२.६.

२१७ यज्ञांत घोडो बांदची मेड मुसळावरी आसता. ती २१ हात लांब आसता. मुसळाच्या अेका तोंकाक लोखणाची अर्नस आनी दुसऱ्या तोंकाक लोखणाचो थोंबो आसता. घोड्याचे मेडीक फक्कत वैर लांकडाचो थोंबो आसता. कांय जाणांले म्हणणें भाशेन ताका सकला लोखणाची अर्नस आसता. यज्ञांतल्या घोड्याचे मेडिच्या थोंब्याक संस्कृतांत चषाल म्हणटात.

२१८ सिकौ. ३४३३। व्यत्ययो बहुलम्। ३ १.८५.

२१९ सिकौ. २४७९। अदभ्यस्तात्। ७.१.४. Whitney, Sanskrit Gr., § 646, p. 243: § 550 b, p. 207.

२२० सिद्धहेम. ८.१ ८८.

वैले बदल ध्यानांत घेतल्यार, बारदेशी रुपां वेदीक रुपांक चड लागशिलीं म्हणपाचें अुकतें दिसता.

लोकीक संस्कृत, पाली आनी प्राकृत भासांतल्या **अस्** धातुच्या वर्तमानकाळी रुपांवांगडा वैलीं कोंकणी रुपां सारकावन पळेल्यार तीं जमूंक कठीन दिसतात. तांचेपासून कोंकणी **आस** चो वर्तमानकाळ जावं नजं, म्हणपाचें सकैल्या वझ्यांवेल्यान घसघशीत रुजू जाता.

| पुरुश | संस्कृत | | पाली [221] | | प्राकृत [222] | |
|---|---|---|---|---|---|---|
| १ | अस्मि | स्मः | अस्मि, अम्हि | अस्म, अम्ह | अंसि, मि, म्हि, स्मि | म्हो, मो, म्ह, स्म, मु |
| २ | असि | स्थ | असि | अत्थ | सि, शि | त्थ |
| ३ | अस्ति | सन्ति | अत्थि, अठि साति | संति, संते | अत्थि, अस्ति | संति, शंति |

ह्या वझ्यांतलीं रुपां अेकामेकांक सारकावन पळेल्यार, संस्कृता-वेल्यान पाली आनी प्राकृत रुपां जाल्यांत म्हणपांत अिल्लोय दुभाव दिसना. परंत तांतूंतल्या खैन्याच रुपांपासून कोंकणी रुपां जावंक नात. प्राकृतांत जाल्यार **अत्थि** हें अेकूच अुतर तीनूय पुरशांत आनी दोनूय वचनांत सारकेंच घोळटा.[223] तांतूंत **हांव अत्थि, तुमी अत्थि** आनी **ते अत्थि** म्हणटात.

वैली फोडाणिशी ध्यानांत घेतल्यार, कोंकणी **आस** चो वैर दिल्लो वर्तमानकाळ **आ** ची भर घाल्ल्या वेदीक **लेट्** जातिच्या वर्तमानकाळा-

२२१ Mason, कच्छायनो's पाली Gr., p. 115.
२२२ Pischel, Prakrit Grammatik, § 498, p. 350.
२२३ सिद्धहेम. अत्थिस्त्यादिना । ८.३.१४८. वररुचि, प्राप्र. तिपात्थि । १२.२०.

वैल्यान घडलासो दिसता. वेदीक काळांत वा त्याआदीं **अस्** धातुचो **आ** ची भंर घाल्लो **लेट्** जातिचो वर्तमानकाळ (१) **असामि असाम** (२) **असासि असाथ** (३) **असाति असान्ति** असोय घोळटालो जावंये.

ह्या भायर दुसरोय अेक अदमास करुं येता. वररुचिल्या अेका सुत्राभाशेन संस्कृत **अस्** धातूबदला प्राकृतांत **अच्छ** धातू अुपकाराय-ताले.[२२४] ह्यालाले गाथासप्तशतींत संस्कृत **अस्तु** अर्थाचें प्राकृत **अच्छअु** हें अुतर मेळटा. '**अच्छअु** ता जणवाओ'= '**अस्तु** तावज्जनवादो'=' लोकांली म्हूणणी कशीय आसूं.' (३-१). क्रमदीश्वराल्या संक्षिप्तसारांत **अच्छ** च्या वर्तमानकाळार्चीं अच्छ**अि**, अच्छ**न्ति** अच्छ**त्थ** वा अच्छह हीं रुपां मेळटात खें.[२२५] म्हूणटकूच वर्तमानकाळांत **अच्छ** धातू (१) अच्छा**मि**, अच्छा**म** (२) अच्छ**सि**, अच्छ**त्थ** (३) अच्छ**अि**, अच्छ**न्ति** अशे तरेन चलतालो जावंये. अुच्चार-बदलाच्या नेमान **च्छ** चें **स** जाता, आनी ह्यांतूंत जोडगिराचें अेकोडें सादें अक्षर जाल्ल्या कारणान ताचे आदीं मोटवो स्वर आसल्यार लांब जाता. देखीक—**अिक्षु>अुच्छु>अूंस.** हे भाशेन, **अच्छ** धातुचीं बदल्लीं वर्तमानकाळी रुपां (१) **आसामि,** आसा**म** (२) आ**ससि,** आस**त्थ** (३) आस**अि,** आस**न्ति** अशीं जावंक अडचण ना. ह्यांचेपासून बारदेशी रुपां सोपेपणान जावं येतात: (१) **आसामि>आसांअि>** आसांअ>आ**सां. आसाम**>आ**सांव.** (२) **आससि**>आस**हि**> आस**अि** वा आस**यि**>आस**अ** वा आस**य** >आ**स,** आ**सा** वा आसा**य. आसत्थ**>आ**सात** (**त्थ** जोडगिराचें सादे अेकोडें **त** जालें देखून

२२४ वररुचि, प्राप्र. अस्तेरच्छः । १२.१९.

२२५ Cowell's edition of प्राकृतप्रकाश, p. 184.

आदल्या **स** चो **सा** जालो). (३) **आसअि** > आसअ > आसं वा आ**सा.** **आसन्ति**>आ**साति** (**न्** गळून **न्ति** जोडगिराची सादी **ति** जाली देखून आदल्या **स** चो **सा** जालो) > आसात. ह्या अुच्चार-बदलांचे नेम वैर दिल्यात. दुसऱ्या पुरशाचें अेकवचनी **आससि** हें रूप सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत घोळटालें म्हणपाचें पाद्री स्टीफन्साल्या व्याकरणावैल्यान दिसता. तशेंच, पैलो पुरुश भौवचन **आसौं**, दुसरो पुरुश भौवचन **आसत**, तिसरो पुरुश अेकवचन **आस** आनी भौवचन **आसति** हीं रुपां त्या वेळार थै घोळटालीं.[२२६]

**च्छ** चें **स** जायनासतना **अच्छ** धातूपासून जाल्लीं वर्तमानकाळी रुपां ओडियी, बंगाली, गुजराथी, गडवाली, कुमावनी बी भासांनी अजून घोळटात. **हांव आसां, आमी आसांव** ह्या अर्थाचीं त्या भासांतलीं अुतरां पळ्यातः ओडियी : अच्छि, अच्छु. बंगाली : आच्छि, आच्छि. गुजराथी : छुं, छओिअे. गडवाली : छौं, छवाअूं. कुमावनी : छ्यौं, छूं; छों, छ्यूं.[२२७]

---

२२६ Estevão, § 217, p. 54. स्टीफन्सान कोंकणी अुतरां पुर्तुगेज-रोमी लिपींत बरैल्यांत. पुर्तुगेजींत दोन स्वरांमदीं s आयल्यार ताचो अुच्चार ज जाता. देखून कोंकणी **स** चो अुच्चार दाखोवंक तार्णे ss घाल्यांत. आ**स**ति हें अुतर तार्णे assŏti अशें बरैलां. परंत ताचो अुच्चार आ**स्स**ति असो करूंक फावना. आसौं हें अुतर स्टीफन्सान assŏũ–आ**स**अुं अशें बरैलां ; परंत ताचो अुच्चार आ**सौं** असो करूंक जाय. खासा स्टीफन्सालें नांव Estevaõ—अिस्तेव्हअुं अशें बरैलां. परंत ताचो अुच्चार Estevão— अिस्तेव्हंव असो करूंक जाय. सोळाव्या शेंकड्यांत पुर्तुगेज अुतरांत निमाणे दोन स्वर येवन तांतूंतल्या आदल्या स्वराचेर अनुस्वार आयल्यार तो निमाण्या स्वराचेर घालची चाल आसली.

२२७ LSI., I, ii, pp. 253, 259. Kellogg, Hindi Gr., Table 18.

कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनी **आस** च्या वर्तमानकाळाक जमणीं कांय रुपां घोळटात. **हांव आसां, आमी आसांव** ह्या अर्थाचीं त्या भासांतलीं अुतरां पळ्यात :—आसामी : आसों, आसों. शोदोची : आसा, आसा. पंगवाळी : असा ; असे. किंवठली : ओस्सू, आसू ; ओस्सू, आसू. बघाटी : ओस्सू, ओस्सू. बंगाली : आसो, आसि.[२२८]

कोंकणींत **आस** धातुच्या वर्तमानकाळाचीं सकला दिल्लीं रुपांय चंडकरून बारदेसांत घोळटात. अुच्चार-बदलाच्या नेमान तांतूंत **स** चें **ह** जालां.[२२९]

(१) आहां, आहांव (२) आहाय, आहात (३) आहा, आहात. हांकांय जमणीं रुपां कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनी घोळटात. **हांव आसां, आमी आसांव** ह्या अर्थाचीं त्या भासांतलीं अुतरां पळ्यात:— लहंदी : आहां, हां ; आहां, हां, हैं. पंजाबी : हां ; हां, हैं. सिंधी : आहियां, आहियूं. बैस्वाडी : अहअूं, हौं ; अहहिं, अहैं. कनोजी : हौं, हैं.[२३०] मराठी : आहें, आहों.

**आस** चीं सिंधी वर्तमानकाळी रुपां पळोवन बीम्सालें मत्त जालें कि पुर्विल्ल्या काळांत संस्कृत **अस्** चो वर्तमानकाळ पैल्या गणाच्या धातूवरी म्हळ्यार (१) अस**ामि**, असाम**:** (२) अस**सि**, अस**थ** (३) अस**ति**, अस**न्ति** अशे तरेन चलतालो जावंये.[२३१] परंत हाचेय परस वैर दिल्ल्या वेदीक **लेट्** वर्तमानकाळावरी तो चलतालो म्हळ्यार चंड बरें. सिंधी आनी हेर भासांतल्या रुपां परस कोंकणी रुपां त्या काळाक चंड जमतात.

———

२२८ LSI., I, ii, pp. 253, 259.

२२९ वररुचि, प्राप्र. २.४६.

२३० LSI., I, ii, pp. 253, 259. Kellogg, Hindi Gr., Table 18.

२३१ Beames, Comp. Gr., III, p. 172.

**न्हयकार—आस** धातुच्या वैर दिल्लया वर्तमानकाळाचीं रुपां अुच्चार-वदलान **लेट्** जातच्या वर्तमानकाळी कुसांवरी जातात तीं अशीं:—

| पुरुश | अेकवचन |
|---|---|
| १ | आसां> आहां> आआं> **आं** |
| २ | आसाय> आहाय आआय> **आय** वा **आ** |
| ३ | आसा> आहा> आआ> **आ** |

| पुरुश | भौवचन |
|---|---|
| १ | आसांव> आहांव> आआंव> **आंव** |
| २ | आसात> आहात> आआत> **आत** |
| ३ | आसात> आहात> आआत> **आत** |

ह्या रुपांत लागत्यार संस्कृत **न** अव्यय भरतकूच **आस** धातुचो न्हयकारी वर्तमानकाळ जाता. देखीक:—

| पुरुश | अेकवचन | भौवचन |
|---|---|---|
| १ | न + आं = **नां** | न + आंव = **नांव** |
| २ | न + आय, आ = **नाय, ना** | न + आत = **नात** |
| ३ | न + आ = **ना** | न + आत = **नात** |

नांव बदला नांत हेंय रूप पैल्या पुरशाच्या भौवचनांत घोळटा.

**हो न्हयकार मराठी न्हयकारापरस जायतो वेगळो.**

**आस** धातुचो वर्तमानकाळ दुसरे तरेनूय म्हळ्यार करणेच्या धातुविशेशणाक कर्त्याच्या पुरशाचीं कुसां लावन जाता.

करणेचीं धातुविशेशणां दोन तरांचीं: अपूर्ण आनी पूर्ण. हांतूंतलें अपूर्ण धातुविशेशण दुसरे तरेचो वर्तमानकाळ घडूंक अुपकारता.

संस्कृतावरी धातूक **अत्** कूस लावन[२३२] अपूर्ण धातुविशेशण करतात. कोंकणींत हें कूस **अत** अशें बरैतात. पुण तांतूंतलें निमाणें

२३२ सिकौ. ३१०० । लटः शतृशानचावप्रथमासमानाधिकरणे । ३.२.१२४.

अ मोनें अुरता. देखीक—आस + **अत्** = आस**त**. धांव + **अत्** = धांव**त**.

धातूक **अत्** कूस लायतना कांय नेम लागू जातात ते अशेः—

(त) मोन्या **अ न** सोंपिल्ले अकर्मी धातू आनी मोन्या **अ न** सोंपिल्ले आडांगी कर्मी धातू (ओंक आनी जेव धातू सोडून) हांकां **अत्** लागतना हांतूंत कांय बदल जायना. देखीक— आ**स** + अत् = आ**सत**, धां**व** + अत् = धां**वत**, सम**ज** + अत् = सम**जत**, न्हे**स** + अत् = न्हे**सत**.

[आडांगी कर्मी धातुंची वळेरीः अुलै, ओंक, खेळ, चड, चल, जेव, झूज, दॅंव, न्हेस, पांगूर, पिये, विये, विसर, शीक, समज. हांकां आडांगी म्हणचें कारण फुडें भूतकाळांत दिलां. ही वळेरी पूर्ण न्हंय. आनीकूय असले धातू मेळटीत.]

(थ) मोन्या **अ न** सोंपिल्ले कर्मी धातू आनी ओंक आनी जेव हे आडांगी कर्मी धातू हांकां **अत्** बदला **अित्** लागता. देखीक—**मार**+**अित्** = मा**रित**, रो**य** + **अित्**=रो**यित**, क**र** + **अित्**=क**रित**. **ओंक**+**अित्** =ओं**कित**, जे**व** + **अित्** = जे**वित**. पुण हीं रुपां फकत न्हयकारांत आनी विशेशणी अुपयोगांत चलतात. हयकारांत **अत्** लायल्ल्यावरीच तीं घोळटात. देखीक—मा**र**त, रो**य**त, क**र**त, ओं**क**त, जे**व**त.

**वच** ह्या अकर्मी धातुचें अपूर्ण धातुविशेशण **वचत** हें फक्कत न्हयकारांत आनी विशेशणी अुपयोगांत चलता. हयकारांत ताचें **वेत** वा **वत** हें रूप घोळटा.

(द) **आ**, **अि**, **अू**, **अे** आनी **अै** न सोंपिल्ल्या धातूंक अत् लायतना अुच्चार-बदलान **यत्** जाता.[२३३] संस्कृतांत अशीच चाल आसा.

---

२३३ सिद्धहेम. अवर्णो यश्रुतिः ।.८.१.१८०. नअरं>नयरं=नगर, शार.

तांतूंत **आ** न सोंपिल्ल्या धातूंक **अक** कूस लायतना अक चें **यक** जाता.[२३४] देखीक—दा + अक = दा**यक**=दितलो. स्था+अक = स्था**यक** = अुबो रावतलो. हीच चाल कोंकणींत चिके चंड सैलायेन चलता. देखीक—जा + अत् = जा**य**त. दी + अत् = दी(दि)**य**त. धू+अत् = =धू(धु)**य**त. घे+अत्=घे**य**त अुलै + अत् = अुलै**य**त. पुण हीं रुपां फक्कत न्हयकारांत आनी विशेशणी अुपयोगांत चलतात. ह्यकारांत **अत्** लायल्ल्यावरीच तीं घोळटात आनी अुच्चार-बदलान तांतूंतलें **अ** लिपता.[२३५] देखीक—जा + अत् = **जात**. हेच भाशेन, **दी(दि)त, धू(धु)त, घेत, अुलैत.** अुलै**य**त हांतूंतलें **य** न्हयकारांत आनी विशेशणी अुपयोगांतूय लिपता. हाचें कारण **अुलै** हांतूंत निमाणो **अै** संदीस्वर आसून तांतूंत **य्** आसा, हें जावंये. दोन **य** अेकामेकांक तेंकून रावनात. तांतूंतलें अेक लिपता.[२३६] हे भाशेन अुलै**य**त हाचें **अुलैत** हें रूप जाता.

(ध) **ई** आनी **अू** स्वरांनी सोंपिल्ल्या धातूंक कूसां लागतना हे स्वर मोटवे जातात. देखीक—**दी**+अत्= **दि**त ; **दी**+यत् = **दि**यत. **धू**+अत् = **धु**त ; **धू** + यत् = **धु**यत. धातुच्या निमाण्या आदल्या अक्षरांत **ई** वा **अू** स्वर आसल्यावर कुसां लागतना मोटवे जातात. देखीक—**शीक** + अत् = **शि**कत. अूठ + अत् = **अु**ठत.

आतां **आस** धातुच्या अपूर्ण धातुविशेशणाक **लेट्** चीं वर्तमान-काळी कुसां लावन दुसरे तरचो वर्तमानकाळ घडुंया.

---

२३४ सिकौ. २७६१ । आतो युक्चिण्कृतोः ७.३.३३.

२३५ वररुचि, प्राप्र. संधावचामज्लोपविशेषा बहुलम् । ४.१.

२३६ सिकौ. ६० । हलो यमां यमि लोपः । ८.४.६४.

| पुरुश | अेकवचन |
|---|---|
| १ | आसत + **आं** = आसतां |
| २ | आसत + **आय, आ** = आसताय, आसता |
| ३ | आसत + **आ** = आसता |

| पुरुश | भौवचन |
|---|---|
| १ | आसत + **आंव** = आसतांव |
| २ | आसत + **आत** = आसतात |
| ३ | आसत + **आत** = आसतात |

पैलो पुरशी भौवचनी आसतांव बदला आसतांत अशेंय म्हणटात.

हेंच भाशेन हेर धातुंचो वर्तमानकाळ घडचो. देखीक, **मार** धातू घेवंया. ह्या धातुचें अपूर्ण धातुविशेशण मारित; पुण हयकारांत मारत रूप घेवंक जाय (थ नेम पळ्यात).

| पुरुश | अेकवचन |
|---|---|
| १ | मारत + **आं** = मारतां |
| २ | मारत + **आय, आ** = मारताय, मारता |
| ३ | मारत + **आ** = मारता |

| पुरुश | भौवचन |
|---|---|
| १ | मारत + **आंव** = मारतांव (तांत) |
| २ | मारत + **आत** = मारतात |
| ३ | मारत + **आत** = मारतात |

वैल्या रुपांत कांय थळावे भेद चलतात ते अशे :—तेरेखोलाची अुत्तर: पैलो पुरुश अेकवचन मारतंय वा मारतैं, भौवचन मारतौं. दुसरो पुरुश अेकवचन मारतस. तिसरो पुरुश भौवचन मारतत.[२३७]

---

२३७ Bhandarkar, WPL., p. 264. **कर** धातुचीं रुपां पळ्यात.

सास्ट: दुसरो पुरुश अेकवचन **मारता.** पैलो, दुसरो आनी तिसरो पुरुश भौवचन **मारतायि.** गोकर्णाची दक्षीण: पैलो पुरुश भौवचन **मारताति.** दुसरो पुरुश अेकवचन **मारता.** दुसरो आनी तिसरो पुरुश भौवचन **मारताति.**[२३८] सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत दुसऱ्या पुरशाचें अेकवचन **मारितासि,** भौवचन **मारिताथ** आनी तिसऱ्या पुरशाचें भौवचन **मारिताति** अशें घोळटालें.[२३९]

अपूर्ण धातुविशेशणाक कुसां लावन घडिल्लो वर्तमानकाळ रीतवर्तमान दाखोवंकूय अुपकारता. देखीक— सकाळचो तो सदींच धरा **आसता** आनी पोरसांत **भोंवता.**

संस्कृतावरी कोंकणी वर्तमान आनी रीतवर्तमान कर्त्याच्या लिंगाभाशेन बदलना. देखीक—तो-ती-तें **आसा, आसता, धांवता.** ते-त्यो-तीं **आसात, आसतात, धांवतात.**

कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनी कोंकणीवरीच वर्तमानकाळी कुसां घोळटात आनी कर्त्याच्या लिंगाभाशेन तीं बदलनात. ही चाल चंडकरून पंजाबी, लहंदी आनी पश्चिम हिमालयी भासांनी दिस्टी पडटा. देखीक— **हांव मारतां** ह्या अर्थाचीं सकैल्या भासांतलीं अुतरां पळयात: डोग्री पंजाबी: आॅं **मारदा.** चमेआळी: हौं **मारदा.** गादी: औं **मारदा.** पंगवाळी: औं **कुट्टता.** भद्रवाही: औं **कुटतां.** हिंदकी लहंदी: मैं **मारेंदां.**[२४०] **आमी मारतांव** ह्या अर्थान गडवालींत **मार्दौं, मार्दाॅं** अशें म्हणटात. **तुमी मारतात** ह्या अर्थान गडवालींत सास्टींतलेवरी **आयि** कूस

---

[२३८] Katre, The Formation of Konkani, § 267, p. 128. **जा** धातू पळयात.

[२३९] Estevão, § 121, p. 37. **सोड्** धातुचीं रुपां पळयात.

[२४०] LSI., I, ii, p. 279.

लावन **मार्दाअी** (मार्दायी) म्हणटात. 'केलाअी जनानीकू दुख देन्दाअी?'='ते बायलेक तुमी दुख किल्याक दितायि (दितात)?'[२४१] **तूं मारता** ह्या अर्थान सकैल्या भासांतलीं अुतरां पळ्यातः डोग्री पंजाबीः तूं **मारदा**. चमेआळी आनी गादीः तू **मारदा**. पंगवाळीः तू **कुट्ता**. भद्रवाहीः तू **कुटतां** वा **कुट्टस**.[२४२] **तू आहाय** ह्या अर्थान हिंदुस्तानी, ब्रज, कनोजी, बघेली, मेवाटी, माळवी, चमेआळी बी भासांनी **है** म्हणटात.[२४३] **तो आहा** ह्या अर्थान तिनावली, लहंदी, मंडेआळी, गादी बी भासांनी **हा** म्हणटात.[२४४] **तो मारता** ह्या अर्थाचीं सकैल्या भासांतलीं अुतरां पळ्यातः डोग्री पंजाबीः **ओह मारदा**. धन्नी लहंदीः **ओह मरेंदा**. चमेआळीः **ओ मारदा**. गादीः **ओह मारदा**. पंगवाळीः **से कुट्टता**.[२४५] **तुमी मारतात** ह्या अर्थान भद्रवाहींत **कुट्टथ**, **कुट्टत**, **कुटतथ** वा **कुटतत** म्हणटात.[२४६]

तिसऱ्या पुरशाचें भौवचन सोडून, हेर वर्तमानकाळी कुसां **कोंकणी परस मराठी वेगळीं**. त्याभायर, अेकवचनांत तीं कर्त्याच्या लिंगाभाशेन बदलतात. देखीक, **मार** धातुचो वर्तमानकाळ पळ्यातः—

(१) मारतों-त्यें-तें; मारतों.

(२) मारतोस-त्येस-तेंस; मारतां.

(३) मारतो-त्ये-तें; मारतात.

देखून **कोंकणी परस मराठी वेगळी**.

---

२४१ LSI., IX, iv, p. 291.
२४२ LSI., I, ii, p. 281.
२४३ LSI., I, ii, p. 255.
२४४ LSI., I, ii, p. 257.
२४५ LSI., I, ii, p. 283.
२४६ LSI., I, ii, p. 287.

**न्हयकार—आस** आनी हेर धातुंच्या अपूर्ण धातुविशेशणान घडिल्ल्या वर्तमानकाळाचो न्हयकार करूंक धातुविशेशणांतलें निमाणें **त** गळोवचें आनी ताचे बदला **आस** धातुच्या न्हयकारी वर्तमानकाळाचीं **नां, नांव** बी कुसां लावचीं. हीं लायतना **त, थ, द, ध** हे नेम ध्यानांत आसचे. देखीक—आस**त** + नां = आस + नां = आस**नां.** हेच भाशेन समज**त** + नां = समज**नां.** न्हेस**त** + नां = न्हेस**नां.** मारि**त** + नां = मारि**नां.** रोयि**त** + नां = रोयि**नां.** लायि**त** + नां = लायि**नां.** करि**त** + नां = करि**नां.** ओंकि**त**+नां = ओंकि**नां.** जेवि**त** + नां = जेवि**नां.** वच**त** + नां = वच**नां.** जाय**त** + नां = जाय**नां.** दिय**त** + नां = दिय**नां.** धुय**त** + नां = धुय**नां.** घेय**त** + नां = घेय**नां.** अुलैय**त** + नां = अुलैय**नां.** हीं सगळीं पैल्या पुरशाचीं अेकवचनी रुपां आसात. हांतूंतलीं रो**यि**नां. ला**यि**नां, दि**य**नां, घे**य**नां, अुलै**य**नां, हीं अुतरां रो**य**नां, ला**य**नां, **दिनां, घेनां** आनी **अुलैनां** अशीं ताकतीन अुच्चारतात आनी बरैतात; तींच आतां चंड घोळटेंत आसात. हांच्या नात्यांतल्या धातुंचीय अशीच अवस्ता जाल्या. देखीक—कुस्कुटा**यि**नां>कुस्कुटा**य**नां. दाखै**य**नां> **दाखैनां.** बरै**य**नां>**बरैनां.**

न्हयकारी कुसांआदीं अपूर्ण धातुविशेशणांतलें **त** ( **त्** ) कित्याक गळ्ळें हाची फोडणिशी करूंक जाय. संस्कृतांत **त्** व्यंजनाफुडें **न** आयल्यार त्या **त्** चें **न्** जाता.[२४७] देखीक—सत्या**त्** + **न** प्रमदितव्यम् = सत्या**न्** + **न** प्रमदितव्यम् = सत्या**न्न** प्रमदितव्यम् = खऱ्यापासून कडसरचें न्हय.[२४८] ह्याच नेमान न्हयकारी **नां** आदीं कोंकणी अपूर्ण धातुविशेशणांतल्या **त** ( **त्** ) चें **न्** जालें. आस**त** ( **त्** ) + **नां** = आस**न्** + नां = आस**न्नां** > आस**नां** अशे तरेन हें रूप घडलां.

---

२४७ सिकौ. ११६ । यरोऽनुनासिकेऽनुनासिको वा । ८.४.४५.

२४८ तैत्तिरीयोपनिषत् १.११.

फक्कत रीतभूतकाळ सोड्डून कोंकणी तरेन न्हयकार घडची चाल मराठींत घोळना. रीतभूतकाळांत मी होओीना, तूं होओीसना, तो-ती-तें होओीना बी रुपां मराठींत घोळटात.[२४९] हो आडवाद म्हणूंक जाय.

**आस** च्या अपूर्ण धातुविशेशणान घडिल्ल्या वर्तमानकाळाचो न्हयकार दुसरेय तरेन जाता. ही तरा म्हळ्यार **न** अव्ययांत वर्तमान-काळी रुपां भरचीं. देखीक—**न** + आसतां = **ना**सतां.

## भूतकाळ

कोंकणी भूतकाळ करणेच्या पूर्ण धातुविशेशणान जाता. धातूक **ल** लावन पूर्ण धातुविशेशण करतात. देखीक—आस+**ल**=आस**ल**, मार+**ल**=मार**ल**, रोय+**ल**=रोय**ल**, जा+**ल**=जा**ल**, दी (दि)+**ल**=दि**ल**, धू (धु)+**ल**=धु**ल**, अुलै+**ल**=अुलै**ल**. हें **ल** नामाच्या लिंग-वचना भाशेन बदलता; म्हळ्यार **लो-ली-लें, ले-ल्यो-लीं** अशीं ताचीं रुपां जातात. देखीक—आस**लो-ली-लें**, आस**ले-ल्यो-लीं**.

कोंकणींत हें **ल** खेंच्यान आयलें ? संस्कृतांत पूर्ण धातुविशेशणाचीं दोन कुसां आसातः **त** आनी **तवत्**. हांकां 'निष्ठे' चीं कुसां म्हणटात. भूतकाळी अर्थ दाखोवंक हीं अुपकारतात.[२५०] हांतूंतल्या **त** पासून कोंकणी **ल** जालें. हें **त** नामाच्या लिंग-वचना भाशेन बदलता; म्हळ्यार **तः-ता-तम्, ताः-ताः-तानि** अशीं ताचीं रुपां जातात. कोंकणींतूय वैर सांगिल्ले भाशेन **ल** चीं रुपां बदलतात.

पूर्ण धातुविशेशणान भूतकाळ सादची चाल चंड सोंपी आनी भौच पुर्विल्ली आसा. संस्कृतांत **लिट्**, **लङ्** आनी **लुङ्** नांवांचे तीन तरांचे

---

२४९ Katre, The Formation of Konkani, § 281 p. 134.

२५० सिकौ. ३०१२। क्तक्तवतू निष्ठा। १.१.२६; ३०१३। निष्ठा। ३.२.१०२। **भूतार्थवृत्तेर्धातोर्निष्ठा स्यात्।**

आळख्या-विळख्यांचे भूतकाळ आसात. पुण धातूक निखटें **त** वा **तवत्** कूस लावनूय भूतकाळ सादची सादी-सोपी चाल तांतूंत चलता. देखीक—देवदत्तो **गतो** ग्रामम्=देवदत्तो गांवा गेलो. विष्णुर्विश्वं कृ**तवान्**= विश्णून संवसार केलो (घडलो). वेदीक संस्कृतांतूय ही चाल चलता. तांतूंत भूतकाळा बदला पूर्ण धातुविशेशण घालतात.[२४१] देखीक—सोमं सुषु**वाणः**=ताणें सोमरोस पिळ्ळो (काडलो). संस्कृतावरीच पालींत तीन तरांचे भूतकाळ आसात. पुण तांतूंतूय पूर्ण धातुविशेशणी **त** कूस लावन भूतकाळ घडची सादी चाल चलता. देखीक—गरुडेन ह**तो** नागो=गरुडान सोरोप माल्लो.[२४२] प्राकृतांत जाल्यार पूर्ण धातुविशेशणी **त** कुसाचें बदल्लें रूप लावनूच भूतकाळ घडात. तांतूंत वेगळे तरेचो आनीक भूतकाळ ना. देखीक—तह सोण्हाअि पुलअि**ओ...** (तथा स्नुषया प्रलोकि**तो...**)=तसो सुनेन प**ळेलो.**[२४३] हांतूंत संस्कृत **तः** (तो) चो प्राकृतांत **ओ** आनी कोंकणींत **लो** जालो. कोंकणीन आनी तिगेल्या भैण-भासांनी आळख्या-विळख्यांचे भूतकाळ सोडून सादी रीत चलैली; म्हळ्यार त्यो संस्कृत पूर्ण धातुविशेशणी **त** कूस वा ताचें बदल्लें रूप करणेच्या धातूक लावन भूतकाळ घडूंक लागल्यो. कोंकणी **पळेलो** हो भूतकाळ अशेच तरेन घडला. संस्कृत **प्रलोकितो** (तः) ह्या पूर्ण धातुविशेशणापासून **पळेलो** हें अुतर जालां.

संस्कृत पूर्ण धातुविशेशणी **त** कूस अजून कांय भासांनी घोळटा. देखीक—कोंकणी **आसलो** (मूळ आस**तः**>आस**तो**) ह्या अर्थान डाह-हनू शीणा भासेंत आ**स्तु,** पोगुली काश्मिरींत आह**तू** आनी रामबनी

---

२४१ सिकौ. ३०९४ । लिटः कानज्वा । ३.२.१०३.

२४२ Mason, काच्छायनो 's पालि Gr., pp. 128, 160.

२४३ गाथा सप्तशती ३.५४.

काश्मिरींत आतू हीं अुतरां घोळटात.[२४४] अुच्चार-बदलाच्या नेमान **ओ** चो **अु** जावन[२४५] आसतो चें आसतु वा आस्तु जालें. तशेंच **स** चें **ह** जावन[२४६] आहतू आनी **ह** मोवाळून आअतू >**आतू** हीं रुपा जालीं. कनोजी, बुंदेली, बनाफरी बी हिंदी भासांनी आनी गुजराथींत **आसतो** हांतूंतलो **आ** गळून[२४७] आनी **स** चें **ह** जावन **हतो** हें रूप जालें. बुंदेली हिंदींत आदलें **ह** गळून निखटें **तो** हेंय रूप घोळटा. कनोजी हिंदींत **थो** हेंय रूप घोळटा. फुडल्या **तो**'त अभिलें **ह** मेळून **थो** हें रूप जालें. मेवाती, गुजुरी, माळवी, निमाडी बी राजस्तानी भासांतूय **थो** हें रूप घोळटा.[२४८] हिंदुस्तानी आनी हेर कांय भासांनी **ओ** बदला **आ** करची चाल आसा. देखून, तांतूंत **थो** चो **था** जालो. डोग्री पंजाबी आनी जंवसारी, सिरमावरी, बघाटी, शोदोची, कुळुअी बी हिमालयी भासांनी **था** हें रूप घोळटा.[२४८] घिसाडी गुजराथींत हतो बदला **हो**तो म्हणटात आनी मराठींत **ओ** बदला **आ** करचे चालीन हो**ता** म्हणटात.[२४८] मेळून हीं सगळीं रुपां मूळ **आसतो** पासून जाल्यांत आनी तांतूंत संस्कृत **त** घसघशीत दिसता.

लहंदींत **असा, आसा, सा, आहा,** आह आनी **हा** हीं रुपां घोळटात. तशेंच डोग्री पंजाबींत **सा** हेंय रूप घोळटा.[२४८] हांतूंत जरी

२४४ LSI., I, ii, p. 269.

२४५ सिद्धहेम. स्यमोरस्योत् । ८.४.३३१ । दशमुखः>दशमुखो> दहमुहु=रावण. शंकरः>शंकरो>संकरु.

२४६ वररुचि, प्राप्र. २.४६.

२४७ सिद्धहेम. वालाब्वरण्ये लुक् । ८.१.६६ । अरण्यम्>रण्णं> रान.

२४८ LSI., I, ii, p. 269.

त दिसना, तरी तीं **आसतो** पासुनूच जाल्यांत. अुच्चार-बदलाच्या नेमान आसतो > आसतु > आसअु > आसअ > **आसा**, असा ; आसा > **सा** ; आसा > आहा, आह ; आसा > **हा** ; अशीं हीं रुपां जाल्यांत.[२४९]

मगधी बिहारींत **हलअु**, **हलयि**, **हल** आनी मैथिली बिहारींत **हल** अशीं रुपां घोळटात.[२५०] हांतूंतूय **त्** दिसना. तरी, तीं **आसतो** पासुनूच जाल्यांत. अुच्चार-बदलाच्या नेमान आसतो > आसतु > आहलु > हलु > हल अशीं रुपां जातात. बारदेसांत आसलो बदला आहलो वा आहालो हींय रुपां घोळटात.

आतां मुळच्या संस्कृत **त** चें **ल** कशें जालें म्हणपाचो सोद करुंया. ह्या संबंदान भास-शास्त्र्यांली वेगळी वेगळी म्हणणी आसा. तांगेल्या मत्तान **त > द > ड > ल**[२५१] वा **त > द > ड > र, ल**[२५२] अशे तरेन तें जालां. पुण ही अेदी लांब सर्पळी कित्याक? **त** चें अेकदम **ल** जाल्ल्यो देखी संस्कृतांत आनी पालींत मेळटात. संस्कृत **फुल्लः** आनी **फुल्लवान्**=अुगळ्ळो, फुललो हीं अुतरां **तः** आनी **तवान्** हांचीं अनुक्रमान **लः** आनी **लवान्** अशीं रुपां जावन जाल्यांत.[२५३] तशेंच, **अुत्फुल्लः**, **संफुल्लः**=अुगळ्ळो, फुललो हींय अुतरां **तः** चें **ल** जावन जाल्यांत.[२५४]

---

२४९ सिद्धहेम. ८.४.३३१. ८.१.६६; वररुचि, प्राप्र. २.२,२.४६.

२५० Kellogg, Hindi Gr., Table 18.

२५१ Beames, Comp. Gr., III, pp. 134-135.

२५२ Bhandarkar, WPL., p. 221.

२५३ सिकौ. ३०३५ । अनुपसर्गात्फुल्लक्षीबकृशोल्लाघाः । ८.२.५५ । ञिफला । फुल्लः । **निष्ठातस्य लत्वं निपात्यते ।**

२५४ वार्तिक. अुत्फुल्लसंफुल्लयोरुपसंख्यातम् ।

पालींत आरुह्+त=आरुह्ळ=चडलो, गह्+त=गाह्ळ=घेतलो, डह्+त=डह्ळ=जळ्ळो अशीं त चें ल जाल्लीं रुपां मेळटात.[२५५] ह्याभायर, अुच्चार-बदलाच्या नेमान त चें ल जाता. देखीक—अतसी>अलसी (अक्शी), सातवाहन > सालवाहण.[२५६] हे फोडणिशेवैल्यान कोंकणींत त चें ल जालां तें संस्कृत चाली अितलेंच भौच पुर्विल्लें आसा, म्हणपाचें रुजू जाता. कोंकणींतल्या कांय नामांतूय त चें ल जाल्लें दिसता. देखीक—खद्योत> काजुलो. प्रभात > फालें.

कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनी त चें ल जावन घडिल्ले भूतकाळ घोळटात. देखीक—कोंकणी आसलो ह्या अर्थाचीं सकैल्या भासांतलीं अुतरां पळ्यातः चिलासी शीणाः आसिलो. गिलगिती शीणाः असुलु. पूर्व बंगाली आनी आसामीः आसिल.[२५७] कोंकणी माल्लो ह्या अर्थाचीं सकैल्या भासांतलीं अुतरां पळ्यात : बंगालीः मारिल, माल्लें. ओडियी : मारिला. बिहारीः मारलक. आसामी : मारिले. मराठी : मारिला.[२५८] हिंदींतूय ही चाल चलता. देखीक—तब ब्रह्मा पुछल महतारी। को तोर पुरुष का करि तुम नारी=तेन्ना ब्रह्मयान आवैक विचाल्लें, 'तुगेलो घोव कोण आनी तूं कोणाली बायल?'[२५९]

कोंकणी भूतकाळ घडपांत सकैल्यो गजाली ध्यानांत आसूंक जायत. वाक्याची घडण कर्मणी आसता, म्हळ्यार कर्माच्या लिंग-वचना भाशेन क्रियापद बदलता, तेन्ना करणेच्या पूर्ण धातुविशेशणाक कर्त्याच्या पुरशाचीं

---

२५५ Mason, कच्चायनो's पालि Gr., p. 131.

२५६ सिद्धहेम. अतसी सातवाहने लः । ८.१.२११.

२५७ LSI., I, ii., p. 269.

२५८ LSI., I, ii., p. 295. Kellogg, Hindi Gr., Table 21.

२५९ Bhandarkar, WPL., pp. 221-222.

कुसां लायनासतना भूतकाळ घट्टात. देखीक—'शाणून केळीं खालीं.' हें कर्मणी वाक्य. हांतूंत केळीं हें कर्म नपुंसकलिंगी भौवचनी आसा, देखून ताच्या लिंग-वचना भाशेन **खा** धातुचें खाल हें पूर्ण धातुविशेशण नपुंसकलिंगी भौवचनी करून, ताका हेर कसलेंच कूस लायनासतना खालीं हें भूतकाळी रूप घडलें. ह्या वाक्यांत शाणू हो पुरुशलिंगी अेकवचनी कर्तो आसा. पुण ताच्या लिंग-वचनाभाशेन क्रियापद बदलूंक ना; कर्माच्या लिंग-वचनाभाशेन बदलां. हांवें, तुवें, ताणें, तिणें, आमी, तुमी, तांणी ह्या पुरशांतल्या कोणाय पुरशा वांगडा खालो, खाली, खालें, खाले, खाल्यो, खालीं हांतूंतलें खैंचेंय रूप कसलोच बदल करिनासतना चलोवं येता. हे भाशेन, कर्मणी घडणेंतलो भूतकाळ भौच सोपो म्हळ्यार जाता. हे घडणेंत कर्तो तिसरे वा चौथे विभक्तींत आसता. असलो कर्मणी भूतकाळ सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत घोळटालो[२६०] आनी आजूय थें आनी बारदेस सोडून हेर सगळेकडेन घोळटा. बारदेसांत दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **य** आनी तिसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत **त** कूस लायतात.[२६१] पुण हीं कुसां लावची गरज ना. कित्याक, कर्मणी वाक्यांत कर्माभाशेन क्रियापद बदलता. कर्त्याभाशेन बदलना.

वाक्याची घडण कर्तरी आसता, म्हळ्यार कर्त्याच्या लिंग-वचना-भाशेन क्रियापद बदलता, तेन्ना करणेच्या पूर्ण धातुविशेशणाक कर्त्याच्या पुरशाचीं कुसां लावन भूतकाळ घट्टात. देखीक—'हांव शीत जेवलों.' हें कर्तरी वाक्य. हांतूंत हांव हो कर्तो पुरुशलिंगी लेखला. तो अेकवचनी आसा. देखून ताच्या लिंग-वचनाभाशेन **जेव** धातुचें जेवल हें पूर्ण धातुविशेशण पुरुशलिंगी अेकवचनी म्हळ्यार **जेवलो** अशें करून, ताका कर्त्याच्या पुरशाचें म्हळ्यार पैल्या पुरशाचें अेकवचनी

---

२६० Estevão, § 125, p. 38. **सोद** धातू पळयात.

२६१ Rita e Souza, p. 110. **कर** धातू पळयात.

कूस लायलें आनी जेवलों हें भूतकाळी रूप घडलें. ह्या वाक्यांत शीत हें नपुंसकलिंगी अेकवचनी कर्म आसा. पुण ताच्या लिंग-वचनाभाशेन क्रियापद बदलूंक ना; कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन बदल्लां.

कर्मणी वाक्यांत सदींच कर्म आसता. कर्मा वगर कर्मणी वाक्य जावं नजं. पुण कर्तरी वाक्यांत कर्म आसता वा नासता. देखीक— 'हांव शीत जेवलों' ह्या कर्तरी वाक्यांत शीत हें कर्म आसा. देखून ह्या वाक्याची घडण कर्तरी कर्मी म्हणटात. 'हांव आसलों' ह्या कर्तरी वाक्यांत कर्म ना. देखून ह्या वाक्याची घडण कर्तरी अकर्मी म्हणटात. ह्या दोनूय घडण्यांत, कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन वदल्ल्या पूर्ण धातु-विशेशणाक कर्त्याच्या पुरशाचीं कुसां लावन भूतकाळ घट्टात. हीं कुसां अुच्चार-बदलाच्या नेमान बदल्लीं **लेट्** जातच्या वर्तमानकाळाचींच आसतात. हीं कुसां लायतना हांतूंतलो **आ** गळटा. हे भाशेन पैल्या पुरशाच्या अेकवचनांत **आं** कुसांतलो निखटो अनुस्वार (ं) अुरता, आनी भौवचनांत **आंव** कुसांतलो निखटो अनुस्वार आनी **व** (ंव) अुरता वा लिपता दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **आय** कुसांतलें निखटें **य** अुरता वा लिपता, आनी भौवचनांत **आत** कुसांतलें निखटें **त** अुरता वा लिपता. तिसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **आ** कुसांतलें कांयच अुरना, आनी भौवचनांन **आत** कुसांतलें निखटें **त** अुरता वा लिपता. कुसांतलें निमाणें **व, य** आनी **त** लिपता तें अुच्चार-बदलाच्या नेमानूच लिपता.[२६२] हे भाशेन, कुसां अुरून वा लिपून तांच्यो **दोन तरा** जातात त्यो ह्यो :—

**क** तरा

| | | |
|---|---|---|
| (१) | ं | ंव |
| (२) | य | त |
| (३) | ० | त |

२६२ वररुचि, प्राप्र. कगचजतदपयवां प्रायो लोपः । २.२.

[stamp]

**का** तरा

| | | |
|---|---|---|
| (१) | ∸ | ० |
| (२) | ० | ० |
| (३) | ० | ० |

हांतूंतले पैले म्हळ्यार **क** तरेंत तिसऱ्या पुरशाचें अेकवचनी कूस लिपलां आनी दुसरे म्हळ्यार **का** तरेंत पैल्या पुरशाचें अेकवचन सोडून हेर सगळीं कुसां लिपल्यांत. हे भाशेन, **क** परस **का** तरा सोपी. कर्तरी घडणेंत कर्तो सदींच पैले विभक्तींत आसता.

आतां कर्तरी घडणेचे कर्मी आनी अकर्मी धातू घेवन तांच्या पूर्ण धातुविशेशणांक हीं कुसां लावंया आनी भूतकाळ घडुंया. **जेव** हो कर्मी धातू. हाचें पूर्ण धातुविशेशण जेव + **ल** = जेव**ल**. कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन हाचीं जेव**लो—ली—लें**, जेव**ले—ल्यो—लीं** अशीं रुपां जातात. हांकां वैर दिल्लीं कर्त्याच्या पुरशांचीं कुसां लावन सकैलीं रुपां घडटात:—

**क** तरा

(१) जेव**लों—लीं—लें**. जेव**लेंव—ल्योंव—लींव**

(२) जेव**लोय—लीय—लेंय**. जेव**लेत—ल्योत—लींत**

(३) जेव**लो—ली—लें**. जेव**लेत—ल्योत—लींत**

**का** तरा

(१) जेव**लों—लीं—लें**. जेव**ले—ल्यो—लीं**

(२) जेव**लो—ली—लें**. जेव**ले—ल्यो—लीं**

(३) जेव**लो—ली—लें**. जेव**ले—ल्यो—लीं**

**आस** हो अकर्मी धातू. हाचें पूर्ण धातुविशेशण **आस** + **ल** = **आसल**. कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन हाचीं आस**लो—ली—लें**,

आसले-ल्यो-लीं अशीं रुपां जातात. हांकां वैर दिल्लीं कर्त्याच्या पुरशाचीं कुसां लावन सकैलीं रुपां घट्टातः—

**क तरा**

(१) आसलों-लीं-लें. आसलेंव-ल्योंव-लींव
(२) आसलोय-लीय-लेंय. आसलेत-ल्योत-लींत
(३) आसलो-ली-लें. आसलेत-ल्योत-लींत

**का तरा**

(१) आसलों-लीं-लें. आसले-ल्यो-लीं
(२) आसलो-ली-लें. आसले-ल्यो-लीं
(३) आसलो-ली-लें. आसले-ल्यो-लीं

ह्या रुपांनी कर्मी आनी अकर्मी धातुंच्या भूतकाळाच्यो दोन दोन तरा दिल्यात. हांतूंतले पैले तरेकूय दुसरी तरा चड सोपी म्हणपाचें अुकतें दिसता. ह्या भायर, पैल्या पुरशाचें अेकवचन सोडून दिल्यार, कर्मणी आनी **का** तरेच्या कर्तरी रुपांत कांयच वेगळेपण अुरना. पैले तरेचीं रुपां कांय थोड्या बदलान सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत घोळटालीं. दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **सि** कूस लागतालें. पैल्या आनी दुसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत लिंगाचो भेद धरिनासतना अनुक्रमान **अेंव** आनी **आथ** कुसां लागतालीं. तिसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत लिंगाचो भेद राखून **ति** कूस लागतालें.[२६३] बारदेसांत पैले तरेचीं रुपां अजून कांय बदलान घोळटात. तांतूंत सास्टींतली **सि, अेंव, आथ** आनी **ति** ह्या कुसां बदला अनुक्रमान **य, आंव, आत** आनी **त** कुसां लागतात. पैल्या आनी दुसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत लिंगाचो भेद अुरना. तिसऱ्या पुरशाच्या

२६३ Estevão, § 195, p. 49. **नीद** धातू पळयात.

भौवचनांत लिंगाचो भेद अुरना.[२६४] तेरेखोलाचे अुत्तरेक वर्तमान-काळांतले भाशेन पैल्या पुरशाच्या अेकवचनांत अअिं (अैं), भौवचनांत औं आनी दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत स कूस घोळटा.[२६५]

कोंकणींत आनी कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनी कांय आडवादी धातू आसात; तांचीं पूर्ण धातुविशेशणां नेम मोडून वेगळेच तरेन जातात. देखीक, कर धातुचें पूर्ण धातुविशेशण कर+ल=करल जावचें; पुण तें केल जाता. कर भाशेन मर, व्हर, वच, यो, घे, म्हण हांचीं पूर्ण धातुविशेशणां अनुक्रमान मेल, व्हेल, गेल, आयल, घेतल आनी म्हळ अशीं जातात. हिंदी भाशेंत हांचेच भितल्ले कांय आडवादी धातू आसात; तांचे भूतकाळ नेम मोडून जातात. देखीक, करना, मरना, जाना, देना, लेना हांचे भूतकाळ अनुक्रमान किया, मुआ, गया, दिया आनी लिया अशे जातात. ओडियींत मर, कर, जा हांचे भूतकाळ अनुक्रमान मला, कला, गला अशे जातात. बंगालींत जा चो भूतकाळ गेल जाता.[२६६]

कोंकणीं घेतल हांतूंत अगान्तूक त शिरकटलां. हें प्राकृतांतसून आयलां. तांतूंत ग्रह्=घे धातूक त्वा, तुम, तव्य कुसां लावच्या वेळार घेत् अशें रूप जाता.[२६७]

कर्मी धातू आसता तेन्ना भूतकाळांत वाक्याची घडण सदींच कर्मणी जाता. देखीक—'शाणून केळीं खालीं.' हांगा शाणूच्या म्हळ्यार कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन क्रियापद बदलूंक ना. केळ्यांच्या

---

२६४ Rita e Souza, p. 117. नीद् धातू पळ्यात.

२६५ Bhandarkar, WPL., p. 268. वच धातूचो भूतकाळ पळ्यात.

२६६ Kellogg, Hindi Gr., p. 226. Beames Comp. Gr., III, pp. 144, 148.

२६७ सिद्धहेम. क्त्वातुमूतव्येषु घेत् । ८.४.२१०.

म्हळ्यार कर्माच्या लिंग-वचनाभाशेन क्रियापद बदल्लां. पुण कांय कर्मी धातू अितले आडांगी आसात कि ते कर्माक कुशीक बसोवन कर्त्याच्या ताळार नाचतात. देखीक—'शाणू शीत जेवलो.' हांगा **शीत** हें कर्म आसतना ताका थंड बसोवन **जेव** धातून शाणूकडेन म्हळ्यार कर्त्याकडेन अेकचार केला आनी तागेल्या लिंग-वचना भाशेन तो बदल्ला. बारकायेन येवजिल्यार 'शाणून शीत जेवलें' अशें हें वाक्य जावंक जाय आसलें. पुण तशें म्हळयार शिश्ट लोक अपुर्बुद्द करतले आनी पिशेपण लायतले. देखून 'शाणू शीत जेवलो' अशेंच म्हणूंक जाय. कोंकणींत आनीकूय असले आडांगी धातू आसात. हे धातू कर्मी आसतनाय भूतकाळी वाक्याची घडण कर्तरी जाता.[३६८] असल्या कांय धातुंची वळेरी वर्तमान-काळांत दिल्या.

कोंकणी भूतकाळ संस्कृत **लिट्** आनी **लङ्** ह्या दोनूय जातच्या भूतकाळांच्या अर्थान अुपकारा पडटा. देखीक—**अुलैलो** हें कोंकणी भूतकाळी अुतर संस्कृत **अुवाद** (**लिट्** जात) आनी **अवदत्** (**लङ्** जात) ह्या दोनूय अुतरांचे अर्थ दाखैता.

**कर्मणी घडणेंतल्या भूतकाळाचो न्हयकार**—हयकारी भूतकाळी रुपांक सोंपत्यार अेकवचनांत **ना** आनी भौवचनांत **नात** हीं अुतरां लावचीं. **ना** हें **आस** धातुच्या न्हयकारी वर्तमानकाळाचें तिसऱ्या पुरशाचें अेकवचन आनी **नात** हें भौवचन. देखीक—(अेकवचन) खालो **ना**, खाली **ना**, खालें **ना**. (भौवचन) खाले **नात**, खाल्यो **नात**, खालीं **नात**.

**कर्तरी घडणेंतल्या भूतकाळाचो न्हयकार**— **आस** धातुचो न्हयकारी भूतकाळ करूंक हयकारी भूतकाळांत लागत्यार **न**

३६८ Estevão, § 637, p. 142. Rita e Souza, p. 125.

अव्यय भरचें. देखीक—**न** + आसलों = **ना**सलों. हेच भाशेन वाकिचीं न्हयकारी रुपां घडचीं. हेर धातुंचो न्हयकारी भूतकाळ करूंक **का** तरेच्या हयकारी भूतकाळी रुपांत सोंपत्यार **आस** धातुचीं न्हयकारी वर्तमानकाळी रुपां **नां, नांव** बी लावचीं. देखीक—जेवलों + **नां**= जेवलों**नां.** जेवले+**नांव**=जेवले**नांव** (नांत). धांवलों+**नां**=धांवलों**नां.** धांवले + **नांव** = धांवले**नांव** (नांत).

घडण कर्तरी जावं वा कर्मणी जावं; आनीक अेके तरेन न्हयकारी भूतकाळ करची चाल कोंकणींत चलता. ती अशीः—मुखेल धातुच्या अपूर्ण धातुविशेशणांतलें **त** गळोवन आनी ताचे बदला **ना** घालून ताच्या पालवाक **जा** धातुचीं भूतकाळी रुपां दिवचीं. देखीक—'आस**ना** **जालों.'** हांगा **आस** धातुचें अपूर्ण धातुविशेशण आस**त** हांतुतलें **त** गळोवन आनी ताचे बदला **ना** घालून आस**ना** हें रूप घडलें. मागीर ताच्या पालवाक **जा** धातुच्या भूतकाळाचें पैल्या पुरशाचें अेकवचन **जालों** हें क्रियापद दिलें. हेच भाशेन मारि**ना** **जालों**, शिक**ना** **जालों**, वच**ना** **जालों**, जाय**ना** **जालों**, धुय**ना** **जालों**, दि**ना** **जालों**, घे**ना** **जालों**, अुलै**ना** **जालों** बी रुपां घडचीं. ह्या न्हयकारी भूतकाळांत कर्त्याचो चेडकरून हंट, वीट वा भंय दिसून येता. तो 'जेविना जालो' म्हळ्यार तो जेवचो ना म्हणपाचो हंट घेवन बसलो वा विटान वा भयान तो जेवंक अनमनलो असो अर्थ दिसता. असलो न्हयकारी भूतकाळ सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत घोळटालो[२६९] आनी आज थैं, बारदेसांत[२७०] आनी हेर सगळेकडेन घोळटा.

गोंया सकैल्या कोंकणांत अपूर्ण धातुविशेशणाचें **त** गळोवन आनी ताचे बदला अेकवचनांत **नि** घालून न्हयकारी भूतकाळ करची चाल

२६९ Estevão, § 258, p. 61. सोदिनां जालों.
२७० Rita e Souza, p. 114. करिनां जालों.

आसा. देखीक—तांकां आजि अेकु घासु सैत **दीनि.** हांगा **दीनि** म्हळ्यार **दिलो ना.**[२८१] सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत असलो न्हयकारी भूतकाळ घोळटालो. तांतूंत अेकवचनांत **नि** बदला **ने** आनी भौवचनांत **नेति** अुपकारायताले. देखीक—(अेकवचन) हांवें, तुवें, ताणें सो**दिने.** (भौवचन) आमी, तुमी, तांणी सोदि**नेति.** सो**दिने** म्हळ्यार **अजून सोदलें ना.**[२८२] गोंयां आनी वैल्या कोंकणांत ही तरा आतां घोळना.

कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनी **नीं, नी** वा **नि** लावन न्हयकारी भूतकाळ घट्टात. देखीक—बागडी मारवाडीः को गयो **नीं**=तो अगदींच गेलो ना.[२८३] गडवाली राठीः मीं अब तुमारो लैडो बोलन जुग को **नी** रयो=तुमचो पुत म्हणोवन घेवंक हांव आतां अुलों नां (फावनां). गडवाली गंगापरियांत **नि** अुपकारायतात.[२८४]

**कोंकणी तरेचे न्हयकारी भूतकाळ मराठींत घोळनात.**

## भूतभूतकाळ

हो काळ घडूंक करणेच्या पूर्ण धातुविशेशणाक **ल** लावन दोडें पूर्ण धातुविशेशण करतात; म्हळ्यार मूळ धातूक दोन **ल** लायतात. देखीक— आस + **लल** = आस**लल**, मार + **लल** = मार**लल**, रोय + **लल** = **रोयलल**, जा + **लल** = जा**लल**, दी (दि) + **लल** = दि**लल**, धू (धु)+ **लल** = **धुलल**, **अुलै** + **लल** = **अुलैलल.** हीं दोनूय **ल** संस्कृत **त** पासून जाल्यांत. हांतूंतलें निमाणें **ल** नामाच्या वा कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन बदलता; म्हळ्यार **लो-ली-लें, ले-ल्यो-लीं** अशीं ताचीं रुपां जातात. देखीक—आस**लो-ली-लें**, आस**लले-ल्यो-लीं.**

---

२८१ कोंकणि भाषेन बालबोध प्रथम पुस्तक, पान ३१.

२८२ Estevão, § 258, p. 61.

२८३ LSI., IX, ii, p. 152.

२८४ LSI., IX, iv, pp. 319, 344.

कांयजाण हांतूंतलीं दोनूय ल अेकामेकांक दसोवन बरैतात आनी अुलैतात. देखीक—आसल्लो. कांयजाण धातुच्या निमाण्या अक्षरांत **अि** वा **अु** ची भॅर घालतात. देखीक—आसिल्लो वा **आशिल्लो**. आसुल्लो. अुयोगु नातिल्लो कुंवारु (१०३), पांचारि आयिल्ले गूण (४५७), पिकल्लें पान (४७१), भीमु आशिल्लो स्वर्गु नाका (५५८).[२८५] **अु** ची भॅर चॅडकरून बारदेसांत घालतात.[२८६] पुण **आ, ओ, अू, अे** आनी अै न सोंपिल्ल्या धातूंत ही भॅर घालिनात. देखीक—**जा, दी, धू, घे** आनी **अुलै** हांचीं भूतभूतकाळी रूपां अनुक्रमान जालल्लो वा जाल्लो, दिलल्लो वा दिल्लो, धुलल्लो वा धुल्लो, घेतलल्लो वा घेतल्लो आनी अुलैलल्लो वा अुलैल्लो अशीं जातात.

वाक्याची घडॅण कर्मणी आसता तेन्ना, भूतकाळांतले भाशेन दोड्या पूर्ण धातुविशेशणाक कर्त्याच्या पुरशाचीं कुसां लागनात. कर्माच्या लिंग-वचनाभाशेन तें बदलता. हांवें, तुवें, ताणें, तिणें, आमी, तुमी, तांणी ह्या पुरशांतल्या कोणाय पुरशा वांगडा केल्लो, केल्ली, केल्लें, केल्ले, केल्ल्यो, केल्लीं ह्या दोड्या पूर्ण धातुविशेशणांतलें खैंचेंय रूप कसलोच बदॅल करिनासतना घालून भूतभूतकाळ घडूं येता. देखीक—हांवें लाडू केल्लो, तुवें लाडू केल्लो, हांवें नेवरी केल्ली, ताणें नेवऱ्यो केल्ल्यो, हांवें कापां केल्लीं, तिणें कापां केल्लीं. कर्मणी घडणेंतल्या भूतकाळासंबंदान जी फोडणिशी केल्या ती भूतभूतकाळाकूय लागू आसा.[२८७]

वाक्याची घडॅण कर्तरी आसता तेन्ना, कर्तरी भूतकाळांतले भाशेन दोड्या पूर्ण धातुविशेशणाक कर्त्याच्या पुरशाचीं कुसां लागतात.

---

२८५ Talmaki, Konkani Proverbs, Part 1, pp. 4, 17, 18, 21.

२८६ Rita e Souza, pp. 93, 107. आसुल्लो, चिंतुल्लो.

२८७ Estevão, § 125, p. 38. **सोड्** धातू पळयात. Rita e Souza, p. 111. **कर** धातू पळयात.

हीं कुसां भूतकाळांतले भाशेन **लेट्** जातच्या वर्तमानकाळाचीं आसतात. हीं लावपांत भूतकाळासंबंदान जी फोडणिशी केल्या तीच भूतभूतकाळाक लागू आसा. हे भाशेन, कर्तरी भूतभूतकाळाचींय दों तरांचीं रुपां घोळटात. दुसरे तरेचीं रुपां सोपीं. पैले तरेचीं रुपां थोड्याशा बदलान सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत घोळटालीं आनी बारदेसांत अजून घोळटात. कर्तरी भूतकाळांत जो भेद दाखैला तोच कर्तरी भूतभूतकाळांत चलता.[२८८]

कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनी धातुच्या भूतकाळाक आस**नो**-आस**लो** पासून जाल्लीं भूतकाळी रुपां लावन भूतभूतकाळ घडटात. देखीक— गुजराथीः बोल्यो **हतो** = अुलैल्लो. मराठीः गेला **होता** = गेल्लो. हिंदीः गिरा **था**=पडलल्लो, पडल्लो, पडिल्लो. पंजाबीः गिया **सा**=गेल्लो.

कोंकणी दोडें पूर्ण धातुविशेशण गुणविशेशणावरीय अुपकारता. देखीक—सुजलले वा सुजिल्ले दोळे. फुगललें वा फुगिल्लें पोट. पिकललें वा पिकिल्लें केळें. गुजराथींत असलीं विशेशणां आसात. तांतूंत कोंकणीवरी **ल** लायतात. संस्कृत **त** पासून तें जालां आनी कोंकणीवरीच गुणवस्तिच्या लिंग-वचनाभाशेन बदलता ; म्हळ्यार **लो–ली–लुं, ला–ली–लां** अशीं ताचीं रुपां जातात. देखीक—छोडे**लो**-**ली**-**लुं**, छोडे**ला–ली–लां** = सोडिल्लो–ली–लें, सोडिल्ले-ल्ल्यो–ल्लीं.

सिंधींतूय **ल** लायल्लीं दोडीं पूर्ण धातुविशेशणां आसात. देखीक— दि**ठो**=दिसलो. हें धातुविशेशणी रूप **त** लायल्ल्या संस्कृत **दृष्टः** पासून जालां. हाका **लु** लावन दिठलु=दिसल्लो, दिथिल्लो हें दोडें पूर्ण धातुविशेशण जालां.[२८९]

---

२८८ Estevão, § 195, p. 49. **नीद** धातू पळयात. Rita e Souza, p. 117. **नीद** धातू पळयात.

२८९ Bhandarkar, WPL., p. 221

डॉ. भाण्डारकारांले म्हणणेन दोज्या **ल** चें नातें प्राकृत **अिल्ल** आनी **अुल्ल** ह्या कुसांकडेन लागता. देखीक—**अुवरिल्लं** = वैलें, अप्पुल्लं = आपलें. ह्या अुतरांनी **अिल्ल** आनी **अुल्ल** कुसां दिसतात.[२९०] प्राकृत व्याकरणकार हेमचंद्राले म्हणणेभाशेन हीं कुसां 'भव' ह्या अर्थान लायतात;[२९१] म्हळ्यार अमक्यांतसून जाल्लो, अमकेकडेन आशिल्लो, अमक्याचो असो त्या कुसांचो अर्थ जाता. पुण तसलो अर्थ कोंकणी दोज्या पूर्ण धातुविशेशणांत दिसना. देखून ताचें नातें **अिल्ल** आनी **अुल्ल** ह्या प्राकृत कुसांकडेन लागूंक कठीन. देखीक—**केल्लो** ह्या अुतरांत अमक्यांतसून जाल्लो, अमकेकडेन आशिल्लो वा अमक्याचो असो अर्थ दिसना.

**न्हयकार—आस** धातुचो न्हयकारी भूतभूतकाळ करूंक हयकारी भूतभूतकाळांत लागत्यार **न** अव्यय भरचें. देखीक—**न** + आसलल्लों = **ना**सलल्लों. हेच भाशेन बाकिचीं रुपां घडचीं. हेर धातुंचो कर्तरी आनी कर्मणी घडणेंतलो न्हयकारी भूतभूतकाळ करूंक त्या धातूक **अुंक** कूस लावन धातुअव्यय करचें आनी ताका **आस** धातुचो न्हयकारी भूतकाळ लावचो. **अुंक** कुसाच्या अव्ययाची घडण फुडें धातुअव्ययांत दिल्या. देखीक—**खा** धातूक **अुंक** कूस लावन **खावंक** हें धातुअव्यय जालें. हाका **नासलो** हो **आस** धातुचो न्हयकारी भूतकाळ लावन **खावंक नासलो** हो तिसऱ्या पुरशाचो पुरुशलिंगी अेकवचनी न्हयकारी भूतकाळ जालो; हेच भाशेन **करूंक नासलो, वचूंक नासलो, जेवंक नासलो, जावंक नासलो, दिवंक नासलो, धुवंक नासलो, घेवंक नासलो, अुलोवंक नासलो, रोवंक नासलो** बी रुपां घडचीं.

---

२९० Bhandarkar, WPL., p. 223.

२९१ सिद्धहेम. डिल्लडुल्लौ भवे । ८.२.१६३ । नाम्नः परौ डिल्लडुल्लौ **भवेऽर्थे** प्रत्ययौ डितौ । पुरिल्लं, हेट्ठिलं, अुवरिल्लं, अप्पुल्लं.

अशे तरेचो **आस** धातुचोय न्हयकारी भूतभूतकाळ घोळटा. देखीक—**आसूंक नासलो.**

**दोड्या पूर्ण धातुविशेशणाचो न्हयकार— आस** धातुच्या न्हयकारी दोड्या पूर्ण धातुविशेशणांत लागत्यार **न** अव्यय भरचें. देखीक—**न** + आसललो = **ना**सललो. हेर दोड्या पूर्ण धातुविशेशणांचो न्हयकार करूंक तांतूंतल्या धातूक **अुंक** कूस लावन धातुअव्यय करचें आनी ताका **आस** धातुचें न्हयकारी दोडें पूर्ण धातुविशेशण लावचें. देखीक—पिकललो हाचो न्हयकार पि**कूंक ना**सललो.

**कोंकणी तरेचो न्हयकारी भूतभूतकाळ मराटींत घोळना.**

## रीतभूतकाळ

कर्त्याची रीत, चाल वा संवय दाखोवंक हो काळ अुपकारायतात. देखून ह्या काळांत वाक्याची घडण सदींच कर्तरी आसता. हो काळ दों तरांनी घट्टात: (१) करणेच्या अपूर्ण धातुविशेशणाक **आस** धातुचें पूर्ण धातुविशेशण गांठावन ताका कर्त्याच्या पुरशाचीं कुसां लायतात. (२) करणेच्या धातूक कर्त्याच्या पुरशाचीं कुसां लायतात.

आतां, **पैली तरा** घड्डंक **जेव** धातू घेवंया. हाचें अपूर्ण धातुविशेशण **जेवत.** हाका **आस** धातुचें पूर्ण धातुविशेशण **आसत** गांठावन **जेवतासत** हें जोड धातुविशेशण जाता. वर्तमानकाळांत ह्यकारी कुसां लावचे आदीं अपूर्ण धातुविशेशणाक जें रूप येता तेंच ताका **आसन** हें पूर्ण धातुविशेशण गांठावच्या वेळार येता. **त, थ, द, ध** नेम पळयात. **आसत** हाचीं कास्मिरी भाशेंत आह**तू** आनी आ**तू** हीं रुपां घोळटात म्हणपाचें वैर सांगलां; तशेंच तीं कशीं जाल्यांत हेंय दाखैलां. तेच रितीन, **जेवनासन** (जेवत + आसन) ह्या जोड धातुविशेशणाचें **जेवतात** (जेवत + **आत**) अशें रूप जाता आनी अुच्चार-बदलाच्या नेमान निमाण्या **त** चें **ल** जावन **जेवताल** हें जोड

धातुविशेशण जाता. आसन हाचें बारदेसांत आहल आनी बिहारींत हल अशेंय रूप जाता म्हणपाचें वैर सांगलां. हेय रितीन जेवन + आहल = जेवताहल > जेवताअल > जेवताल अशें जोड धातुविशेशण जाता. हें कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन बदलून जेवतालो-ली-लें, जेवताले-ल्यो-लीं अशीं हाचीं रुपां जातात. हांकां कर्तरी घडणेंतल्या भूतकाळांतले भाशेन कर्त्याच्या पुरशाचीं लेट् जातचीं वर्तमानकाळी कुसां लावन रीतभूतकाळ घट्टात. हीं लावपांत भूतकाळासंबंदान जी फोडणिशी केल्या तीच रीतभूतकाळाक लागू आसा. हे भाशेन, ह्या रीतभूतकाळाचींय दों तरांचीं रुपां घोळटात. दुसरे तरेचीं रुपां सोपीं. पैले तरेचीं रुपां थोड्याशा बदलान सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत घोळटालीं आनी बारदेसांत अजून घोळटात. ह्या दोंय भितर कर्तरी घडणेंतल्या भूतकाळांत जो भेद दाखैला तोच रीतभूतकाळांत चलता.[२९२]

कोंकणीवरीच तिगेल्या कांय भैण-भासांनी करणेच्या अपूर्ण धातुविशेशणाक आसतः>आसतो पासून जाल्लें पूर्ण धातुविशेशण लावन रीतभूतकाळ घट्टात. देखीक—गुजराथीः जतो हतो = वेतालो. हिंदीः बोलता था = अुलैतालो. सिरमावरी धारठी हिमालयीः टीपों था = मारतालो. पंजाबीः जांदा सा = वेतालो. गुजराथींत पूर्ण धातुविशेशण लायनासतनाय रीतभूतकाळ घट्टात. देखीक— ते जतो = तो वेतालो. ते छोडतो = तो सोड्टालो.

आतां रीतभूतकाळाची दुसरी तरा घडूंया. हे तरेंत मूळ धातूक कर्त्याच्या पुरशाचीं कुसां लायतात. हीं लावचे आदीं धातूक सकला सांगिल्ली भर पडटा :—

मोन्या अ न सोंपिल्ले अकर्मी धातू आनी मोन्या अ न सोंपिल्ले आडांगी कर्मी धातू ('ओंक' आनी 'जेव' सोडून) हांकां अ ची भर

२९२ Estevão, § 194, p. 49. नीद् धातू पळयात. Rita e Souza, p. 117. नींद् धातू पळयात.

पड्टा. देखीक—**आसं** + **अं** = आसं. धांव + अं = धांवं. वच + अं = वचं. खेळ + अं = खेळं. समज + अं = समजं.

मोन्या अ न सोंपिल्ले कर्मी धातू आनी **ओंक** आनी **जेव** हे आडांगी कर्मी धातू हांकां **अी** ची भर पड्टा. देखीक—**मार** + **अी** = मारी. रोय + अी = रोयी. कर + अी = करी. ओंक + अी = ओंकी. जेव + अी = जेवी.

**आ, अी, अू, अे** आनी **औ** न सोंपिल्ल्या धातूंक **य** ची भर पड्टा. देखीक—**जा** + **य** = जाय. **दी** + **य** = दीय. **धू** + **य** = धूय. **घे** + **य** = घेय. **अुलै** + **य** + अुलैय.

ह्या भर घाल्ल्या रुपांक कर्त्याच्या पुरशाचीं **लेट्** जातचीं **आ** गळैल्लीं वर्तमानकाळी कुसां लावन रीतभूतकाळ घड्टात. हीं कुसां अशीं :—

| पुरुश | अेकवचन | भौवचन |
|---|---|---|
| १ | ं | ंव |
| २ | य, ० | त |
| ३ | ० | त |

**धांव** ह्या अकर्मी धातूक अं ची भर घालून आनी वैलीं कुसां लावन फुडलीं रुपां जातात:—

| पुरुश | अेकवचन | भौवचन |
|---|---|---|
| १ | धांवं | धांवंव |
| २ | धांवय, धांव | धांवत |
| ३ | धांवं | धांवत |

**मार** ह्या कर्मी धातूक **अी** ची भर घालून आनी वैलीं कुसां लावन फुडलीं रुपां जातात :—

| पुरुश | अेकवचन | भौवचन |
|---|---|---|
| १ | मारीं | मारींव |
| २ | मारीय, मारी | मारीत |
| ३ | मारी | मारीत |

**आ, ओ, अू** आनी **ओ** न सॉपिल्ल्या धातूंक पैल्या पुरशाचें भौवचनी **ंव** आनी दुसऱ्या पुरशाचें अेकवचनी **य** कूस लायतना भरीक घाल्लें **य** लिपता. देखीक—जाय + ंव = **जावं.** जाय + य = **जाय.** हें लिपप संस्कृत नेम चंड सैलायेन अुपकारावन जाता जावंये. संस्कृतांत धातुच्या वा अुतराच्या आंगाच्या सॉपत्यार **व्** वा **य्** आसून फुडें **य्** बादत हेर कसल्याय व्यंजनान लागिल्लें कूस येत जाल्यार आदलें **व्** वा **य्** लिपता.[२९३] देखीक—**वहेत्**=व्हरुं येता, व्हरुं ये, हें अुतर वह् + **अिय्** + **त्** = वहेय् + **त्** = **वहेत्** अशे तरेन जालां. युवजानिः = तरणे बायलेचो घोव, हांतूंत **जानि** हें अुतर **जाया** + नि = जाय् + नि अशे तरेन जालां. संस्कृतांत **य्** फुडें **य** येत जाल्यारूय आदलें **य्** लिपता.[२९४] देखीक—आदित्य + **य** = आदित्य = आदित्यालो पुत.

**जा** धातूक कुसां लायतकूच फुडलीं रुपां जातात :—

| पुरुश | अेकवचन | भौवचन |
|---|---|---|
| १ | जायं | जावं |
| २ | जाय | जायत |
| ३ | जाय | जायत |

हेच भाशेन **दी, धू, घे** धातुंचो रीतभूतकाळ घडचो.

**ओ** न सॉपिल्ल्या धातूंक कुसां लायतना भरीक घाल्लें **य** लिपता. हाचें कारण **ओ** ह्या संदीस्वरांत **य्** आसा हें जावंये. दोन **य** अेकामेकांक तेंकून रावनात अशें दिसता.[२९४] पैल्या पुरशाचें भौवचनी कूस **ंव**

---

२९३ सिकौ. ८७३ । लोपो व्योर्वलि । ६.१.६६.

२९४ सिकौ. ६० । हलो यमां यमि लोपः । ८.४.६४.

लागतना अै चो ओ जाता. देखीक—अुलैय + ँव = अुलै + ँव = अुलोवं. अुलै धातूक कुसां लावन सर्व्हेलीं रुपां जातात :—

| पुरुश | अेकवचन | भौवचन |
|---|---|---|
| १ | अुलैं | अुलोवं |
| २ | अुलै | अुलैत |
| ३ | अुलै | अुलैन |

हेच भाशेन दाखै, सोडै, अुडै, बरै बी धातुंचो रीतभूतकाळ घडचो.

सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत पैल्या आनी दुसऱ्या पुरशाचें भौवचन घोळनासलें-शें दिसता. पाद्रि स्टीफन्सान हीं रुपां दिवंक नात.[२९५] दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत सि आनी तिसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत नि लागताली. मोन्या अ न सोंपिल्ल्या अकर्मी धातूक अं बदला बारदेसांत ओं ची भर घालतात.[२९६] थैंचे क्रिस्तांव अ आनी अं चो ओं सारको अुचार करतात.

रीतभूतकाळाची पैली तरा म्हळ्यार करणेच्या अपूर्ण धातु-विशेशणाक आस धातुचें पूर्ण धातुविशेशण गांठायली तराच कोंकणींत चड घोळटा.

**न्हयकार**—**आस** धातुचो न्हयकारी रीतभूतकाळ करूंक पैले तरेच्या रीतभूतकाळांत लागल्यार **न** अव्यय भरचें. देखीक—**न** + आसतालों = **ना**सतालों. हेच भाशेन बाकिचीं रुपां घडचीं. हेर धातुंचो न्हयकारी रीतभूतकाळ करूंक तांच्या अपूर्ण धातुविशेशणांतलें **न** गळोवन ताचे बदला **आस** धातुचो न्हयकारी भूतकाळ घालचो. देखीक—**धांव** धातुचें अपूर्ण धातुविशेशण धांवन. हांतूंतलें **न** गळोवन **धांव** हें

---

२९५ Estevão, §§ 123, 194, pp. 37, 49. **सोद्** आनी **नीद्** धातू पळयात.

२९६ Rita e Souza, p. 117 **नीद्** धातू पळयात.

रूप अुलें. हाका **नासलो** हो **आस** धातुचो न्हयकारी भूतकाळ लावन **धांवनासलो** हो तिसऱ्या पुरशाचो पुरुशलिंगी अेकवचनी न्हयकारी रीतभूतकाळ जालो. हेच भाशेन समजनासलो, न्हेसनासलो, वचनासलो, मारिनासलो, करिनासलो, ओंकिनासलो, जेविनासलो, रोयिनासलो (रोयनासलो), जायनासलो, दियनासलो (दिनासलो), धुयनासलो, घेयनासलो (घेनासलो), अुलैनासलो बी रुपां जातात. अशे तरेचो **आस** धातुचोय न्हयकारी रीतभूतकाळ घोळटा. देखीक—आसनासलो. अपूर्ण धातु-विशेशणांतलें **त** (**त्**) किल्याक गळटा हाची फोडणिशी न्हयकारी वर्तमानकाळांत केल्या. अपूर्ण धातुविशेशणाक न्हयकारी क्रियापदां जोडच्या वेळार **त, थ, द, ध** हे नेम ध्यानांत आसचे.

असलो न्हयकारी रीतभूतकाळ सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत घोळटालो [२९७] आनी आज थैं, बारदेसांत [२९८] आनी हेर सगळेकडेन घोळटा.

**कोंकणी तरेचो न्हयकारी रीतभूत मराठींत ना.**

## वर्तमानभूतकाळ

कसलीय करणी आतांच, निकतीच वा हालींच करून जाली म्हणपाचें दाखोवंक वर्तमानभूत अुपकारायतात. देखीक—ताणें आंबो खाला म्हळयार आतां, निकतो वा हालींच खाला असो अर्थ जाता. संस्कृतांत **लुङ्** जातचो काळ आसा; ताका हो वर्तमानभूत जमता. देखीक—तदहं तुभ्यमेव ददामि य अेवं सत्य**मवादीः** = जो तूं अशें खरें अुलैला त्या तुकाच हांव तें दितां. हांगा अवादीः = तूं अुलैला ही

२९७ Estevão, § 257, p. 60. तो सोदिनां आसिलो.
२९८ Rita e Souza, p. 114. तो करिनासलो.

करणी निकतीच जाल्या.[२९९] **अवादीः** हें **वद्** धातुचें **लुङ्** जातच्या भूतकाळाचें दुसऱ्या पुरशाचें अेकवचन.

ह्या काळांत वाक्याची घडण कर्मणी तशीच कर्तरी आसता. कर्मणी घडण आसता तेन्ना, करणेचें पूर्ण धातुविशेशण कर्माच्या लिंग-वचनाभाशेन बदलून, ताका **आस** धातुच्या वर्तमानकाळाचीं तिसऱ्या पुरशाचीं **आसा** आनी **आसात** हीं अुतरां जोडटात. कर्म अेकवचनी आसता तेन्ना **आसा** आनी भौवचनी आसता तेन्ना **आसात** हें अुतर लागता. अुच्चार-बदलाच्या नेमान **आसा** चें आहा>आआ>**आ** आनी **आसात** चें आहात>आआत>**आत** हें रूप जाता. मागीर, कर्माच्या लिंग-वचनाभाशेन बदलल्या पूर्ण धातुविशेशणांतल्या निमाण्या स्वरांत हीं अुतरां सांदतात आनी कर्मणी वर्तमानभूत घडटात. देखीक **खा** हो कर्मी धातू घेवंया. हाचें **खात** हें पूर्ण धातुविशेशण. अुच्चार-बदलाच्या नेमान तें खाल जालें. कर्माच्या लिंग-वचनाभाशेन ताचीं अेकवचनी खा**लो**, खा**ली**, खा**लें** आनी भौवचनी खा**ले**, खा**ल्यो**, खा**लीं** हीं रुपां जातात. हांतूंत **आस** धातुच्या वर्तमानकाळाचीं वैर सांगिल्लीं **आ** आनी **आत** हीं अुतरां सांदतना, संस्कृत संदिचे कांय नेम लागू जातात. ते अशे :—

(अ) **अे** आनी **ओ** स्वराफुडें दुसरो कसलोय स्वर आयल्यार त्या **अे** चें **अय्** आनी **ओ** चें **अव्** जावन[३००] हांतूंतलें निमाणें **य्** आनी **व्** अुरता वा लिपता.[३०१] देखीक—**सखे** + **आगच्छ** = सख**य्** + आगच्छ = सख**या**गच्छ वा सख **आ**गच्छ = अिश्टा यो. प्र**भो** + **अेहि** = प्रभ**व्** +

२९९ Bhandarkar, Second Book of Sanskrit, Lesson 22, Aorist.

३०० सिकौ. ६१ । अेचोऽयवायावः । ६.१.७८.

३०१ सिकौ. ६७ । लोपः शाकल्यस्य । ८.३.१९.

ओहि=प्रभवोहि वा प्रभ ओहि=धनया यो. **य्** आनी **व्** लिपलीं जाल्यार अुरिल्ले स्वर संस्कृतांत सांदनात.[302] देखीक सख आगच्छ हाचें सखागच्छ आनी प्रभ ओहि हाचें प्रभौहि जायना. पणून कोंकणींत हे अुरिल्ले स्वर सांदतातं.

(आ) **अि, अी** फुडें दुसरो कसलोय वेगळो स्वर आयल्यार तांचें **य्** जाता.[303] देखीक—**नदी** + **अर्थम्** = नद्**य्** + अर्थम् = **नद्यर्थम्** = न्हंयेखातीर.

(अि) मोटव्या वा लांब स्वराफुडें मोटवो वा लांब स्वर येत जाल्यार त्या दोगांय बदला लांब स्वर जाता.[304] देखीक—**दैत्य** + **अरिः** = दैत्**या**रिः= दैत्यालो दुस्मान.

हे नेम लावन, खालो, खाली, खालें, खाले, खाल्यो, खालीं हांतूंतल्या निमण्या **लो, ली, लें, ले, ल्यो, लीं** हांचीं सकला दिल्लीं रुपां जातात :—

| | |
|---|---|
| लो > लव् > **ल.** | ले > **लय्.** |
| ली > **ल्य.** | ल्यो > ल्यव् > **ल्य.** |
| लें > लयं् > **लं.** | लीं > **ल्यं.** |

हांतूंत **लव्, लंय्** आनी **ल्यव्** हांतूंतलें **व्** आनी **य्** लिपिल्लीं रुपां दिल्यांत. **लय्** हाचें **य्** लिपिल्लें रुप दिवंक ना. कित्याक, हींच रुपां कोंकणींत अुपकारतात.

आतां, अेकवचनी **ल, ल्य्, लं** हांतूंत **आ** आनी भौवचनी **लय्, ल्य, ल्यं** हांतूंत **आत** अुतर सांदून **ला, ल्या, लां, लयात (ल्यात),**

---

३०२ भट्टोजि दीक्षित, पूर्वत्रासिद्धमिति लोपशास्त्रस्यासिद्धत्वान्न स्वरसंधिः ।

३०३ सिकौ. ४७ । अिको यणचि । ६.१.७७.

३०४ सिकौ. ८५ । अकः सवर्णे दीर्घः । ६.१.१०१.

**ल्यात, ल्यांत** हीं रुपां जातात. हे भाशेन, **खा** धातुचीं कर्मणी वर्तमानभूतकाळी रुपां तीनूय पुरशांत **खाला, खाल्या, खालां, खाल्यात, खाल्यात, खाल्यांत** अशीं जातात. ह्या रुपांक कर्त्याच्या पुरशाचीं कुसां लागनात. हांवें, तुवें, ताणें, तिणें, आमी, तुमी, तांणी ह्या पुरशांतल्या कोणाय पुरशा वांगडा वैल्या रुपांतलें खैंचेंय रूप कसलोच बदल करिनासतना चलोवं येता. देखीक—हांवें लाडू **खाला,** तुवें लाडू **खाला,** तिणें लाडू **खाला,** तांणी लाडू **खाला.**

सोळाव्या शेंकड्यांत हीं रुपां सास्टींत घोळटालीं. भौवचनांत निमाण्या **त** बदला **ति** घालताले; म्हळ्यार **खाल्याति, खाल्यांति** अशें म्हणटाले.[३०५] बारदेसांत दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **य** कूस लायतात.[३०६] पुण ताची गरज ना. किल्याक, कर्मणी घडणेंत कर्माभाशेन क्रियापद बदलता. कर्त्याभाशेन बदलना. देखून ताका कर्त्याचीं कुसां लागनात.

कर्तरी घडण आसता तेन्ना, करणेचें पूर्ण धातुविशेशण कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन बदलून ताका **आस** धातुच्या वर्तमानकाळाचीं अुतरां जोडटात. हीं अुतरां अुच्चार-बदलाच्या नेमान सकला दिल्लेभाशेन जातातः—

( १ ) **आसां** > आहां > आआं > **आं.**
**आसांव** > आहांव > आआंव > **आंव.**
( २ ) **आसाय** > आहाय > आआय > **आय** वा **आ,**
**आसात** > आहात > आआत > **आत.**
( ३ ) **आसा** > आहा > आआ > **आ.**
**आसात** > आहात > आआत > **आत.**

---

३०५ Estevão, § 125, p. 38. **सोद** धातू पळयात.
३०६ Rita e Souza, p. 111. **कर** धातू पळयात.

हीं बदल्लीं अुतरां **लेट्** जातच्या वर्तमानकाळी कुसांक जमतात. तीं कुसां अशीं:—

(१) **आं, आंव**

(२) **आय** वा **आ, आत**

(३) **आ, आत**.

हीं अुतरां लायतना, कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन बदल्लल्या पूर्ण धातुविशेशणांतल्या निमाण्या **लो, ली, लें, ले, ल्यो, लीं** हांकां वैर दिल्ले संदिचे नेम लागून अनुक्रमान **ल, ल्य्, लं, लय्, ल्य, ल्यं्** अशीं रुपां जातात. हांतूंत वैलीं **आस** चीं वर्तमानकाळी अुतरां सांदून कर्तरी वर्तमानभूत घट्टात. देखीक—**जेव** ह्या कर्मी धातुचें **जेवत** हें पूर्ण धातु-विशेशण. अुचार-बदलाच्या नेमान तें **जेवल** जालें. कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन तार्चीं अेकवचनी जेव**लो**, जेव**ली**, जेव**लें** आनी भौवचनी जेव**ले**, जेव**ल्यो**, जेव**लीं** हीं रुपां जातात. संदिच्या नेमान तीं जेव**ल**, जेव**ल्य्**, जेव**लं**, जेव**लय्**, जेव**ल्य**, जेव**ल्यं्** अशीं जातात. हांतूंत **आस** चीं वर्तमानकाळी रुपां सांदून सकला दिल्लो वर्तमानभूतकाळ घट्टाः—

| | पुरुश | अेकवचन | भौवचन |
|---|---|---|---|
| पुरुशलिंग | १ | जेव**लां** | जेव**लयांव** (जेव**ल्यांव**) |
| | २ | जेव**लाय** वा जेव**ला** | जेव**लयात** (जेव**ल्यात**) |
| | ३ | जेव**ला** | जेव**लयात** (जेव**ल्यात**) |
| स्त्रीलिंग | १ | जेव**ल्यां** | जेव**ल्यांव** |
| | २ | जेव**ल्याय** वा जेव**ल्या** | जेव**ल्यात** |
| | ३ | जेव**ल्या** | जेव**ल्यात** |
| नपुंसकलिंग | १ | जेव**लां** | जेव**ल्यांव** |
| | २ | जेव**लांय** वा जेव**लां** | जेव**ल्यांत** |
| | ३ | जेव**लां** | जेव**ल्यांत** |

हेंच भाशेन **आस** आनी हेर अकर्मी धातुंचो वर्तमानभूत घडात. पैल्या पुरशाच्या भौवचनांत **आंव** बदला **आंत** लावन **जेवल्यांत** अशेंय म्हूणची चाल आसा. वैले तरेचो कर्तरी वर्तमानभूत बारदेसांत [३०७] आनी हेर जायतेकडेन घोळटा. सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **सि**, भौवचनांत **थ** आनी तिसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत **ति** कूस लागतालें.[३०८] तेरेखोलाचे अुत्तरेक चंडशीं बदलूंक नाशिल्लीं पुर्विल्लीं रुपां अजून घोळटात. देखीक—**जेवलासा** (जेवलो+आसा), **जेवल्यासा** (जेवली+आसा), **जेवलांसा** (जेवलें+आसा).

कोंकणीवरी तिगेल्या कांय भैण-भासांनी करणेऱ्या भूतकाळाक **आस** वा **अच्छ** धातुच्या वर्तमानकाळाचीं अुतरां लावन वर्तमानभूत घडात. परंत हीं अुतरां भूतकाळाच्या रुपांत सांदनात. देखीक—**माल्ला** ह्या अर्थाचीं सकैल्लीं अुतरां पळ्यातः हिंदीः मारा है. कनोजीः मारो है. व्रजः मार्यौ है. पूर्व राजस्तानीः मार्यो छै. बिहारीः मारले छै.[३०९] पंजाबीः गिआ है=गेला. सिंधीः हलिओ आहे=गेला. मराठीः लिहिला आहे=बरैला.[३१०] गुजराथीः मार्यो छे.

कोंकणींत वर्तमानभूत, भूतभूत आनी रीतभूत ह्या काळांनी अेका अुतरान काम जाता. मराठींत ताचे बदला दोन अुतरां लागतात. सकैल्या वळ्यांत ही गजाल घसघशीत ध्यानांत भरताः—

| | वर्तमानभूत | भूतभूत | रीतभूत |
|---|---|---|---|
| कोंकणी — | हांवें **केलां.** | हांवें **केल्लें.** | हांव **करतालों.** |
| मराठी — | मीं **केलें आहे.** | मीं **केलें होतें.** | मी **करीत होतों.** |

हे भाशेन, **कोंकणी परस मराठी वेगळी.**

---

३०७ Rita e Sauza, p. 117. **नीद** धातू पळ्यात.

३०८ Estevão, § 195, p. 50. **नीद** धातू पळ्यात.

३०९ Kellogg. Hindi Gr., Table 20.

३१० Beames, Comp. Gr., III, p. 180.

**न्हयकार**—मुखेल धातूक **अंक** कूस लावन धातुअव्यय करचें आनी ताचेफुडें **आस** धातुच्या न्हयकारी वर्तमानकाळाचीं **नां, नांव** बी रुपां लावचीं. देखीक—**जेव** धातूक **अंक** कूस लावन **जेवंक** हें धातुअव्यय जालें. हाचेफुडें **आस** धातुच्या न्हयकारी वर्तमानकाळाचें **ना** हें रूप लावन **जेवंक ना** हें तिसऱ्या पुरशाचें अेकवचनी वर्तमानभूतकाळी न्हयकारी रूप जालें. हेच तरेन **आसूंक ना, मारूंक ना, धांवंक ना,** जा**वंक ना,** दि**वंक ना,** धु**वंक ना,** घे**वंक ना,** अुले**वंक ना,** रो**वंक ना** हीं तिसऱ्या पुरशाचीं अेकवचनी वर्तमानभूतकाळी न्हयकारी रुपां जातात.

**कोंकणी तरेचो न्हयकारी वर्तमानभूत मराठींत घोळना.**

## भविश्यकाळ

कोंकणींत भविश्यकाळ तीन तरांचो आसाः नित्शयी, सादो आनी भूतकाळी निमती. ' हांव काम करीन ' अशें शाणू म्हणत जाल्यार तो तें काम करीत म्हणपाचें खरेपण ना. तो तें करीत वा करिना जायत. हो सादो भविश्य. ' हांव काम करतलों ' अशें तो म्हणत जाल्यार तो तें खऱ्यानीच करतलो. हो नित्शयी भविश्य. ' हांव काम करतों जाल्यार बऱ्याक पावतों ' अशें तो म्हणत जाल्यार तो फाटल्या काळांतले करणेंत फुडाराक जावच्या कामाचें निमित सांगता. हो भूतकाळी निमती भविश्य. ह्या तीनूय तरांत वाक्याची घडण सदींच कर्तरी आसता.

**नित्शयी भविश्य**— करणेच्या अपूर्ण धातुविशेशणाक **लो-ली-लॅ, ले-ल्यो-लीं** हीं कुसां लावन जीं रुपां जातात तांकां कर्त्याच्या पुरशाचीं **लेद्** जातच्या वर्तमानकाळाचीं **आ** गळिल्लीं कुसां लावन नित्शयी भविश्य घडतात. हीं कुसां भूतकाळांत लागतात तसलीं **क** आनी

**का** तरेचीं आसतात. हीं कुसां लावन **कर** ह्या कर्मी धातुचो नित्शयी भविश्य घडुंया. **कर** धातुचें अपूर्ण धातुविशेशण **करत**. हाका कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन बदल्लीं **लो-ली-लें, ले,-ल्यो-लीं** हीं कुसां लावन **करतलो-ली-लें**, करतले-**ल्यो-लीं** हीं रुपां जातात. **लो-ली-लें** बी न्हयकारी कुसां लायतना अपूर्ण धातुविशेशणाचे **त, थ, द, ध** नेम ध्यानांत घेवचे. हांकां वैर दिल्लीं कर्त्याच्या पुरशाचीं कुसां लावन सकैलीं रुपां घड्टात :—

**क** तरा

(१) करत**लों-लीं-लें**, करत**लेंव-ल्यांव-लींव**
(२) करत**लोय-लीय-लेंय**, करत**लेन-ल्योत-लींत**
(३) करत**लो-ली-लें**, करत**लेत-ल्योत-लींत**

**का** तरा

(१) करत**लों-लीं-लें**, करत**ले-ल्यो-लीं**
(२) करत**लो-ली-लें**, करत**ले-ल्यो-लीं**
(३) करत**लो-ली-लें**, करत**ले-ल्यो-लीं**

**हेच भाशेन, आस** आनी हेर अकर्मी धातुंचो नित्शयी भविश्य घड्टात. वैल्या रुपांतलीं दुसरीं रुपां पैल्यां परस चड सोपीं. दुसरीं रुपां सास्टींत आनी हेर जायतेकडेन आज घोळटात. पाद्रि स्टीफन्सान पैले तरेचीं रुपां कांय बदलान दिल्यांत. दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **सि** कूस लायलां. पैल्या आनी दुसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत लिंगाचो भेद धरिनासतना अनुक्रमान **अेंव** आनी **आथ** कुसां लायल्यांत.[311] बारदेसांत पैले तरेचीं रुपां कांय बदलान घोळटात. तांतूंत पाद्रि स्टीफन्साली **सि, अेंव, आथ** बदला अनुक्रमान **य, आंव, आत** कुसां लागतात.

---

३११ Estevão, § 170, p. 45. **सोद** धातू पळ्यात.

पैल्या आनी दुसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत लिंगाचो भेद अुरना. तिसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत लिंगाचो भेद अुरता आनी **त** कूस लागता.[३१२] तेरेखोलाचे अुत्तरेक वर्तमानकाळांतले भाशेन पैल्या पुरशाच्या अेकवचनांत **अँ**, भौवचनांत **ओं** आनी दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **स** कूस घोळटा.

करणेच्या अपूर्ण धातुविशेशणाक **लो-ली-लें, ले-ल्यो-लीं** हीं कुसां लायलीं तीं कित्याक? तीं खैंच्यान आयलीं? कोंकणी नित्शायी भविश्य संस्कृत **लुट्** जातच्या भविश्यकाळाचे देखीन घडला. तांतूंतसून हीं कुसां आयलीं. हो काळ संस्कृतांत कर्त्याचे करणेचो नित्शय दाखैता. धातूक **तृ** कूस लावन मागीर ताका **अस्** धातुचीं वर्तमानकाळी अुतरां जोड्डात आनी हो काळ घट्टात. देखीक—**कृ=कर** धातूक **तृ** कूस लावन **कर्तृ>कर्ता** हें रूप जाता. हाका **अस्=आस** धातुच्या वर्तमानकाळाचें पैल्या पुरशाचें **अस्मि=आसां** हें अुतर लावन **कर्तास्मि=हांव करतलों** हें नित्शयी भविश्यकाळी अुतर जालें. कर्त्याचो सभावगुण, लागणूक आनी हातवंट दाखोवंक धातूक **तृ** कूस लायतात.[३१३] ह्या **तृ** कुसाक स्वार्थी **कः** लावन **तृकः** जाता. पुण **तृ** चो अर्थ कशेच तरेन बदलना.[३१४] अुच्चार-बदलाच्या नेमान **तृकः** चें **तकः** जावन[३१५] मागीर **तको**[३१६] आनी **तओ**[३१७]**>तो** हें पुरुशलिंगी रूप जाता. ह्याचें

३१२ Rita e Souza, pp. 112, 117. **सोद** आनी **नीद** धातू पळयात.

३१३ सिकौ. ३११४ । आ क्वेस्तच्छीलतद्धर्मतत्साधुकारिषु । ३.२.१३४. सिकौ. ३११५ । तृन् । ३.२.१३५.

३१४ सिकौ. २०९६ । अवेः कः । ५.४.२८. सिद्धहेम. स्वार्थे कश्च वा । ८.२.१६४.

३१५ वररुचि, प्राप्र. ऋतोऽत् । १ २७. तृणम्>तणं=तण.

३१६ वररुचि, प्राप्र. अत ओत्सोः । ५.१. वृक्षः>वच्छो=रूख.

३१७ वररुचि, प्राप्र. कगचजतदपयवां प्रायो लोपः । २.२.

स्त्रीलिंग ती आनी नपुंसकलिंग तें. भौवचनी रुपां ते, त्यो, तीं. अुच्चार-बदलाच्या नेमान त चें ल जावन[३१८] लो-ली-लें, ले-ल्यो-लीं हीं रुपां जालीं.

संस्कृतांत धातूक तृ कूस लावन भविश्यकाळ घट्टा तशेंच धातुनाम घट्टा. देखीक—कर्ता=करतलो, करपी. वक्ता=अुलैतलो, अुलोवपी. द्रष्टा=पळेतलो, पळोवपी. कोंकणींतूय करतलो, अुलैतलो, पळेतलो हीं भविश्यकाळी अुतरां नामाभाशेन तशींच विशेशणाभाशेन अुपकारतात. देखीक—'असलें काम **करतलो** हांगा अेकलोय मेळचो ना.' 'तूं ताका अशें **अुलैतलो** कोण?' 'ही बारकाय **पळेतलो** ताचें अेकलो आसा.' हांतूंत **करतलो, अुलैतलो** आनी **पळेतलो** हीं धातुनामां. परंत करतलो मनीस, अुलैतलो मनीस, पळेतलो मनीस हांतूंत तीं धातुविशेशणां.

कोंकणीवरी तिगेल्या कांय भैण-भासांनी **लो** कुसान भविश्यकाळ घट्टात. देखीक—**हांव मारतलों** ह्या अर्थान सकैल्या भासांतलीं अुतरां पळयातः डोडा सिराजी काश्मिरीः **मारालो.** जयपुरीः पीटूंलो. भद्रवाहीः **मारुंलो, मारलो, कुटलो.** गडवालीः **मारलो.** कुमावनीः **मारुंलो, मारलो.**[३१९] कांय भैण-भासांनी **ला** कूस लायतात. देखीक—मारवाडीः **कुटूंला.** सिरमावरीः **पीटूला.** चमेआळीः **मारला.** गादीः **मारूंला, मारला.** नेपाळीः **मारूंला.**[३२०]

कोंकणीवरी कांय भैण-भासांनी पैल्या, दुसऱ्या आनी तिसऱ्या पुरशाचें पुरुशालिंगी भौवचन **ले** न सोंपिलें आसता. देखीक—**आमी**

---

३१८ सिद्धहेम. ८.१.२११.
३१९ LSI., I, ii, p. 303; Kellogg, Hindi Gr., Table 22.
३२० LSI., I, ii, p. 303; Kellogg, Hindi Gr., Table 20.

**मारतले, तुमी मारतले, ते मारतले** ह्या अर्थान सकैल्या भासांतलीं अुतरां पळ्यातः भद्रवाहीः **कुटमले, कुटले, कुटले.** सिरमावरीः **पीट्टले, पीटेले, पीटले.** चमेआळीः **मारले, मारले, मारले.** गादीः **मारूले** वा **मारले, मारले, मारले.**[३२१]

कांय भैण-भासांनी कोंकणीवरी दुसऱ्या आनी तिसऱ्या पुरशानें पुरुशलिंगी अेकवचन **लो** न सोंपिल्लें आसता. देखीक—**तूं मारतलो, तो मारतलो** ह्या अर्थाचीं सकैल्या भासांतलीं अुतरां पळ्यातः डोडा सिराजी काश्मिरीः **मारेलो, मारेलो.** जयपुरीः **पीटैलो, पीटैलो.** गडवालीः **मारलो, मारलो.**[३२२]

कुमावनी भाशेंत बारदेसचे रितीन दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **य** चो अुच्चार आयकूंक येता. देखीक—तु **मारलै**=तूं मारत**लोय.**[३२३]

कोंकणीवरी गुजराथींत नित्सायी भविश्य आसा. तांतूंत कोंकणी **लो-ली-लें, ले-ल्यो-लीं** हांचे बदला **नो-नी-नुं, ना-नी-नां** हीं कुसां लायतात. कोंकणी कुसां अपूर्ण धातुविशेशणी **अत्** कुसाक लागतात. पुण गुजराथींत तीं संस्कृत **तव्य** पासून जाल्लें विध्यर्थी धातुविशेशणी कूस **अेवा** वा **अवा** ह्याका लागतात. देखीक—हुं छोड**वानो**=हांव सोडतलों. ते छोड**वानो**=तो सोडतलो.[३२४]

संस्कृत **तृ** कुसापासून गुजराथी **नो** कूस जालां हांतूंत दुभाव ना. अुच्चार-बदलाच्या नेमान संस्कृत **तृनः** पासून **अणअः** > **अणओ** >

---

३२१ LSI., I, ii, pp. 309, 311, 313.

३२२ LSI., I, ii, pp. 305, 307; Kellogg, Hindi Gr., Table 22.

३२३ LSI., IX, iv, pp. 368, 369.

३२४ Shapurji Edalji, Gujarati Gr., p. 61.

**अणो > णो > नो** हें रूप जाता.[३२५] देखीक—मारयितृ > मारणअु > मारणो = मारतलो. **तृ** पासून जाल्ल्या **ल** चें **ण** वा **न** जावनूय गुजराथी **नो** कूस जालां जावंये. देखीक—**लाहल>णाहलो**=म्लेंछांली अेक जात.[३२६]

मराठींत कोंकणी तरेचो नित्शायी भविश्य ना. देखून **कोंकणी परस मराठी वेगळी.**

**नित्शायी भविश्य, न्हयकार—आस** धातुचो न्हयकारी नित्शायी भविश्य करूंक हयकारी भविश्यांत लागत्यार **न** अव्यय भरचें. देखीक—**न** + आसतलों = **ना**सतलों. हेच भाशेन बाकिचीं रुपां घडचीं. हेर धातुंचो न्हयकारी नित्शायी भविश्य करूंक तांच्या अपूर्ण धातुविशेशणाक भविश्यकाळी **चो** कूस लावन ताचेफुडें **आस** धातुच्या न्हयकारी वर्तमानकाळाचीं **नां, नांव** बी रुपां लावचीं. हें कूस कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन बदलून **ची, चें, चे, च्यो, चीं** अशें जाता. हें कूस संस्कृत **तृ** कुसापासून जाल्ल्या **तो** चें बदल्लें रूप आसा. अुच्चार-बदलान **त** चें **च** जाता.[३२७] देखीक—सं**त**त>सं**च**त. हयकारी नित्शायी भविश्यांत **तो** चो **लो** जाता म्हणपाचें वैर सांगलां. न्हयकारांत त्याच **तो** चो **चो** जालो. हें कूस लायतना **आ, अी, अू, अे, अै** आनी **य** न सोंपिल्ल्या धातुंच्या अपूर्ण धातुविशेशणांत **अत्** चें **वत्** जाता. देखीक—जाअत्>जा**वत्**. हेच भाशेन दि**वत्**, धु**वत्**, घे**वत्**, ला**वत्**. हीं **जा, दी, धू, घे** आनी **लाय** धातुंचीं अपूर्ण धातुविशेशणी रुपां जालीं. **अै** न सोंपिल्ल्या धातूक **वत्** कूस लागतना **अै** चो **ओ** जाता.

---

३२५ सिद्धहेम. तृनोणअः । ८.४.४४३.

३२६ वररुचि, प्राप्र. लाहले णः । २.४०.

३२७ सिद्धहेम. तुच्छे तश्च छौ वा । ८.१.२०४. तिष्ठश्चिष्ठः । ८.४. २९८.

देखीक—**अुलै** + अत्=**अुलै** + **वत्**=**अुलो** + वत्=**अुलोवत्**. मोन्या अ न सोंपिल्ल्या धातुविशेशणांचें **अत्** तशेंच अुरता. देखीक—जेव**त्**, वच**त्**, धांव**त्**, मार**त्**, सोद**त्**, फोड**त्**, शिक**त्**, समज**त्**, विसर**त्**. आतां **चो** कूस लावन न्हयकारी नित्शायी भविश्य घडुंया. **जेव** चें अपूर्ण धातुविशेशण जेव**त्**. हाका संस्कृत **तृ** पासून जाल्लें भविश्यकाळी **तो** कूस लावन **जेवत्तो** हें रूप जालें. अुच्चार-बदलान हाचें जेव**त्तो**>जेव**चो** जालें. हाचेफुडें **आस** च्या न्हयकारी वर्तमानकाळाचें **ना** हें रूप लावन जेव**चो ना** हें नित्शायी भविश्याचें तिसऱ्या पुरशाचें पुरुशलिंगी अेकवचनी न्हयकारी रूप जालें. हेंच भाशेन धांव**चो ना**, मार**चो ना**, सोद**चो ना**, फोड**चो ना**, वच**चो ना**, शिक**चो ना**, समज**चो ना**, विसर**चो ना**, जाव**चो ना**, दिव**चो ना**, धुव**चो ना**, घेव**चो ना**, लाव**चो ना**, अुलेव**चो ना** हीं रुपां जातात.

अशे तरेचो **आस** धातुचोय न्हयकारी नित्शायी भविश्य कोंकणींत घोळटा. देखीक—आस**चो ना**.

असलो न्हयकारी नित्शायी भविश्य सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत घोळटालो[३२८] आनी आज थें, बारदेसांत[३२९] आनी हेर सगळेकडेन घोळटा.

**कोंकणी तरेचो न्हयकारी नित्शायी भविश्य मराठींत ना.**

**सादो भविश्य**—ह्या काळांत निखट्या **तृ** पासून जाल्लें **त**[३३०] कूस अुपकारायतात. पणून तें धातूक कर्त्याच्या पुरशाचीं कुसां लायल्या अुप्रांत लायतात. तें बदलून **ल** जायना. कुसां लायतात तीं **लेट्**

---

३२८ Estevão, § 276, p. 65. तो सोदुंचो नां.

३२९ Rita e Souza, p. 115. तो करचो नां.

३३० वररुचि, प्राप्र. ऋतोऽत् । १.२७. तृणम्>तण.

जातच्या वर्तमानकाळाचीं आ गळेल्लीं आसतात. तांतूंत कांय बदल जातात ते अशे :—पैल्या पुरशाच्या भौवचनी **मः** चो **मु** जाता.[331] तिसऱ्या पुरशाच्या अकवचनी **ति** बदला **अि**[332] आनी भौवचनी **न्ति** बदला **ति** जाता. ह्या संबंदाची फोडणिशी वर्तमानकाळांत केल्या. हे भाशेन आ गळोवन बदल्लीं कुसां अशीं जातात :—

| | | |
|---|---|---|
| (१) | मि | मु |
| (२) | सि | थ |
| (३) | अि | ति |

हांकां भविश्यकाळी लक्षणाच्या **तृ** पासून जाल्लें **त** कूस लावन फुडल्लीं रुपां जातात :—

| | | |
|---|---|---|
| (१) | मित | मुत |
| (२) | सित | थत |
| (३) | अित | तित |

धातूक हीं कुसां लायतना तांतूंत कांय बदल जातात ते अशे :— **मित** हांतूंतल्या **म्** चो अनुस्वार जावन[333] ˜अित>अिंत वा **अिन्त** अशें रूप जाता. पांचवे विभक्तिचे फोडणिशेंत **सुन्त** चें **सून** कशें जालें म्हणपाची बारकायेची फोडणिशी केल्या ; तेच रितीन **अिन्त** चें **अीन** जालें. हेच भाशेन **मुत** चें ˜अुत>अुंत वा अुन्त>अून हें रूप जावन निमाण्या **न** चो अनुस्वार जालो आनी तो आदल्या **अ्** चेर पडून **अूं** हें रूप जालें. **न** चो अनुस्वार जावन तो आदल्या स्वराचेर पडची चाल कोंकणींत आसा. देखीक—फला**नि**>फ**ळां**. कोंकणिच्या

---

३३१ सिद्धहेम. तृतीयस्य मोमुमाः । ८.३.१४४.

३३२ वररुचि, प्राप्र. ततिपोरिदेतौ । ७.१.

३३३ वररुचि, प्राप्र. मो विन्दुः । ४.१२.

कांय भैण-भासांनी **सुन्त** पासून जाल्ल्या **सून** चें **सूं** जालां म्हणपाच्यो देखी पांचवे विभक्तिचे फोडणिशेंत दिल्यात. तेच रितीन **अून** चें **अूं** जालें. **सित** बदला **शीत** म्हणटात. अुचार-बदलाच्या नेमान हांतूंतलें **त्** लिपून[३३४] निखटें **शीअ>शी** अशेंय रूप घोळटा. **थत** हांतूंतल्या **थ** चें **छ** आनी **छ** चें **श** जावन **शत** अशें रूप जाता. तेहरी गडवाली भाशेंत **थयो** अुतरा बदला प्रमाण गडवालींत **छयो** = जालो म्हणटात.[३३५] ह्या भायर **थ** चें **छ** जाल्ल्यो जायत्यो देखी प्राकृतांत मेळटात. पृथ्वी>पि**च्छी** = धर्तरी. मि**थ्या**> मि**च्छा** = लटकें. साम**र्थ्यम्** > साम**च्छं**=तांक, बळ.[३३६] हे चालीन **थत** चें **छत** जालें. अुचार-बदलाच्या नेमान **छ** चें **श** आनी **श** चें **छ** जाता. देखीक—**छाया** > **शाया** = सांवळी. **शावक** > **छावओ** = पेटो.[३३७] हे भाशेन **छत** चें **शत** जावन **अ** रुंदावचे चालीन **शत** चें **शात** जालें. तिसऱ्या पुरशाच्या कुसांत चडसो बदल जायना. आतां हीं बदल्लीं कुसां मांडुंयाः—

(१) **अीन, अूं**
(२) **शीत** वा **शी, शात**
(३) **अित, तित**

हीं कुसां धातूंक लायतना सकला दिल्ल्यो गजाली ध्यानांत आसूंक जायतः—

मोन्या **अ** न सोंपिल्ले अकर्मी धातू आनी मोन्या **अ** न सोंपिल्ले आडांगी कर्मी धातू (ओंक आनी जेव सोडून) हांकां पैल्या पुरशाच्या

---

३३४ वररुचि, प्राप्र. २.२.

३३५ LSI., IX, iv, p. 342.

३३६ सिद्धहेम. त्वथ्वद्वध्वां चछजझाः क्वचित् । ८.२.१५. ह्रस्वात् थ्यश्चत्सप्सामनिश्चले । ८.२.२१. सामर्थ्योत्सुकोत्सवे वा । ८.२.२२.

३३७ वररुचि, प्राप्र. षट्शावकसप्तपर्णानां छः । २.४१.

अेकवचनांत **ओन** बदला **अन** आनी तिसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **अित** बदला **अत** लागता. बाकिच्यों कुसां बदलनासतना लागतात. देखीक—अकर्मी **आस** धातू :—

(१) आस + **अन** = आस**न**, आस**ूं**

(२) आस**शीत** वा आस**शी**, आस**शात**

(३) आस + **अन** = आ**सत**, आस**तित** (**तीत**)

**य** सोडून मोन्या **अ न** सोंपिल्ले कर्मी धातू आनी ओंक आनी जेव हे आडांगी कर्मी धातू हांकां हीं कुसां बदलनासतना लागतात. देखीक—कर्मी **मार** धातू :—

(१) **मार** + **ओन** = **मारीन**, **मारूं**

(२) मार**शीत** वा मार**शी**, मार**शात**

(३) मारित (मारीत), मार**तित** (**तीत**)

**आ, ओ, अू, अे, अै** आनी **य** न सोंपिल्ल्या धातूंक हीं कुसां लायतना **ओन** चें **अन** > **यन**, **अूं** चें **वं** आनी **अित** चें **अत** > **यत** जाता. **यन** आनी **यत** हीं रुपां अुच्चार-बदलान जातात.[३३८] **अु, अू** चो **वु, वू** असोय अुच्चार करतात. हे भाशेन **अूं** चो **वूं** जावन मागीर ताचें **वं** जालें. **अै** न सोंपिल्ल्या धातूंक **यन** आनी **यत** लागतना हांतूंतलें **य** लिपून **न** आनी **त** कुसां अुरतात. **अै** संदीस्वरांत **य** आसा, देखून अशें घडटा. दोन **य** अेकामेकांक तेंकून रावनात.[३३९] अशीच अवस्ता **लाय, रोय** वी धातुंची जाता. हांकांय **यन** आनी **यत** कुसां लागतना **य** लिपता ; तशेंच **वं** लागतना **य** लिपता. हेंय संस्कृत चालीन घडटा.[३४०]

---

३३८ सिद्धहेम. अवर्णो यश्रुतिः । ८.१.१८०. नगरम्>नअरं>**नयरं**=नगर, शार. सिकौ. २७६१ । आतो युक्चिण्कृतोः । ७.३.३३.

३३९ सिकौ. ६० । हलो यमां यमि लोपः । ८.४.६४.

३४० सिकौ. ८७३ । लोपो व्योर्वलि । ६.१.६६.

ह्याची फोडणिशी रीतभूतकाळांत केल्या. अै न सोंपिल्ल्या धातूंक पैल्या पुरशाचें भौवचनी वं कूस लागतना अै चो ओ जाता. आतां असले धातू घेवन तांकां कुसां लावंया.

आ न सोंपिल्लो जा धातू:—

(१) जायन, जावं
(२) जाशीत वा जाशी, जाशात
(३) जायत, जातित (तीत)

ई न सोंपिल्लो दी धातू:—

(१) दीयन, दीवं
(२) दिशीत वा दिशी, दिशात
(३) दीयत, दिनित (तीत)

ऊ न सोंपिल्लो धू धातू:—

(१) धूयन, धूवं
(२) धुशीत वा धुशी, धुशात
(३) धूयत, धुनित (तीत)

ए न सोंपिल्लो घे धातू:—

(१) घेयन, घेवं
(२) घेशीत वा घेशी, घेशात
(३) घेयत, घेतित (तीत)

अै न सोंपिल्लो अुलै, धातू:—

(१) अुलैन, अुलोवं
(२) अुलैशीत वा अुलैशी
(३) अुलैत, अुलैतित (तीत)

य न सोंपिल्लो लाय धातू:—

(१) लायन, लावं
(२) लायशीत वा लायशी
(३) लायत, लायतित (तीत)

सोळाव्या शेंकड्यांत सादो भविश्य थोड्याशा बदलान वैले तरेनूच जातालो. **शीत, शात, तित** हांतूंतल्या निमाण्या **त** बदला **थ** घोळटालें. तिसऱ्या पुरशाचें भौवचन निखटी **ती** लावनूय जातालें.[३४१] अकर्मी धातूंत पैल्या पुरशाच्या भौवचनांत **अूं** बदला **अेंव** घोळटालें.[३४२] बारदेसांत कर्मी धातुंच्या पैल्या पुरशाच्या भौवचनांत **अूं** बदला **अींव** घालतात. दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **शी** हें अेकूच कूस घोळटा. हेर सगळीं रुपां वैर दिल्ल्या देखीं भाशेन जातात.[३४३]

कोंकणीवरी **त** लायल्लो भविश्यकाळ बिहारी भाशेंत घोळटा. देखीक—**तो मारीत** ह्या अर्थान भोजपुरी बिहारींत मारी**त**, मगधी बिहारींत मार**त** आनी मैथिली बिहारींत मार**ता**ह हीं अुतरां घोळटात.[३४४] बंगालींत निमती भविश्यांत **त** घोळटा. देखीक—करि**त**=जर तो करीत.[३४५]

कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनी **त** चें **ल** जालां. देखीक—**हांव मारीन** ह्या अर्थान पंगवाळींत कुट्टाल आनी पाडरींत कूटल्ल म्हणटात.[३४६]

मराठींतूय कोंकणी **त** चें **ल** जालां. करी**त**, करती**न** हांचे बदला मराठींत करी**ल**, करती**ल** म्हणटात. दुसऱ्या पुरशाचें भौवचनी कूस **शात** हाचें मराठींत **आल** (**शा**त>**सा**त>**हा**त>हाल>**आ**ल) जालां. देखीक—कोंकणी **करशात** हाचे बदला मराठींत **कराल** म्हणटात.

---

३४१ Estevão, § 129, p. 39. सोदिशाथ, सोदिती. § 131, p. 39. तूं येसीथ, ते म्हणतीथ.

३४२ Estevão, § 197, p. 50. निदेवं.

३४३ Rita e Souza, pp.112, 118. **कर** आनी **नीद** धातू पळयात.

३४४ Kellogg, Hindi Gr., Table 20.

३४५ Beames, Comp. Gr., I, p. 69.

३४६ LSI., I, ii, p. 303.

अकर्मी धातूंत **अन** आनी **अत** कुसां बदला मराठींत **अेन** आनी **अेल** जाता. देखीक—धांव**न**, धांव**त** हांचे बदला मराठींत धांवे**न**, धांवेल अशें म्हणटात. हे भाशेन **कोंकणी सादो भविश्य आनी मराठी सादो भविश्य हांचे भितर जायतें अंतर आसा.**

संस्कृतांत **लृट्** जातचो भविश्य ज्या अर्थान अुपकारता त्याच अर्थान कोंकणी सादो भविश्य अुपकारता.

**सादो भविश्य, न्हयकार—आस** धातुच्या साद्या भविश्याचो न्हयकार करूंक हयकारी भविश्यांत लागत्यार **न** अव्यय भरचें. देखीक—**न** + आसन = **ना**सन. हेच रितीन बाकिचीं रुपां घडचीं. हेर धातुंच्या साद्या भविश्याच्या न्हयकाराखातीर **चो** कूस लावन घडिल्लो नित्शयी न्हयकार अुपकारायतात. ह्याची फोडणिशी नित्शयी भविश्याच्या न्हयकारांत केल्या.

**भूतकाळी निमती भविश्य, पैली तरा**—अमकें जाल्यार तमकें जातें अशा अर्थान हो काळ अुपकारायतात. 'पावस पड्टो जाल्यार सुकळ जातो.' हांगा पावस पडप आनी सुकळ जावप ह्यो दोनूय करण्यो फाटल्या काळांत फुडें घडच्यो आसल्यो. परंत घडल्यो नात. ह्या वाक्यांत निमित आनी ताचें फळ दिसून येता. पावस पडप हें निमित आनी सुकळ जावप हें फळ. हे भाशेन, फाटल्या काळांत फुडाराक घडपाच्यो करण्यो जेन्ना घडनात तेन्ना संस्कृतांत **लृङ्** जातचो भाविश्य अुपकारायतात.[३४७] देखीक—सुवृष्टिश्चेदभविष्यत् तदा सुभिक्षमभविष्यत्= 'बरो पावस पड्टो जाल्यार सुकळ जातो.' कोंकणी भूतकाळी निमती भविश्य अशेंच तरेचो आसा.

---

३४७ सिकौ. २२२९। लिङ् निमित्ते लृङ् क्रियातिपत्तौ। ३.३.१३९.

संस्कृत तृ कुसाक स्वार्थी कः कूस लावन तो-ती-तें, ते-त्यो-तीं हीं भविश्यकाळी कुसां जातात म्हणपाची फोडणिशी वैर केल्या. हीं कुसां धातूक कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन लावन, तांकां कर्त्याच्या पुरशाचीं लेट् जातच्या वर्तमानकाळाचीं आ गळिलीं क वा का तरेचीं कुसां लायतात आनी भूतकाळी निमती भविश्य घट्टात. हीं लावन दों तरांचीं रुपां घट्टात. देखीक, कर धातुचो भूतकाळी निमती भविश्य घडुंया. ह्या धातूक कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन तो-ती-तें, ते-त्यो-तीं हीं कुसां लावन करतो, करती, करतें, करते, करत्यो, करतीं हीं रुपां जातात. हांकां कर्त्याच्या पुरशाचीं कुसां लावन सकेलीं दों तरांचीं रुपां जातातः—

क तरा

(१) करतों-तीं-तें, करतेंव-त्योंव-तींव
(२) करतोय-तीय-तेंय, करतेत-त्योत-तींत
(३) करतो-ती-तें, करतेत-त्योत-तींत

का तरा

(१) करतों-तीं-तें, करते-त्यो-तीं
(२) करतो-ती-तें, करते-त्यो-तीं
(३) करतो-ती-तें, करते-त्यो-तीं

दुसरी तरा आज सास्टींत आनी हेर जायतेकडेन घोळटा. ती सादी, सोपी आनी बरी. बारदेसांत पैली तरा थोड्याशा बदलान घोळटा. पैल्या आनी दुसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत लिंगाचो भेद धरिनासतना अनुक्रमान आंव आनी आत हीं कुसां लायतात. देखीक—करत्यांव, करत्यात.[३४८] सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत पैली तरा कांय बदलान

३४८ Rita e Souza, p. 112.

घोळटाली. दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **सि**, पैल्या आनी दुसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत लिंगाचो भेद धरिनासतना अनुक्रमान **अेव** आनी **आथ** आनी तिसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत **त** बदला **ति** लागताली.[३४९]

मराठींत असलो काळ आसा. परंत कोंकणी परस ताचीं रुपां जायतीं वेगळीं. त्या भायर, मराठी चाली भाशेन निमाण्या **ओ** आनी **अे** स्वरांचे अुच्चार थांकते जातात. देखीक--

(१) कर**तों**-**त्यें**-**तें**, कर**तों**
(२) कर**तास**-**त्येस**-**तेंस**, कर**तां**
(३) कर**ता**-**ती**-**तें**, कर**ते**-**त्या**-**तीं**

**भूतकाळी निमती भविश्य, पैली तरा, न्हयकार—आस** धातुचो न्हयकार करूंक हयकारी रुपांत लागत्यार **न** अव्यय भरचें. देखीक—**न** + आसतों=**ना**सतों. हेच रितीन बाकिचीं रुपां घडचीं. हेर धातुंचो न्हयकार करूंक तांच्या अपूर्ण धातुविशेशणांतलें **त** गळोवन आनी ताच्या जाग्यार **ना** घालून ताचे फुडें **जा** धातुच्या भूतकाळी निमती भविश्याचीं पैले तरेचीं रुपां घालचीं. देखीक—**धांव** चें अपूर्ण धातुविशेशण धांव**त**. हांतूंतलें **त** गळोवन **धांव** हें रूप अुलें. हाका **ना** लावन धांव**ना** हें रूप जालें. हाचे फुडें **जा** धातुच्या निमती भविश्याचें पुरुशलिंगी **जातो** हें रूप घालून **धांवना जातो** हें न्हयकारी भूतकाळी निमती भविश्याचें तिसऱ्या पुरशाचें पुरुशलिंगी अेकवचन जालें. हेच भाशेन समज**ना जातो**, वच**ना जातो**, मारि**ना जातो**, जेवि**ना जातो**, रोयि**ना** (रोयना) **जातो**, जाय**ना जातो**, दिय**ना** (दिना) **जातो**, धुय**ना जातो**, घेय**ना** (घेना) **जातो**, अुलै**ना जातो** बी रुपां जातात. अशें

---

३४९ Estevão, § 143, p. 40. **सोद्** धातू पळयात. § 201, p. 51. **नीद्** धातू पळयात.

तरेचो **आस** धातुचोय न्हयकार कोंकणींत घोळटा. देखीक—आसना **जातो.** अपूर्ण धातुविशेशणांतलें **त** (**त्**) क्रियाक गळटा म्हणपाची फोडणिशी न्हयकारी वर्तमानकाळांत केल्या. अपूर्ण धातुविशेशणाक न्हयकारी **ना** जोडच्या वेळार **त, थ, द, ध,** हे नेम ध्यानांत आसचे.

असले तरेचो न्हयकार सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत घोळटालो[३५०] आनी आज जायते कडेन घोळटा.

## असलो कोंकणी तरेचो न्हयकारी भूतकाळी निमती भविश्य मराठींत ना.

दुसरेय अेके तरेन ह्या भविश्याचो न्हयकार करतात. तांतूंत हयकारी रुपां फुडें **नां, नांव** बी रुपां घालतात. देखीक—हांव करतों **नां,** आमी करते **नांव.** असलो न्हयकार सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत घोळटालो[३५१]आनी आज थें, बारदेसांत[३५२]आनी हेर जायतेकडेन घोळटा.

**भूतकाळी निमती भविश्य, दुसरी तरा**—वैर दिल्ली तरा अेकोड्या धातुची आसा. दुसरी तरा जोड धातुची. ही तरा कोंकणींत जायती घोळटा. करणेच्या नित्शायी भविश्याक पालवी **आस** धातुचो भूतकाळ लावन ही तरा घडटात. संस्कृत **लङ्** जातच्या भविश्याच्या अर्थानूच ही तरा अुपकारायतात. देखीक—'शाणू धांवल्यार बेगीन पावतलो आसलो.' हांतूंत **पाव** धातुचो **पावतलो** हो नित्शायी भविश्य घालून ताचे वांगडा पालवी धातू **आस** हाचो **आसलो** हो भूतकाळ घाला. हे भाशेन, हो भूतकाळांतलो भविश्य म्हणपाचो घसघशीत पुरावो मेळटा. ह्या वाक्यांत धांवप हें निमित आनी पावप हें फळ. ह्यो दोनूय करण्यो फाटल्या काळांत फुडाराक घडच्यो आसल्यो. पुण त्यो घडल्यो नात म्हणपाचें रुजू जाता. हे भाशेन हो भूतकाळी निमती भविश्य जालो.

---

३५० Estevão, § 267, p. 63. तो सोदिनां जातो.
३५१ Estevão, § 267, p. 62. तो सोदितो नां.
३५२ Rita e Souza, p. 115. तो करतो नां.

आतां **कर** धातुचो असलो काळ घडुंया. ह्या काळांत वाक्याची घडण कर्तरी आशिल्ल्यान कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन मुखेल आनी पालवी काळ बदलता. "**कर** धातुचो निश्शयी भविश्य **करतलो**. हाका **आस** धातुचो भूतकाळ **आसलो** हें अुतर जोडून **करतलो आसलो** हें जोड रूप जाता. हाका **लेट्** जातच्या वर्तमानकाळाचीं **आ** गळिल्लीं **का** तरेचीं कुसां लावन सकला दिल्लीं रुपां घडल्यांतः—

(१) करतलों आसलों, करतलीं आसलीं, करतलें आसलें.
करतले आसले, करतल्यो आसल्यो, करतलीं आसलीं.
(२) करतलो आसलो, करतली आसली, करतलें आसलें.
करतले आसले, करतल्यो आसल्यो, करतलीं आसलीं.
(३) करतलो आसलो, करतली आसली, करतलें आसलें.
करतले आसले, करतल्यो आसल्यो, करतलीं आसलीं.

सास्टींत आनी हेर जायते कडेन ही तरा घोळटा. बारदेसांत **क** तरा घोळटा. दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत पालवी क्रियापदाक **य** कूस लायतात. पैल्या आनी दुसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत लिंगाचो भेद धरिनासतना पालवी क्रियापदाक अनुक्रमान **आंव** आनी **आत** कुसां लायतात. तिसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत लिंगाचो भेद राखून पालवी क्रियापदाक **त** कूस लायतात.[३५३] पाद्रि स्टीफन्साल्या व्याकरणांत हो काळ मेळना. तरी आसतना, 'निंदेतलो आसिलो,' 'खातलो आसिलो' असो तरेचीं रुपां मेळटात.[३५४] हाचे वैल्यान, सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत असलो काळ घोळटालो हांतूंत दुबाव ना.

---

३५३ Rita e Souza, p. 112. **कर** धातू पळयात. Rangel, p. 114. **काड** धातू पळयात.

३५४ Estevao, § 210, p. 53, § 352, p. 78.

मराठींत असले तरेचो निमती भविश्य ना. तांतूंत मुखेल धातुच्या भूतकाळाक **अस** धातुचो भविश्यकाळ जोडून निमती भविश्य करतात. देखीक—'पाऊस पडला असता तर पाणी मिळालें असतें.' ही तरा कोंकणिचे अुफाट्टी. देखून **कोंकणी परस मराठी वेगळी.**

**भूतकाळी निमती भविश्य, दुसरी तरा, न्हयकार—** नित्शायी भविश्याच्या न्हयकाराभाशेन अपूर्ण धातुविशेशणाक संस्कृत **तृ** पासून जाल्लीं **चो-ची-चें, चे-च्यो-चीं** हीं भविश्यकाळी कुसां लावन ताचेफुडें **आस** धातुच्या न्हयकारी भूतकाळाचीं रुपां घालचीं. देखीक— **जेव** धातुच्या अपूर्ण धातुविशेशणाक **चो** कूस लावन जेव**चो** (जेवत् + **तो** = जेव**त्तो** >जेव**च्चो** >जेव**चो** ) हें पुरुशालिंगी रूप जालें. हाचे फुडें **नासलो** हो **आस** धातुचो न्हयकारी भूतकाळ घालून **जेवचो नासलो** हें न्हयकारी भूतकाळी निमती भविश्याचें तिसऱ्या पुरशाचें पुरुशालिंगी अेकवचन जालें. हेच भाशेन आस**चो नासलो**, धांव**चो नासलो**, मार**चो नासलो**, वच**चो नासलो**, शिक**चो नासलो**, समज**चो नासलो**, जाव**चो नासलो**, दिव**चो नासलो**, धुव**चो नासलो**, घेव**चो नासलो**, अुलोव**चो नासलो**, लाव**चो नासलो** हीं रुपां जातात.

**कोंकणी तरेचो असलो न्हयकारी निमती भविश्य मराठींत ना.**

**दुबावी भविश्य**—अपूर्ण आनी पूर्ण धातुविशेशणांपासून घडिल्ले वर्तमान, भूत, भूतभूत, रीतभूत, वर्तमानभूत आनी भविश्य हांच्या पालवाक **जा** धातुचो नित्शायी आनी सादो भविश्य दिवन त्या त्या काळांतलो दुबावी भविश्य घडपाची चाल कोंकणींत चलता. देखीक— **करत** ह्या अपूर्ण धातुविशेशणापासून **करता** हें वर्तमानकाळी तिसऱ्या पुरशाचें अेकवचन. हाच्या पालवाक **जा** धातुच्या नित्शायी भविश्याचें

पुरुशलिंगी तिसऱ्या पुरशाचें अेकवचन **जातलो** हें अुतर घालून 'शाणू काम **करता जातलो**' हो दुबावी वर्तमानभविश्य जालो. ह्या वाक्या-वेल्यान शाणू काम करता वा करिना म्हणपाचें खरेपण दिसना. हेच भाशेन, 'शाणू काम **करता जायत**' हांतूंत **जायत** हो सादो भविश्य घालून दुबावी वर्तमानभविश्य घडला. 'शाणू काम **करतालो जायत.**' वा 'शाणू काम **करतालो जातलो**' हो दुबावी रीतभूतभविश्य. 'शाणू काम **करतलो जायत**' वा 'शाणू काम **करतलो जातलो**' हो दुबावी भविश्यभविश्य. ह्यो सगळ्यो कर्तरी घडणेंतल्यो देखी जाल्यो. हे घडणेंत कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन मुखेल आनी पालवी क्रियापदां बदलतात आनी तांकां कर्त्याच्या पुरशाचीं कुसां लागतात. जैं **क** वा **का** तरेचीं कुसां लागतात थैं **का** तरेचींच कुसां लावचीं हें चड बरें. कित्याक, ही तरा सोपी आसून जोड क्रियापदांची मांडणी सोबीत दिसता. देखीक—'तूं जेवता**लोय** जात**लोय**' अशें म्हणचे परस 'तूं जेवता**लो** जात**लो**' अशें म्हळ्यार चड बरें. 'आमी करत**लेंव** जात**लेंव**' अशें म्हणचे परस 'आमी करत**ले** जात**ले**' अशें म्हळ्यार चड बरें.

आतां कर्मणी घडणेंतल्यो देखी पळोवंया. 'शाणून काम **केलें जायत**' वा 'शाणून काम **केलें जातलें**' हो दुबावी भूतभविश्य. 'शाणून काम **केल्लें जायत**' वा 'शाणून काम **केल्लें जातलें**' हो दुबावी भूतभूतभविश्य. 'शाणून काम **केलां जायत**' वा 'शाणून काम **केलां जातलें**' हो दुबावी वर्तमानभूतभाविश्य. हे घडणेंत कर्माच्या लिंग-वचनाभाशेन मुखेल आनी पालवी क्रियापदां बदलतात. तांकां कर्त्याच्या पुरशाचीं कुसां लागनात. देखून, पालवी निश्चयी भविश्य अुपकारावच्या वेळार कर्माच्या लिंग-वचनाभाशेन जात**लो**, जात**ली**, जात**लें**, जात**ले**, जात**ल्यो**, जात**लीं** अशीं ताचीं रुपां घोळटात. तांतूंत कांय बदल जायना. सादो भविश्य तीनूय लिंगांत सारको आसता. तो बदलना.

देखून कर्माच्या लिंगाची ताका वादा जायना. परंत वचनाची वादा जाता. ह्या पासावत, कर्म अेकवचनी आसता तेन्ना **जायत** आनी भौवचनी आसता तेन्ना **जातीत** ह्या दोनूच अुतरांची गरज लागता. देखीक—'शाणून काम केलां **जायत.**' (अेकवचन.) 'शाणून कामां केल्यांत **जातीत.**' (भौवचन.) बारदेसांत, कर्म भौवचनी आसतनाय, अेकवचनी **जायत** हेंच अुतर अुपकारायतात. देखीक—'शाणून **कामां** केल्यांत **जायत.**'[३५५]

मराठींत **जा** धातुच्या पालवान घडिल्ले दुबावी भविश्य नात; देखून **कोंकणी परस मराठी वेगळी.**

कोंकणी **जा** धातू संस्कृत **जन्** (**जा**) पासून जाला. संस्कृत, पाली आनी प्राकृत ह्या भासांनी हो धातू जायतो घोळटा. ह्या धातुचें हें पुर्विल्लें नातें अेकले कोंकणीन अजून राखून धल्लां. अितलेंच न्हंय, तर तें तिका सोडून दिवंक कठीन. तिगेल्या कांय भैण-भासांनी हो धातू निखाल्स घोळना. हाचे बदला त्यो **भू** धातूपासून जाल्लो '**हो**' धातू अुपकारायतात. देखीक—अन्नाद्भूतानि **जायन्ते**=अन्नापासून जीव जातात.[३५६] हांतूंतल्या **जातात** ह्या अर्थाचीं सकैल्या भासांतलीं अुतरां पळयात: हिंदी: होते हैं. कनोजी: होत हैं. व्रज: होतु हैं. राजस्तानी: व्है है. गडवाली: होंदान. कुमावनी: हुना. नेपाळी: हुंछन. बैस्वाडी: होंअि. अवधी: होत अहैं. रिवाअी: होत आं. भोजपुरी: होत बाटन. मगही: होअित हअीं. मैथिली: होअित छैन्हि.[३५७] गुजराथी: होय. मराठी: होतात. गुजराथींत **थाय** अशेंय म्हणटात.

---

३५५ Rita e Souza, p. 112. Rangel, p. 114. काडल्यांत जायत.

३५६ तैत्तिरीय अुपनिषत् २.२.

३५७ Kellogg, Hindi Gr., Table 19.

कोंकणींत **जा** धातुचो दों तरांचो अर्थ जाताः **घडूंक** आनी **जल्मूंक** वा **जावंक.** देखीक—'ती बाळंत **जाता** आनी तिका भुरगें **ज.ता.**' हांतूंत पैल्या वाक्यांत तिगेलें बाळंतपण **घड्टा** आनी दुसऱ्यांत तिका भुरगें **जल्मता.** मराठींत हे दोनूय अर्थ '**हो**' धातून सादतात. देखीक—'ती बाळंत **होते** व तिला मूल **होतें.**' परंत ह्या धातुचो भूतकाळ मराठींत ना. ही अडचण तिणें कोंकणींतसून **जा** धातुचो **जालो** हो भूतकाळ अुश्णो घेवन आनी ताका **जाला** हें रूप दिवन निस्तरायली. कांय काळान मराठी बरप्यांनी ताच्या आंगांत अडचो '**हा**' शिरकटावन जाहाला अशें ताका रूप दिलें आनी आतां तार्चे **झाला** केलें. हेर आर्य भासांनी '**हो**'चो भूतकाळ घोळटा. देखीक—हिंदी : हुआ. कनोजी आनी नेपाळी : भयो. राजस्तानी : व्हियो. गडवाली : होये. अवधी : भवा. मगधी : होल. मैथिली : भेल. पंजाबी : होअिआ. सिंधी : हुओ. गुजराथी : होओ, होयो, होयलो.[३५८] मराठींत '**हो**'चो भूतकाळ **होला** असो आसूंक जाय आसलो. परंत चंड पोरणे मराठींतूय हें अुतर मेळना. **जाला** हेंच अुतर मेळटा आनी वैर सांगिल्ले भाशेन तें कोंकणींतसून घेतलां हांतूंत दुबाव ना. बीम्साल्या मत्तान **होयाला** अशें रूप आसलें जावंये आनी ताचे पासून **ह्याला** > झाला हें अुतर घडलें. **ह्य** चें **झ** जावं येता अशें तो म्हणटा. परंत हेर आर्य भासांनी अशे तरेची नाट मेळना देखून तो अनमनता.[३५९] **ह्य** चें **झ** जावंक जरी कठीन नासलें तरी मुळचें अुतर '**झाला**' नासून '**जाला**' आसा हें ध्यानांत धरूंक जाय. ह्या अुतरांत **ह्य** ना. म्हणटकूच तार्चे **झ** कशें जायत? देखून बीम्सालें अनुमान तगना.

३५८ Kellogg, Hindi Gr., Table 19; § 410, p. 237. Beames, Comp. Gr., III, p. 202.

३५९ Beames, Comp. Gr., III, p. 202.

संस्कृत **भू** पासून जाल्लो धातू कोंकणींत ना. हाच्या '**जावंक**' ह्यां अर्थाचें काम कोंकणींत **जा** धातूच करता. देखीक—अन्नाद् **भवन्ति** भूतानि=अन्नापासून जीव **जातात.**[३६०] हे भाशेन, मराठींत **जन्** (**जा**) पासुन जाल्लो धातू ना आनी कोंकणींत **भू** पासून जाल्लो धातू ना. देखून **दोनूय भासो अेकामेकांपासून वेगळ्यो.**

संस्कृत **भू** धातुचो **आस** असोय अर्थ जाता.[३६१] अशा वेळार कोंकणींत ताचो अर्थ **आस** घालून करतात. देखीक—असन्नेव स **भवति**=नासतनाय तो **आसा.**[३६२]

**दुबावी भविश्य, न्हयकार**—दुबावी भविश्यांत वर्तमान-भविश्य, भूतभविश्य, भूतभूतभविश्य, रीतभूतभविश्य, वर्तमानभूत-भविश्य आनी भविश्यभविश्य अशो तरा आसात म्हणपाचें वैर सांगलां. हांचो न्हयकार करूंक मुखेल धातू ज्या काळांतलो आसत त्या काळांतलो ताचो न्हयकार घालचो आनी ताचेफुडें **जा** धातुचें पालवी क्रियापद ज्या काळांतलें आसत त्या काळांत बदल करिनासतना तशाक तशें घालचें. देखीक—'धांव**ता** जायत' हाचो न्हयकार 'धांव**ना** जायत.' **धांवता** हें मुखेल क्रियापद वर्तमानकाळी तिसरो पुरशी अेकवचनी आसा. **धांवना** हें ताचें वर्तमानकाळी न्हयकारी रूप. हाचेफुडें **जायत** हें भविश्यकाळी तिसरो पुरशी अेकवचनी पालवी क्रियापद बदल करिनासतना घालून 'धांव**ना** जायत' हें न्हयकारी वर्तमानभविश्यकाळी रूप जालें. हेच भाशेन 'धांव**ता** जातलो' हाचो न्हयकार 'धांव**ना** जातलो.'

---

३६० भगवद्गीता ३.१४.

३६१ पाणिनीय धातुपाठ भू १ सत्तायाम्.

३६२ तैत्तिरीय अुपनिषत् २.६.

असलो न्हयकारी वर्तमानभविश्य सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत घोळटालो[363] आनी आज थैं आनी हेर जायतेकडेन घोळटा.

सकला दिल्ल्या देखींवैल्यान हेर काळांचो न्हयकार ध्यानांत येतलो :—

| | तिसरो पुरुश अेकवचन | |
|---|---|---|
| **काळ** | **हयकार** | **न्हयकार** |
| भूतभविश्य | धांवलो जायत<br>धांवलो जातलो | धांवलो **ना** जायत<br>धांवलो **ना** जातलो |
| भूतभूतभविश्य | धांव**लल्लो** जायत<br>धांव**लल्लो** जातलो | धांवं**क नासलो** जायत<br>धांवं**क नासलो** जातलो |
| रीतभूतभविश्य | धांव**तालो** जायत<br>धांव**तालो** जातलो | धांव**नासलो** जायत<br>धांव**नासलो** जातलो |
| वर्तमानभूतभविश्य | धांव**ला** जायत<br>धांव**ला** जातलो | धांवं**क ना** जायत<br>धांवं**क ना** जातलो |
| भविश्यभविश्य | धांव**तलो** जायत<br>धांव**तलो** जातलो | धांव**चो ना** जायत<br>धांव**चो ना** जातलो |

३६३ Estevão, § 270, p. 63. तो सोदिनां जायत; § 276, p. 65. हांव सोदिनां जातलों.

## ६
# आज्ञार्थ

पैल्या पुरशांत आज्ञा विचारूंक, बुद्द घेवंक आनी अित्सा दाखोवंक, दुसऱ्या पुरशांत आज्ञा करूंक, मेकळीक वा मान्यताय दिवंक आनी तिसऱ्या पुरशांत मेकळीक वा मान्यताय दिवंक आनी अित्सा दाखोवंक आज्ञार्थ अुपकारायतात. देखीक—'हांव करूं?' 'आमी करूं?' (आज्ञा विचारूंक.) 'हांव साळेंत वचूं वा घरा रावं?' (बुद्द घेवंक.) 'हांव बरो जावं.' 'आमी बेगीन शिकूं.' (अित्सा दाखोवंक.) 'तूं कर.' 'तुमी करात.' (आज्ञा करूंक, मेकळीक वा मान्यताय दिवंक.) 'तो-ती-तें करूं.' 'ते-त्यो-तीं करूंत.' (मेकळीक वा मान्यताय दिवंक.) 'तो सुखी जावं.' (अित्सा दाखोवंक.) संस्कृतांत आज्ञार्थाक **लोट्** म्हणटात. तांतूंय अशाच कामांक तो अुपकारता.[३६४] आज्ञार्थांत भविश्यकाळांतली म्हळ्यार फुडाराक करचेली करणी आस्पावता. देखीक—'हांव करूं?' म्हळ्यार 'ह्या फुडें करूं?' 'तूं कर' म्हळ्यार 'ह्या फुडें कर.' 'तो सुखी जावं' म्हळ्यार 'ह्या फुडें वा फुडाराक सुखी जावं.'

वैल्या देखींत तीनूय पुरशांचीं अेकवचनी आनी भौवचनी कुसां दिसतात तीं हीं:—

| | | |
|---|---|---|
| (१) | अूं | अूं |
| (२) | ० | आत |
| (३) | अूं | अूंत |

हीं कुसां **य** सोडून मोन्या **अ न** सोंपिल्ल्या मूळ धातूंत कसलेंच बदल करिनासतना लायल्यांत. देखीक—कर्+**अूं**=**करूं**. कर्+**आत**= **करात**. कर्+**अूंत**=**करूंत**.

---

३६४ सिकौ. २१९४ । लोट् च । ३.३.१६२ । विध्यादिष्वर्थेषु धातोर्लोट् स्यात्.

**आ, ई, ऊ, ए, ऐ** आनी **य** न सोंपिल्ल्या धातूंक **ऊं** आनी **ऊंत** कुसां लायतना उच्चार-बदलाच्या नेमान तांचें अनुक्रमान **वं** आनी **वंत** जाता. हाची फोडणिशी साद्या भविश्यांत केल्या. देखीक—**खा** + **ऊं** = **खावं**. **खा** + **ऊंत** = **खावंत**. **दी**+**ऊं**=**दीवं** (**दिवं**). **दी**+**ऊंत**= **दीवंत** (**दिवंत**). **धू** + **ऊं**=**धूवं** (**धुवं**). **धू** + **ऊंत** = **धूवंत** (**धुवंत**). **घे** + **ऊं** = **घेवं**. **घे** + **ऊंत** = **घेवंत**. **ऐ** न सोंपिल्ल्या धातूंक **ऊं**, **ऊंत** लायतना **ऐ** चो **ओ** जाता. देखीक—**उलै** + **ऊं** = **उलो** + **वं** = **उलोवं**. **उलै** + **ऊंत** = **उलो** + **वंत** = **उलोवंत**. **य** न सोंपिल्ल्या धातूंक **वं**, **वंत** लायतना **य** लिपता.[३६५] देखीक—रो**य** + वं = रो + वं = **रोवं**. रो**य** + वंत= रो + वंत = **रोवंत**.

**आ, ई, ऊ, ए** आनी **ऐ** न सोंपिल्ल्या धातूंक दुसऱ्या पुरशाचें भौवचनी **आत** कूस लायतना उच्चार-बदलाच्या नेमान तांचें **यात** जाता.[३६६] देखीक– खा+आत=खा**या**त. दि**या**त. धु**या**त. घे**या**त. उलै**या**त > उल**या**त.

**वैलीं कुसां संस्कृत परस्मैपदी आज्ञार्थांतसून आयल्यांत.** संस्कृतांत परस्मैपदी वर्तमानकाळाच्या कुसांत कांय बदल करून परस्मैपदी आज्ञार्थाचीं कुसां घडल्यांत. हीं कुसां पारखिल्यार एक गजाल घसघशीत ध्यानांत भरता ती ही कि वर्तमानकाळी कुसांतले **इ** बदला आज्ञार्थांत **उ** जाता. देखीक—तिसऱ्या पुरशाच्या एकवचनांत आनी भौवचनांत **ति** आनी **अन्ति** हांतूंतले **इ** चो **उ** जाला.[३६७]

---

३६५ सिकौ. ८७३ । लोपो व्योर्वलि । ६.१.६६.

३६६ सिकौ. २७६१ । आतो युक्चिण्कृतोः । ७.३.३३. सिद्धहेम. अवर्णो यश्रुतिः । ८.१.१८०.

३६७ सिकौ. २१९६ । एरुः । ३.४.८६. भव + **ति** = भव + **तु** = भव**तु** = आसूं, जावं. भव + **अन्ति** = भव + **अन्तु** = भव**न्तु** = आसूंत, जावंत.

कोंकणीन ही देख पैल्या पुरशाच्या अेकवचनाकूय लावन वर्तमानकाळी अेकवचनी **मि** कुसाचो **मु** केलो. अितलेंच न्हय, तर भौवचनी **मः** चोय **मु** केलो. प्राकृतान संस्कृत चाल पैल्या आनी दुसऱ्याय पुरशाच्या अेकवचनाक लावन **मि** चो **मु** आनी **सि** चो **सु** केलो.[३६८] कोंकणीन दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **सि** बदला **हि** कूस घेतलें आनी संस्कृत देखीन तें काडुनूय अुडैलें.[३६९] हे भाशेन, दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत कोंकणींत दोन रुपां घोळटात. पालींतूय दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **हि** कूस लायतात आनी काडुनूय अुडैतात. देखीक—पच + **हि** = पच**हि** = शिजै. पच + ० = पच = शिजै. कोंकणीन दुसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत आनी तिसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत आनी भौवचनांत संस्कृत **त**, **तु** आनी **अन्तु** हीं कुसां घेतलीं. हे भाशेन, चंड पुर्विल्ल्या काळांत कोंकणी आज्ञार्थाचीं कुसां अशीं आसलीं :—

| | | |
|---|---|---|
| (१) | **मु** | **मु** |
| (२) | **हि**, ० | **त** |
| (३) | **तु** | **अन्तु** |

हांचे पासून अुच्चार-बदलाच्या नेमान आतांचीं घोळटेंतलीं कुसां जालीं. **मु** चो ˜**अु** > **अुं** > **अूं** जालो.[३७०] देखीक—कर + **मु** = कर + **अूं** = करूं. **हि** मोवाळून **अि** > **अी** जाली. देखीक—कर + **हि** =

३६८ वररुचि, प्राप्र. **अुसुमु** विध्यादिष्वेकस्मिन् । ७.१८.

३६९ सिकौ. २२०१ । सेर्ह्यपिच्च् । ३.४.८७. सिकौ. २२०२ । अतो हेः । ६.४.१०५. भव + सि = भव + हि = भवहि = आस, जा. भव + ० = भव = आस, जा.

३७० सिकौ. १२२ । मोऽनुस्वारः । ८.३.२३. वररुचि, प्राप्र. मो विन्दुः । ४.१२.

कर + अी = करी. हि लिपून कर + ० = कर अशेंय रूप जालें. त चें आत जालें. वर्तमानकाळांत आत कूस घोळटा. तीच देख हांगा घेतल्या. हे भाशेन कर+आत=करात. तु ˜ तलें तू लिपून अु>अू अुल्लो.[371] देखीक—कर+तु=कर+अू=करू. संस्कृतांत अ, आ, अि, अी, अु, अू हे स्वर अुतराच्या सोंपत्यार आसल्यार तांचो अुच्चार नाखयो जाता वा जायना. देखीक—दधि (धंय) हें अुतर दधिं अशेंय अुच्चारतात.[372] हेच संस्कृत चालीन कोंकणी तिसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनी अू कुसाचो अूं जावन करू चें करूं जालें. तिसऱ्या पुरशाच्या भौवचनी अन्तु कुसांतल्या आदल्या अ चो अु>अू आनी निमाण्या अु चें अ जालें. अुतरांत अ न सोंपिल्ल्या अक्षराफुडें अु न सोंपिल्लें अक्षर आयल्यार ह्या अ आनी अु ची सर्दलबर्दल जाता; म्हळ्यार अ बदला अु आनी अु बदला अ जाता. देखीक—शकुन>सुकणें. पालींत अ चो अु आनी अु चें अ जावची चाल चलता. देखीक—असूया > अुसूया = दुस्वास. निमज्ज > निमुज्ज = बुड्डंक. कंकुष्ट > कुंकुठ = अेके जातची माती. वागुरा > वाकर = जाळ. फुल्ल > फल्लति = फळटा.[373]

सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत अि कूस आनी तिसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत अुंति कूस घोळटालें. देखीक—तूं सोदि. ते-त्यो-तीं सोदुंति.[374] गोकर्णाचे दक्षिणेक ही चाल अजून चलता. देखीक—वाचि, वाडि, करि, दवरि, बरयि, शिकयि, हाडि, घालि.[375] वाकिच्या कोंकणांत अी सामकीच गळ्ळी.

३७१ वररुचि, प्राप्र. कगचजतदपयवां प्रायो लोपः । २.२.

३७२ सिकौ. ११० । अणोऽप्रगृह्यस्यानुनासिकः । ८.४.५७.

३७३ Müller, Pali Gr., pp. 6, 10.

३७४ Estevão, § 132, p. 39.

३७५ कोंकणि भाषेन बालबोध प्रथम पुस्तक, पा. १५.

देखीक—**वाच**, **वाड**. सास्टींत सोळाव्या शेंकड्यांत दुसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत **न** लिपतालें. देखीक—तुमी मागा, खाया, गाया, जाया.[३७६] पुण बारदेसांत आनी हेर कोंकणांत तें घोळटा.[३७७] देखीक—**मागान**, **खायान**.

कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनी कोंकणींतले सारकीं कांय कुसां घोळटात. हिंदींत पैल्या पुरशाच्या अेकवचनांत **ऊं** कूस घोळटा आनी दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत कूस लिपता. देखीक—**मैं करूं**=हांव करूं. **तू कर**=तूं कर.[३७८] सिंधींत कर्मी धातूंक दुसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **अि** लायतात. देखीक—**करि**=तूं कर.[३७९] बाकिच्या भासांनी **अि** घोळना. ओडियींत पैल्या पुरशाच्या भौवचनांत कोंकणीवरी **अुं** कूस घोळटा. देखीक—**करुं**=आमी करूं. तिसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **अु** घोळटा: पुण ताचेर कोंकणीवरी अनुस्वार येना. देखीक—**करु** = तो करूं. तिसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत कोंकणी **करूंत** हाचे बदला ओडियींत **करन्त** आनी बंगालींत **करुन्** म्हणटात.[३८०] अुच्चार-बदलाच्या नेमान बंगालींत निमाण्या जोडगिरांतलें **त्** व्यंजन गळ्ळें.[३८१] बंगालींत तिसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **अु** बदला **अुक** लागता. देखीक—**करुक**=तो करूं. डॉ. भाण्डारकारांल्या मत्ताभाशेन हांतूंतल्या **क** चो अर्थ मराठी 'जाअूं दे **कि**' म्हणटात तशे तरेचो आसा.[३८२] बीम्साक हें **क** अर्थाभायरें दिसता. बंगालींत हें भूतकाळांत आनी भविश्यकाळांतूय तिसऱ्या पुरशाच्या

---

३७६ Estevão, § 183, pp. 47, 48.

३७७ Rita e Souza, p. 113.

३७८ Kellogg, Hindi Gr., p. 248.

३७९ Bhandarkar, WPL., p. 214.

३८० Bhandarkar, WPL., p. 213.

३८१ सिकौ. ५४ । संयोगान्तस्य लोपः । ८.२.२३.

३८२ Bhandarkar, WPL., p. 213.

अेकवचनांत लायतात. देखीक—देखिलेक=ताणें पळेलें. देखिबेक= तो पळेतलो.[३८३] बिहारी भाशेंतूय भूतकाळांत तिसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत क लायल्लो मेळटा. देखीक—मारलक=ताणें माल्लो.[३८४] हें क खैंच्यान आयलें? आनी ताचो अर्थ कितें जावंये? संस्कृतांत सारकी बरी खबेर नाशिल्लि करणे संबंदान अुलोवचें आसल्यार क्रियापदाक **अक्** कूस लायतात. देखीक—पचति+**अक्**=पचत्+**अक्**+**अि**=पचत**कि**=शिजैता खें? जल्पति+**अक्**=जल्पत्+**अक्**+**अि**=जल्पत**कि**=जळपता खें.[३८५] अशेच तरेचें आनी अर्थाचें हें बंगाली आनी बिहारी क जावचें ना मू? मराठींत दुसऱ्या पुरशाच्या भौवचनांत **त** लिपता; तिसऱ्या पुरशाच्या अेकवचनांत **अु–ओ** आनी भौवचनांत **अूत–ओत** हीं कुसां लागतात. देखीक—तुम्ही कर**ा**=तुमी करात. तो करू, क**रो**=तो करूं. ते कर**ूत**, कर**ोत**=ते करूंत.

कसलीय करणी निरशयान आनी खोसयेन करूंक कर्ते आपले आपुण मेकळीक घेतात वा आपले आपणाक विचारतात अशा अर्थान आज्ञार्थी पैल्या पुरशाच्या भौवचनी रूपाक **या** कूस जोडची चाल कोंकणींत चलता. देखीक—'आमी काम करुं**या.**' (आपले आपुण मेकळीक घेवप). 'आमी काम करुं**या?**' (आपले आपणाक मेकळीक विचारप). सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत हें आज्ञार्थी रूप घोळटालें.[३८६] आनी आज तें थें, बारदेसांत[३८७] आनी हेर सगळया कोंकणांत घोळटा. हांतूतलें **या** कूस खैंच्यान आयलें? संस्कृत विध्यर्थांत परस्मैपदी पैल्या पुरशाचें भौवचनी कूस **याम** आसा. देखीक—कु**र्याम**=आमी करुंया. ह्या **याम** पासून

३८३ Beames, III, pp. 151, 158, 160.

३८४ LSI, I, ii, p. 295.

३८५ सिकौ. २०२६ । अव्ययसर्वनाम्नामकच् प्राक् टेः । ५.३.७१. सिकौ. २००२ । तिङश्च । ५.३.५६. सिकौ. २०२८ । अज्ञाते ५.३.७३.

३८६ Estevão, § 132, p. 39, सोडुंया.

३८७ Rita e Souza, p. 113, करुंया.

कोंकणी **या** कूस जालांशें दिसता. **याम** हांतूंतल्या **म्** चो अनुस्वार जावन पोरणे कोंकणींत **यां** हें कूस घोळटालें जावंये; म्हळ्यार, **करुंया** हें अुतर **करुंयां** अशें अुच्चारताले जावंये. पुण अेका फाटल्यान अेक अशे दोन अनुस्वार कानाक बरे लागना जावन, **या** वैलो अनुस्वार गळ्ळो जातलो.

**आज्ञार्थ, न्हयकार**—आज्ञार्थाचो न्हयकार करूंक धातूक **अुं** कूस लावन ताचें धातु-अव्यय करचें आनी ताचे फुडें अेकवचनांत **नाका** आनी भौवचनांत **नाकात** हीं क्रियापदां घालचीं. देखीक—**कर** धातूक **अुं** कूस लावन **करुं** हें धातु-अव्यय जालें. हाचे फुडें **नाका** हें क्रियापद घालून **करुं नाका** हें न्हयकारी आज्ञार्थाचें पैल्या, दुसऱ्या आनी तिसऱ्या पुरशाचें अेकवचन जालें. तसेंच **नाकात** हें क्रियापद घालून **करुं नाकात** हें न्हयकारी आज्ञार्थाचें पैल्या, दुसऱ्या आनी तिसऱ्या पुरशाचें भौवचन जालें. **नाका** हांतूंत दुसऱ्या पुरशाचें भौवचनी **आत** कूस मेळोवन **नाकात** हें भौवचनी रूप जालां. **करुं नाका** वा **नाकात** हाचे भाशेन **न्हेसुं**–, **वचुं**–, **मारुं**–, **ओंकुं**–, **जेवुं**–, **शिकुं**–, **समजुं**–, **जावं**–, **दिवं**–, **धुवं**–, **घेवं**–, **अुलोवं**–, **रोवं**–, लावं **नाका** वा **नाकात** हीं रुपां जातात.

**या** कूस लायल्ल्या आज्ञार्थी पैल्या पुरशाच्या भौवचनाचो न्हयकार **नाका** लावन करचो. देखीक—आमी **करुंया नाका**, **वचुंया नाका**, **खावंया नाका**, **अुलोवंया नाका**, **रोवंया नाका**, लावं**या नाका**.

आतां **नाका** हें क्रियापद कशें जालां तें पळोवंया. हें अुतर दों तरांनी जावं येता. वेदीक संस्कृतांत न्हयकारी अर्थाचीं **माकिस्**, **माकीम्** आनी **नकिस्**, **नकीम्** हीं अव्ययां घोळटात.[३८८] हांतूंतल्या **नकिस्** आनी **नकीम्** पासून **नाका** हें अुतर जालां जावंये. ह्या दोंयचो अर्थ सायणान **नास्ति=ना** असो केला. देखीक—**नकिष्**वद्रथीतरो हरी

---

३८८ Whitney, § 1122 e, p 413.

यदिंद्र यच्छसे=अिंद्रा, ज्या पासावत तूं रथाक हरि नांवाचे घोडे लायता त्या पासावत तुजेकूय व्हडलो रथकार दुसरो **ना.**[389] **नकीं** वृधीक अिंद्र ते=अिंद्रा, तुजेकूय दुसरो कोणूच वाडैतलो (व्हड करतलो) **ना.**[390] दुसरी तरा म्हळ्यार **न कृधि** पासून **नाका** हें अुतर जालां. **कृ** धातुचें आज्ञार्थी दुसऱ्या पुरशाचें अेकवचन **कुरु** वा **कुरुष्व**=कर. वेदीक संस्कृतांत हाचें **कृधि** हें रूप जायतें घोळटा. वेदीक संस्कृतांत **कृ** आनी हेर कांय धातूंक **धि** कूस लागता[391] देखीक—अस्माकमुत्तमं **कृधि** श्रवो देवेषु सूर्य=लकलकण्या देवां भितल्ल्या सूर्या, आमगेलें येस भौ बरें कर.[392] अुच्चार बदलान ह्या **धि** चेंच आनीक अेक आज्ञार्थी दुसऱ्या पुरशाचें अेकवचनी **हि** कूस जालां जावंये. हें कूस २, ३, ५, ७ आनी ९ व्या गणांच्या धातुंचे परस्मैपदी चलोवणेंत घोळटा. **ध** चें **ह** जावं येता.[393] देखीक—सा**धु** > सा**हू** = साव. **कृधि** हाचो न्हयकार **न कृधि=न कर.** अुच्चार बदलान **कृ** चो **का**[394] आनी **धि** ची **हि** जावन, न**काहि** हें रूप जालें. हांतूंतली **हि** मोवाळून नकाअि > नकायि > नका**य** > नका > **नाका** हें अुतर जालें. **नाका** म्हळ्यार **न कर.** कोंकणी ना**का** पासून मराठी न**को** हें अुतर घडलें जावंये.

**नाका** हें मुळचें **'न कर'** अर्थाचें आज्ञार्थी दुसऱ्या पुरशाचें अेकवचनी अुतर आसून, स्वतंत्र क्रियापदावरी सगळ्या काळांनी वावुरता. ह्या वेळार ताचो अर्थ गरज नासप, वान्सा नासप, अिच्छा नासप असो

३८९ ऋग्वेद १.८४.६.
३९० ऋग्वेद ८.६८.४.
३९१ सिकौ. ३५५१ । श्रुशृणुपृकृवृभ्यश्छन्दसि । ६.४.१०२.
३९२ ऋग्वेद ४.३१.१५.
३९३ वररुचि, प्राप्र. खघथधभां हः । २.२७.
३९४ सिद्धहेम. आत् कृशा मृदुक मृदुत्वे वा । ८.१.१२७. **मृदुक > माअुक्क** = मोवाळ.

जाता. तें कर्मणी घडणेंत चलता आनी ताचो कर्तो चौथे विभक्तींत आसता. देखीक—'शाणूक आंबे नाकात' म्हळ्यार शाणूक आंब्यांची गरज ना, वान्सा ना, अित्सा ना. हांतूंत **शाणूक** हो कर्तो. हाची चौथी विभक्ती. **आंबे** हें कर्म. हाची पैली विभक्ती. पुरुशलिंग. भौवचन. **नाकात** हें क्रियापद. हाचें भौवचन आंब्यांच्या म्हळ्यार कर्माच्या वचनाभाशेन घालां. ही कर्मणी घडण. 'शाणूक आंबो नाका.' हांतूंत **आंबो** ह्या अेकवचनी कर्माभाशेन **नाका** हें अेकवचनी क्रियापद घालां. ही कर्मणी घडण. ह्यो वर्तमानकाळाच्यो देखी जाल्यो. हांतूंत भौवचनांत **नाकात** हें रूप घसघशीत दिसता. हेर काळांत **नाका** हें क्रियापद अेकोडें येनासतना ताका **आस** वा **जा** धातुचो पालव लागता. अशा वेळार भौवचनांत **नाका** हें अुतर तशाक तशें अुरता वा तांतूंतलें **त लिपता** अशें म्हळ्यार चड बरें. **त** लिपचें कारण फुडलें पालवी क्रियापद भौवचनी आसता हें जावंये. देखीक—'शाणूक आंबो नाका **आसलो.**' (भूतकाळ, अेकवचन.) 'शाणूक आंबे **नाका (त) आसले.**' (भौवचन.) 'शाणूक आंबो **नाका जालो.**' (भूतकाळ अेकवचन.) 'शाणूक आंबे **नाका** (त) **जाले.**' (भौवचन.) हेच भाशेन हेर काळ आनी धातु-अव्ययां **जा** धातुच्या पालवान करूं येतात. देखीक—नाका **जाल्लो**-नाका **जाल्ले.** (भूतभूत.) नाका **जातालो,** नाका **जाय**-नाका **जाताले,** नाका **जायत.** (रीतभूत.) नाका **जाला**-नाका **जाल्यात.** (वर्तमानभूत.) नाका **जातलो**-नाका **जातले.** (नित्शायी भविश्य.) नाका **जायत**-नाका **जातीत.** (सादो भविश्य.) नाका **जातो,** नाका **जातलो आसलो**-नाका **जाते,** नाका **जातले आसले.** (निमती भविश्य.) नाका **जावं**-नाका **जावंत.** (आज्ञार्थ.) नाका **जावचो**-नाका **जावचे.** (विध्यर्थ.) नाका **जावन.** नाका **जातकी,** नाका **जातकच,** नाका **जातच,** नाका **जातरी,** नाका **जावंक.** नाका **जावच्याक,** नाका **जाता आसतना,** नाका **जाल्यार.** (धातु-अव्ययां.)

# ७
# विध्यर्थ

कोंकणींत धातूक **चो-ची-चें, चे-च्यो-चीं** हीं कुसां लावन विध्यर्थ घडटात. विध्यर्थांत वाक्याची घडण कर्मणी, कर्तरी वा भावी आसता. कर्मणी घडणेंत कर्माच्या लिंग-वचनाभाशेन धातूक हीं कुसां लागतात. देखीक—हांवें, तुवें, ताणें, तिणें, आमी, तुमी, तांणी आंबो माग**चो**, आंबे माग**चे**; आंबली माग**ची**, आंबल्यो माग**च्यो**; घोंट माग**चें**, घोंटां माग**चीं**. आडांगी कर्मी धातू भूतकाळांत कर्मणी घडणे-बदला कर्तरी घडण करतात म्हणपाचें सांगलां. पुण विध्यर्थांत ते कर्तरी आनी कर्मणीय घडण करतात. देखीक—'शाणून शीत **जेवचें**.' हांगा शीत हें कर्म नपुंसकलिंगी अेकवचनी आसून ताच्या लिंग-वचनाभाशेन **जेवचें** हे विध्यर्थी क्रियापद नपुंसकलिंगी अेकवचनी घालां. ही कर्मणी घडण. 'शाणू शीत **जेवचो**, पुण जेवलो ना.' हांगा **जेवचो** हें विध्यर्थी क्रियापद कर्त्याच्या म्हळ्यार शाणुच्या लिंग-वचनाभाशेन पुरुशलिंगी अेक-वचनी घालां. ही कर्तरी कर्मी घडण. 'सकाळीं थंडी **पडची**.' हांगा **पडची** हें विध्यर्थी क्रियापद थंडिच्या लिंग-वचनाभाशेन स्त्रीलिंगी अेकवचनी घालां. ही कर्तरी अकर्मी घडण. हे भाशेन, कर्तरी कर्मी आनी अकर्मी घडणेंत कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन धातूक कुसां लागतात. हांवें, तुवें, ताणें, तिणें, आमी, तुमी, तांणी **धांवचें**. हांगा **धांवचें** हें विध्यर्थी क्रियापद अकर्मी आसतनाय कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन बदलूंक ना. तें तिसरो पुरशी, नपुंसकलिंगी, अेकवचनी घालां. असले घडणेक भावी घडण म्हणटात. हे घडणेंत कर्तो तिसरे विभक्तींत येवन क्रियापद अकर्मी, तिसरो पुरशी, नपुंसकलिंगी, अेकवचनी आसता. तें कर्त्याच्या लिंग-वचनाभाशेन बदलना.

धातूंक विध्यर्थी कुसां लावन तांचीं विध्यर्थी धातुविशेशणांय करूं येतात. देखीक—'**खावचे** दांत वेगळे आनी **दाखोवचे** दांत वेगळे.' हांगा **खावचे** आनी **दाखोवचे** हीं विध्यर्थी धातुविशेशणां आसून दांतांचो गुण दाखैतात. 'ताचे **खेळचे** दीस गेले.' हांगा **खेळचे** हें विध्यर्थी धातुविशेशण दिसांचो गुण दाखैता. 'शाणू आतां **येवचो** जालो.' हांगा **येवचो** हें विध्यर्थी धातुविशेशण शाणुचो गुण दाखैता.

विध्यर्थी धातुविशेशणांक **ळो-ळी-ळें, ळे-ल्यो-ळीं** हीं कुसां लावचीय चाल आसा. पुण तितल्यान त्या विशेशणाचो अर्थ बदलना. देखून तांकां 'स्वार्थी' कुसां म्हळ्यार जाता. हीं कुसां धातुविशेशणाच्या **चे** कुसाक तेंकून येतात आनी गुण-वस्तिच्या लिंग-वचनाभाशेन लागतात. देखीक—खावचे**ळो** आंबो, खावचे**ळे** आंबे. खावचे**ळी** आंबली, खावचे**ल्यो** आंबल्यो. खावचे**ळें** घोंट, खावचे**ळीं** घोंटां. संस्कृत **ळ** कुसावेल्यान हीं कुसां जाल्यांत. संस्कृतांत पीत=हळडुवो, श्याम=सांवळो, शीत=थंड, पंगु=थोंटो ह्या विशेशणांक **ळ** लावन अनुक्रमान पीत**ळ**, श्याम**ळ**, शीत**ळ**, पंगु**ळ** हीं रुपां जाल्यांत. पुण हांचो अर्थ कसोच बदलूंक ना. प्राकृतांतूय विशेशणांक आनी नामांक 'स्वार्थी' **ल्ल** वा **ळ** लावची चाल आसा. देखीक—अेक + **ल्लो** = अेक**ल्लो** = अेकलो. नव + **ल्लो** = नव**ल्लो** = नवेलो, नवो.[३९५] अंध + **ळो** = अंध**ळो** = आंदळो. पत्त + **ळं** = पत्त**ळं** = पान.[३९६]

विध्यर्थी धातुविशेशणाचो नामावरीय अुपयोग जाता. ह्या वेळार तें नपुंसकलिंगी अेकवचनी आसता. देखीक—'शाणूक **खेळचें** आसा.' हांगा **खेळचें** हें विध्यर्थी धातुनाम; **आसा** ह्या क्रियापदाचो कर्तो.

---

३९५ सिद्धहेम. ल्लो नवैकाद्वा । ८.२.१६५.

३९६ सिद्धहेम. विद्युत्पत्र पीतान्धाल्लः । ८.२.१७३.

'शाणून मंगळुरा **वचचें** थारायलें.' हांगा **वचचें** हें विध्यर्थी धातुनाम; **थारायलें** ह्या क्रियापदाचें कर्म.

धातूक विध्यर्थी कुसां लायतना, **य** सोडून मोन्या **अ** न सोंपिल्ल्या धातूंत कसलोच बदल जायना. देखीक—**माग + चो** = मागचो. **धांव+ चो** = धांवचो. **य** न सोंपिल्ल्या धातूंत **य** चें **व** जाता. देखीक— रो**य** + चो = रो**व**चो. ला**य** + चो = ला**व**चो. पालींत अशीच **य** चें **व** जावची चाल आसा. देखीक—कि**यत्** > की**व** = कितलें? कंडू**या**ति> कंडू**व**ति=खरपिता.[३९७] **आ, अी, अू, अे** आनी **अै** न सोंपिल्ल्या धातूंक **व** ची भर पडटा. देखीक—**खा** + चो = खा + **व** + चो = खा**व**चो. हेच भाशेन दि**व**चो, धु**व**चो, घे**व**चो हीं रुपां जातात. **अै** न सोंपिल्ल्या धातूंक कुसां लायतना **अै** चो **ओ** जाता. देखीक—**अुलै**+चो=**अुलो**+ व + चो = **अुलो**वचो.

कोंकणींत विध्यर्थ सकला दिल्ल्या अर्थान अुपकारता: 'हांवें केळें खावचें?' (आज्ञा विचारप, मान्यताय घेवप.) 'हांवें केळें खावचें.' (आपले आपणें मेकळीक घेवप.) 'तुवें आतां वाचूंक बसचें.' ( आज्ञा करप.) 'तुवें आतां खेळचें.' (मेकळीक दिवप.) 'तुवें आवैक पांयां पडचें.' (लागणूक, अुपदेस.) 'तुमी आमगेर जेवणाक येवचें.' (अिस्सा, मागणी.) 'हांवें व्याकरण शिकचें वा अितिहास शिकचो?' (बुद्द विचारप, मेकळीक, मान्यताय घेवप.) 'तुवें व्याकरण शिकचें.' (बुद्द दिवप.) 'सकाळीं थंडी पडची.' (अदमास.) 'तो बरप शिकचो.' (अदमास.)

आज्ञार्थाभाशेन विध्यर्थांत भाविश्यकाळांत करचेली करणी आसपावता. देखीक—'हांवें केळें खावचें?' म्हळ्यार 'ह्या फुडें खावचें?'

---

३९७ Müller, Pali Gr., pp. 30-31.

संस्कृतांत विध्यर्थाक **लिङ्** म्हणटात आनी वैल्याच अर्थान तो अुपकारायतात.[३९८]

कोंकणी विध्यर्थ जायतें फावटीं रीतभूतकाळावरीय अुपकारायतात. देखीक—'तरणेपणांत हांवें भाटांत वचचें, माडार चडचें, आडसरां काडचीं, सोलचीं, फोडचीं आनी खावचीं.' हांगा फाटल्या काळांतली रीत दाखैल्या.

कोंकणी विध्यर्थ जरी संस्कृत विध्यर्थाच्याच अर्थान अुपकारायतात तरी संस्कृत विध्यर्थाचीं कुसां लावन कोंकणी विध्यर्थ घडना. संस्कृतांत धातूक **तव्य** कूस लावनूय विध्यर्थ घडपाची चाल चलता.[३९९] देखीक—'कर्तव्यः कटो भवता'='तुमी हांतरी करची वा करूंक जाय.' 'शयितव्यं भवता'='तुमी आड पडचें वा आड पडूंक जाय.' हीच चाल कोंकणीन चलैल्या आनी ह्याच **तव्य** कुसापासून वैर दिल्लीं कोंकणी कुसां जाल्यांत. देखीक—**कर्तव्यः** पासून **करतवो**>करचवो जालें. अुच्चार-बदलाच्या नेमान **त** चें **च** जाता.[४००] देखीक—**तिन्तिलीकम्**>**चींच.** मागीर करच**वो** चें करचओ>**करचो** हें रूप जालें.[४०१] हे भाशेन, संस्कृत **तव्यः** पासून कोंकणी **चो** कूस जालें. संस्कृत **तव्य** कूस नामाच्या लिंग-वचनाभाशेन बदलता. तशेंच कोंकणी **चो** कूस बदलून **ची–चें, चे–च्यो–चीं** हीं रुपां जालीं.

---

३९८ सिकौ. २२०८। विधिनिमन्त्रणामन्त्रणाधीष्टसंप्रश्नप्रार्थनेषु लिङ्। ३.३.१६१.

३९९ सिकौ. २८३४। तव्यत्तव्यानीयरः। ३.१.९६.

४०० सिद्धहेम. तुच्छे तश्च छौ वा। ८.१.२०४. तुच्छम्>चुच्छं= तूस, कुस्कूट. सिद्धहेम. तिष्ठश्चिष्ठः। ८.४.२९८.

४०१ वररुचि, प्राप्र. कगचजतदपयवां प्रायो लोपः। २.२.

सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत असलो विध्यर्थ घोळटालो[४०२] आनी अजून थैं, बारदेसांत[४०३] आनी हेर कोंकणांत घोळटा.

कोंकणीवरी पंजाबी भाशेंत **च** कूस लायलो विध्यर्थ घोळटा. देखीक—मार**चे**, मार**चै**=मारुं दी, मारचें.[४०४] गुजराथींत **चो-ची-चें, चे-च्यो-चीं** ह्या कुसां बदला **वो-वी-वु, वा-वी-वां** हीं कुसां अुपकारायतात. देखीक—छोड**वो-वी-वु**, छोड**वा-वी-वां**=सोडचो-ची-चें, सोडचे-च्यो-चीं.[४०५] हींय कुसां संस्कृत **तव्य** कुसा पासून अुच्चार-बदलान जाल्यांत.[४०६] मराठींत **वा-वी-वें, वे-व्या-वीं** हीं कुसां लायतात. देखीक—करा**वा-वी-वें**, करा**वे-व्या-वीं**. हीं कुसां कोंकणी परस वेगळीं. देखून **कोंकणी परस मराठी वेगळी.**

गोकर्णाचे दक्षिणेक धातूक **का** आनी **काज** कुसां लावन विध्यर्थ घडपाची चाल चलता. देखीक—पोळो घेव**का**=पोळो घेवचो. संतोषु पाव**का**=संतोश पावचो. शिक्षा दीव**का**=शिक्षा दिवची.[४०७] संतांगेल्या पायारि पोंणु शांति जोड**काज.** हांगा **जोडकाज** म्हळ्यार जोडची, जोडूंक जाय. हेच भाशेन, अच्युत म्होण**काज**=अच्युत म्हणूंक जाय, म्हणचो. निश्चय जावं**काज**=निश्चय जावंक जाय, जावचो. वैराग्य पावं**काज**=वैराग्य पावचें, पावंक जाय.[४०८] हांतूंतलें **काज** कूस सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत घोळटालें. देखीक—सोदुं**काज**=सोदूंक जाय, सोदचें.

---

४०२ Estevão, § 136, pp. 39-40.

४०३ Rita e Souza, p. 113. करचो-ची-चें.

४०४ LSI., IX, i, p. 645.

४०५ Shapurji Edalji, p. 54.

४०६ सिद्धहेम. तव्यस्य अिअेव्वअुं अेव्वअुं अेवा । ८.४.४३८.

४०७ कोंकणि भाषेन बालबोध प्रथम पुस्तक, पा. २७, ३०.

४०८ नरहरि कवी, विवेक रत्नाकर, पद १०१, पा. ७२.

घरा आसुंकाज=घरा आसूंक जाय, आसचें.[४०९] हांतूंतलें निमाणें ज गळून का कूस अुळ्ळं जावंये. हीं दोनूय कुसां आज गोंयां वा वैल्या कोंकणांत घोळनात. हीं कुसां कशीं जालीं? डॉ. कत्र्यांले म्हणणेभाशेन कोंकणींत 'न्हिदूंक जाय,' 'करूंक जाय' अशे तरेचीं जीं विध्यर्थी रुपां आसात तांतूंतलें जाय हें अुतर झरकटून ताचें ज जालें वा तें सामकेंच लिपलें. देखीक—न्हिदूंक जाय हाचेपासून निद्रोंकाज आनी निद्रोंका हीं रुपां जालीं; ह्या दोंयचो अर्थ सारकोच. डॉ. कत्रे दुसरीय अेक कल्पना करतात कि संस्कृत विध्यर्थी धातुविशेशण कार्यम् हाचेपासून जालें कज्जं > काज हें अुतर धातूक लागून निद्रोंकाज बी रुपां घडल्यांत.[४१०]

मंगळूरचे कोंकण क्रिस्तांव धातूक 'जे' कूस लावन विध्यर्थ घट्टात. देखीक—वचाजे=वचचें. सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत हें कूस घोळनासलें म्हणपाचें स्टीफन्साल्या व्याकरणावेल्यान दिसता. बारदेसा आनी तीसवाड्या घोळनासलें आनी आजूय घोळना. मंगळुरा जे क्रिस्तांव पावल्यात ते चडकरून सास्ट, बारदेस आनी तीसवाड्यांतले. सतरावो शेंकडो सोंपत्यार पुर्तुगेजांले पिडणुकेखातीर ते गोंय सोडून गेले![४११] ह्या वेळारूय गोंयां 'जे' कुसाचो विध्यर्थ घोळनासलो.

---

४०९ Estevão, § 648, p. 144.

४१० Katre, The Formation of Konkani, § 280, pp. 133-134.

४११ पुर्तुगेज लोक हिंदूंक जशे धर्माच्या नांवान पिट्टाले तशेच क्रिस्तांवांकूय पिट्टाले! क्रिस्तांव लोक हिंदुंच्यो जायत्यो चाली चलैताले. ते हिंदूंभाशेन, भुरग्यांली सटी पुजताले आनी घुमटां आनी म्हादळीं वाजोवन सगळी रात जागैताले. ते लग्न-कार्यांत हिंदूंतरी हुडीद धुताले, होवयो म्हणटाले. हो 'अधर्म' चिडून अुडोवंक १६८२ त व्हिसरै फ्रांसिस्क ताव्र कोन्द दे आल्व्होर हाणें कायदो करून सटयांक मनाय केली. ह्या

म्हणटकूच, मंगळूरच्या क्रिस्तांवांनी हें कूस खैंसून घेतलें? चडकरून स्टीफन्साल्या क्रिस्तांव पुराणांतसून घेतलें-शें दिसता. गोंयां आसतनाच तांकां हें पुराण वाचचो मोटो नाद लागिल्लो जावंये. अठरावो शेंकडो सोंपत्यार मंगळूरच्या ६० हजार क्रिस्तांवांक टिपून जेन्ना श्रीरंगपट्टणा बंदींत घाले तेन्ना ते थैं क्रिस्तांव पुराण वाचून दीस घालैताले खें.[४१२] ह्या पुराणांत **वा-वी-वें** न सोंपिल्लो विध्यर्थ नासून 'जे' न सोंपिल्लो विध्यर्थ मेळटा. देखीक—तरि ति निरोपिजे आमां. तें सांगिजो आमां. तुवां न

---

वर्सापासून सास्टिचे जायते क्रिस्तांव भायर गेले आनी आपल्या हिंदू भावांच्या शेजारा घर-दार करून रावले. तांकां आडावंक व्हिसरैन १६८४ त तांचे गांवकारेचे जण सरकारजमा करचो कायदो केलो. तरी आसतना, तांचें भायर-वचप थांबलें ना. १७१०-१२ च्या सुमाराक बारदेसांतसून बारा हजारांवैर क्रिस्तांव भायर गेले. १७३९ त सास्टिचेर मराठ्यांची आनी बारदेसाचेर वाडिच्या सांवताची धुरी पडून तांणी त्या म्हालांची वाट लायली. लोक अुपासांनी वळवळून गांयडोळांवरी मरूंक लागले. तांतूंत, वसै होगडावन गोंयां पळून आयल्ले अपेशी आनी भेंकरे पुर्तुगेज तांचेर आगळीक करूंक लागले. तांच्या बायलांचेर हात घालूंक लागले! तेन्ना अुबगून आनी वैतागून जायते क्रिस्तांव गोंय सोडून गेले. सास्टींतसून ५० हजारांवैर गेले आनी वर्सपट्टे दोन हजार वेताले! (Archivo Portuguez—Oriental, Fasciculo 6, Nova Goa 1875, Documentos 596, 600, pp. 1290-91, 1295-96. Fasciculo 6, Supplemento II, Documentos 4, 133, 213, 214, 215, pp. 7, 8, 336, 574, 576-7, 583).

४१२ The Christian Puranna of Fr. Thomas Stephens edited by J. L. Saldanha, B.A., Mangalore 1907, Introduction, p. XLIII.

किज्जे कोपु. ता खंडिज्जे माजा. चालिज्ज संवसारीं. दुर्बुधि सांडिज्जे. तेयांच्या तेगी नारी बोलाविज्जे. टांकिज्जे दुरीं. तरि तेयाथें नैवेद्यु न भरिज्जे, कवणु येकु मानु नेदिज्जे, कवणे प्रकारीं नकिज्जे, संवस्सर्गु तेयांचा. परसविज्जे अेकु पुस्त्रु.[४१३]

हें 'ज्जे' कूस कशें जालें? संस्कृत विध्यर्थी परस्मैपदी तिसऱ्या पुरशाचें अेकवचनी कूस **यात्** आसा. हाचेपासून हें 'ज्जे' कूस जालां. अुच्चार-बदलान **य** चें **ज्ज** जाता.[४१४] प्राकृतांत हें कूस **ज्ज, ज्जा** अशें घोळटा.[४१५] देखीक—जानी**यात्**>जाणि**ज्जा**, जाणे**ज्जा**=जाणचें, समजचें. कु**र्यात्**>कु**ज्जा**=करचें. कु**र्यात्**>करे**ज्जा**=करचें. दे**यात्**>दे**ज्जा**=दिवचें.[४१६] वैल्यासारक्या प्राकृत रुपांपासुनूच पोरणीं मराठी जाणिज्जे, किज्जे, दिज्जे, निरोपिज्जे, खंडिज्जे बी विध्यर्थी रुपां जाल्यांत. पोरणे गुजराथींतूय असलीं रुपां घोळटालीं. देखीक—'वैशाख शुदि लूणदान दी**ज**अि'='वैशाग शुद्दांत मीठ-दान दिवचें.' 'कार्तिक शुदि नवमी चोखादान दी**ज**अि'='कार्तीक शुद्द नमीक तांदूळ-दान दिवचें.'[४१७] अेकाद्रें हें **ज्जे** वा **ज**अि कूस संस्कृत कर्मणी घडणेच्या **य** कुसापासुनूय जालां जायत. अुच्चार-बदलान **य** चें **ओअ** आनी **अिज्ज** जाता.[४१८]

---

४१३ The Christian Puranna, pp. 19, 23, 32, 37, 40, 49, 52, 53.

४१४ वररुचि, प्राप्र. अुत्तरीयानीययोर्ज्जो वा। २.१७. अुत्तरीय> अुत्तरिज्जं=खांदार घेवचें मूण.

४१५ सिद्धहेम, ज्जात्सप्तम्या अिर्वा। ८.३.१६५.

४१६ Pischel, Prakrit Grammatik, §§ 459, 462, pp. 326, 327.

४१७ व्रजलाल कालीदास, गुजराती भाषानो अितिहास, पा. ५९.

४१८ सिद्धहेम, ईअ अिज्जौ क्यस्य।८.३.१६०. हसीअअि, हसिज्जअि.

**विध्यर्थ, न्हयकार**—विध्यर्थी हयकारी रुपांफुडें अेकवचनांत **न्हय** आनी भौवचनांत **न्हयत** हीं क्रियापदां घालून न्हयकार करतात. देखीक—**मागचो न्हय.** (अेकवचन.) **मागचे न्हयत.** (भौवचन.) **न्हय** हें क्रियापद **न्हय** अशेंय अुच्चारतात. पुण हो नाखयो अुच्चार निजाचो नासून अडेचो आनी आगान्तुक आसा. आतां हें क्रियापद कशें जालां तें पळोवंया. वर्तमानकाळाचे फोडणिशेंत संस्कृत **अस्** धातुच्या वर्तमानकाळाचीं **असामि, असाम** बी रुपां घोळटालीं जावंये असो अदमास केला. तांतूंत तिसऱ्या पुरशाचें अेकवचन **असाति** अशें दिलां. अुच्चारबदलान हाचें **अहाअि > हायि > ह्यि > ह्य** अशें रूप जावं येता आनी कोंकणींत हें घोळटा. हाका **न** अव्यय लावन **नहाअि > न्हायि > न्ह्यि > न्हय** हें अुतर जालें. हाचें भौवचन **न्हयत.** सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत हीं क्रियापदां घोळटालीं.[४१९] आनी आतां थें आनी सगळ्या कोंकणांत घोळटात.

कोंकणी **ह्य** क्रियापदावेल्यान मराठी **होय** हें रूप जालां-शें दिसता.

**न्हय** आनी **न्हयत** ह्या अर्थाचीं **नये** (अेकवचन) आनी **नयेत** (भौवचन) हींय क्रियापदां कोंकणींत घोळटात. सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत तीं घोळटालीं.[४२०] **अुं** कूस लायल्ल्या धातु-अव्ययाफुडें तीं घालतात आनी तांचो अर्थ वैर दिल्ल्या विध्यर्थी न्हयकारावरीच जाता. देखीक—**मागुं नये.** (अेकवचन.) **मागुं नयेत.** (भौवचन.) अुच्चारबदलान **न्हय** आनी **न्हयत** हांचींच **नये** आनी **नयेत** हीं रुपां जाल्यांत जावंये. मराठींतूय हीं घोळटात. चडकरून कोंकणींतसून तीं ते भाशेंत गेल्यांत जातलीं.

---

४१९ Estevão, §§ 276, 703, pp. 65, 159.

४२० Estevão, § 320, p. 73.

# ८

# प्रयोजक धातू

कसलींय करणी दुसऱ्याक वा आपणाक करूंक लावच्या अर्थान प्रयोजक धातू अुपकारायतात. देखीक—'शाणू बावली **करैता.**' हांगा शाणू दुसऱ्याक बावली करूंक लायता. 'शाणू पाठ **शिकैता.**' हांगा दुसऱ्याक पाठ शिकचें काम शाणू आपणाक करूंक लायता.

मोन्या **अ** न सोंपिल्ल्या धातुचो प्रयोजक धातू करूंक त्या धातूक **अै** ची भर घालतात. ही चाल कोंकणीन संस्कृतांतसून घेतल्या. संस्कृतांत धातूक **अय** ची भर घालून ताचो प्रयोजक धातू करतात आनी मागीर ताका पुरशाचीं कुसां लायतात. देखीक—कृ + **अय** + ति = **कारयति** म्हळ्यार करयता > करैता. हृ + **अय** + ति = **हारयति** म्हळ्यार व्हरयता > व्हरैता. हे भाशेन, संस्कृत **अय** पासून कोंकणी **अै** जाल्या.

**आ, अी, अू** आनी **अे** न सोंपिल्ल्या धातुंचीं प्रयोजकां करूंक त्या धातूंक **वै** ची भर घालतात. देखीक—खा + **वै** = खा**वै.** दी + **वै** = दि**वै.** धू + **वै** = धु**वै.** घे + **वै** = घे**वै.** ही **वै** संस्कृत **पय** पासून जाल्या. संस्कृतांत **आ** आनी **अे** न सोंपिल्ले धातू तशेच **अि** आनी **अी** न सोंपिल्ले कांय धातू हांकां **अय** लावच्या वेळार तांतूंत ् ची भर पडून **पय** जाता.[४२१] देखीक—दा + **प्** + **अय** + ति = दा**पय**ति = दिवैता. धे–धा + **प्** + **अय** + ति = धा**पय**ति = लुचैता, चोखैता. जि–जा+**प्** + **अय** +ति = जा**पय**ति = जिखैता. क्री – क्रा + **प्**+**अय** + ति = क्रा**पय**ति = विकतें

---

४२१ सिकौ. २५८७ । अर्त्तिन्हीव्लीरीक्नूयीक्ष्माय्यातां पुङ्णौ । ७.३.३६. सिकौ. २६०० । क्रीङ्जीनां णौ । ६.१.४८.

घेवैता. अुच्चार-बदलान **प** चें **व** जावन[४२२] **पय** चें **वय** आनी मागीर **वै** जालें.

**अै** न सोंपिल्ले धातू चडकरून प्रयोजक आसतात. देखीक— दा**खै** = दिसची करणी करूंक लाय. दें**वै** = देंवची करणी करूंक लाय. सो**डै** = सुटची करणी करूंक लाय. हेच भाशेन अु**ठै**, ब**सै**.

कांय धातू **अै** स्वरान सोंपिल्ले आसतात; पुण तांतूंत प्रयोजक अर्थ ना. देखीक—**बरै, अुलै,** आ**पै,** का**लै,** ब**डै.**[४२३] असले धातू प्रयोजक अर्थान अुपकारावंक तांकां **सो** कूस लावन तांचें गुण-विशेशण करतात आनी **कर** धातूकडेन तांचें नातें जोड्टात.[४२४] **सो** म्हळ्यार **असो.** हें **सो** कूस गुण-वस्तिच्या लिंग-वचनाभाशेन बदलून **शी-शें, शे-श्यो-शीं** अशें जाता. देखीक—'ताका अुलै**सो** केलो.' 'तिका अुलै**शी** केली.' 'ताका अुलै**शें** केलें.' 'तांकां अुलै**शे-श्यो-शीं** केलीं.' 'ताका **अुलैसो** केलो' म्हळ्यार तो अुलैत असो केलो; ताका अुलोवंक लायलो.

हेर कसल्याय स्वरान सोंपिल्ले धातू **सो** कूस लावन आनी **कर** धातू अुपकारावन प्रयोजक अर्थान अुपकारावं येतात. देखीक—'शाणून ताका करी**सो**, जेवी**सो**, शिक**सो**, वच**सो**, जाय**सो**, दी**सो**, धूय**सो**, **घेसो केलो.**'

आनीकूय अेके तरेन, कसल्याय स्वरान सोंपिल्ले धातू प्रयोजक अर्थान अुपकारावं येतात. हे तरेन धातूक **अूंक** कूस लावन **लाय** धातूकडेन तांचें नातें जोड्टात.[४२५] देखीक—'शाणून ताका कर**ूंक**, जे**वंक**, शि**कूंक**, व**च्चूंक**, जा**वंक**, दि**वंक**, धु**वंक**, घे**वंक लायलो.**'

---

४२२ वररुचि, प्राप्र. पो वं : १२.१५.
४२३ Rita e Souza, p. 146.
४२४ Estevão, § 674, p. 152.
४२५ Rita e Souza, p. 146.

**अै** आनी **वे** लागून जाल्ले सादे प्रयोजक धातू **सो** वा **अूंक** कूस लावन दोड्या प्रयोजक अर्थान अुपकारावं येतात. देखीक—**सुट** धातुचो सोडे हो **अै** न सोंपिल्लो सादो प्रयोजक धातू. हाका **सो** कूस लावन आनी **कर** धातूकडेन ताचें नातें जोडून **सोडैसो कर** ही दोडी प्रयोजक घडण जाता. तशेंच, **सोडै** ह्या साद्या प्रयोजक धातूक **अूंक** कूस लावन आनी **लाय** धातूकडेन ताचें नातें जोडून सोडो**वंक लाय** ही दोडी प्रयोजक घडण जाता. हेच भाशेन, खा**वै** ह्या **वै** न सोंपिल्ल्या साद्या प्रयोजक धातुची खा**वैसो कर** आनी खावो**वंक लाय** ही दोडी प्रयोजक घडण जाता. हांगा सादो प्रयोजक आनी दोडो प्रयोजक हांतूंतली बारकाय ध्यानांत घेवंक जाय. ‘शाणू, तूं गोरवाक सोडै.’ हांगा गोरवाक सोडची करणी खासा शाणून करूंक जाय. हे करणेंत अेकलो शाणूच कामाक लायला. देखून ही सादी वा अेकोडी प्रयोजक घडण. ‘शाणू, तूं गोरवाक सोडैशें कर वा सोडोवंक लाय.’ हांगा गोरवाक सोडची करणी शाणून दुसऱ्या कोणाकूय कामाक लावन करूंक जाय. हे करणेंत शाणू आनी दुसरो कोणूय मेळून दोगजाण कामाक लायल्यात. देखून ही दोडी प्रयोजक घडण.

कांय धातूंक **सय** लावन प्रयोजक घडची चाल गोंयासकेल्या कोंकणांत चलता. देखीक—रामाकरान अेक कागद वर**सयि.**[४२६] =रामाक अेक कागद बरोवंक लाय. हांगा **बरै** धातूक **सय** लावन **बरसयि** हें प्रयोजक घडलां. हें **सय** खैंच्यान आयलें? डॉ. कत्र्यांले म्हणणे-भाशेन कानडींतसून तें आयलां. हे भाशेंतसून जे थोडे धातू कोंकणींत जायां घेतल्यात तांचीं प्रयोजकां कानडी तरेन जातात अशें ते म्हणटात. देखीक—**बरैता** चें प्रयोजक बर**सुयता.**[४२७] जावंये. पणून, **अै** न

४२६ कोंकणि भाषेन बालबोध प्रथम पुस्तक, पा. १५.

४२७ Katre, The Formation of Konkani, § 263, p. 126.

सोंपिल्ल्या धातूंक **सो** कूस लावन आनी **कर** धातूकडेन नातें जोडून प्रयोजक करची जी रीत वैर दिल्या आनी जी पाद्रि स्टीफन्साल्या आधारान सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत घोळटाली आनी आजूय सगळ्या कोंकणांत घोळटा तेच रितीवैल्यान हें **सय** कूस अेकाद्रें जावंक ना मू? **सो** कुसांत **अय** सांदून **सय** जावं येता. **अय** हांतूंतलें अ लिपून[४२८] **य** अुरता. हे भाशेन **सो** + **अय** = **सोय** जाता. अुच्चार-बदलान **सो** चें **स** जाता. देखीक—**गोधूम** > **गहूम** > **गंव**. हेच तरेन **सोय** चें **सय** जालें. हें कूस तयार जातकूच आनीक **कर** धातूकडेन ताचें नातें जोडची गरज अुरना.

धातूक **कारय** लावन प्रयोजक घडपाचीय चाल गोंयासकैल्या कोंकणांत चलता. देखीक—बस+**कारय**=बस**कारय**>बस**कारै** = बसै, बसूंक लाय. हेच भाशेन न्हिद**कारय**>न्हिद**कारै**. अुठ**कारय**> अुठ**कारै**. संस्कृत **कृ** धातुचें प्रयोजक **कारय** हाचेवैल्यान हें जालां.[४२९]

धातूक **सय** आनी **कारय** लावन प्रयोजकां घडची चाल ह्या साडेतीनशीं वर्सांतलीच जावंक जाय. सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत ही चाल नासली आनी आजूय ना. हीं दोनूय तरेचीं प्रयोजकां गोंयां आनी वैल्या कोंकणांत घोळनात.

कांय धातूंक **अंड** लावन प्रयोजकां जातात. देखीक—धांव+**अंड**=धां**वंड**. भोंव+**अंड**=भों**वंड**. घुंव+**अंड**=घुं**वंड**. 'शाणू धांवलो' हाचें प्रयोजक 'शाणूक धां**वंडलो**.' 'शाणू भोंवलो' हाचें प्रयोजक 'शाणूक भों**वंडलो**.' 'भोंवरो घुंवलो' हाचें प्रयोजक 'भोंवरो घुं**वंडलो**.' प्राकृतांत धातूक **आड** कूस लावन प्रयोजक करची चाल चलता. संस्कृत **भ्रम्** पासून जाल्ल्या **भम्** धातूक **आड** कूस लावन **भमाड**

---

४२८ वररुचि, प्राप्र. संधावचामज्लोपविशेषा बहुलं । ४.१.

४२९ Katre, The Formation of Konkani, § 263, p. 125.

हें प्रयोजक जालां.[४३०] ह्याच **आड** पासून कोंकणी **अंड** जालें. ह्या कुसाक **अय** लावन दोट्टी प्रयोजकां घड्डात. देखीक—धांव+**अडाय=धांवडाय. भोंव+अडाय=भोंवडाय. धुंव+अडाय=धुंवडाय.** (१) 'शाणू, त्या गोरवाक धांवड.' हांतूंतली करणी खासा शाणून करूंक जाय. ही सादी प्रयोजक घडण. (२) 'शाणू, त्या गोरवाक धांवडाय.' हांतूंतली करणी शाणून दुसऱ्याक कामाक लावन करूंक जाय. हे करणेंत शाणू आनी दुसरो कोणूय मेळून दोगजाण कामाक लायल्यात. ही दोट्टी प्रयोजक घडण.

**भिये** धातुचें प्रयोजक **सटाय** लावन जाता. **भिये + सटाय**= भियेसटाय > **भ्येसटाय > भेस्टाय** = भियेसो कर, भियेवंक लाय. पोरणे कोंकणींत **अंड** कूस लागून जालें **भ्येसड** हें सादें प्रयोजक केन्नातरी घोळटालें जावंये. कांय काळान ताची प्रयोजकी तांक होगडावन ताका **अय** लावचें पडलें-शें दिसता. हे भाशेन **भ्येसडाय** हें रूप जालें. हांतूंत जें **स** दिसता तें संस्कृत **ष्** पासून जालां. संस्कृतांत **भी** धातुचें प्रयोजक करच्या वेळार **ष्** ची भर पडटा.[४३१] हें **ष्** आनी **अय** मेळून **षय** जाता. देखीक—जटिलो भी**षय**ते=जटयेकार बावा भेस्टायता. अुच्चार-बदलान ह्या **ष्** चें कोंकणींत **स** जालें.[४३२] तांतूंत **अड + आय** मेळून **सडाय** जावन, मागीर ताचें **सटाय > स्टाय** जालें.

**अय** वा **अै, वय** वा **वै, सय** वा **सै, कारय** वा **कारै** आनी **अंड** लायनासतना कांय धातुंचीं प्रयोजकां तांच्या आंगांतल्या स्वरांत चिके बदल करून जातात. धातुच्या निमाण्या आदल्या अक्षरांत **अ** वा

---

४३० Bhandarkar, WPL., p. 229. सिद्धहेम. भ्रमेस्ता-लिअंट तमाडौ । ८.४.३० । तालिअंट तमाडौ द्वौ भ्रमेर्ण्यन्तस्य वा मतौ । स्यात् तालिअंटाअि तमाडअि चेति द्वयं तथा । **भमाडेअि** भमावेअि भामेअि त्रयमीरितम् ।

४३१ सिकौ. २५९५ । भियो हेतुभये षुक् । ७.३.४०.

४३२ वररुचि, प्राप्र. शषोः सः । २.४३.

**अु** आसल्यार तांचो अनुक्रमान **आ** आनी **ओ** जाता. तशेंच निमाण्या आदलें अक्षर **ट** आसल्यार ताचें **ड** जाता. देखीक—**मर-मार. तुट-तोड. फुट-फोड. सुट-सोड. पड-पाड. गळ-गाळ.**[४३३] कांय धातुंच्या निमाण्या आदल्या अक्षरांत बसक्या अुच्चाराचें **अ** आसल्यार प्रयोजकांत ताचो ओडिल्लो अुच्चार जाता आनी अुकत्या अुच्चाराचो स्वर आसल्यार तो धांकत्या अुच्चाराचो जाता. देखीक—दार **अुगडलें** (आपशींच). शाणून दार अुगंडलें (प्रयोजक). पान **दोंडलें** (आपशींच). शाणून पान **दोंडलें** (प्रयोजक). बावलें **मोडलें** ( आपशींच ). शाणून बावलें **मोंडलें** (प्रयोजक). कांय धातूंतल्या निमाण्या मोन्या **अ** ची **अि** जाता. देखीक—पान **परथलें** (आपशींच). शाणून पान **परथिलें** (प्रयोजक). शाणून पान परंथलें अशेंय म्हणटात.

कोंकणीवरी सिंधी, बंगाली आनी ओडियी भासांनी संस्कृत **अय** कुसाक चंड लागशिली **आअि** ची भंर घालून प्रयोजक करतात. देखीक—सिंधीः व**धाअि**णु=वाडोवंक. धो**आअि**णुं=धुवोवंक. बंगाली आनी ओडियीः **कराअि** = हांव करैतां. **देखाअि** = हांव दाखैतां.[४३३] मराठींत **आव** वा **अव** ची भंर घालतात. देखीक—**करीवणें, करवणें.**[४३४]

**कोंकणी 'अै' आनी 'वै' परस मराठी भंर जायती वेगळी.**

कोंकणींत प्रयोजक धातू कसल्या अर्थान अुपकारायतात तें वैर सांगलांच. संस्कृतांतलेवरीच तांचो अुपयोग जाता.[४३५]

प्रयोजक धातू सगळ्या काळांनी चलतात. देखीक—जेवै**ता**, जेवै**लो**, जेवै**ल्लो**, जेवै**ला**, जेवै**त**, जेवै**तलो**, जेवै**तालो**. हांचो न्हयकार हेर काळांच्या न्हयकारा भाशेन जाता. देखीक—जेवै**ना**, जेवै**लो ना.**

४३३ Bhandarkar, WPL., p. 228.

४३४ Bhandarkar, WPL., p. 227.

४३५ सिकौ. २५७६ । हेतुमति च । ३.१.२६ । प्रयोजकव्यापारे प्रेषणादौ वाच्ये धातोर्णिच् स्यात्.

## ९

# अणकारी धातू

'शिताचें आदन **खताखता** जाता,' 'व्हाणांचो नाद **चराचरा** जाता,' 'सुणें भोंकतासतना **घुरूघुरू** करता,' 'कोणूय अुलैतासतना तागेल्या अुलोवपाचो नाद **भराभरा** वा **फराफरा** जाता.' ह्या नादांच्या अुचारांवैल्यान 'आदन **खतखतता,**' 'व्हाणू **चरचरतात,**' 'सुणें **घुरघुरता,**' 'शाणू **भरभरता**' वा '**फरफरता**' अशें म्हणची चाल पडल्या. हांतूंतल्या क्रियापदांक अणकारी क्रियापदां म्हणटात.[४३६] करणी पर्थूनपर्थून जाल्लो नाद हांतूंत आयकूंक येता. कसलीय करणी पर्थूनपर्थून जाल्ली दिसता तेन्ना अणकारी क्रियापदां अुपकारावची चाल संस्कृतांत चलता. तीच कोंकणींत आयल्या. कोणूय रांदपी पर्थूनपर्थून कितेंय शिजोवंक लागल्यार **पापच्यते** अशें संस्कृतांत म्हणटात. हांगा **पच्** = शिजै धातू अणकारी करूंक **पच्पच्** अशें म्हणचे बदला **पापच्** अशें ताका रूप दिलां आनी **य** ची भर घाल्या.[४३७] **य** ची भर घालिनासतना धातू निखटो दोडो करून अणकारी करची चालूय संस्कृतांत चलता. देखीक—**चंचर्ति** = तो पर्थूनपर्थून चलता. **सास्वप्ति** = तो पर्थूनपर्थून न्हिदता. **चंखन्ति** = तो पर्थूनपर्थून खणटा. हे भाशेन, धातू दोडो करप हें अणकारी धातुचें मुखेल लक्षण म्हळ्यार जाता. कोंकणींत धातूक **य** लावची चाल ना; पुण तो दोडो करचें लक्षण आसा.

'तो पर्थूनपर्थून चलता,' 'तो पर्थूनपर्थून न्हिदता,' 'तो पर्थून-पर्थून खणटा' हीं वाक्यां अनुक्रमान तो **चलचल**चलता, तो **न्हिदन्हिद-**

४३६ Rangel, § 285, p. 151.

४३७ सिकौ. २६२९ । धातोरेकाचो हलादेः क्रियासमभिहारे यङ् । ३.१.२२.

न्हिदता, तो **खणखण**खणटा अशेय तरेन अणकारावची चाल कोंकणींत चलता. ह्या क्रियापदांत धातुचें दोडप दोन फावटीं जालां. '**चलचल**-चलता' हांतूंत **चलता** हें क्रियापद **चलचल** अशें दोन फावटीं दोडलां. **चलचल** हें आज्ञार्थी रूप आसा. कोणाय मनशाक दुसऱ्यान **चलचल** अशी आज्ञा केल्यार्वरी तो अेकसारको चलता असो हाचो अर्थ. ही चाल संस्कृतांतसून कोंकणींत आयल्या. तांतूंत आज्ञार्थी रुपां घालून अणकारावची चाल चलता.[४३८] देखीक—**लुनीहि लुनीही**त्येवायं **लुनाति**=तूं लुंव, तूं लुंव अशे तरेन (अशें कोणेंय ताका सांगिल्यावरी) तो लुंवता; म्हळ्यार तो अेकसारको लुंवता; लुंवलुंवलुंवता.

अणकारी धातू चंडकरून दुसऱ्याले करणेक दुशण लावंक वा दुसऱ्याक चाळोवंक अुपकारतात. 'रांदपी शिजैशिजैशिजैता' अशें म्हळ्यार त्या रांदप्याक दुशण लागता. ताका सटकरून शिजोवंक येना असो अर्थ जाता. 'तो जेवजेवजेवता' म्हळ्यार तो खूब जेवता, ताच्या पोटाक भर ना, तो वसवसो असो अर्थ जाता. 'शाणू फरफरता' म्हळ्यार ताका थोड्या अुतरांनी आपली म्हणणी सारकी बरी सांगूंक येना असो अर्थ जाता. केन्नाकेन्ना करणेचें कडकडीतपण, सणसणीतपण दाखोवंकूय हे धातू अुपकारतात. देखीक—'हें **ओखद जळजळटा.**' 'ही **मिरसांग भगभगता.**' 'हो **फोड सणसणटा.**' '**जोर फणफणटा.**' '**काळीज कलकलता.**'

अणकारी धातू सगळ्या काळांत चलतात. देखीक—भगभग**ता**, भगभग**लो**, भगभग**ललो** वा भगभागि**ल्लो**, भगभग**ला**, भगभग**त**, भगभग**तलो**, भगभग**तालो**. हांचो न्हयकार हेर काळांच्या न्हयकारा-वरी जाता. देखीक—भगभग**ना**, भगभग**लो ना**.

---

४३८ सिकौ. २८२५ । क्रियासमभिहारे लोट् लोटो हिस्वौ वा तध्वमोः । ३.४.२.

# १०

# नामधातू

हे धातू चडकरून नामावैल्यान घडात. देखून हांकां नामधातू म्हणटात. अमक्यावरी लेखूंक, अमक्यावरी चलोवंक, अमक्यान मारूंक, अमक्यावरी करूंक, अमकें जावंक, अमक्यावरी जावंक आनी अमकें लागूंक ह्या अर्थान हे धातू उपकारायतात. हांतूंतलें अमकें म्हळ्यार ज्या नामावैल्यान धातू घडात तें नाम. 'शाणू नानूक **कुस्कुटावरी** लेखता' अशें म्हणचे बदला कुस्कूट ह्या नामाचो धातू घडून 'शाणू नानूक **कुस्कुटायता**' अशें म्हणटात. **कुस्कुटायता** ह्या क्रियापदांत **कुस्कूट** हें नाम आसून ताका **य** ची भर घाल्या आनी **कुस्कुटाय** हो नामधातू घडला.

ही चाल कोंकणींत संस्कृतांतसून आयल्या. तांतूंक नामाक **य** लावन नामधातू घडात.[४३९] देखीक—**पुत्रीयति** शिष्यम्=तो शिश्याक पुतावरी लेखता, चलैता, केळैता. हांतूंत पुत्र ह्या नामाक **य** ची भर घालून **पुत्रीय** हो नामधातू घडला. **पुत्रीयति** हाचें भाशांतर कोंकणींत **पुतायता** अशें केल्यार जाता. नामाक **य** लावचे आदीं नामाच्या निमाण्या स्वरांत बदल जाता म्हणपाचें पुत्रीयति ह्या क्रियापदावैल्यान दिसता. हांतूंत पुत्र हाचें **पुत्री** जालें; म्हळ्यार **अ** स्वराची **ई** जाली. जायते फावटीं **अ** चो **आ** जाता. देखीक—कृ**ष्णा**यते=तो कृष्णावरी चलता. हांगा कृ**ष्ण** हाचें कृ**ष्णा** जालें. असोच बदल कोंकणींत जाता.

नामधातू कर्मी आसता तेन्ना **य** लावचे आदीं नामाचो निमाणो स्वर **आ** जाता. देखीक—कुस्कू**ट**-कुस्कु**टा**. पि**सो**-पि**सा**. कोळो-

४३९ सिकौ. २६५७ । सुप आत्मनः क्यच् । ३.१.८.

कोला. खिळो-खिळा. धुमको-धुमका. फातर-फातरा. ह्या रुपांक **य** लायतकूच अनुक्रमान कुस्कुटाय, पिसाय, कोलाय, खिळाय, धुमकाय, फातराय हे कर्मी नामधातू जातात. शाणू नानूक 'कुस्कुटायता, पिसायता आनी कोलायता' म्हळ्यार कुस्कुटावरी, पिशावरी आनी कोल्यावरी लेखता वा चलैता. हांतूंत नानूक हें कर्म. दुसरी विभक्ती. हांगा संस्कृतांतलेवरी ओपारिच्या अर्थान नामधातू अुपकारायला.[४४०] देखीक—विष्णूयति द्विजम् = तो बामणाक विश्णुवरी लेखता वा चलैता. शाणू 'वांसो खिळायता' म्हळ्यार वांसो खिळ्यान मारता. शाणू नानूक 'धुमकायता' म्हळ्यार धुमक्यांनी मारता. शाणू सुण्याक 'फातरायता' म्हळ्यार फातरांनी मारता.

कोंकणींत अणकारी अुतरांचीं नामां घट्टात. मोनें **अ, आ, अी** आनी **अू** स्वरांनी तीं सोंपतात. देखीक—खटखट, खटाखटा, खिटीखिटी, खुटूखुटू. संस्कृतांत असलीं नामां सदींच **आ** न सोंपतात.[४४१] देखीक—पटपटा. हांकां **य** लावन हांचे नामधातू करतात.[४४२] देखीक—पटपटायति वा पटपटायते = तो पटपटायता, पटपट असो नाद करता. कोंकणींतूय असल्या अणकारी नामांक **य** लावन कर्मी नामधातू जातात. ह्या वेळार नामाचो निमाणो स्वर कसलोय आसल्यार तो **आ** जाता आनी आदले दोडींतलो निमाणो स्वर **अ** जाता. देखीक—खटखट हाचें खटखटा, खटाखटा हाचें खटखटा, खिटीखिटी हाचें खिटखिटा आनी खुटूखुटू हाचें खुटखुटा अशीं रुपां जातात. हांकां **य** लावन खटखटाय, खिटखिटाय, खुटखुटाय अशे नामधातू जातात. 'शाणू दार

४४० सिकौ. २६६४ । अुपमानादाचारे । ३.१.१०.

४४१ सिकौ. २१२८ । अव्यक्तानुकरणाद् द्व्यजवरार्धादनितौ डाच् । ५.४.५७.

४४२ सिकौ. २६६८ । लोहितादिडाज्भ्यः क्यष् । ३.१.१३.

खटखटायता, खिटखिटायता, खुटखुटायता' म्हळ्यार शाणू दार खटखट, खटाखटा, खिटीखिटी आनी खुट्टखुट्ट करता. दार हें कर्म. दुसरी विभक्ती.

तोंडांतसून अुतर काडचें ह्या अर्थान कांय अणकारी नामांचे धातू अकर्मी आसतात. हांतूंत नामाचो निमाणो स्वर आ जाता. हो आडवाद म्हणूंक जाय. देखीक—'शाणू किरायता वा किरकिरायता' म्हळ्यार किरावरी अुतरां काट्टा. हीय चाल संस्कृतांतसून आयल्या.[४४३] देखीक— शाणुः शद्वायते=शाणू अुतरां काट्टा म्हळ्यार अुतरांचो खळखळ करता.

नामधातू अकर्मी आसता तेन्ना य ची भर घालचे आदीं नामाचो निमाणो स्वर अे जाता. देखीक—धुंवर-धुंवरे. सूर-सुरे. पालो=पाले. बुरो-बुरे. मूय-मुये. भूक-भुके. तान-ताने. झेम-झेमे. ह्या रुपांक य लायतकूच अनुक्रमान धुंवरेय, सुरेय, पालेय, बुरेय, मुयेय, भुकेय, तानेय, झेमेय हे अकर्मी नामधातू जातात. पुण कुसां लागच्या वेळार हांतूंतलें य लिपता. देखीक—धुंवरेय+ता=धुंवरेता. सुरेय+ता= सुरेता. 'लांकूड धुंवरेता' म्हळ्यार लांकडाचो धुंवर जाता. 'गोड सुरेता' म्हळ्यार गोडाक सुरिचो वास मारता. 'रुख पालेता' म्हळ्यार रुखाक पालो (आंकरी) येता. 'दांत बुरेता' म्हळ्यार दांताक बुरो येता. 'पांय मुयेता' म्हळ्यार पांयांत मुयो येतात. 'शाणू भुकेता आनी तानेता' म्हळ्यार शाणूक भूक आनी तान लागता. 'शाणू झेमेता' म्हळ्यार शाणूक झेम येता. ह्या सगळ्या वाक्यांनी अमक्याचें अमकें जालें म्हळ्यार पैलीं जें नासलें तें जालें असो अर्थ सांटावला. लांकूड पैलीं हेर लांकडावरी आसलें; पणून अुज्यांत घालतकूच धुंवरेलें. गोड पैलीं हेर गोडावरी आसलें; पणून पावसाचें थंड वारें लागून सुरेलें. हांगा

४४३ सिकौ. २६७३। शद्ववैरकलहाभ्रकण्वमेघेभ्यः करणे। ३.१.१७.

संस्कृतांतलेवरीच नामधातुचो अुपयोग जाला.[४४४] देखीक—भृशायते=तो बळिश्ट जाता. हें **य** लावन घडिल्लें नामधातुचें क्रियापद. तो आदीं बळिश्ट नासलो; पुण आतां बळिश्ट जाता असो हाचो अर्थ.

नामावैल्यान घडात म्हणु ह्या धातूंक नामधातू हें नांव पडलां खरें. पुण केन्नाकेन्ना ते विशेशणावैल्यानूय घडात. देखीक—**घट, लांब, रुंद** ह्या विशेशणांपासून **घटाय**=घट कर, **लांबाय**=लांब कर, **रुंदाय**=रुंद कर हे धातू जाल्यात. संस्कृतांतसुनूच ही चाल आयल्या. तांतूंत विशेशणां आनी सर्वनामांवैल्यानूय असले धातू घडात. देखीक—शीघ्र (विशेशण) पासून शीघ्रायते = तो सुडसुडीत वा तुरतुरीत जाता, चलता. अिदम् (सर्वनाम) पासून अिदामति = तो हे भाशेन चलता.

**'य' ची भर घालून घडिल्ले नामधातू मराठींत नात.**

नामधातू सगळ्या काळांनी चलतात. देखीक—कुस्कुटाय**ता**, कुस्कुटाय**लो**, कुस्कुटाय**ल्लो** वा कुस्कुटाय**ल्लो**, कुस्कुटाय**ला**, कुस्कुटाय**त**, कुस्कुटाय**तलो**, कुस्कुटाय**तालो**. हांचो न्हयकार हेर काळांच्या न्हयकारावरी जाता. देखीक—कुस्कुटाय**ना**, कुस्कुटाय**लो ना**.

---

४४४ सिकौ. २६६७। भृशादिभ्यो भुव्यच्वेर्लोपश्च हलः । ३.१.१२.

# ११

# धातु-अव्ययां

**अून कुसाचीं धातु-अव्ययां**—अेके परस अदीक करण्यांचो कर्तो तोच आसून, तागेले निमाणे करणेक आदल्यो करण्यो गांठावंक ह्या करण्यांच्या धातूंक कोंकणींत **अून** कूस लायतात. देखीक—'शाणू जेवन वेता.' हांतूंत वचचें करणे आदली करणी जेवची. जेवप आनी वचप ह्या दोनूय करण्यांचो कर्तो तोच म्हळ्यार शाणू. हांगा दोन वेगळीं वाक्यां करून, शाणू जेवता आनी वेता अशें म्हळ्यार जाता. पुण अशें करिनासतना, आदले करणेच्या धातूक म्हळ्यार **जेव** हाका **अून** कूस लावन दोन करण्यो गांठायल्यो आनी अेक वाक्य केलें.

**य** आनी **व** न सोंपिल्ले धातू सोडून, मोन्या अ न सोंपिल्ल्या धातूंक **अून** कूस लायतना तांतूंत बदल जायना. देखीक—कर + **अून** = करू**न.** खेळ + **अून** = खेळू**न.**

**व** न सोंपिल्ल्या धातूंक हें कूस लायतना **अून** चें **अन** जाता. देखीक—जेव + **अून** = जेव + **अन** = जेव**न.** दंव + **अून** = दंव + **अन** = दंव**न.** चाव + **अून** = चाव + **अन** = चाव**न.** धांव + **अून** = धांव + **अन** = धांव**न.**

**आ, अी, अू, अे** आनी **अै** न सोंपिल्ल्या धातूंक हें कूस लायतना ताचें **वन** जाता. देखीक—**खा**+**अून**=खा+**वन**=खाव**न.** हेच भाशेन दिव**न,** धुव**न,** घेव**न.** **अै** न सोंपिल्ल्या धातूंक **अून** कूस लायतना **अै** चो **ओ** जाता. देखीक—**अुलै** + **अून** = अुलै + वन = **अुलो** + वन = **अुलो**वन.

**य** न सोंपिल्ल्या धातूंक हें कूस लायतना ताचें **वन** जाता आनी **य** लिपता.[४४५] देखीक—रोय + **अून** = रोय + **वन** = रो + वन = रो**वन**. हेच भाशेन भेस्टाय + **अून** = भेस्टा**वन**. कुस्कुटाय + **अून** = कुस्कुटा**वन**.

सार्स्टीत सोळाव्या शेंकड्यांत **अून** बदला **अुनु** आनी **नु** कूस घोळटालें. देखीक—सो**दुनु**, धर**नु**.[४४६] पुण अुचारतना निमाणो **अु** गळटालो.[४४७] गोकर्णाचे दक्षिणेक ही चाल अजून चलता. देखीक—पंथु घाल**नु**, अवमानु पाव**नु**, आयकू**नु**, नाकटांनि धोर्नु घेव**नु**, लेक्कू**नु**.[४४८] हेर कडेन चंडकरून **अून** कूस घोळटा आनी तांतूंत वैर सांगिल्लेवरी बदल जातात.

हें **अून** कूस खेंच्यान आयलें? भास-शास्त्र्यांले म्हणणेभाशेन वेदीक **त्वानम्** आनी **त्वीनम्** कुसापासून तें जालें.[४४९] पाणिनीन **त्व** बदला **त्वाय**, **त्वी** आनी **त्वीनम्** कुसां लागून जाल्लीं वेदीक रुपां आनी तांचीं सुत्रां दिल्यांत.[४५०] पुण **त्वानम्** कूस लागिल्लें रूप आनी सूत्र दिवंक ना. चंडकरून वेदीक **त्वीनम्** पासून **अून** कूस जालां. पालींत ह्या

---

४४५ सिकौ. ८७३। लोपो व्योर्वलि। ६.१.६६.

४४६ Estevão, §§ 30, 164, pp. 7, 44.

४४७ Estevão, § 29, p. 7.

४४८ कोंकणि भाषेन बालबोध प्रथम पुस्तक, पा. २३-२४.

४४९ Weber, Fragment der भगवती, pages 423, 424. Beames, III, p. 233. Bhandarkar, WPL., p. 104.

४५० सिकौ. ३५६९। क्त्वो यक्। ७.१.४७. गत्वा बदला गत्वाय=वचून. सिकौ. ३५७१। स्नात्व्यादयश्च। ७.१.४९. स्नात्वा बदला स्नात्वी = न्हावन. पीत्वा बदला पीत्वी=पियेवन. सिकौ. ३५७०। अिष्ट्वीनमिति च। ७.१.४८. अिष्ट्वा बदला अिष्ट्वीनम् = पुजून. पीत्वा बदला पीत्वीनम्=पियेवन.

**त्वीनम्** चें **तून** जालां. पालींत आनी प्राकृतांत जोडगिरांतलें **व** गळटा.[४५१] देखीक—**द्वितीया** > **दुतिया**. हे भाशेन **त्वीनम्** चें आदीं **तीनम्** जालें. मागीर तांतूंतले **ई** चो **ऊ** जावन[४५२] **तूनम्** > **तून** हें रूप जालें. कोंकणींत **अि—ई** चो **अु—ऊ** जावची चाल जायती चलता. देखीक—फुलविडे > फुलवुडे. विरणू > वुरणो. ते-दिसा > तेदुसा. पालींत **तून** लागिल्लीं रुपां मेळटात. तांच्यो देखीः पचि**तून**=शिजोवन. गं**तून**=वचून.[४५३]

पैशाची प्राकृतांतूय हें **तून** कूस घोळटा. देखीक—गं**तून**=वचून, हसि**तून**=हांसून. सकला दिल्ल्या प्राकृतांनी **तूण** कूस घोळटाः— शौरसेनीः आगं**तूण**=येवन. मागधी : घे**त्तूण**=घेवन. अर्धमागधी, महाराष्ट्री : गं**तूण** = वचून, दट्**ठूण** = पळोवन. अुचार-बदलान **तूण** चें **ऊण** जाल्लीं रुपांय ह्या प्राकृतांनी मेळटात. देखीक—शौरसेनी, महाराष्ट्रीः का**ऊण**=करून. मागधीः पविशि**ऊण**=रिगून. अर्धमागधीः चअि**ऊण**=सोडून.[४५४] हे भाशेन वेदीक संस्कृत **त्वीनम्** पासून **तून**> **तूण**>**ऊण**>**ऊन** हें कूस जालें.

हें **ऊन** कूस कोंकणींत कसल्या अर्थान आनी कसल्या कामाक अुपकारता तें वैर सांगलांच. वेदीक संस्कृत **त्वीनम्** आनी लोकीक संस्कृत **त्वा** हांचो अर्थ आनी काम[४५५] कोंकणींत **ऊन** कुसान घट्टा.

कोंकणिच्या कांय भैण-भासांनी **ऊन** कूस तशेंच वा कांय बदलान घोळटा. देखीक—मराठीः कर**ून**. गुजराथीः मारी**ने**=मारून. माळवी

---

४५१ वररुचि, प्राप्र. सर्वत्र लवरां । ३.३ पक्कं>पिक्कं=पिकें.

४५२ वररुचि, प्राप्र. अुदिक्षुवृश्चिकयोः । १.१५. अिक्षु>अुच्छू=ऊंस.

४५३ Mason, कच्चायनो's पालि Gr., pp. 88, 133.

४५४ Pischel, Prakrit Grammatik, §§ 584, 586, pp. 395-97.

४५५ सिकौ. ३३२० । समानकर्तृकयोः पूर्वकाले । ३.४.२१.

राजस्तानीः **मारीने, मारने**=मारून.[४५६] मेवाडी राजस्तानीः **मारूने**= मारून.[४५७]

कोंकणीवरी मराठींत **अून** कूस घोळ्ळें जाल्यारूय, कोंकणींत ह्या कुसांत जे **अन, वन** बी बदल जातात ते मराठींत जायनात. देखून **कोंकणी परस मराठी वेगळी.**

बीम्स म्हणटात कि अेकले महाराष्ट्री प्राकृतांतूच **अूण, तूण** कूस घोळटा आनी '**जाअून**' सारकें मराठी रूप **अूण** कूस लावन जालां, देखून, हालिंची मराठी ही महाराष्ट्री प्राकृताचें खरेलें पडरूप म्हणपाचो जो समज चलता ताका घटाय येता.[४५८] डॉ. भांडारकार म्हणटात कि पोरण्या महाराष्ट्री कवितांनी **अूण** कूस घोळटा आनी वररुचिनूय तें दिलां; अेकले मराठींतूच तें दिस्टी पट्टा. देखून, मराठी ही पोरणे महाराष्ट्रिचें आतांचें पडरूप आसा.[४५९] पुण वैर दाखैल्लेभाशेन **तूण** कूस आशिल्लीं आनी **तूण** चें **अूण** जाल्लीं रुपां अेकले महाराष्ट्रींतूच न्हंय, तर शौरसेनी, मागधी, अर्धमागधी बी प्राकृतांनीय मेळटात; देखून, मराठी ही तांचेंय खरेलें पडरूप कित्याक लेखची न्हंय? तशेंच मेवाडी राजस्तानींत **अूने** कूस घोळटा. देखून, तिकाय त्या प्राकृताचें खरेलें पडरूप कित्याक म्हणचें न्हंय? खरेपणानशीं मराठी भास अेकले महाराष्ट्री प्राकृतांतसून जल्मूंक ना. हेर सगळ्या आर्य भासांवरी ती प्राकृत भासांचे खिचडेंतसून जाल्या. कोंकणिचीय हीच अवस्ता. पुण खिचडेंतूय कोंकणिचें जितलें शुद्ध आनी निवळ रूप दिसता तितलें मराठिचें दिसना. तशेंच, वेदीक आनी लोकीक संस्कृताकडेन कोंकणी जितलें दाट नातें दाखैता तितलें मराठी दाखैना.

---

४५६ LSI., IX, ii, pp. 57, 58, 342.
४५७ Kellogg, Hindi Gr., p. 296.
४५८ Beames, III, p. 233.
४५९ Bhandarkar, WPL., p. 232.

**अून** कुसान घडिल्लीं धातु-अव्ययां नामांवरीय अुपकारतात. तांकां विभक्तिचीं कुसां लागनात. तांचें सदींच नपुंसकलिंगी अेकवचन आसता. देखीक—' ताचें **धांवन** जालें.' ' ताचें आंबे **खावन** जालें.' हांगा **धांवन** आनी **खावन** हीं धातु-नामां; **जालें** ह्या क्रियापदाचे कर्ते. ' तो **नाचून** दाखैता.' ' तूं **वाचून** दाखै.' हांगा **नाचून** आनी **वाचून** हीं धातु-नामां; **दाखैता** आनी **दाखै** ह्या क्रियापदांचीं कर्मां.

**' सन्सप्तमी ' अर्थाचीं धातु-अव्ययां**—अपूर्ण धातु-विशेशणाक **की, कंच, च, री** हीं कुसां लावन, कोंकणींत 'सन्सप्तमी' च्या अर्थाचीं धातु-अव्ययां घडतात. देखीक—करत + **की** = करत**की.** करत + **कंच** = करत**कंच.** करत + **च** = करत**च.** करत + **री** = करत**री.** ' सन्सप्तमी ' ची फोडणिशी फुडें केल्या.

गुजरार्थींतूय अपूर्ण धातु-विशेशणाक **के** कूस लावन कोंकणींतलेवरी धातु-अव्यय घडतात. देखीक—करतो**के**=करतकी.[४६०]

हें **की-के** कूस कशें जालें? संस्कृत **कृ** चें पूर्ण धातु-विशेशण **कृत.** हाचें सातवे विभक्तिचें अेकवचनी रूप **कृते.** अुच्चार-बदलान हाचें **कते**[४६१] मागीर **कअे**[४६२] आनी अुप्रांत **के**>**कि**>**की** हें रूप जालें. कोंकणी **करतकी** हें रूप **करत** आनी (**कृते** पासून जाल्ली) **की** मेळून जालां. अपूर्ण आनी पूर्ण धातु-विशेशण मेळून जाल्लें हें दोडें धातु-विशेशण धातु-अव्ययावरी अुपकारूं लागलें. हांतूंत निमाणी **अी** आसा. तें सातवे विभक्तिचें कूस. कोंकणींत हें कूस घोळटा म्हणपाचें हे विभक्तिचे फोडणिशेंत सांगलां. संस्कृतांत ' सन्सप्तमी ' म्हळ्ळी जी व्याकरणी घडण आसा तिचें

---

४६० Faulkner, General Rules and Principles of the Gujarati Grammar, p. 15.

४६१ वररुचि प्राप्र. ऋतोऽत् । १.२७.

४६२ वररुचि प्राप्र. कगचजतदपयवां प्रायो लोपः । २.२.

काम ह्या धातु-अव्ययान जाता. करणेचें धातु-विशेशण आनी ताची गुण-वंस्त सातवे विभक्तींत घालून ही घडंण जाता. ही करणी दुसरे करणेचो वेळ दाखैता.[४६३] देखीक—**क्षीणे पुण्ये** मर्त्यलोकं विशन्ति ।[४६४] =**पुण्य सरतकी** ते मर्णलोकांत वेतात. ह्या वाक्यांत ते मर्णलोकांत वचचो वेळ पुण्य सरतकी हे सन्सप्तमिचे घडणेन दाखैला. मूळ संस्कृतांत **क्षीण** हें पूर्ण धातु-विशेशण आनी ताची गुण-वंस्त **पुण्य** हीं दोनूय सातवे विभक्तींत घाल्यांत. कोंकणी भाशांतरांत **सरतकी** हें दोडें धातु-विशेशण मात सातवे विभक्तींत घालां. ताची गुण-वंस्त **पुण्य** हें सातवे विभक्तींत घाल्लंक ना आनी घालची गरज ना. तरी आसतना, कोंकणी घडणूय सन्सप्तमिचीच आसा हांतूंत दुबाव ना.

**कंच**—संस्कृत **कृत्य** > **कच्च** > **कंच**[४६५] अशे तरेन अुच्चार-बदलाच्या नेमान हें कूस जालां. संस्कृतांत **त्वा** बदला **त्य** लागुनूय **अून** अर्थाचीं धातु-अव्ययां घडटात.[४६६] देखीक—अुपकृत्य = अुपकारून. कोंकणींत अपूर्ण धातु-विशेशणाक **कृत्य** पासून जाल्लें **कंच** कूस लावन सन्सप्तमिच्या अर्थाचें धातु-अव्यय घडटा. देखीक—करत+**कंच**=करत**कंच**. कांय जाण करत**कीच**, करत**कूच** अशेंय म्हणटात. 'क्षीणे पुण्ये' म्हळ्यार पुण्य सरत**कंच-कीच-कूच.**

**च**—वैल्या **कंच** कुसा पासून हें कूस जालां. अुच्चार-बदलान ह्या कुसांतलें **क्** लिपून **अच्च** अुरता[४६७] आनी आदल्या अपूर्ण धातु-विशेशणांत

४६३ सिकौ. ६३४ । यस्य च भावेन भावलक्षणम् । २.३.३७.
४६४ भगवद्गीता, ९.२१.
४६५ वररुचि, प्राप्र. त्यथ्यद्यां चछजाः । ३.२७. नृत्य>णच्च=नाच. सत्य > सच्च = खरें.
४६६ सिकौ. २८५८ । ह्रस्वस्य पिति कृति तुक् । ६.१.७१.
४६७ वररुचि, प्राप्र. कगचजतदपयवां प्रायो लोपः । २.२.

सांदता. देखीक—करत + **कंच** = करत + अंच = कर**तंच**. ह्याय कुसान सन्सप्तमिच्या अर्थाचें धातु-अव्यय घट्टा. ‘क्षीणे पुण्ये’ म्हळ्यार पुण्य सर**तंच**. सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत निमाणी **अि** लागताली. देखीक—सोदित**चि**, निदेत**चि**, आसत**चि**, खात**चि**, वेत**चि**, येत**चि**.[४६८] बारदेसांत **अंच** बदला **ओच** म्हणटात. देखीक—कर**तोच**, निद**तोच**, वे**तोच**.[४६९]

**री**—संस्कृत **कृत्वा** हाचें शौरसेनी प्राकृतांत **करिय** जाता. हांगा **अून** अर्थाच्या **त्वा** कुसाचें अुच्चार-बदलान **अिय** जालें.[४७०] ह्या **करिय** पासून पोरणे हिंदींत **करि** रूप घोळटालें. आतां ताचें **कर** जालां.[४७१] देखीक— देख**कर**=पळोवन. पंजाबींत आनी मारवाडींत हें रूप घोळटा. देखीक—पंजाबी: घल्ल**कर**=धाडून. मारवाडी: मार**कर**=मारून.[४७२] गुजराथींत **करी** रूप अजून घोळटा. जयपुरींत अुच्चार-बदलान **कर** हांतूंतलें **क्** लिपून **अर** अुरता आनी आदल्या धातूंत सांदता. देखीक—मार**कर** = मार + **अर** = मा**रर** = मारून. दे**कर** = दे + **अर** = दे**र** = दिवन.[४७३] हे भाशेन **कृत्वा** पासून करिय > करि > कर > अर > र हें रूप जालें. तशेंच कोंकणींत कृत्वा > करिय > अरिय > **अरी** > **री** हें रूप जालें. अपूर्ण धातु-विशेशणाक हें कूस लावन सन्सप्तमिच्या अर्थाचें धातु-अव्यय घट्टा. देखीक—करत+**अरी** =करत**री**.

---

४६८ Estevão, §§ 160, 207, 228, 348, 396, 418. pp. 43, 52, 56, 77, 87, 91.

४६९ Rita e Souza, pp. 113, 118, 122.

४७० सिद्धहेम, त्क्व अियदूणौ। ८.४.२७१.

४७१ Beames, III, pp. 230, 231.

४७२ LSI., IX, i, p. 631; IX, ii, pp. 26, 47.

४७३ LSI., IX, ii, p. 40.

कांय जाण करतंर अशेंय म्हणटात. 'क्षीणे पुण्ये' म्हळ्यार पुण्य सरतरी–तंर.

मराठींत असले तरेचीं सन्सप्तमिच्या अर्थाचीं धातु-अव्ययां नात. देखून **कोंकणी परस मराठी वेगळी.**

**अुं कुसाचीं धातु-अव्ययां**—जेन्ना अेकादी करणी फुडले करणेच्या कारणान वा अित्सेन करतात तेन्ना कारण वा अित्सा दाखैतले करणेच्या धातूक कोंकणींत अुं कूस लायतात. हें लायतना ताका आनीक **क** कूस जोड्टात. देखीक—'फुलारी फुलां विकूंक वेता.' हांगा वेता ही करणी फुलां विकचे फुडले करणेच्या कारणान जाता. **वीक** धातूक **अुं** कूस लावन ताका मागीर **क** कूस जोडलां आनी **विकूंक** हें रूप घडलां. 'चोर पळूंक सोदता. नानू ताका धरूंक पळेता.' 'शाणूक शिकूंक जाय. ताका खेळूंक नाका.' ह्या वाक्यांत **सोदता, पळेता, जाय** आनी **नाका** ह्यो करण्यो **पळूंक, धरूंक, शिकूंक, खेळूंक** ह्या फुडल्या करण्यांचे अित्सेन जातात.

**य** आनी **व** न सोंपिल्ले धातू सोडून, मोन्या **अ** न सोंपिल्ल्या धातूंक **अुं** कूस लायतना तांतूंत बदल जायना. देखीक—**वीक** + **अुं** = **विकुं.**

**व** न सोंपिल्ल्या धातूंक **अुं** कूस लायतना ताचें **अं** जाता. देखीक—जेव + **अुं** = जेवं. **देंव** + **अुं** = **देंवं.** चाव + **अुं** = चावं. धांव + **अुं** = धांवं.

**आ, आी, अू, अे** आनी **अै** न सोंपिल्ल्या धातूंक **अुं** कूस लायतना ताचें **वं** जाता. देखीक—**खा** + **अुं** = खावं. हेच भाशेन **दिवं, धुवं,** घेवं. **अै** न सोंपिल्ल्या धातूंक **अुं** कूस लायतना **अै** चो **ओ** जाता. देखीक— अुलै + **अुं** = अुलै + **वं** = **अुलो** + वं = अुलोवं. **य** न सोंपिल्ल्या धातूंक **अुं** कूस लायतना ताचें **वं** जाता आनी **य** लिपता. देखीक— रोय + **अुं** = रोय + **वं** = रो + वं = **रोवं.**

हें अुं कूस खैंच्यान आयलें ? भास-शास्त्र्यांले म्हणणेभाशेन संस्कृत **तुम्** पासून **अुं** जालां.[४७४] **तुम्** हांतूंतल्या **म्** चो अनुस्वार जावन[४७५] आदल्या **तु** चेर पडलो आनी **तुं** हें रूप जालें. मागीर **तुं**-तलें **त्** लिपून[४७६] **अुं** कूस अुलें.

प्राकृतांत **अुं** कूस घोळटालें. देखीक—हसितुम् > हसेअुं, हसिअुं=हांसुं. गुजरार्थीत घोळटा. देखीक—जवुं=वचुं. मराठींतूय घोळटा. देखीक—जाअूं=वचुं.

कोंकणींत धातूंक **अुं** कूस कसल्या अर्थान लायतात तें वैर सांगलांच. संस्कृत **तुम्** कुसाचो अर्थ[४७७] कोंकणींत **अुं** कुसान सादता. पुण संस्कृतांत **तुम्** कुसाक आनीक वेगळें कूस लागना. अशें आसतना, कोंकणींत **क** कूस कित्याक लागता ? तें खैंच्यान आयलें ? तेंय संस्कृतांतसुनूच आयलां. संस्कृतांत **तुम्** ह्या अर्थान धातूक **अक** हेंय कूस लायतात.[४७७] देखीक—'**भोक्तुम्** व्रजति' म्हळ्यार जेवंक वेता, तशेंच '**भोजको** व्रजति', म्हळ्यार जेवंक वेता. हांगा **भोजको** हांतूंत **भुज्** = जेव ह्या धातूक **तुम्** अर्थाचें **अक** कूस लागलां. संस्कृत व्याकरणांत ह्या कुसाक '**ण्वुल्**' हें नांव आसा.[४७७] ह्या **अक** कुसापासून कोंकणी **क** कूस जालां. निखळ्या **अुं** कुसान कारणाचो अर्थ सारको बरो सादना जालो, तेन्ना ताका धिगी दिवंक **क** कूस लावंक लागले अशें दिसता. हे भाशेन, कोंकणी **अुंक** कूस संस्कृत **तुम्** आनी **अक** मेळून जालां. **क** कूस अेकाद्रें चौथे विभक्तिचेंय जावंये.[४७८] संस्कृतांत अमक्या-तमक्या

---

४७४ Bhandarkar, WPL., p. 104. Beames III, p. 237. Pischel, Prakrit Grammatik, § 574, p. 390.

४७५ सिकौ. १२२ । मोऽनुस्वारः । ८.३.२३.

४७६ वररुचि, प्राप्र. कगचजतदपयवां प्रायो लोपः । २.२.

४७७ सिकौ. ३१७५ । तुमुन्ण्वुलौ क्रियायां क्रियार्थायाम् । ३.३.१०.

४७८ Katre, The Formation of Konkani, § 290, p. 138.

कारणाक वा कारणाखातीर ह्या अर्थान त्या कारणाची चौथ घालतात.[४७९] देखीक—**मुक्तये** हरिं भजति = **मोक्षाखातीर** तो हरीक भजता. ही चाल कोंकणीन अूं कुसाकूय लायली जातली.

**क** बदला **च्याक** हेंय कूस लायतात. देखीक—सोदुं + **च्याक**= सोदुं**च्याक.**[४८०] **अुं** वैलो अनुस्वार वा सगळोच **अुं** गळून सोदुच्याक> सोद्च्याक अशेंय रूप घोळटा. **च्याक** हांतूंतलें **च्य** खैंच्यान आयलें? वेदीक संस्कृत **त्यत्** पासून हें **च्य** जालां. सोदुं**च्याक**=सोदुं**त्याक** = सोदुं + **त्यत्**>**त्य**>**च्च**[४८१]> **च्य** + **क.** हांतूंत **सोदुं** ह्या अुतराक **त्यत्** म्हळयार तें लागलां. पांचवे विभक्तिचे फोडणिशेंत ह्या **त्यत्** चो समज घाला. कोंकणी लोकांले पूर्वज हें अुतर जायतें अुपकारायताले अशें दिसता. ह्या संबंदाची अदीक फोडणिशी फुडें येतली.

**अुंक** कूस कोंकणींत निखटें कारण वा अित्सा दाखोवंकूच अुपकारता अशें न्हंय, तर तांक, अंदज, जाण वा ञे ( ये ), लाग, माग, लाय, मेळ, रुच, मान, पाव, तेंक, घाल, वाड, दी, फाव हे धातू, ना, नासलो, नासतलो हीं क्रियापदां आनी तांक, हुशारी, बरें-वायटपण बी दाखैतलीं विशेशणां हांकां लागून येतकूच ताचो वेगळे तरेचो अर्थ जाता. देखीक—ताका बरोवंक तांकता. तो काळोखांत वचूंक अंदजता ( ताका धीर जाता ). तो वाचूंक जाणा. ताका वाचूंक येता ( मुळचें अुतर ञेता. संस्कृत ज्ञा>ञा[४८२]> या अशे तरेन जालां). तो खेळूंक लागता. तो खावंक मागता. तो खावंक लायता. ताका खावंक मेळटा. ताका जेवंक रुचता. ताका जेवंक मानता. तो मरूंक पावलो. तो मरूंक तेंकलो. तो जेवंक घालता. ती जेवंक वाड्टा. तो न्हेसूंक दिता. ताका

---

४७९ सिकौ. वार्त्तिक. 'तादर्थ्ये चतुर्थी वाच्या।'
४८० Estevão, § 166, p. 44.
४८१ वररुचि, प्राप्र. त्यथ्ययां चछजाः । ३.२७.
४८२ सिद्धहेम. ज्ञो ञः । ८.२.८३.

जेवंक फावता (वेळ, अुसपंत मेळटा). तो सोडूंक फावता (फावो-सो आसा). तो मरूंक फावो. तो वचूंक ना. तो वचूंक नासलो. तो वचूंक नासतलो. तो खेळूंक हुशार. तो शिकूंक लापीट. मानकुराद आंबो खावंक गोड. हो घोडो चलूंक मंद.

कोंकणींत ही चाल संस्कृतांतसून आयल्या. तांतूंत **तुम्** कूस वैर दिल्ल्या अर्थांच्या कांय धातूंक आनी विशेशणांक नातें जोडून येतकूच ताचो कोंकणींतलेवरीच वेगळे तरेचो अर्थ जाता.[४८३]

**अुं** वा **अुंक** कूस लायल्ल्या अुतराचें नातें अकर्मी क्रियापद वा विशेशण हांचेकडेन आसता तेन्ना तें अुतर चंडकरून अव्ययावरी आनी केन्नाकेन्ना नामावरी वावुरता आनी कर्मी क्रियापदाकडेन आसता तेन्ना सदींच नामावरी वावुरता आनी त्या क्रियापदाचें कर्म जाता. देखीक—'विकूंक वेता' हांतूंत विकूंक ह्या अुतराचें नातें वेता ह्या अकर्मी क्रियापदाकडेन आसा. हांगा विकूंक हें अव्यय. 'सोनूक हांसूंक येता' हांतूंत हांसूंक ह्या अुतराचें नातें येता ह्या अकर्मी क्रियापदाकडेन आसा. हांगा हांसूंक हें नाम. येता ह्या क्रियापदाचो कर्तो. 'खावंक गोड' हांतूंत खावंक ह्या अुतराचें नातें गोड ह्या विशेशणाकडेन आसा. हांगा खावंक हें अव्यय. 'पळूंक सोदता' हांतूंत पळूंक ह्या अुतराचें नातें सोदता ह्या कर्मी क्रियापदाकडेन आसा. हांगा पळूंक हें नाम. सोदता ह्या क्रियापदाचें कर्म.

### 'अुंक' कूस लायल्लीं धातु-अव्ययां मराठींत नात.

निखटें **अुं** कूस लायल्लीं धातु-अव्ययांय कोंकणींत घोळटात. तांचो अुपयोग सकला दिल्ल्या वाक्यांवेल्यान ध्यानांत येतलो. तांकिचो **यो** धातू आनी **नाका, नजं, दी** हीं क्रियापदां हांचे वांगडा तीं येतात.

---

४८३ सिकौ. ३१७७। शकधृषज्ञाग्लाघटरभलभक्रमसहार्हास्त्यर्थेषु तुमुन्। ३.४.६५. सिकौ. ३१७८। पर्याप्तिवचनेष्वलमर्थेषु। ३.४.६६.

## धातु-अव्ययां

१—'शाणुच्यान हो फार्तर अुखलुं येता.' हांगा येता हें कर्मी क्रियापद. अुखलुं हें ताचें कर्म. येता ह्या क्रियापदाचो धातू यो. हाचें मूळ सोदुंया. कोंकणींत चार तरांच्या अर्थाचे यो धातू आसातः (१) 'शाणू साळेंतसून घरा येता.' हांतूंत येता हें अकर्मी क्रियापद संस्कृत **आ + या= आया-यो** ह्या मुळापासून जालां. हांगा **यो** धातू चलप दाखैता. (२) 'शाणूक वाचूंक येता.' हांतूंत **येता** हें कर्मी क्रियापद संस्कृत **ज्ञा> ञा > या–यो** ह्या मुळापासून जालां. वाचूंक हें कर्म. वाचूंक येता म्हळ्यार वाचूंक जाणा, वाचूंक समजता. (३) 'रुखाक आंकरी येता.' 'फुलाक वास येता.' 'सोनूक हांसूंक येता.' 'शाणूक पांच कुंब भात येता.' हांतूंत येता हें अकर्मी क्रियापद संस्कृत **जन्** (जा)=अुत्पन जावंक ह्या धातूपासून जालां. येता म्हळ्यार अुत्पन जाता. अुच्चार-बदलान **जा** चो **या** जाता. देखीक—संस्कृत राजा हाचें कोंकणी **राया** हें रूप जालां. हेच भाशेन **जन्** (जा) पासून **या–यो** हो कोंकणी धातू जालो. (४) 'शाणुच्यान हो फार्तर अुखलुं येता' म्हळ्यार शाणूक हो फार्तर अुखलूंक तांकता. हांतूंतलो **यो** धातू वैल्या तीनूय मुळांतसून वैर सरूंक ना. हाचें मूळ वेगळें आसून तें संस्कृत वियाणापासुनूच घडलां. संस्कृतांत तांक आसप ह्याय अर्थान विध्यर्थ अुपकारायतात.[४८४] देखीक—अपि पर्वतं शिरसा भिन्द्यात्= ताच्यान आपल्या माथ्यान दोंगरूय फोडुं येता (ताका दोंगर फोडूंक तांकता). भवान् खलु भारं वहेत्=तुमच्यान ओजें व्हरुं येता (तुमकां ओजें व्हरूंक तांकता). हे संस्कृत देखीन कोंकणीन तांक आसप ह्या अर्थाचो अेक नवो धातू घडलो. ह्या धातुचें आयतें तिणें संस्कृत विध्यर्थांतसुनूच घेतलां. संस्कृतांत विध्यर्थ घडूंक धातूक पुरशाचीं कुसां लावचे आदीं परस्मैपदी चलोवणेंत **या** वा **अिय्** हांची भर

---

४८४ सिकौ. २८२३। शकि लिङ् च। ३.३.१७२.

घालतात.[४८५] विध्यर्थाचें मुखेल लक्षण तें हेंच. देखीक—**भिन्यात्** हांतूंत **भिद्** धातूक **या** ची भर घाल्या आनी **वहेत्** हांतूंत **वह्** धातूक **अिय्** ची भर घाल्या. ह्या **या** आनी **अिय्** पासून तांक आसप ह्या अर्थाचो कोंकणी **यो** धातू जाला. हो धातू संस्कृत **आया, क्षा** आनी **जन्** पासून जाल्ल्या **यो** धातूवरीच सगळ्या काळांनी चलता आनी जायतो घोळटा. देखीक—अुखलुं **येता,** अुखलुं **आयलो,** अुखलुं **आयल्लो,** अुखलुं **येतालो,** अुखलुं **येत,** अुखलुं **येतलो.** सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत ही तांकिची घडण कांय बदलान घोळटाली. देखीक—अुखलुं येता, मागुं येता, सोदुं येता हांचे बदला अनुक्रमान अुखलवता, मागवता, सोदवता अशें म्हणटाले.[४८६] हेच भाशेन अुखलवलो, अुखलवल्लो वा अुखलवल्लो, अुखलवतालो, अुखलवत, अुखलवतलो बी हेर काळ. अुच्चार-बदलान **य** चें **व** जावन ही घडण जाल्या. पालींत **य** चें **व** जाता. देखीक—कियत्>की**व**=कितलें? कंडूयति>कंडू**व**ति=खरपिता.[४८७] प्राकृतांतूय अशें जाता. संस्कृत **अिव**=सारको हाचें **विअ** हें रूप जालां. **अि** चो **यि** असोय अुच्चार करतात. हे भाशेन **अि>यि>वि** हें रूप जालां.[४८८] हेच रितीन अुखलुं **ये**ता पासून अुखलुं **य**ता>अुखल**य**ता>अुखल**व**ता हें रूप जालें. कोंकणींत असले तरेची घडण आतां घोळना. मराठींत घोळटा. देखीक—अुचलवतें, मागवतें, शोधवतें. मराठीन ही घडण कोंकणीकडसून घेतल्या-शी दिसता. अुखलुं येत, अुखलुं येता बी रुपां बारदेसांत[४८९] आनी हेर सगळ्या कोंकणांत चलतात.

---

४८५ सिकौ. २२०८ । **यासुट्** परस्मैपदेषूदात्तो ङिच्च । ३.४.१०३. २२१२ । अतो **येयः** । ७.२.८०.

४८६ Estevão, §§ 667, 668, p. 150.

४८७ Müller, Pali Gr., pp. 30, 31.

४८८ वररुचि, प्राप्र. अिवस्य विअ । १२.२४.

४८९ Rangel, § 273, p. 121. व्हरुं येता, व्हरुं येत. Rita e Souza, p. 113. करुं येता, करुं येत.

२—'ताच्यान हो फातर अुखलुं नर्ज.' हांगा **नर्ज** हें कर्मी क्रियापद. **अुखलुं** हें ताचें कर्म. 'अुखलुं नर्ज' म्हळ्यार 'अुखलूंक तांकना.' **जनू** (जा) धातुचें विध्यर्थी तिसऱ्या पुरशाचें अेकवचन **जायेत**=जावं येता, घडुं येता. हाचो न्हयकार **न जायेत**=जावं नर्ज. अुच्चार-बदलान **न जायेत** > न जाअेअ[४९०] > नजाअे > नजा > नर्ज हें रूप जालें. हें अुतर सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत घोळटालें[४९१] आनी आजूय सगळ्या कोंकणांत घोळटा.

३—'ताका हो फातर अुखलुं दी.' हांगा **दी** हें कर्मी क्रियापद. **अुखलुं** हें ताचें कर्म. हें आज्ञार्थी वाक्य आसून मेकळीक वा मान्यताय दाखैता. असली आज्ञार्थी घडण सोळाव्या शेंकड्यांत सास्टींत घोळटाली।[४९२] आनी आजूय सगळ्या कोंकणांत घोळटा. जायते जाण अुं॑तलो अनुस्वार गळोवन **दी** बदला **नी** म्हणटात. देखीक—**अुखलुनी.**

४—'तूं हो फातर अुखलुं नाका.' हांगा **नाका** हें कर्मी क्रियापद. **अुखलुं** हें ताचें कर्म. हें आज्ञार्थी वाक्य आज्ञा करता. **नाका** अुतराची फोडणिशी आज्ञार्थींत दिल्या. 'अुखलुं नाका' म्हळ्यार 'अुखलुं नकर.'

५—'शाणून हो फातर अुखलुंये.' **अुखलुं** ह्या **अुं** न सोंपिल्ल्या धातु-अव्ययाक जोडून येवन **अुखलुंये** हें विध्यर्थी क्रियापद जालें. हें तीनूय पुरशांवांगडा चलता. ह्याका तांची बादा जायना; तशेंच कर्त्याच्या वा कर्माच्या लिंग-वचनाभाशेन हें बदलना. देखीक—हांव, तूं, आमी, तुमी, तो, ती, तें, ते, त्यो, तीं हो फातर वा हे फातर अुखलुंये. हांव, तूं, आमी, तुमी, तो, ती, तें, ते, त्यो, तीं शीत जेवंये. तो शाणो जावंये. ती शाणी जावंये. तें शाणें जावंये. ते शाणे जावंये. त्यो शाण्यो जावंये.

---

४९० वररुचि, प्राप्र. कगचजतदपयवां प्रायो लोपः । २.२.

४९१ Estevão, § 670, p. 151.

४९२ Estevão, § 648, p. 144. सोडुं दी. अुलोवं दी.

तीं शाणीं जावंये. हें ये कूस खैंच्यान आयलें? संस्कृत विध्यर्थांत परस्मैपदी तिसऱ्या पुरशाचें अेकवचनी कूस **अीत्** आसा. धातूंत हें सांदतकूच **अेत्** जाता. अुचार-बदलान अे ची **ये** जावन आनी **त्** लिपून [४९३] कोंकणी **ये** कूस जालेंशें दिसता. करणेचो अदमास दाखोवंक हें कूस **अुं** न सोंपिल्ल्या धातु-अव्ययांक जोडून येता. 'तो हो फातर अुखलुंये' म्हळ्यार हो फातर तो अुखलीत असो अदमास करुं येता, पुण खरेपण ना. ते शाणे जावंये म्हळ्यार ते शाणे जातीत असो अदमास करुं येता, पुण खरेपण ना. संस्कृतांत कितेंय अदमासान सांगचें जाल्यार विध्यर्थ अुपकारायतात.[४९४] देखीक—अहं क्षिप्रंकुर्वीय=हांवें बेगीन करुंये. हीच चाल कोंकणींत चलता.

**अत कुसाचीं धातु-अव्ययां**—कसलीय करणी कशी करतात वा जाता ह्या अर्थान धातूक **अत** कूस लावन धातु-अव्यय घडटात. संस्कृत अपूर्ण धातुविशेशणी **अत्** [४९५] कुसापासून हें जालां. देखीक—'शाणू धांवत वेता.' हांगा **धांवत** हें धातु-अव्यय **धांव** धातूक **अत** कूस लावन जालां. शाणू कसो वेता? धांवत वेता असो हाचो अर्थ. ह्या **अत** कुसाची फोडणिशी वर्तमानकाळांत दिल्या.

**अत** कुसा पासून जाल्लीं अपूर्ण धातु-विशेशणां अेकवचनांत **ओ-ई-अें** लागून घोळटात. देखीक—धांव**तो** घोडो. धांव**ती** गाडी. धांव**तें** गोरुं. हांचें भौवचन नेमाभाशेन जाता. देखीक—धांव**ते** घोडे. धांव**त्यो** गाडयो. धांव**तीं** गोरवां.

---

४९३ वररुचि, प्राप्र. कगचजतदपयवां प्रायो लोपः । २.२.

४९४ सिकौ. २७९२ । आशंसावचने लिङ् । ३.३.१३४.

४९५ सिकौ. ३१०० । लटः **शतृ**शानचावप्रथमासमानाधिकरणे । .३२.१२४.

**अत** कुसा पासून जाल्लीं अपूर्ण धातु-विशेशणां नामांवरीय अुपकार-तात. ‘हांगा **घेतो** आसा; पुण **दितो** कोण ना.’ हांगा **घेतो** आनी **दितो** हीं धातु-नामां.

**अतां कुसाचीं धातु-अव्ययां**—कसलीय करणी करच्या वेळार वा ‘करणी करून’ ह्या अर्थान **अतां** कूस धातूक लावन धातु-अव्यय घडटात. हें कूस लायल्लें अव्यय चडकरून दोनदां घोळून वा **अतां** कूस लागिल्ल्या दुसऱ्या अव्ययाक तेंकून येता. देखीक—‘**जेवतां जेवतां** शाणूक न्हीद लागली.’ हांगा **जेवतां** हें अुतर दोन खेपो घोळून आयलां. शाणूक केन्ना न्हीद लागली? जेवची करणी करच्या वेळार लागली, असो हाचो अर्थ. ‘जेवतां **खातां** ताच्या पोटाक भर ना.’ हांगा **जेवतां** हें अुतर **खातां** ह्या **अतां** कूस लागिल्ल्या दुसऱ्या अव्ययाक तेंकून आयलां. ह्याय वाक्यांत अुतर-घोळपाचोच अर्थ दिसता. **खातां** ह्या अुतरांत **जेवतां** हाचोच अर्थ भल्ला. ताच्या पोटाक कशी भर ना? जेवची आनी खावची करणी करून ताच्या पोटाक भर ना, असो हाचो अर्थ.

हें **अतां** कुस कशें जालें? करणेच्या अपूर्ण धातु-विशेशणी **अत्** कुसाक **आं** लावन जालें. देखीक—जेव धातुचें अपूर्ण धातु-विशेशण **जेवत** (जेव + अत्). हाका **आं** कूस लावन जेव**तां** हें रूप जालें. पुण **आं** कूस खैंच्यान आनी कित्याक आयलें? संस्कृतांत कसलीय करणी घोळोवन सांगची जाल्यार धातूक **अम्** कूस लायतात.[४९६] देखीक—**स्मारं स्मारं** नमति शिवम् = अुगडासून, अुगडासून (भौनभौन अुगडास करून) तो शिवाक नमस्कार करता. हांगा **स्मृ** धातूक **अम्** कूस लावन **स्मारं** हें रूप जालां. ह्या **अम्** कुसा पासून कोंकणी **आं** कूस जालें.

**अताना वा अतना कुसाचीं धातु-अव्ययां**—कसलीय करणी करच्या वेळार ह्या अर्थान धातूक **अताना** वा **अतना** कूस लावन धातु-

---

४९६ सिकौ. ३३४३। आभीक्ष्ण्ये णमुल्च। ३.४.२२.

अव्यय घट्टात. देखीक—‘शाणू धांव**ताना** वा धांव**तना** पट्टा.’ म्हळ्यार धांवची करणी करच्या वेळार पट्टा. करणेच्या अपूर्ण धातु-विशेशणी **अत्** कुसाक **आना** वा **अना** कुस लावन हें कूस जालां. देखीक—**धांव** धातुचें अपूर्ण धातु-विशेशण **धांवत** (धांव + अत्); हाका **आना** वा **अना** लावन धांव**ताना** वा धांव**तना** हें रूप जालें. संस्कृतांत **अत्** कुसावरी धातूक **आन** वा **मान** कूस लावनूय अपूर्ण धातु-विशेशण करतात.[४९७] हांतूंतलीं **अत्** आनी **आन** कुसां सांदून **अतान** हें जोड कूस जालें. ह्या जोड कुसापासून कोंकणी **अताना** वा **अतना** हें कूस जालें.

मुखेल धातुच्या अपूर्ण धातु-विशेशणाक **आसताना** वा **आसतना** हें पालवी धातु-अव्यय जोडून अुलोवची चाल कोंकणींत जायती चलता. देखीक—‘धांव**तासताना** वा धांव**तासतना** शाणू पडलो.’ जायते जाण हें अुतर **धांवता आसताना** अशें बरैतात.[४९८] पुण हांगा **धांवता** हें अुतर **धांव** धातुचें वर्तमानकाळी तिसऱ्या पुरशाचें अेकवचन न्हंय; तें धातु-अव्यय आसा. तें पुरशांत, लिंगांत आनी वचनांत बदलना. देखीक—‘हांव–आमी, तूं–तुमी, तो–ते, ती–त्यो, तें–तीं धांवत आसताना.’

**ल्यार कुसाचीं धातु-अव्ययां**—‘फुडाराक कसलीय करणी घडल्यार’ वा ‘फाटीं कसलीय करणी घडून’ ह्या दोन अर्थांनी धातूक **ल्यार** कूस लावन धातु-अव्यय घट्टात. देखीक—‘शाणून आंबो **मागल्यार** दी.’ हांगा आंबो मागची करणी **फुडाराक** घडल्यार असो भविश्यकाळी अर्थ जाता. ‘शाणून आंबो मागल्यार दोन घंटे जाले.’ हांगा आंबो

---

४९७ सिकौ. ३१०० । लटः **शतृशानचाव**प्रथमासमानाधिकरणे । ३.२.१२४. । सिकौ. ३१०१ । आने **मुक्** । ७.२.८२.

४९८ Rita e Souza, p. 113. करता आसतानां.

मागची करणी दोन घंट्यांफाटीं घडून, असो भूतकाळी अर्थ जाता. पैल्या वाक्यांत **मागल्यार** हें अुतर **माग** धातुचें साद्या भविश्याचें तिसऱ्या पुरशाचें अेकवचन **मागत** आनी **अुपरि** हीं दोन अुतरां मेळून जालां. शाणू आंबो **मागत, अुपरि** (अुपरांत) दी. अुच्चार-बदलान **मागत** हांतूंतल्या **त** चें **ल** आनी **अुपरिचें अुवरी > अुयरी > यरी** जावन, निमाणें दोंयचें **लयरी > ल्यरी > ल्यर > ल्यार** हें कूस जालें आनी तें **माग** धातूक जोडून, **मागल्यार** हें भविश्यकाळी धातु-अव्यय जालें. कोंकणी सादो भविश्य आनी नितशयी भविश्य संस्कृत **तृ** कूस लागून जाता म्हणपाची फोडणिशी भविश्यकाळांत केल्या. दुसऱ्या वाक्यांत **मागल्यार** हें अुतर **माग** धातुचें भूतकाळी तिसऱ्या पुरशाचें अेकवचन **मागलो** आनी **अुपरि** हीं दोन अुतरां मेळून जालां. 'शाणून आंबो **मागलो, अुपरि** (अुपरांत) दोन घंटे जाले.' **मागलो** हें अुतर **माग** धातूक संस्कृत 'निष्ठ' चें म्हळ्यार पूर्ण धातु-विशेशणी **त** कूस लागून जालां. अुच्चार-बदलान **त** चें **ल** जालें. तांतूंत वैर सांगिल्लेभाशेन **अुपरिचें** बदल्लें रूप मेळून **ल्यार** कूस जालें आनी तें **माग** धातूक जोडून, **मागल्यार** हें भूतकाळी धातु-अव्यय जालें. **त** चें **ल** करों जाता म्हणपाची फोडणिशी भूतकाळांत आनी अुपरि अव्यय करों बदलता म्हणपाची फोडणिशी सातवे विभक्तींत केल्या.

# व्याकरणी अुतरावळ आनी संक्षेप

| कोंकणी—अिंग्रजी. | संक्षेप. |
|---|---|
| अुतरावळ—Vocabulary ... ... | |
| नाम—Noun ... ... ... | ना. |
| जात-नाम—Common Noun ... ... | जा. ना. |
| विशेश नाम—Proper Noun ... ... | वि. ना. |
| रास-नाम—Collective Noun ... .. | रा. ना. |
| वस्तु-नाम—Concrete Noun ... ... | व. ना. |
| भाव-नाम—Abstract Noun ... ... | भा. ना. |
| पुरुशलिंग—Masculine Gender ... | पु. |
| स्त्रीलिंग—Feminine Gender ... ... | स्त्री. |
| नपुंसकलिंग—Neuter Gender ... ... | न. |
| अेकवचन—Singular Number ... | अे. व. |
| भौवचन—Plural Number ... ... | भौ. व. |
| पैली विभक्ती—Nominative Case ... | पै. |
| दुसरी विभक्ती—Accusative Case ... | दु. |
| तिसरी विभक्ती—Instrumental Case ... | ति. |
| चौथी विभक्ती—Dative Case ... ... | चौ. |
| पांचवी विभक्ती—Ablative Case ... | पां. |
| सटवी विभक्ती—Genitive Case ... | स. |
| सातवी विभक्ती—Locative Case ... | सा. |
| अुलो विभक्ती—Vocative Case... ... | अु. |
| विशेशण—Adjective ... ... | वि. |
| गुण विशेशण—Adjective of Quality ... | गु. वि. |
| आंक विशेशण—Adjective of Quantity ... | आं. वि. |
| पांवड्या विशेशण ([1])—Ordinal Adjective of Quantity ... ... | पां. वि. |

---

१ पैलो, दुसरो.

| कोंकणी—अिंग्रजी. | संक्षेप. |
| --- | --- |
| पैट विशेशण (२)—Multiplicative Adjective of Quantity ... ... | पै. वि. |
| अपूर्ण आंक विशेशण (३)—Fractional Adjective of Quantity ... ... | अ.आं.वि. |
| दाखोवपी विशेशण (४)—Demonstrative Adjective ... ... ... | दा. वि. |
| धन विशेशण (५)—Possessive Adjective ... | ध. वि. |
| जण विशेशण—Distributive Adjective ... | ज. वि. |
| सर्वनाम—Pronoun ... ... | स. |
| पुरुश सर्वनाम—Personal Pronoun ... | पु. स. |
| पैलें पुरुश सर्वनाम—First Personal Pronoun ... | पै. पुस |
| दुसरें पुरुश सर्वनाम—Second Personal Pronoun ... ... ... | दु. पुस. |
| तिसरें पुरुश सर्वनाम—Third Personal Pronoun .... ... ... | ति. पुस. |
| धन सर्वनाम—Possessive Pronoun ... | ध. स. |
| दाखोवपी सर्वनाम—Demonstrative Pronoun ... ... ... | दा. स. |
| संबंदी सर्वनाम—Relative Pronoun ... | सं. स. |
| प्रस्नी सर्वनाम—Interrogative Pronoun ... | प्र. स. |
| अनित्शीत सर्वनाम—Indefinite Pronoun ... | अ. स. |
| जोड सर्वनाम—Compound Pronoun ... | जो. स. |
| जण सर्वनाम—Distributive Pronoun ... | ज. स. |
| अेकमेकी सर्वनाम—Reciprocal Pronoun ... | अे. स. |
| क्रियापद—Verb ... ... ... | क्रि. |

२ अेकोडो, दोडो, दुपेट.

३ अर्दो, पावूण.

४ हो भुरगो.

५ म्हजें, म्हगेलें घर.

| कोंकणी—अिंग्रजी. | | संक्षेप. |
|---|---|---|
| कर्मां क्रियापद—Transitive Verb | ... | क. क्रि. |
| अकर्मां क्रियापद—Intransitive Verb | ... | अ. क्रि. |
| काळ—Tense ... ... | ... | का. |
| वर्तमान काळ—Present Tense | ... | व. का. |
| भूत काळ—Past Tense ... | ... | भू. का. |
| भविश्य काळ—Future Tense ... | ... | भ. का. |
| वर्तमान भूत—Present Perfect Tense | ... | व. भू. |
| अपूर्ण भूत—Past Imperfect Tense | ... | अ. भू. |
| भूत भूत—Past Perfect Tense | ... | भू. भू. |
| रीत भूत—Habitual Past Tense | ... | री. भू. |
| नित्सायी भविश्य—Definite Future Tense | ... | नि. भ. |
| अनित्सायी भविश्य—Indefinite Future Tense | ... | अ. भ. |
| दुबावी भूत—Indefinite Past Tense | ... | दु. भू. |
| नित्सायी भविश्य भूत—Definite Future Perfect Tense ... ... | ... | नि. भ. भू. |
| पालवी क्रियापद—Auxiliary Verb | ... | पा. क्रि. |
| तांकी क्रियापद—Potential Verb | ... | तां. क्रि. |
| लावपी क्रियापद (६)—Causative Verb, Causal | | ला. क्रि. |
| अेकपुरशी क्रियापद (७)—Unipersonal Verb | ... | अे. क्रि. |
| थळ क्रियाविशेशण—Adverb of Place | ... | थळ क्रिवि. |
| वेळ क्रियाविशेशण—Adverb of Time | ... | वेळ क्रिवि. |
| आंक क्रियाविशेशण—Adverb of Quantity | ... | आंक क्रिवि. |
| रीत क्रियाविशेशण—Adverb of Manner | ... | रीत क्रिवि. |
| हुंकारी वा हयकारी क्रियाविशेशण—Adverb of Affirmation ... | ... | हुंकारी क्रिवि. |

६ अुभयविध क्रियापद कोंकणींत ना. **नेटान** कर्मां वा अकर्मां क्रियापद समजता. देखीक—शाणून गुणुचो पांय **मोडलो** (क. क्रि.). गुणुचो पांय **मोडलो** (अ. क्रि.).

७ देखीक—'अुजवाडलें.' सदींच अेकपुरुश, म्हळयार तिसरो पुरुश.

| कोंकणी—इंग्रजी. | | संक्षेप |
|---|---|---|
| न्हयकारी क्रियाविशेशण—Adverb of Negation | | न्हयकारी क्रिवि. |
| नात्या अव्यय—Postposition of Relation | ... | ना. अ. |
| सांगडी अव्यय—Cumulative or Copulative Conjunction | ... ... | सां. अ. |
| विंगडी अव्यय—Disjunctive or Alternative Conjunction | ... ... | विं. अ. |
| आडमेळी अव्यय—Adversative Conjunction | ... | आ. अ. |
| परिणामी अव्यय—Illative Conjunction | ... | प. अ. |
| रिगा अव्यय—Introductory Conjunction | ... | रि. अ. |
| बांदणी अव्यय—Conditional Conjunction | ... | बां. अ. |
| कारणी अव्यय—Conjunction of Cause | ... | का. अ. |
| हेतू अव्यय—Conjunction of Purpose | ... | हे. अ. |
| कबुली अव्यय—Conjunction of Concession | ... | क. अ. |
| फळा अव्यय—Conjunction of Result or Consequence | ... ... | फ. अ. |
| नेटी अव्यय—Indeclinable of Emphasis | ... | ने. अ. |
| अुमाळी अव्यय—Interjection | ... | अु. अ. |
| मुळा-कूस—Prefix | ... ... | |
| ताळा-कूस—Suffix | ... ... | |
| अंत—Termination | ... ... | |
| गांठवल—Compound word | ... ... | |
| अणकारी अव्यय—Indeclinable of Imitative Sound | ... ... ... | अ. अ. |

# आधारावळ

Archivo Portuguez Oriental, Fasciculo 6, Nova Goa 1875.

Beames. A Comparative Grammar of the Modern Aryan Languages of India: to wit, Hindi, Panjabi, Sindhi, Gujarati, Marathi, Oriya and Bangali by John Beames.

Bhandarkar. Wilson Philological Lectures ( WPL. ) on Sanskrit and the Derived Languages delivered in 1877 by Sir R. G. Bhandarkar, K.C.I.E.,LL.D., Ph. D., etc., Bombay, 1914.

Chavan. The Konkan and the Konkani Language by Rao Saheb Dr. V. P. Chavan, L. M. & S., Bombay, 1924.

Childers. A Dictionary of the Pali Language by Robert C. Childers, London.

Clough. A Compendious Pali Grammar with a copious vocabulary in the same Language by the Rev. Benjamin Clough, Colombo, 1824.

Cowell. The प्राकृत-प्रकाश or the Prakrit Grammar of वररुचि by E. B. Cowell, M. A., London, 1868.

Estevão ( Stephens ). Arte da Lingoa Canarin (कोंकणी), composta pelo Padre Thomas Estevão da companhia de Jesus, editada por J. H. da Cunha Rivara, Nova Goa, 1857.

Faulkner. The Orientalist's Grammatical Vade-Mecum: General Rules and Principles of the Gujarati Grammar, Bombay, 1853.

Grierson. Linguistic Survey of India ( LSI. ), compiled and edited by G. A. Grierson, C. I. E., Ph. D., etc.

Katre. The Formation of Konkani by S. M. Katre, M.A., Ph. D. (London), Bombay, 1942.

Kellogg. A Grammar of the Hindi Language by the Rev. S. H. Kellogg, D. D., LL. D., London, 1938.

Lepsius. Standard Alphabet for reducing unwritten languages and foreign graphic systems to a uniform orthography in European letters by C. R. Lepsius, D. Ph. & D. D., Second Edition, Berlin, 1863.

Mason. काच्छायनो's पालि Grammar by Francis Mason, D. D., Toungoo, 1868.

Müller. A Simplified Grammar of the Pali Language by E. Müller, Ph. D., London, 1884.

Pischel. Grammatik der Prakrit-Sprachen von R. Pischel, Strassburg, 1900.

Rangel. Gramática da Lingua Concani por V. J. Janim Rangel, Bastorá, Goa, 1933.

Rita e Souza. Elementos Gramaticais da Lingua Concani pelo Cónego José de S. Rita e Souza, Lisboa, 1929.

Shapurji Edalji. Grammar of the Gujarati Language by Shapurji Edalji, Bombay, 1866.

Talmaki. (I) Konkani Proverbs and Konkani Similes & Idioms, Sanskrit Maxims & Kanarese Proverbs in use, etc., by S. S. Talmaki, Part 1, Bombay, 1932. (II) Konkani Proverbs and Riddles, Lullabies and Nursery Songs, Part 2, Bombay, 1936.

Weber. Über ein Fragment der भगवती von A. Weber, Berlin, 1866.

Whitney. A Sanskrit Grammar by William Dwight Whitney, Leipzig, 1896 (1913).

ऋ.—ऋग्वेद.

कोंकणि भाषेन बालबोध प्रथम पुस्तक, अुजवाडावपीः नारायणाचार्य, धर्मप्रकाश छापखानो, मंगळूर, १९३०.

गाथा-सप्तशती, बरपीः हाल.

गुजराती भाषानो अितिहास, बरपीः शास्त्री व्रजलाल कालीदास, अमदावाद, १८६६.

# चुकावळ

| पान | वळ | चूक | सारकें |
|---|---|---|---|
| ३ | ११ | जैनमहा.) | जैनमाहा.) |
| ८ | २५ | वोडही–वोडवी | वोडही=वोडवी |
| ११ | ७ | जो तो | जो, तो |
| १४ | २ | पाद्रीकडेन | पाद्रींकडेन |
| २६ | १२ | फार्तर-फातर | फार्तर-फातर |
| २९ | ६ | सस्कृतांत | संस्कृतांत |
| ३१ | ८ | घरां दादले | घरां, दादले |
| ४५ | २ | ह्यांचीं | हांचीं |
| ४८ | १९ | नातिल्लो | नातिल्लो |
| ५९ | १० | कणवीर–करवील | कणवीर=करवील |
| ६३ | १७ | आंबैंत | आंवैंत |
| ६६ | १४ | पाटार | पोटार |
| ९५ | १७ | जाल्यांत.२५ | जाल्यांत.२५२ |
| १०२ | ११ | जाता.३६८ | जाता.२६८ |
| ११५ | १६ | ली>ल्य. | ली>ल्य्. |
| ११५ | १७ | लें>लयं्>लं. लीं>ल्यं. | लें>लंय्>लं. लीं>ल्यं्. |
| ११५ | २२ | ल्य, ल्यं हांतूंत | ल्य, ल्यं् हांतूंत |
| १२० | ६ | न्हयकारी | हयकारी |
| १२२ | १० | ताचे | तोच |
| १६० | १९ | ्ची भर | प् ची भर |
| १६८ | १३ | तांतूंक | तांतूंक |
| १८३ | २० | दोंगर | दोंगर |

ग्रं. क्र.

जैत—कोंकणी भाशेचें जैत,बरपीः शणै गोंयबाब, मुंबै.
नादशास्त्र— कोंकणी नादशास्त्र, बरपीः शणै गोंयबाब, मुंबै.
पाअिअ-सद्द-महण्णवो, बरपीः पंडित हरगोविंददास शेठ, कलकत्तो.
प्राप्र.—प्राकृतप्रकाश, कर्तोः वररुचि.
भुरग्यांलें व्याकरण, बरपीः शणै गोंयबाब, मुंबै.
विवेकरत्नाकर, कवीः नरहरी, प्रभाकर छापखानो, अुडिपी.
सरस्वतीमंडल, बरपीः रामचंद्र भिकाजीशणै गुंजीकार, मुंबै.
सिकौ.—सिद्धान्तकौमुदी, बरपीः भट्टोजि दीक्षित.
सिद्धहेम—सिद्धहेमशद्बानुशासनम्, कर्तोः हेमचंद्र.

REFBK 0007274
REFBK-0007274